

86
Au.no.

116
N_Dev
CHI

मनाचो हारसो

सौ. चित्रा जयेश कुडचडकार

L:B02-R11(Dev.51)

000116

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY • विश्व कोंकणी •

86

मनाचो हारसो

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
96
विश्व कोंकणी ग्रंथालय

प्रसाद प्रत
कुळागर प्रकाशन

मनाचो हारसो

सौ. चित्रा जयेश कुडचडकार

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
९८
विश्व कोंकणी ग्रंथालय

कुळागर प्रकाशन

मडगांव

MANACHO HARSO

© सौ. चित्रा जयेश कुडचडकार

पयली खेप :
संवसार पाडवो, शक १९१५
२४ मार्च, १९९३

JI, CHI
C N93
WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY • विश्व कोंकणी पुस्तकालय •
86

उजवाडावपी :
चंद्रकांत केणी
कुळागर प्रकाशन
मडगांव - गांय

अक्षर-जुळणी आनी छापप :
ओमेगा एन्टरप्राएझेस,
श्रेयस, विद्यानगर कॉलनी,
११५८, विद्यानगर, मडगांव गोंय. ४०३-६०१

भायलें चित्र :
प्रदीप खांडेपारकार

116
N-Dev
CHI

मोल : रु. ६०.००

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या पालवान छापलां

हारशांतलीं पडबिम्बां नियाळटना...

कांय वर्सांफाटली गजाल. राष्ट्रमतांत एक सुंदर मराठी कथा छापून आयिल्ली. मनाक स्पर्शून वचपी ते कथेन म्हाका बरोवप्याच्या नांवावयल्यान परत नदर मारूंक लायली. -सौ. चित्रा जयेश कुडचडकार... ल्हवपीक उतरांनी कथेचें भावविश्व चितारपी. चित्राची पयली वळख म्हाका ते कथेन करून दिली.

थोड्याच उतरांनी खूब कितें सांगून वचपी, जिणेंतली ल्हानांतली ल्हान संवेदना अळंग टिपून काडपी चित्रा जेन्ना मराठीवांगडा कोंकणीच्याय मळार पावलां मारूंक लागलें तेन्ना मनापसून खोस जाली.

चित्राले कोंकणी निबंद हांवें वाचिल्ले. ह्या निबंदांचो एक संग्रह उजवाडाक येता हें आयकून म्हाका बरें दिसलें. पुण ह्या संग्रहाक हांवें प्रस्तावना बरोवची असो चित्रान प्रस्ताव केलो तेन्ना मात म्हजें मन संकोचलें.

पुस्तकाचीं प्रुफां वाचतना म्हाका पोरने अणभव नव्यान घेवचेली संद मेळ्ळी. चित्राचे कोंकणी निबंद अणभवसिध्द आसात. कांय लेख तर चित्रा जंय थांबलां थंय सोपनासतना फुडें वाचप्यांच्या मनांत विचारमंथन चालू करतात.

ह्या संग्रहांतले घर, अनाथ, फळ, विकृती, नांव हे निबंद अशे वैचारीक!

निबंदांतलीं मनशां दिसपट्टे जिणेत दिश्टी पडपी जाल्ल्यान ताचें चित्रण वास्तव जालां. ती सगळीं खंय ना खंय तरी आमकां मेळ्ळयांत अशें जाणवत रावता.

चित्राचें अणभवविश्व फकत मध्यमवर्गापुरतें मर्यादीत ना. वेगवेगळ्या थरांतलीं, वेगवेगळ्या चिंतनाचीं - सुशिक्षीत आनी अडाणी मनशां आमकां हांगा पळोवंक मेळटात. हातूंत घोवाक पुराय शरण गेल्ली बायल मनीस आसा, तशीच घोवाविरुध्द बंड करुन उठपीय बायलमनीस आसा. प्रेमभंगाक लागून आंकवार राविल्ली जाण्टेली आसा आनी फट्ट करून घटस्फोट घेवन मेकळें जावपी अपूर्णाय आसा. जिणेचो अर्थ अणभवांतल्यान शिकिल्ल्यो, अडाणी आसूनय गिन्यानी अशो चंपा सारकेल्यो बायलोय आसात.

बायल-मनशेच्या मनाचे वेगवेगळे पापुद्रे अळंग उकते करुन दाखोवंक चित्रा यशस्वी जालां. देखूनच पेट्टे विडयेचो शेक आपल्या घायाक दिवपी 'इम्युनिटीं'तली गावडी, अंजिरांखातीर तळमळपी 'दुवाळयां'तलें सुधा, बारीकसाणेच्या नांवाखाला भांगरां-शिंगरांचें प्रदर्शन करपी मीता यादींत उरता.

जिणेतल्या घडणुकांकडेन पळयतना वास्तववादी आशिल्ली चित्राची नदर गोंयच्या -सैमाकडेन पळयतना रंगयाळी जाता. सैमाविशीं जाका ओड आसता, ताचे नदरेक सैम

हो जितो-जिवो आनी अप्रूप आसता. ल्हानांतल्या ल्हान किड्यांत लेगीत आशिल्ली कूसभर लेगीत सोबीतकाय मागीर लख्खकरून दोळयांत भरता. आनी अशी नदर आशिल्लो बरोवपी जेन्ना उतरांनी सैम चितारूंक लागता, तेन्ना ताज्या त्या उतरांतल्यान लेगीत सैमाचीं स्पंदना वाचप्यामेरेन पावतात. चित्राचीय ऩदर अशी-सैमपिशी!

'आंब्यान फटयिल्ली कोगूळ कोडुलिंबाच्या झाडाचेर बसून संगिताचो रियाज करता' ह्या एकाच वाक्यान चित्रा कोडुलिंबाची कोडसाण नाच करता आनी वाचप्यांच्या मनांत रिगयता तो ताजो जांबूळसर धवो चंवर... 'बीं मातयेंत रुजता तेन्ना तिका झाडाचो गर्भ धरिल्लो आसता' ही कल्पनाच इतली तरल कीं दोळयांमुखार बीं न्हय, तर फुल्लट गर्भार बायलच उबी करून वता.

चित्राच्या चडशा निबंदांनी दिश्टी पडटात तीं बायल-मनशेचीं वेगवेगळीं रुपां, तिजीं सुखां आनी दुःखां. भुरग्या मनांचें वेगळें विश्वय तें समर्थपणान उबें करता. ताचें संवेदनशील मन काळजांतली ल्हानशी खंत लेगीत अचूक पारखून वाचप्यांमुखार दवरता. ताचेर चिंतूंक लायता. दोळयांक जें दिसता, ताचेपरस खोल वचून पळोवपाची तांक चित्राचे नदरेक आसा. देखून अशें म्हणन दिसता कि चित्रान फकत बायल-मनशेपुरतीच नदर मर्यादीत दवरची न्हय.

ह्या संग्रहांतल्या खूबशा निबंदांनीं कथेचें बीज आसा. विस्तारान बरयिल्ल्यो जाल्यार तांच्यो सुंदर कथाय जावं येताल्यो. पुण ललीत निबंद म्हणूनय ते परिपूर्ण आसात.

ल्हानपणांत आजेकडल्यान एक काणी आयकल्ली- एका जादूच्या हारशाची.. त्या हारशांत पळोवपी मनशाक जगांतल्यो सगळयो गजाली दिश्टी पडटाल्यो. घडये तो हारसो चित्रान आपल्या मनांत लिपोवन दवल्ला. त्या हारशांत ताका लोकांच्या मनांतले उमाळे, सुखां-दुःखां स्पश्ट दिसतात.

त्या सुख-दुःखाचीं हीं उतरांनी चितारिल्लीं पडबिम्बां- चित्राच्याच उतरांनी सागतलें जाल्यार, कोंकणीच्या मळार रुजून आयिल्लीं, आपली अशी खाशेली रूच आशिल्ली ही गर्भभारीत 'घोड़कां '- मधूर आनी रुचीक! हाचो रूख जावन रसरशीत फुलचो आनी फळचो होच म्हजो उमाळो!

- मीना काकोडकार

मडगांव, गोंय
संवसार पाडवो, १९१५
ता. २४ मार्च, १९९३

मांडावळ

१	दसरो	.....	११
२	बायलांचो दीस	.....	१३
३	विसंगत	.....	१५
४	सांगाती	.....	१७
५	दोन रुपां	.....	२०
६	करुणा	.....	२३
७	ती	.....	२६
८	पंचकन्या	.....	२९
९	बंद दरवाजा	.....	३१
१०	घर	.....	३३
११	काळजाची भास	.....	३५
१२	अनाथ	.....	३७
१३	दांपत्य	.....	४०
१४	मायेची भूक	.....	४२
१५	शाळेचे वाटेर	.....	४४
१६	इम्युनिटी	.....	४६
१७	धुवाळे	.....	४९
१८	खंत	.....	५१
१९	सविता	.....	५४
२०	बायल	.....	५७
२१	कुळार	.....	६०
२२	सोयरे	.....	६३
२३	नटी	.....	६६
२४	लग्नाच्या हॉलांत	.....	६८
२५	देवाचो संदेश	.....	७०
२६	फळ	.....	७२
२७	दोश नदरेचो	.....	७४
२८	बोडको दोंगर	.....	७६
२९	श्रावण	.....	७८
३०	कोडुलिंबू	.....	८०
३१	पांखो	.....	८२
३२	जिवाणें	.....	८४

३३	तायखिळो	.....	८७
३४	ओंवळ	.....	८९
३५	पावस	.....	९१
३६	सैम	.....	९३
३७	शंकर	.....	९५
३८	देवाची करणी	.....	९८
३९	हुंवार	.....	१००
४०	विकृती	.....	१०२
४१	कांटे	.....	१०५
४२	मानापमान	.....	१०८
४३	भेस आनी सभ्यताय	.....	१११
४४	नागीण	.....	११३
४५	सुसंवाद	.....	११५
४६	तीन दृश्यां	.....	११८
४७	उबगण	.....	१२०
४८	नदर	.....	१२२
४९	लज	.....	१२४
५०	भाऊबीज	.....	१२६
५१	दुबाव	.....	१२९
५२	देवाचो घोडो	.....	१३२
५३	संगीत	.....	१३५
५४	पावस	.....	१३७
५५	काटकसर	.....	१४०
५६	बर्फाचो पावस	.....	१४३
५७	पूर्वग्रह	.....	१४५
५८	दिंडी	.....	१४८
५९	रुपडीं	.....	१५०
६०	कुटुंबसंस्था	.....	१५२
६१	नातें कितें	.....	१५५
६२	संस्कार	.....	१५७
६३	चंपा	.....	१६०
६४	गार्फ	.....	१६३
६५	नांव	.....	१६५
६६	अमीना	.....	१६७

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000116

मनाचो हारसों

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

१

दसरो

दसऱ्याच्या दिसा सिमोल्लंघन करपाची प्रथा आसता. हांवें खंयतरी वाचिल्ले कि पयलींच्या काळांत राजा दसऱ्याच्या म्हुर्ताचेर आपल्या राज्याच्यो शिमो हुपून नवो मुलूख जिखपाखातीर भायर सरताले. देखून सिमोल्लंघनाची प्रथा रूढ जाल्या. पूण पयरच कोणेतरी म्हाका सिमोलंघनाचो वेगळो अर्थ सांगलो आनी म्हाका तो आवडलो. सिमोल्लंघन म्हळयार आपले भोंवतणी ज्यो शिगमो आसतात त्यो शिमो हुपून वचप. ह्यो शिमो संस्काराच्यो आसतात, रुढी वा परंपरेच्यो आसतात. केन्ना कायद्यान घाल्ल्यो त्यो शिमो आसतात जाल्यार केन्ना कोणेतरी लादिल्ल्यो आसतात. ह्यो शिमो खूबशे फावटीं जुलमाच्यो आसतात, ना जाल्यार मोगाच्योय आसतात.

दसऱ्याचो दीस उदेलो आनी म्हजे चलयेन म्हाका विचाल्लें, ''दसरो म्हळयार कितें?''

ल्हान चलयेक समजुपासारकी जाप म्हजेकडेन नासली. ताका प्रतिकां कशीं सांगपाचीं? दिवाळी येता तेन्ना घरांत दिवे दाखयतात, फोव खातात. जेन्ना चवथ येता तेन्ना गणपती पुजतात. दसऱ्याच्या दिसा भुरग्यांक जाणोवपासारको कसलोच सुवाळो घराकडेन जायना. देवळांनी उत्सव जातात ते हांव जाणां. देखून ह़ांवें तिका सांगलें, ''दसरो हो एक मोठो सण. तो देवळांनी मनयतात.''

तिगेलो एकच प्रस्न आसलो, ''दसऱ्या दिसा जर नरकासुराची मिरवणूक नासता आनी घरांत कांय करचेलें नासता जाल्यार आमकां शाळेक सुटी कित्याक?''

हांव शाळेंत शिकतालें तेन्ना मराठी पुस्तकांत आमकां दसऱ्याचेर एक धडो आसलो. तेन्ना सगळो अर्थ समजना आसलो. पूण नवरात्र सोंपतकच दसरो येता. एक कोणतरी मोरू म्हणून भुरगो आसता. तो भांगर लुटून परत घरा येता.

एक फिकट याद त्या धड्याची म्हज्या मनांत जागी जाता. दसऱ्या दिसा खंयतरी भांगर दवरिल्लें आसता आनी भुरग्यांनी वचून तें लुटून हाडपाचें असो त्या वयांत म्हजो समज जाल्लो. पूण जेन्ना भांगर म्हणून आपट्याचीं पानां लोक एकामेकांक दितात, तें पळयतकच म्हाका बावल्यांच्या लग्नापरसय भांगर लुटपाची ही कल्पना बालीश दिशिल्ली.

आमच्या भुरग्यांच्यो बारीकसाणी खूब आसतात. तांकां जाप दिवप जेन्ना आमकां जमना तेन्ना आमी कितेंय तरी सांगून वेळ मारून व्हरतात. ह्या प्रयत्नांत खूबशे फावटीं

भुरग्यांली जिज्ञासा मरून वता, जाल्यार खूबशे फावटीं आमी आमचें अज्ञान लिपोवंक दिल्ली जाप तांच्या मनांत घर करून बसता. देखून, 'दसरो म्हळयार कितें?' असो चलयेन प्रस्न विचारतकच हांवें तिका रोखडीच जाप दिली ना. दसऱ्याविशीं आदीं थोडें वाचून समजून घेवया अशें हांवें थारायलें.

भारतीय सण म्हळयार आमची संस्कृती आनी परंपरेचीं प्रतिकां. मनशाची जीण निरस जावची न्हय, प्रपंचीक कामां करता आसतना जर कसलीय चूक घडिल्ली आसत ज़ाल्यार ती सुदारून घेवपाची संद मेळची आनी न्याय नितीची जाणविकाय मनांत भरून उरची हे खातीर साबार तरांच्या सणांची तजवीज केल्ली आसा. पूण ल्हवू ल्हवू हे सण म्हळयार एक उपचार जावन बशिल्ल्यान ते आपलो अर्थ आनी संदर्भ वगडावन बसले. हे संदर्भ आयज कोणाक खबर नाशिल्ल्यान दसऱ्या सारको सण कित्याक मनयतात हें कोणूच सारकें सांगूंक नकळ. हांवें कांय पुस्तकां वाचलीं. त्या पुस्तकांनी पुराणकथांचो आदार घेवन दसऱ्याचें म्हत्व बरयिल्लें आसा. पूण जंय पुराण कथाच काल्पनीक आसतात थंय तांचो आदार घेतलो तरी नव्या युगांतलें भुरगें तांचेर विस्वास दवरपाची शक्यताय म्हाका दिसली ना.

एक गजाल खरी कि आदले राजा राज्याचो विस्तार करप हो आपलो धर्म मानताले आनी दसऱ्याच्या दिसा ते दिग्विजयाक भायर सरताले. पावसाच्या दिसांनी लडाय करप शक्य नासता. त्याभायर शेताचीं कामां करपाचे ते दीस आसतात. दसऱ्याच्या अदमासाक पावस सोपिल्लो आसता आनी राजालीं कोठारां धान्यान भरिल्लीं आसतात. असलो काळ हो सिमोल्लंघनाचो बरो म्हूर्त मानलो जाल्यार अजाप कसलें? पूण दसरो हो फकत राजालो उत्सव न्हय. त्या उत्सवांत सामान्य प्रजा लेगीत वांटेकार आसता. देखून फकत लडाय झुजाचो हो सण आसलो जाल्यार सामान्य प्रजा खोशी मनोवपाची न्हय. देखून दसरो हो फकत दुसऱ्या देशाचेर घुरी घालपाखातीर सिमोल्लंघन करपाचो सण अशें म्हाका दिसना.

जैन लोकांमदीं एक पर्युषण पर्व म्हणून आसता. वर्सांतल्यान एक खेपे त्या दिसा सगळें दुस्मानपण विसरून इश्टागत परत जुळोवपाचें तें पर्व अशें जैन मानतात. त्या दिसा जैन लोक एकामेकांगेर वतात आनी एकामेकांची क्षमा मागतात. क्षमा मागप म्हळयार मन निवळ करप ही भावना आसता. दसऱ्या फाटल्यान असलीच एकाद्री कल्पना आसूंक जाय. आमी शीम हुपप ही आमच्या मनाभोंवतणी पडिल्ली शीम. आतां हें सगळें ल्हान चलयेक कशें सांगपाचें?

हांवें परंपरेचो आदार घेतलो आनी रामायणाचे कथेचो आदार घेवन तिका सांगलें, "रामान रावणाक मारून सीतेक घेवन तो ज्या दिसा अयोध्येक परत आयलो, तो दीस दसमीचो आसलो देखून तो दीस विजयादसम म्हणून मनोवपाची प्रथा सुरू जाली. राम हें सत्याचें प्रतीक, न्याय-नितीचें प्रतीक. जाल्यार रावण हें असत्य, अन्याय आनी अनितीचें प्रतीक हें तीं जाणटी जातकच तिका समजावचें अशें येवजून हांव ओगी रावलें.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

२

बायलांचो दीस

८ मार्चाक संवसारान बायलांचो दीस मनयलो. ह्या आदीं बायलांचें दसक मनयिल्लें. धा वर्सां मेरेन रात - दीस बायलांचेर जाता तो अन्याय पयस करूंक जाय असो सगळया प्रचार माध्यमांनी बोवाळ करून संवसाराचें लक्ष बायलांच्या प्रस्नाकडेन ओडलें. पूण त्या दसका उपरांत बायलांचे प्रस्न सुटले? दरव्रसा ८ मार्चाक आमी बायलांचो दीस मनयतात. दीस मनोवप म्हळयार कितें करप हें आमचें आमकांच खबर ना. आमी सभा घेतात, चर्चा घडोवन हाडटात आनी राज्यकर्त्यांपसून सामान्य प्रजेमेरेन सगळे एका आवाजांत म्हणटात, बायलांचेर अन्याय जाता. कांयकडेन तांचो छळ जाता. जो आमी सोसून घेवचे नात.

दरवर्सा एकच गजाल परच परत सांगतकच त्या उतरांक अर्थ उरना. तीं उपचाराचीं उतरां जावन बसतात. दर वर्सा चवथी दिसा गणेश पूजा जाता. ही पूजा म्हळयार भटान कितेंतरी तोंडान म्हणप आनी देवाच्या आंगार फूल उडोवप अशी जावन बसल्या. ती पूजा केले बगर चवथ जायना अशें आमी मानतात आनी पूजेचो सुवाळो करून घेतात. सरकारी थराचेर वा समाजीक थराचेर आमी ज़ेन्ना दीस मनयतात तेन्नाय मंत्री आनी अधिकारी, फ्रुडारी आनी विचारवंत एका थारिल्ल्या सांच्यांतलीं उलोवपां करतात. तीं उलोवपां जालेबगर दीस मनयले अशें आमकां द़िसना. त्या उलोवपांतलो संदेश आयकुपी सोडाच, खास उलोवपी लेगीत समजून घेवपाची तकालस घेनात.

जेन्ना वनमहोत्सव मनोवपाचो आसता, तेन्ना झाडां रोवप आनी जेन्ना खेळा दीस मनोवपाचो आसता तेन्ना ग्रावंड तयार करचे खातीर रोयिल्लीं झाडां मारून उडोवप ही आमची रीत जाल्या.

वर्सांतल्यान एक दीस गांधी जयंती येता. त्या दिसा सगळे जाण गांधीच्या चरित्राचो आनी तांचे शिकवणेचो उगडास काडटात. कळमेल्ले चरखे निवळ करून सूत कातपाचो देखाव जाता. स्टार्च केल्लीं खादीचीं वस्त्रां आंगाचेर चडटात. विसरून गेल्ल्या गांधीच्या वचनांचें पारायण जाता. सर्व धर्मी प्रार्थनेचे कार्यक्रम जातात आनी त्या दिसा सुर्यास्तावांगडाच आमी गांधीक कुशीक काडून उडयतात. तांका लागून केन्ना केन्नाय बरीच मजा जाता. एके शाळेंत गांधी जयंती दिसा आयिल्ल्या सोयऱ्यान विद्यार्थ्यांक विचाल्लें, "गांधीचें पुराय नांव कितें?"

कांय जाणांनी जाप दिली, ‘‘इंदिरा गांधी.’’ दुसऱ्या कांय जाणांनी म्हळें, ‘‘राजीव गांधी.’’ एके चलयेन ल्हंवू आवाजांत म्हळें, ‘‘सोनिया गांधी.’’ पूण एकाय भुरग्याक मोहनदास करमचंद गांधी याद जालो ना. तांचो गुन्याव कसलो! तांकां महात्मा गांधीविशीं केन्ना कोणे शिकयलें ना वा आयकूंक मेळ्ळें ना.

बायलांच्या दिसा अशेंच घडलें. हांवें खूब जाणांक विचाल्लें, ‘‘आयज दीस कसलो?’’ चडशा बायलांनी सांगलें, ‘‘आयतार’’ कांय जाणांनी म्हळें, ‘‘बरी याद केली. आयज विनायकी.’’ पूण एकेय बायलेक खबर नासलें कि तिच्या उध्दाराखातीर त्या दिसा सरकार बायलांचो दीस मनयता.

एकेच बायलेन म्हाका उरफाटो प्रस्न केलो. तिणे विचाल्लें, ‘‘अशें कित्याक विचारता तूं? आयच्या दिसाचें कितेंय खाशेलपण आसतलें तें म्हाका सांग.’’

हांवें तिका बायलांच्या दिसाची खबर सांगली, तेन्ना तिणे म्हळें, ‘‘मनोवं बाबडे. तांकां दीस मनोवपाक निमित्त्य जाय आसता. बायलांच्या नांवान एक दीस मनयतात जाल्यार कागाळ कसली करपाची?’’

‘‘आगे, पूण इतलीं वर्सां हो दीस मनोवनय बायलांचे प्रस्न सुटूंक नात.’’

‘‘हेंच चुकता तुजें.’’ तिणें म्हळें, ‘‘प्रस्न सुटले जाल्यार दीस मनोवंक कसो मेळपाचो? बायलांचो दीस मनयतात तो बायलांचे प्रस्न सोडोवंक न्हय, तर कांय जाणांच्यो उमेदी भागोवंक.’’

म्हाका दिसलें, ते बायलेच्या रूपान एक आदर्श भारतीय बायल म्हाका मेळिल्ली.

३

विसंगत

भुरगें जल्माक आयलें म्हणटकच आवय बापूय एक बरें नांव सोदतात. कांय जाण भुरगें जल्मा येवचे आदींच नांव थारावन दवरतात. खंय तरी सिनेमांत आयकल्लें, कादंबरींत वाचिल्लें नांव ताणी बरोवन दवरिल्लें आसता. कांय जाण भाविक आसतात तांकां देवाचें नांव आपल्या भुरग्याक दवरूंक जाय आसता. पूण देवाचें रूढ नांव तांकां मानवना. मागीर तीं दुसरीं नांवां सोदतात. पूण असलीं नांवां दवरतकच गोंदळ जाता. म्हजे एके मैत्रिणीन आपल्या चल्याक कृष्णाचें नांव दवरचें अशें येवजून ताका पार्थसारथी अशें नांव दिलें. पूण आतां सगळेच ताका पार्थ म्हणून उलो मारतात. पार्थ म्हळयार अर्जुन ताजो सारथी कृष्ण तो पार्थसारथी. पूण कृष्णालें नांव कुशीक उल्लें आनी अर्जुनालें नांव घोळणुकेंत आयलें.

नांवां दवरता आसतना कांय जाण अर्थाक म्हत्व दितात. पूण चडशे जाण कानाक जें नांव बरें लागता तें नांव दवरतात; मागीर ताजो अर्थ कितें जाता ताजो ते विचारच करिनात. हांव एके बायलेक वळखतां जिका घोवान आवडीन वंचना हें नांव दवल्लां. त्या उतराचो अर्थ दोगांकय खबर ना. देखून तें नांव बदलचें अशें तांकां दिसूंक ना अज्ञानातय एक सूख आसता तें अशें.

पूण केन्ना केन्नाय आमकां अशेंय पळोवंक मेळटा कि अर्थाचो विचार करून दवरिल्ल्या नांवांत आनी त्या मनशामदीं विसंगत आसता. मराठींत एक म्हण आसा, 'नांव सोनुबाई, हातीं कथलाचा वाळा' ते ओपारेची याद खूबशे फावटीं जाता. 'रजनी' नांवाची एक चली आसा. गोरी पीट्ट. तिगेली एक मैत्रीण आसा. दोगांय सांगातान भोंवतात. त्या मैत्रीणीचें नांय 'उषा.' जितली रजनी गोरी तितली उषा काळी. तांकां पळयतकच म्हाका दिसता, हाणी नांवांची अदलाबदल करूंक जाय आसली. चलयेक नांव 'मुग्धा' ना जाल्यार 'आबोलें' आसचें आनी ताणे तोंडाक थार दिना आसतना बडबडत रावचें! तें विसंगत दिसता. अशें खूब वेळ घडटा.

नांवाचो अर्थ लावंक बशिल्ल्यान म्हजो वेळ बरो वता. पूण केन्ना केन्ना हांव दुस्मानकाय जोडून बसतां. म्हजी एक मैत्रीण आसा. तिजे नांव स्मिता. ल्हानपणात सावन आमी एकामेकांक वळखतात. तिगेल्या नांवाचो अर्थ समजूंक लागत सावन म्हाका विसंगती नदरेंत भरता. नांव स्मिता पूण तोंड सदांच उदास. हांसचें कशें हें तिका समजना. केन्नाय ती हांसता, पूण तो हांसो इतलो कृत्रीम दिसता कि, खीणभर

ती हांसता काय रडटा तेंच कळना.

हांव स्मिताक भुरगेपणातसावन माजर म्हणून चाळयतां. तेन्ना स्मिताल्या सभावाची म्हाका वळख जावंक नासली. शाळेंतल्या जनेलाक एक जाळी आसताली आनी ते जाळयेक तोंड तेंकोवन जेन्ना स्मिता भायले वटेच्यान पळयतालें तेन्ना भायल्यान आशिल्ल्या मनशाक तागेले माजरावरी दोळे तितले पळोवंक मेळटाले. तिगेलो गोरो रंग धवसार जाल्ल्यान जनेलांतल्यान माजरच पळयता असो भास जातालो. तितलेच खातीर हांवें स्मिताक माजर हें नांव दवरिल्लें.

पयलेच खेपे जेन्ना हांवें स्मिताक माजर म्हळें तेन्ना तें रागान गुरगुरिल्लें. सारकें माजराभशेन आनी ताणे म्हणिल्लें, "तूं म्हाका माजर म्हणटा तें हांव कितें चोरून खातां?"

माजराची उपमा कोणाकय दितना जो चोरपावलांनी वावुरता वा चोरून खाता, दुसऱ्यान आपल्याक पळोवचें न्हय अशें येवजून आपले दोळे धांपून घेवन दूद पिता आसतना आपूण कोणाक दिश्टी पडना अशें मानता, त्याच मनशाक माजराची उपमा दितात अशें स्मिता मानतालें. पूण म्हजी कोटी सादी आसली; तातूंत खोंच कसलीच नासली. हांव फकत तागेल्या रुपाक, तागेल्या दोळयांक पळोवन माजर म्हणटालें. पूण स्मिताक मात दिसलें कि हांव वेगळया अर्थान ताका माजर म्हणटां. तें रागार जालें. स्मितालो एक गूण बरो. ताणे इश्टागत तोडली ना. वा म्हगेलें तें म्हणणें चड दीस मनांत धल्लें ना.

स्मिताक जे वळखतात तांकां खबर आसा, ताजें तोंड सदांच सुतकी. अवेळार तें दारांत उबें रावलें जाल्यार कितें तरी विपरीत घडलां आनी ती खबर घेवन स्मिता आयलां असो दुबाव कोणाकय येवचो इतलें ताजें तोंड कश्टी दिसता. पूण ज्याची ताजेकडेन इश्टागत आसा, ते जाणात त्या रुक्ष तोंडाचेर उदेना तितली माया ताज्या काळजांत आसा.

स्मिताचें आनीक एक वेगळेपण. तें सरळ मार्गान वचपी. कसलीय कोटी केल्यार ताका तें समजना. विनोदाचें आनी ताजें इतलें वावडें कि कोणेय जोक सांगलो जाल्यार स्मिताक हांसूंक येना. दुसऱ्यो चलयो हांसतात हे खातीर हांशिल्ले भाशेनय करूंक येना. देखून म्हाका केन्ना केन्नाय दिसता कि तोंड सदांच उदास आशिल्ले हे चलयेक स्मिता हें नांव सोबना.

आज स्मिता चली उरूंक ना. तें लग्न जालां आनी भुरगींय आसात. तरी आसतना मूळचो सभाव तसोच उल्ला. त्या सभावाक लागून खूबशा जाणांचे तिजेविशीं गैरसमज जातात आनी केन्नाय सुखाच्या संवसारांत किजिलां उप्रासतात. आपल्या उण्यादुण्याचेर हांसपाची कला जर स्मिताक आयिल्ली जाल्यार तागेली जीण सुखाची जातली आसली.

मनशाची जीण म्हळयार विसंगतीची खाण. पूण ही विसंगत म्हळयारच जिणेची सोबाय. ही विसंगत पळोवन जो हांसूंक पावता तोच खरेल्या अर्थान जीण जगता.

४

सांगाती

महाभारतांत यक्षप्रस्न नांवाचें एक वेगळेंच प्रकरण आसा. धर्मराज आनी यक्ष हांचेमदली ती प्रश्नोत्तरी म्हळयार शतकांच्या अणभवांचें सार अशें मानतात. महाभारत बरोवन हजारांनी वर्सां उलगडलीं तरी अजून यक्षान विचारिल्ले प्रस्न आनी धर्मराजान दिल्लीं उत्तरां अर्थान भरिल्लीं दिसतात. तांतलें मर्म अजूनय वाचतल्यांक एक नवी नदर दिवन वता.

म्हाका यक्ष प्रस्नाचो उगडास जालो तो शर्मिलान विचारिल्ल्या प्रस्नाक लागून. शर्मिलान प्रस्न विचाल्लो, "खंयचेय बायलेचो सदांकाळचो मित्र कोण?"

म्हाका त्या प्रस्नाची खोंच समजलीना आनी हांव येवजूंक पडलें. पयलीं म्हाका दिसलें, गळयांतलो मणी हो बायलेचो सदांकाळचो मित्र अशें सांगचें. पूण मागीर म्हाका येवजलें कि मणी हो फकत सवायशीण बायलेचो अलंकार आसता. ताका सदांकाळचो मित्र कशें म्हणूं येत?

घोव होच बायलेचो खरो मित्र आसता. पूण तो लेगीत सदांकाळचो मित्र म्हणूं नज.

भाव कितलोय आवडीचो आसचो तरी भाव तो भाव. भयण आनी भावामदीं इश्टागतीचे संबंद आसले तरी तांचें नातें मित्र-मैत्रिणीचें म्हणूंक नज.

हांव येवजून येवजून बेजार जालें. शर्मिलाच्या प्रस्नाची जाप म्हाका सुचली ना.

"आतां तूंच सांग." हांवें म्हळें.

"सामकी सादी जाप. हारसो, होच बायलांचो सदांकाळचो मित्र." शर्मिलान आपल्या प्रस्नाची आपणेच जाप दिली.

... भुरगेपणांत आमी हुमाण्यांनी खेळटालीं. भुरग्यांले विचारशक्तीक चालना दिवपाखातीर हुमाणीं खूबच गरजेचीं अशें म्हाका दिसता. हुमाणे म्हळयार एक कुवाडें. "हर हर म्हटले... पाणी परतले... देठावाचून अमृत पिकले." अशें एक हुमाणे भुरगेपणांत आयकल्लें आनी ताची जाप, "मीठ" अशीं सांगतालीं. पूण म्हाका तें कुवाडें समजूंक खूब वेळ लागलो. प्रस्नाचो अर्थच समजलो ना देखून जाप "मीठ" कशी येता हें समजना आसलें. तरी आसतना हांव तें हुमाणे दुसऱ्यांक घालतालें आनी कोणाकय जाप दिवंक आयली ना जाल्यार "मीठ" अशें हांवच सांगतालें.

एक दीस एके चलयेन म्हाका पेंचांत घालें. सदांभाशेन हांवें तिका कुवाडें घाले आनी जेन्ना तिका जाप दिवंक आयली ना तेन्ना हांवेंच जाप दिली, "इतलेंय समजना? मीठ मगो."

पूण ती चली जाप आयकून ओगी बसली ना. तिणे म्हाका परत प्रस्न विचाल्लो. "मीठ कशें?"

आतां हांव पेंचांत पडलें. ह्या हुमाण्याची जाप मीठ हें आयकून हांव जाणां आसलें. पूण कशें हें म्हाका खबर नासलें. खरें म्हळयार हुमाण्याचो अर्थच हांव नकळो आसलें. कोणाकय जाण्ट्याक विचारून अर्थ समजून घेवचो अशें हांवें त्यावेळार मनांत थारायलें आनी फुडें ती गजाल विसरून गेलें.

कांय वर्सां उपरांत हांवें मिठाचें आगर पळयलें. मीठ कशें तयार जाता ताजे विशीं पुस्तकांत वाचिल्लें. पूण प्रत्यक्ष मिठाचें आगर पळयतकच म्हाका त्या हुमाण्याचो अर्थ होलमलो. आंब्याची गोडी अमृतासारकी. पूण आंबो हो देंठाबगर तयार जायना आनी देंठ तुटलो जाल्यार पिकूंक पावना. देखून देंठासयत पिकता तें अमृत आंबो अशें मानलें जाल्यार देंठाबगर पिकता तें अमृत मीठच आसचें पडटलें. खऱ्यांनीच मीठ म्हळयार अमृतच. रांदचे कुडींत रांदतले बायलेक आनी पानार बसून जेवतल्या मनशाक मिठाची एक ल्हानशी कणी केदो व्हडलो चमत्कार करूंक पावता तें खबर आसतलेंच.

थोडेंशें विषयांतर जालें. मूळ विषय वेगळो आसलो. बायलेचो सदांकाळचो मित्र घोव न्हय, भाव न्हय, तर हारसो हें आयकून म्हाका अजाप दिसलें. जसो काय बायलांचो सगळो दीस हारशामुखारच सोपता!

आदल्या काळार अशें मानताले कि दादलो हो दादलो आसता. तो बरो दिसूंक जाय वा ताणे मेकअप करूंक जाय अशें कोणाकच दिसना आसलें. दादल्यांकय दिसना आसलें आनी बायलांकय दिसना आसलें. पूण बायल म्हळी म्हणटकच ती शिलान, कुळान, बुद्दीन बरी आसल्यार भागना, ती रुपानय बरी आसची आनी दिसूंक शिरवंत आसची असो आग्रो आसतालो. देखून परकी मनशामुखार येता आसतना बायल खीणभर हारशामुखार उबी रावताली. विस्कटिल्ले केंस सारके करताली. कुकमाच्या तिळयाक आकार दिताली. आंगावयलें न्हेसण सामकेंच मळकट आसल्यार बदलताली आनी जमलें जाल्यार पावडराचो हात तोंडावयल्यान भोंवडायताली. इतलेंय करून ती सरळ परक्यामुखार वचना आसली. कुपांआड चंद्र आसचो तशी ती दाराआड उबी रावन परक्याकडेन उलयताली.

ते दीसच वेगळे आसले. विचार वेगळे, मान्यतायो वेगळयो. खंयच्याय दादल्यान थोडोसो पावडर लायलो जाल्यार ताजी तुळा नाटकांतल्या संवगाकडेन करताले. जसो काय दादल्याक पावडर लावपाचो अधिकारच नासलो आनी शेंडी दवरतले दादले केंस वळोवंक हारशामुखार वचपाचें कारण नासलें. देखून हारशांत पळोवप हें बायलेचें काम, तोंडाक पावडर लावप हो बायलेचो अधिकार अशी मान्यताय रूढ जाल्ली.

अशें आसलें तरी नाटकांत काम करतले बायलेक समाजांत मान नासलो.

दीस बदल्ले आनी आतां सौन्दर्याच्री नदर बदलूंक लागल्या. हारसो हो बायलांचो मक्तो उरूंक ना. दादल्यांकय पावला कणकणी हारशाची गरज लागता. पूण तरी आसतना हारसो हो बायलेचो सदांकाळचो मित्र म्हणप म्हळयार अजापच न्हय?

हांवें मैत्रिणीक हारशांत पळोवन संवसारांतली सगळयांत सुंदर बायल कोण हाजी जाप मागतले राणयेची काणी सांगली. जो मेरेन तीच सुंदर अशी हारसो जाप दितालो तो मेरेन तो हारसो राणयेचो मित्र उल्लो. पूण जेन्ना त्या हारशान वेगळी जाप दिली तेन्ना राणयेन हारसो फोडून उडयलो. काणी सांगून जातकच हांवें तिका विचाल्लें, ही काणी आयकूनच तूं अशें म्हणशीत कि हारसो हो बायलांचो सर्वकाळ मित्र आसता?

५

दोन रूपां

भर रस्त्याचेर तीं दोगांय झगडटालीं. तो तिजो कोण हें म्हाका खबर नाशिल्लें. पूण ती रागान तांबडी जाल्ली. आनी तो हातवारे करून तिका कितें कितें म्हणटालो. तो कितें म्हणटा तेंच म्हाका समजना आसलें. रस्त्याचे कुशीक ती घट उबी राविल्ली आनी तो उलयत, उलयत एकलोच गेलो. तो गेलो तशी ती आपल्या दोनय हातांच्या पोशांनी तोंड धांपून रडूंक लागली.

रस्त्याचेर दोग जाणां झगडटात. तांची म्हाका वळख ना देख. तरी आसतना ते बायलेविशीं म्हाका सहानुभूती दिसली. खंयचीच बरी बायल रस्त्यार येवन झगडची ना, अशें हांव मानतां. देखून एक बायल जेन्ना रस्त्यार येवन झगडटा, तेन्ना तिगेल्या झगड्याक तशेंच कितें कारण आसूंक जाय अशें म्हजें मन म्हाका सांगता. पूण तें झगडें सोंपसर हांव थांबना. पूण ही गजाल घडली बस स्टॉपा लागीं. बस येवची आसली. देखून हांव थंयच उबें आशिल्लें. सगळें झगडें दोळयांनी पळयलें. उलोवणी तोंडान जातालीं. तो व्हडाव्हडान किळचेतालो आनी ती लेगीत तापून जापो दिताली. तो गेलो आनी ती जेन्ना रडूंक लागली तेन्ना हांव ते बायलेसरीं गेले आनी तिजे फाटीर हात दवल्लो.

स्पर्शासरशीं ती एकदम उसळ्ळी. तकली वयर करून तिणे म्हाका पळोवन घेतलें.

"रागार जावं नाका. म्हाका दिसलें तोच परत आयलो." तिणे म्हळें.

"तो कोण? जालें कितें?" हांवें विचाल्लें.

तिणे जाप दिली ना. अदीकच व्हडान रडूंक लागली. आतां मात म्हजेर आकांत आयलो. तिका तशेंच सोडून परत बस स्टॉपार वचचें अशें म्हाका दिसलें. तरीकय तिची म्हाका काकुळट दिसताली. शारांतले रस्ते आतां सुरक्षीत उरूंक नात. कोणय मवाली एकली बायल दिसली जाल्यार आगळिको करतात. तसो बी हिका तो मनीस त्रास दितालो काय? तशें आसत जाल्यार तिका धीर दिवंक जाय. घरामेरेन सांगातय दिवंक जाय. अशें येवजून हांवें परत तिका विचाल्लें, "वाटेवयलो मवाली तो?"

"न्हय, न्हय." रडटली बायल थांबली आनी तिणे म्हळें, "तो म्हजो घोव."

चड उलयलें ना. परत बस स्टॉपाचेर आयलें. केन्ना काय बस येतली अशें म्हाका जालें. बस येवचे आदींच ती बायल बस स्टॉपाच्या मुखावयल्यान चलत गेली. वतना

म्हजेकडेन पळोवन मात्शी हांसली.

म्हजें म्हाकाच म्हजें कितें तरी चुकलें अशें दिसलें. तिजी काकुळट करूंक हांव तिजेसरीं गेलें. तो तिजेकडेन झगडिल्लो. ती ताजेर तापिल्ली. रस्त्याचे कुशीक उबी रावन रडटाली. कोणाकच तो तिचो घोव आसत म्हणपाचो दुबाव येवंक कारण नासलें. पूण तिणे तो आपलो घोव म्हणटकच म्हाका म्हजें चुकलें अशें दिसलें. घोव आनी बायल हांच्या झगड्यांत तिसऱ्यान पडपाचें कारण ना. तरीकय एक प्रस्न म्हाका पडलो. घोव आनी बायल हांकां झगडपाचेंच आसत जाल्यार ताणी रस्त्यार येवन कित्याक झगडचें?

बस आयली. आनी तकलेंतलो तो विशय कुशीक पडलो. कांय गजाली अश्यो आसतात ज्यो एका फाटल्यान एक घडत रावतात आनी त्यो एकामेकांकडेन गुंथिल्ल्यो आसात अशें दिसूंक लागता. त्या दिसा दुसरी एक बायल अचकीत मेळ्ळी. बाजारांत खूबशें सामान घेतिल्लें. आनी रिक्षा मेळत काय म्हणून हांव पळयतालें. तेन्ना ते बायलेन म्हळें, "हांव धंरू पोतयो? म्हाकाच कितेंय दिल्यार जालें."

भेसावयल्यान ती बायल हमाली करपी दिसली ना. कपलाक ठसठशीत वाटकुळो कुकूम, गळयाक काळया मणयांचें मंगळसूत्र. त्या भायर एक सरपळी. हाताक दोन दोन भांगराचीं कांकणां. हांव तिजेकडेन पळयत रावलें आनी निमाणें तिका म्हळें, "आसू, मेळटली म्हाका रिक्षा."

"ना बाय, हांगा रिक्षा खंयची येतली? तुका हांव रिक्षाच्या स्टँडाचेर पावयता." अशें म्हणून तिणे पोतयो उखल्ल्यो.

रिक्षा स्टँडामेरेन वतना तिजेकडेन कितें उलोवचें तें म्हाका समजलेंच ना. स्टँडार एकूय रिक्षा नासली. हांवें तिका थंयच पोतयो दवरूंक सांगल्यो आनी आतां हिका पैशे दिवचे कांय ना हें येवजितासर तिणेच म्हळें, "दोन रुपया दी."

हांवें पर्थून तिजें तोंड निरखिलें. ती मस्करी करीना आसली. दोन रुपयाची नोट तिच्या हातार दवल्ली. तेन्ना तिणे आपूण जावन म्हळें, "तुका दुबाव आयलो आसतलो न्हय? पूण घोवाक सोडून कुळारा येत सावन म्हज्या खर्चापुरते म्हाका जोडचेच पडटात. शिकूंक सवरूंक ना आनी वय जालां. दुसरें कसलें काम करतली? मेळत तें काम करतां."

म्हाका काकुळट दिसली आनी हांवें हातांत आशिल्ली पांच रुपयांची नोट तिका दिवंक केली. ती मात व्हिणे घेतली ना. म्हळें, "तशे पैशे म्हाका नाकात. काम केले बगर पैशे घेवप बरोबर जावचें ना."

"कुळारा कित्याक रावंक आयली गे?" हांवें वासपूस केली.

"म्हज्या फुटक्या नशिबाक लागून" तिणे म्हळें, "दिल्लें, व्हेल्लें घर भरून ओततालें. पूण म्हज्या घरकाराक सोऱ्याचें व्यसन लागलां न्हय? पियेवन येतालो आनी सोरपाक बडोवचें तसो म्हाका बडयांनी बडयतालो."

इतले म्हणसर रिक्षा आयली आनी हांव रिक्षांत बसून घरा गेलें.

एकाच दिसा दोन बायलो हांवें पळयिल्ल्यो. दोगांचोय प्रस्न एक. तांकां घोव मारतालो. पूण दोगांच्योय रिती वेगळयो. एकली अशें मानताली कि घोवान माल्लो जाल्यार कागाळ कोणाकडेन करप? आनी दुसरी अभिमानाची जीण जगचे खातीर बंड करूंक भायर सरिल्ली.

६

करुणा

करुणा हें नांव आयकनाफुडें दोळयांमुखार एके करुण चलयेची मूर्त उबी रावता. हांवें तिका पळोवंक ना. वळखुपाचो प्रस्नच ना. खऱ्यांनी तें तिजें नांव काय मासिकाच्या प्रतिनिधीन खरेलें नांव लिपोवचे खातीर तें तिका दिलां तेंय म्हाका खबर ना. पूण तिजी जी खबर छापून आयल्या ती इतली करुण कि खऱ्यानीच करुणा हें नांव तिका फावता.

वर्तमानपत्राच्या दुकानांनी खूबशीं रंगीत नेमाळीं पळोवंक मेळटात. तीं सगलीं वाचपाचें थारायलें जाल्यार एका मनशाक शक्य जावपाचें ना. अर्थीक नदरेनय तें परवडपाचें ना. हांव एके लायब्ररीचें वांगडी आसां. थंय सगळीं नेमाळीं येनात. जीं थोडीं येतात ताजे अंक हांव वाचतां. वाचता आसतना कितेंय तरी वाचचें इतलोच हेतू आसता. पूण ह्या नेमाळयांक आतां एक कला सादल्या. तीं पंजाबी हॉटेलांतल्या जेवणाभाशेन. तोच मसालो वापरून नवी नवी डीश तयार करतात. तातुंतलें खरें कितें, फट कितें हें समजना.

पूण केन्ना केन्नाय अशें एकाद्रें नेमाळें हातांत मेळटा, ज्यातूंत दिल्ली खबर वाचतकच ती खरी आसतली अशेंच दिसूंक लागता. अशें एक नेमाळें म्हाका पुण्यांत फुटपाथाचेर मेळ्ळें. लक्ष्मी रोडाचेर कांय पोरनी पुस्तकां दाळून एक फेरीवालो बशिल्लो. कागदाचो एक बोर्ड थंय लायिल्लो. "कोणतेही पुस्तक २५ पैसे. घासाघीस नाही. उधारी नाही. फुकट वाचता येणार नाही. विक्रेता मुका आहे."

म्हाका त्या पुस्तकांपरस तो बोर्ड आदीं लक्षांत गेलो आनी हांवें थारायलें, पुस्तकांखातीर नासलें तरी थंय विकप्याखातीर चार पुस्तकां घेवचीं. खूबशीं पुस्तकां पोरनी. खूबश्यो मराठी रहस्यकथा, पोरनी मासिकां. तरी चार आण्यांक सवायच म्हणूंक जाय. हांवें मासिकां आनी पुस्तकां मेळून वीशेक नग उखल्ले. पांच रुपयांची नोट त्या मोन्याच्या हातांत दिली. ताणे बाबड्यान पुस्तकां मेजून लेगीत पळयलीं नात.

ज्यांगेर हांव राविल्लें तांगेल्या घरच्यांनी सगळयो रहस्यकथा उखल्ल्यो. चार-पांच पुस्तकां तितलीं म्हजेकडेन उल्लीं. तातूंत आसलें एक मासिक. पोरनें मराठी. वर्सावयल्यान पळयलें जाल्यार वीशेक वर्सां आदलें आसलें. पुण्यासावन मडगांवां परत येतना वाटेंत हांवें तें वाचलें. त्या मासिकांत करुणाची खबर आसली.

करुणा एक अनाथ चली. खंयच्या तरी अनाथाश्रमांत वाडली. त्या अनाथालयाच्या चालकांच्या आदारान तिका एका सरकारी ऑफिसांत कारकुनाची नोकरी मेळ्ळी. नोकरीमेळटकच तिजेमुखार प्रस्न उबो रावलो तो रावपाच्या जाग्याचो. मुंबयचे एके झोपडपट्टींत कांय मजूर बायलो रावताल्यो. थंय करुणाक न्हिदपापुरतो जागो मेळ्ळो. पूण ते वस्तींत एक सभ्य चली रावंक लागतकच तिच्या वांट्याक जीं दुख्खां आयलीं तीं सांगपासारकीं न्हय. रातीच्या वेळार दादले आनी बायलो सोरो पियेवन बोवाळ करताल्यो, धागडधिंगो घालताल्यो आनी करुणाक आपलें शील सांबाळचे खातीर पांगरुणांत लिपून रावचें पडटालें.

पूण एक दीस ते कुडींत रावतली बायल गुंडांक सामील जाली आनी करुणाक तांच्या हातांत दिवपाचें कारस्थान तिणे रचलें. करुणाचो वेळ बरो कि त्या दिसा तिका ऑफिसांतले मैत्रिणीन आपल्यागेर जेवणाक आपयिल्ली. ती जेवणाक वचूंक भायर सरपावेळारच गुंडांचीं आनी त्या बायलांचीं उलोवणी तिज्या कानार पडलीं आनी मैत्रिणीगेर वतना ती आपलो संसार ज्या एका बॅगांत आसलो तें बॅग घेवनच गेली.

मैत्रिणीगेर जाग्याची अडचण आसली तरी तिका आसरो मेळ्ळो. गरीब वस्तींत पूण सभ्य लोकांमदीं ती रावंक लागली. ते मैत्रिणीक घरचे लोक आसले, तरी तिका कोणाचो आदार नाशिल्लो. एकेच कुडींत करुणा, तिगेली मैत्रीण आनी मैत्रिणीची आवय न्हिदतालीं. मैत्रिणीचो बापूय भायर व्हरांडांत न्हिदतालो. तागेले ओडाताणीच्या संसाराक करुणाचो आदार मेळूंक लागिल्ल्यान तांकां करुणा जड वच नासली.

एकाच वयाच्या दोन चलयांमदीं इश्टागत वाडल्यार अजाप ना. ल्हवू ल्हवू तीं एकामेकांच्या सुखदुख्खांत समरस जावंक लागलीं.

करुणान येवजिलें कि लग्न करून घोवागेर गेलें जाल्यार आपलो प्रस्न सुट्टलो. मैत्रिणीकय तशेंच दिसतालें. पूण मुंबयसारक्या व्हडल्या शारांत घोव कसो सोदपाचो? मैत्रिणीन वर्तमानपत्रांतल्या जायरातींक जापो धाडपाची कल्पना मांडली. दोगीनीय धाडस करून दोन वेगळया वेगळया जायरातींक जापो धाडल्यो. सुमार पंद्रशे उपरांत मैत्रिणीक पत्र आयलें आनी रोखडेंच तिजें लग्न जुळ्ळें. ताका लागून जायरातीवरवीं लग्न जुळूं येता म्हणपाचो विस्वास वाडलो. इतलेंच न्हय तर जायराती दितात ते सगळेच फटकिरे नासतात हें मैत्रिणीच्या घोवाक पळोवन करुणाक दिसूंक लागलें.

मैत्रिणीच्या लग्नाचो दीस लागीं पावलो तशी करुणाकय एक जाप आयली. करुणा भुरकुटून गेली. पूण ताजें नशीबच फुटकें. कोणे तरी तिका फटोवपाचो यत्न केल्लो. सदां ताणे मेळूंक आपोवची, तिज्या सांगातान भोंवचें. पूण लग्नाचो विशय काडटकच रावपाच्या जाग्याची अडचण सांगून टाळाटाळ करची.

तरी करुणाक दुबाव आयलो ना. मैत्रीण लग्न जावन घोवागेर गेली आनी थोड्या दिसां उपरांत तो दादलोय तिका फटोवंक लागलो. तो आपल्याक टाळता हें कळूंक लेगीत करुणाक खूब वेळ लागलो. फकत मैत्रिणील्या घरच्या लोकांचो आदार तितलो

तिका मेळत रावलो.

फुडें कितें करचें हें करुणाक कळना जालें. दुदान जीब भाजिल्ल्यान ताक लेगीत ती फुकून पियेवंक लागली. जायरातीवयलो तिचो विस्वास उडिल्लो. पूण लग्न जावप तिका गरजेचें आसलें. फकत आपणाक एक घोव आसचो इतलेच खातीर न्हय तर जिवितांत सुरक्षा मेळची हे खातीरय. योगायोग असो कि एक दीस करुणाले मैत्रिणीगेर एक मनीस पावता. ह्या कुटुंबाचे वळखीचो. सोयऱ्यांतलो लेगीत आसूंये. थंय ताची करुणाकडेन वळख जाता. जिवितांत पयलेच खेपे एक वळखीचो मनीस आयिल्ल्यान करुणाची उमेद वाडटा. तो तिकां लग्नाची मागणी घालता. पयसुल्या एका तीर्थक्षेत्रांत वचून तीं लग्न जातात. त्या उपरांत करुणाचो संवसार सुरू जाता.

आतां दुख्खाचे दीस सोंपले, सुखाचे सुरू जाले अशें येवजितासर एक दीस करुणाक कळटा कि आपल्या घोवाची दुसरी एक बायल आसा. तागेर भुरगींय आसात.

ती घोवाक ते विशीं विचारता. तो निर्लज्जपणान हय म्हणटा आनी वयल्यान म्हणटा, ''ती म्हजी धर्माची आनी कायद्याची बायल. तुका म्हजेसरीं रावपाचें आसल्यार राव, ना जाल्यार तुजी वाट मेकळी.''

करुणा जीव दिक्क वता. लोकल गाडयेंतल्यान उडी घेता. पूण तिचें दुर्दैव सोपना. ती वांचता. मात दोनय पांय वगडावन बसता. हॉस्पिटलांतले खाटेर न्हिदिल्ल्या करुणाची त्या मासिकाच्या प्रतिनिधीन ही मुलाखत घेतिल्ली.

ही खबर खरी आसत काय? खरी अशें म्हणून ताणे मासिकांत बरयलां. हे गजालीक उणेपुरी तीस वर्सां जालीं. आतां करुणा खंय आसा देवाक खबर! पूण इतलें खरें कि तीस वर्सां उपरांत लेगीत असल्यो करुण गजाली घडत आसात. सगळयोच खंय छापून येतात?

७

ती

सद्दां सकाळच्या वेळार बस स्टॉपाचेर ती म्हाका दिश्टी पडटा. तिजी म्हजी वळख ना. तिजें नांव, गांव हांव नकळ. तरी ते वाटेन हांव वता आसतना ती म्हाका दिश्टी पडटा. नदरेक नदर मेळटा आनी ती तोंडार हय न्हयसो हांसो हाडून वळख दाखयिल्लेवरी करता. मागीर थोडो वेळ हांव येवजूंक लागतां. कोण ती?

हें अशें सदांच घडटा. फाटल्या म्हयन्याभरांत अशें दिसपट्टें घडत रावलें. एकाद्र्या दिसा हांव बेगीन भायर सल्लें ना जाल्यार, म्हाका भायर सरूंक कळाव जालो जाल्यार तिजी म्हजी चुकामूक जाता. थारिल्ल्या वेळाचेर बस घेवन ती खंयतरी वता आसूंक जाय. ती खंयचे बसींत चडटा तें हांवें केन्नाच पळोवंक ना. पूण मडगांवच्यान ती खंयतरी भायर वता आसूंक जाय. अशीं जायतीं मनशां आसतात जीं आमकां वळखीचींशीं दिसतात पूण तांचीं नांवां, गांवां आमका खबर नासतात. खीणभर आमी उगडाशाक ताण दिवन वळख घेवपाचो यत्न करतात आनी उपरांत कांयच याद जायना अशें पळोवन आमी आमचे वाटेन चलूंक लागतात आनी विसरूनय वतात अशें म्हळयार अतिताय जावची ना. परत दुसरे खेपे तो मनीस मेळसर आमकां ताजो उगडास लेगीत जायना.

आनिकय एक गजाल घडटा. एकाद्रो मनी एकाद्र्या जाग्याचेर पळोवपाची इतली संवकळ जाल्ली आसता कि, त्या मनशाक तो त्याच जाग्याचेर मेळ्ळो जाल्यार आमी वळखतात, हटकितात. पूण तोच मनीस दुसऱ्या जाग्याचेर वा त्याच जाग्याचेर दुसऱ्या वेळार मेळ्ळो तरी आमचे नदरेंत भरना.

हांव ते चलयेची खबर सांगतालें. ती चली बस स्टॉपाचेर सद्दां सकाळची म्हाका दिश्टी पडटाली. नदरेंत भरपासारकीच ती आसली. लांब तशीच उजव्या रूपाची. सद्दां पळयत आयिल्ले चलयेची लांबाय आनी रूप म्हजे नदरेंत भरिल्लें. त्या लांबायेच्या मानान तिगेलें नाक ल्हान. हातपांय खूबंच लांब आनी लांब मेकळे केंस दाव्या खांधावयल्यान फुडले वाटेन घेवन ती बस स्टॉपाचेर उबी राविल्ले कडेन सगळया संवसाराचो नियाळ घेताली काय दिसताली. तिगेले चंचल दोळे एका जाग्यार थिरावना आसले. देखूनच ते वाटेन येतलो वतलो तिजे नदरेंतल्यान सुटना आसलो आनी हे भाशेन आमची नदर एकामेकांक मेळटाली.

तिगेले पिरायेविशीं हांव सदांच अदमास करतालें आनी म्हजो अदमास चुकलो अशें म्हाका दुसऱ्याच दिसा दिसूंक लागतालें. केन्ना ती असो भेस करताली कि, ती जाण्टी बायल दिसची. चड करून जेन्ना ती साडी न्हेसताली तेन्ना तिका जाण्टेपणाची सया मारताली. म्हजें मन अदमास करतालें. लग्न जाल्ली बायल आसतली. तिगेर एक - दोन भुरगींय आसत. आनीक एक गजाल हांवें सांगली ना. ती म्हळयार तिगेलो मेकअप. भडक मेकअप करपी ती चली नाटकांतले नायिकेसारकी दिसताली. पूण जेन्ना साडी न्हेसताली, तेन्ना ती कसलोच मेकअप करीना आसली. पन्नास पैशाच्या नाण्या इतलो व्हडलो एक तिळो कपलाक लायताली आनी केंसाचे भांगेंत पिंजर भरताली. त्या रूपांत ती म्हाका शालीन दिसताली. पूण दुसऱ्याच दिसा ती सलवार -कमीज घालून एकाद्रे नोकरी करपी चलयेसारकी दिसूंक लागताली. केंस फाटल्यान दोडून जेन्ना ती स्कर्ट ब्लावज घालताली, तेन्ना ती कॉलेजांतली विद्यार्थिनी आसूंये असो म्हाका दुबाव येतालो, आनी चल्यांभाशेन जीन्स घालून जेन्ना ती बसीची वाट पळयत उबी रावताली, तेन्ना ती अदीकच भुरगी दिसताली. भेस बदलतकच रूपय बदलता आनी ह्या भेसाच्या आनी रूपाच्या आपालिपाच्या खेळांत तिची पिराय लिपून उरता.

भेसाप्रमाणे तिजी पर्स बदलताली. साडी न्हेसताली तेन्ना बाजार करून व्हरपाचे पोतयेवरी पर्स तिज्या हातांत उरताली आनी जीन्स घालता तेन्ना हात मेकळे दवरताली. फकत पंजाबी ड्रेस आनी साडी आंगार आसताली तेन्नाच तिज्या हातात कांकणां आसतालीं.

कोण ती? घरसंसार सांबाळपी गृहिणी? नोकरी करपी तरुणी? कॉलेजांत शिकपी विद्यार्थिनी? वाळेसपण करपी अबुद्द चली? कोण ती?

सद्दां म्हाका हो प्रस्न पडचो. पूण दुसऱ्याक विचारपासारको हो प्रस्न नासलो. म्हजी म्हाका त्या प्रस्नाची जाप मेळना आसली. देखून तो प्रस्न अनुत्तरीत उरिल्लो.

फाटल्या दिसांनी सकाळचें शीं आनी धुकें हांची गोडी चाखची अशें येवजून आमी फांतोडेर पासयेक वतालीं. मुख्य रस्त्यान वता आसतना दाव्यान दाट धुकें थिराविल्लें. वेंतभर अंतरावयलें कांय एक दिसना आसलें. त्या धुक्यांतल्यान विहार करपाखातीर आमी बांदावयल्यान चलूंक लागलीं. एक झोपडपट्टी त्या बांदार आसली आनी ते झोपडपट्टेभायर एक बायल आयदनां घांसताली. “बाय, कोणाक सोदता?” तिणे म्हाका विचाल्लें.

“ना. कोणाक सोदीना. हरशींच आमी पासयेक आयल्यांत.” अशी जाप दिवन हांव फुडें वतालें.

ती उठून उबी रावली आनी म्हजेसरीं आयली आनी त्या धुक्यांत ती म्हाका ते चलयेसारकी दिसली, जिका हांव सदांच बस स्टॉपाचेर पळयतालें.

ती ही कशी आसतली? ही तर बायल चाळीशींतली. झोपडपट्टेंत रावता. ती ही

कशी आसतली? काय ती हिची चली बी न्हय मूं?

हांव तिका पळयत रावलें तेन्ना तिणे म्हळें, "तू वळखली ना दिसता. हांव सदांच तुका बस स्टॉपाचेर मेळना?"

अविस्वासान 'हय' म्हणून हांव हांसलें आनी गोंदळिल्ले अवस्थेंत फुडली वाट चलत रावलें.

८

पंचकन्या

घोव आनी बायल हांचें नातें कशें आसता, कशें आसचें हें विशीं आजमेरेन जायत्या विचारवंतांनी तरेकवार विचार मांडिल्ले आसात. भारतीय समाज सीता ही आदर्श बायल मानता आनी दर एके बायलेन सीतेसारकी वागची अशी अपेक्षा करता.

सीतेच्या चरित्राचो आमी नियाळ घेतलो जाल्यार आमकां अशें दिसतलें कि राजघराण्यांतली एक चली दुसऱ्या राजघराण्याची सून जावन अयोध्येक वता. मनान, वाणीन आनी करणेन घोवाक देव मानून आपली पुराय निश्ठा ताका ओंपता. सुखांतच न्हय तर दुख्खांत लेगीत घोवाचो सांगात सोडचो न्हय आनी ते खातीर केदेय व्हडले कश्ट हांसत्या तोंडान काडपाची तयारी दवरून रामा सांगातान वनवासाक वता. रावणाचे बंदखणीत एके वटेन आपल्या सतित्वाचो सांबाळ करतना दुसरे वटेन आपल्या विरहाचीं दुकां आपुणच पियेवन ती जीण सारता आनी ज्या दुख्खाची काळखी रात सोपून सुखाची फांतोड उदेवपाक येता, अशा वेळार घोव तिका सोडटा.

हें चरित्र नदरेमुखार हाडटकच म्हाका भारतीय बायलेखातीर तें आदर्श कशें हें म्हाका समजना. सीता ही आदर्श बायल कित्याक मानपाची? तिणे पुराय निश्ठा घोवाक दिवनय अखेरेक घोवान तिका सोडली तरी त्या अन्यायाआड ती एकय उतर उलयली ना देखून? समाज बायले कडच्यान अपेक्षा कसली करता? फकत त्यागाची आनी तोय बी त्याग कुड्डो आसचो अशी?

भारतीय समाज तसो सावित्रीकय आदर्श मानता. सावित्री ही पतिव्रतेची मूर्त. तिगेलो घोव सत्यवान हाका आडमरण येता तेन्ना ती आपलें पातिव्रत्य पणाक लावन मेल्ल्या घोवाचे प्राण परत मेळयता. घोव मेल्या उपरांत सती वचपाचे प्रथेचो जयजयकार करपी आनी भोळे बालविधवेक बळयां धुकलून घोवाचे चितेचेर लासपी समाज हो सावित्रीक आदर्श मानता तेन्ना तो तिजें सतीत्व वाखाणटा काय घोवाक जीवदान दिवपी बायल हें एक साधन अशें तो मानता?

तारा आनी मंदोदरी ह्योय आदर्श पंचकन्यांतल्यो दोन बायलो. तांचें चरित्र वेगळें. मंदोदरी ही राक्षसी वृत्तीच्या रावणाची बायल. सीतेचें अपहरण केल्या उपरांत रावणाचो धिक्कार करता आसतनाय ताका न्याय नितीच्यो आनी धर्माच्यो चार गजाली ती सांगता. तरी आसतना घोवावयलो मोग आनी निश्ठा ती उणी जावंक दिना. ती

घोवाचो दुराचार सोसता देखून आदर्श म्हणपाची?

ॲहिल्येची कथा सगळेच जाणात. एके फसवल्ले बायलेक कोपिल्ल्या घोवांन स्त्राप दिवन ती शिळा जाता आनी रामाच्या चरण स्पर्शान ती परत बायल जाता.

अशे तरेन जीं पांच उदाहरणां आमी वयले वयर सांगतात तीं भारतीय बायलेक तांचे आदर्श दोळयांमुखार दवरचेली प्रेरणा दिवचे खातीर. पूण कोणालो ख्रंयचो आदर्श बायलेन आपणावचेलो?

एलिझाबेथ जेनींग्ज नांवाची एक कवयित्री आसा. हे कवयित्रीच्या कवितांनी सनातन सत्यांची आनी त्या सत्यांच्या तर्कांची टिंगल केल्या. कवितेची भास उकती. अर्थघन. पूण इतलें आसूनय रसाळ आसा. ती म्हणटा कि मान-भोवमानाची अपेक्षा बायलेन कितलीय केली तरी ह्या संवसाराक ताजी पर्वा ना. तिज्या मतान मनीस जात आनी चड करून दांभिक दादले मोग, मान, भावनेच्या नांवान बायलेक फटयत आयल्यात आनी बायल फटवत आयल्या.

संवेदना आशिल्ले बायलेक हे कवयित्रीचे विचार तर्कशुध्द दिसतले. पूण वयल्याचाराक वाचतले बायलेक ती एंक नस्ती टीका अशें दिसल्यार अजाप ना. कित्याक तर खुबश्यो बायलो हें अशेंच घडपाचें अशें मानतात. चिवट संस्कार तांकां तशें मानूंक लायतात आनी ताज्या विपरीत कोणेय कितेंय सांगलें जाल्यार तें तांकां पटना.

मान्यताय ही मनशाक कुड्डी करता. आनी ताजो परिणाम असो जाता कि दुसऱ्या विचारवंतांनी दिल्लो उपदेस आमकां चुकीचो दिसूंक लागता. अशे अवस्थेंतल्यान निर्शेवन वचना आसतना बायलेची वेदना उक्तावपाचें काम ही कवयित्री करता. ती म्हणटा, "पिशे लेगीत दोन तरांचे आसतात. पयले तरेचे अशें म्हणटात कि अशें चलत आयलां देखून बरें. तें बदलपाचें कारण ना. कोण बदलूंक सोदता तो पिसो. दुसरे तरेचे म्हणटात, जें नवें ते बरें. जें चलत आयलां तें बरें आसतें जाल्यार बायलो सुखी जावपाच्यो. त्यो सुखी नात देखून चलत आयलां तें सोडचें, नवें तें घेववें.

एक घोव बायलेचीं सदांच उणी काडीत बसता. तिज्या आड कागाळ करीत रावता. पूण जेन्ना तागेली एकाद्री चूक ती बायल दाखयता तेन्ना तो ती चूक कबूल करच्या बदला तिचें समर्थन करपाचो यत्न करता आनी समर्थन करचेखातीर मुद्दो मेळना तेन्ना 'विसर तें' अशें सांगून वेळ मारून व्हरता.

कवयित्री विचारता, विसर तें म्हळें म्हणून विसरूं येता? हजार अपशब्दांचें दुख्ख एका उतरान सोपता?

आनी निमाणेकडेन ती एक मोलाचो सल्लो दिता, "संवसारांत दर एकलो मनीस हो एकोडो आसता. आपलो आदर्श आपणेच निर्माण करचेलो आसता."

९

बंद दरवाजा

अमृता प्रीतम ही पंजाबी लेखिका. ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळयिल्ली ती लेखिका. हालींच तिगेली एक कादंबरी हांवें वाचली. बायलांच्या दुख्खांक वाचा फोडपी एक समर्थ कादंबरी. ती वाचतकच म्हाका दिसलें, बायल ही सगळेकडेन बायलच आसता. तिजे प्र्स्न तेच. ती शिकिल्ली आसूं वा अशिक्षीत आसूं. शारांत आसूं वा खेड्यांत आसूं. तिज्या काळजांत दुख्खाच्यो यादी भरिल्ल्यो उरतात.

ल्हानशी कादंबरी पूण ते कादंबरीचे, नायिकेचे जिणेचो प्रभाव वाचकांचेर पडले बगर उरना. नायिकेचें नांव कम्मी.

कम्मी ल्हान आसतना तिगेलो बापूय एक दीस तिगेले आवयचेर ताप ताप तापलो. ल्हान चली कांचवेवन पळयत रावली. बापायन आवयक मार दिलो. आवयच्या गोऱ्या आंगाचेर काळे, निळे वळ पळोवन तसलेच वळ कंवळे चलयेच्या काळजार उदेल्ले. आवयल्या दोळयांतलीं गळटीं दुकां कम्मीच्या काळजाचो भार वाडोवंक लागलीं.

कम्मीचें आजोळ तिणे केन्नाच भोगूंक ना. कम्मीची आवय ल्हानपणांतच अनाथ जाल्ली. तिगेल्या बापायली इस्टेट बापोलयान खाली आनी कम्मीले आवयक लग्न करून घोवागेर धाडली. आपली बायल वरदक्षणा घेना आसतना आयल्या म्हणपाची खंत आनी राग कम्मीच्या बापायक आसलो. संद मेळटा तेन्ना तो आपलो राग बायलेचेर काडटालो.

एक दीस एक घडणूक घडली. तिचो घाय कम्मीच्या काळजाक सदांच उल्लो. बापायल्या शर्टाक आवय इस्त्री करताली. शर्टाची कॉलर जळ्ळी. त्या दिसा रातीकडेन कम्मीक जाग आयली. कोणतरी भायल्या दारार मारतालो. कम्मी भियेली. आवय दुसरे कुडींत न्हिदताली. काळखांतच आवयसरीं गेली. आवय हांतुणाचेर नासली. भायले वटेन कोण तरी पिरंगता अशें कम्मीक दिसलें. ती दाराकडेन गेली. इतले म्हणसर बापूय मदीं आयलो आनी कम्मीच्या हाताक धरून तिका ताणे ओडली.

कम्मीन तरीकय दार उकतें केलें. भायर आकांताचें शीं पडिल्लें आनी त्या शियांत तिगेली आवय कुडकुडटाली. साकाची पोटली दारांत दवरची तशी ती बशिल्ली. कम्मीची पिराय तेन्ना सोळा वर्सांची. तिणें आवयक उखल्ली आनी घरांत आयली. सगळें आंग बर्फासारकें थंड जाल्लें. दुसऱ्या दिसा आवयक जोर आयलो. न्युमोनियाचो जोर. त्या जोरांत आवयक मरण आयलें. त्या खिणाक आपल्या बापायविशीं कम्मीच्या

मनांत जो तिरस्कार भल्लो तो तसोच उल्लो.

आवयची जीण पळयिल्ल्यान कम्मीन लग्न करचें न्हय अशें थारायिल्लें. पयसुल्या गांवांत एक शाळा आसली. चलयांची शाळा. ते शाळेंत ती शिकोवंक लागली. शाळेच्या हॉस्टेलांत रावंक लागली. नव्या वातावरणांत रमून गेली.

एक दीस कम्मीक बापायलें पत्र आयलें. पत्रांत बरयिल्लें, "तुगेले आवयन मर्णाआदीं आपले मैत्रिणील्या चल्याकडेन तुजें लग्न थारायिल्लें. तें उतर पाळूंक जाय."

कम्मी शाळेचे मुख्याध्यापिकेकडेन ह्या प्रस्नाचेर उलयता. ती म्हणटा, "टेलिफोनाचेर उलोवपाचें आसत जाल्यार आपलोच नंबर घुंवडावन उपकरना. दुसऱ्यालो नंबर घुंवडावचो पडटा. तेन्नाच संवाद जावंक पावता. जीण म्हळयार एक संवाद आनी सं वादाक दो न मनशां लागतात."

कम्मीचें सत्यपालाकडेन लग्न जाता. पंदराव्या दिसा तिजेच पिरायेची सत्यपालाली प्रेयसी तांच्या दारांत उबी. तिका दीस गेल्यात.

कम्मी फाटलो फुडलो विचार करता. आपूण सत्यपालाचे जिणेंतल्यान कुशीक सरपाचें थारावन ते चलयेचें सत्यपालाकडेन लग्न घडोवन हाडटा. आनी ती परत मूळ शाळेंत रुजू जाता.

पंदरा दिसांची लग्नाची जीण. कम्मीचेर वेगळो परिणाम करता. दादल्याचो सांगात जाय अशें तिका दिसूंक लागता. अशा वेळार सुमेश नांवाचो एक पत्रकार त्या गांवांत येता. ताजेकडेन वळख जाता. ती ताज्या मोगांत पडटा.

पूण सुमेशाचें पयलें लग्न अपेशी थारिल्लें आसता. देखून तो कायद्यान कम्मीकडेन लग्न करूंक सोदिना. कितें करपाचें? मुख्याध्यापिका परत उपदेस करता. "दर्यांत वादळ येता देखून व्हडें सोडप बंद करूं येता? तूं कितले दीस दर्याचे देगेर उबी रावतली?"

सुमेशा सांगातान कम्मीचो संवसार सुरू जाता. एक दीस सुमेशाले आवय-बापूय येवपाचे आसतात. तो कम्मीक हॉटेलांत धाडटा.

सुमेशाल्या घराचें दार कम्मीखातीर बंद जाता. कम्मीक वायट दिसता. ती परत शाळेंत येता. ती सुमेशाक पत्र धाडटा. बरयता "... म्हजो मोग मार्गावयल्या धुल्लासारको तुज्या पांयांपोंदा पडला. तुज्या नव्या घरांत वतना ह्या पायपोसाक तुजे पांय पुसून घे."

कादंबरीचे सुर्वेकच लेखिका बरयता,

"यह बंद दरवाजा
अपनी खोयी हुई
चाबीके नाम !"

ल्हानशे कादंबरीचें हें कथानक. कम्मी फकत पंजाबांत आसा? आनी बंगालांत, गोंयांत न्यू?

ह्या प्रस्नांची जाप हांव सोदूंक लागतां. ती कादंबरींत मेळची ना. भोंवतणच्या समाजाचेर बारीक नदर फिरावन ती सोदची पडटली.

१०

घर

पयर एक कॅसेट पळयली. कन्नड भाशेंत गाजिल्ल्या सिनेमाची ती हिंदी आवृत्ती. आयच्या युगांत जे तरेचे सिनेमा पळोवपाची आमकां संवय जाल्या तांचेपरस वेगळो सिनेमा. म्हाका सिनेमाचें समीक्षण बरोवपाचें ना. इतलें खरें कि थारिल्ले चाकोरींतले सिनेमा ज्यांकां मानवतात तातुंतलो हो सिनेमा न्हय. सिनेमांत कथा अशी ना. कथेचें एक तुटक सूत्र हातांत घेवन दिग्दर्शकान कांय समाजीक प्रस्नांक सहजतायेन वाचा फोडल्या.

पूण हांव सिनेमाची कथाय सांगूंक सोदीना. नव्यान लग्न जाल्लें एक जोडपें आपलें अशें घर वसोवंक सोदता तेन्ना घर मेळोवंक त्या जोडप्याक कितल्यो अडचणी येतात आनी जेन्ना एक घर मेळटा तेन्ना कसल्या कसल्या कटकटींक तांकां तोंड दिवचें पडटा ताजें दिग्दर्शकान साद्या साद्या प्रसंगांतल्यान दर्शन घडयलां.

सिनेमाचे नायिकेची एक पयसुल्ली मावशी आसा. घोवान सोडल्या उपरांत ती आपलेंच घर वसयता. नायिका आनी मावशी हांचेमदी जो संवाद जाता, तातुंतलें एक वाक्य म्हज्या मनांत घर करून बसलें. मावशी नायिकेक सांगता, "बायलांक आपलें अशें घर खंय आसता? ज्या घरांत तुगेलो जल्म जाता, तें तुगेले आवयचें घर. उपरांत लग्न जातकच ती घोवाल्या घराकडेन वता. तिगेलें अशें घरच नासता."

पुराय सिनेमांत हो संवाद तितलो गरजेचो न्हय. तरी पूण सिनेमा पळयतकच म्हाका हें एकच वाक्य याद जावंक लागलें.

म्हाका म्हजे एके मैत्रिणीचो उगडास जालो. एका श्रीमंत घरची ती चली. तिगेल्या लग्नाक आवय बापायचो विरोध आसलो. विरोध इतल्याच खातीर कि तिणे पसंत केल्लो चलो हो मध्यम वर्गांतलो. मुंबय एके चाळींत रावतालो. चलयेच्या बापायक असो दुबाव आयलो, आपले इस्टेटीचेर नदर दवरून त्या चल्यान आपले चलयेक भाळयल्या. लग्न मोडपाचे बापायन खूब यत्न केले पूण चली बदली ना. निमाणे बापायन सांगलें, ताजेकडेन तूं लग्न करशीत जाल्यार तुका इस्टेटीचो इल्लोय वांटो मेळचो ना. रागा भरशीं चली तुजो पैसोय नाका, फकत आशिर्वाद पुरो अशें सांगून घर सोडून वचून रजिस्टर्ड पध्दतीन लग्न जाता. दोगांय कश्ट करून आनी रीण काडून उपनगरांत एक फ्लॅट घेतात. फ्लॅट घेतकच तिगेली मांय आनी दोन नणंदो त्या

फ्लॅटांत रावंक येतात. सुर्वेचे कांय दीस बरे वतात. फुडें मांय-सुनेचें पटना तेन्ना ती मैत्रीण आनी तिजो घोव परत चाळींत येवन रावतात. आपलें घर मानून, रीण काडून जो फ्लॅट घेतिल्लो तो फ्लॅट तिगेली मांय आनी नणंदो भोगतात. इतलेंय करून दर म्हयन्याक फ्लॅटाच्या रिणाचो हप्तो तांगेल्या पगारांतल्यान कापून वता.

एक दीस हे मैत्रिणीन आपली कर्मकाणी सांगून म्हाका म्हणिल्लें, "नशिबांत बरो घोव आसलो म्हणून उपकरना. बरें घरय आसचें पडटा. कांय जाणांक बरें घर मेळटा, पूण बरो घोव मेळना. तर कांय जाणांक बरो घोव मेळूनय चार वण्टींचें घर मेळना."

घराचें आनी कुटुंबाचें एक वेगळेंच नातें आसता. ह्या चार वण्टींआड मनीस आपणाक सुरक्षीत मानता. ही भावना फकत वण्टी निर्मिनात. हॉटेल, धर्मशाळा आनी बंदखणीत लेगीत चार वण्टी आसतात. घर म्हळयार फकत चार वण्टी न्हय. वा तीन फातर रचून उबारिल्ली रांदन न्हय. घराक घरपण येवपाक वण्टी जाय. रांदनय जाय. पूण ताजेपरस चड गरजेचें म्हळयार घरांत रावतल्या मनशांमदीं माया आसूंक जाय. माया नासत जाल्यार सगळीं सुखां निरुपयोगी थारतात आनी तीं आसत जाल्यार दुख्खां लेगीत ल्हव जातात.

हांवें उकत्या मळाचेर ल्हानशे तंबूंत उबारिल्लें डोंबाऱ्याचें घर पळयलां. आनी त्या घरांत रावतल्या कुटुंबाची खुशालकाय पळोवन म्हाका अजापय दिसलां. वीज ना, उदक ना, चारय वाटांनी धुल्ल आनी घाण आसूनय तो तंबू हें आपलें घर मानून धादोसकायेची जीण तें कुटुंब जगता. तसली धादोसकाय सगळयाच बंगल्यांनी आसताच अशें ना. मडगांव शारांतली खंयचीय झोपडपट्टी पळयात. ज्या खुराड्यांत सदां काळोख आनी ज्याची उंची मनशान उबो रावपाइतली न्हय, तें आपलें घर मानपी बायलो हांवें पळयल्यात आनी सगळया तरांचीं भौतिक सुखां भरून रकतात असल्या घरांत रावतल्या बायलांचे तळमळेय हांवें पळयल्यात.

घर म्हळयार निवारो. ह्या निवाऱ्यांत घरकान्नीची माया आनी मन उल्लें जाल्यारच त्या घराक रूप येता.

११

काळजाची भास

दारावयली बेल वाजली तेन्ना म्हाका अजाप जालें. सकाळच्या सात वरांचेर कोण आयलो असो प्रस्न पडलो. दार उकतें करून पळय जाल्यार एक सात आठ वर्सांची चली. काळी कुळकुळीत, पूण तरतरीत. कपलाक गंधाची तांबडी तिकली. एक निळो, पोरनो पूण निवळ घागरो. वयर पोपटी रंगाचो ब्लावज. तेल लावन वळयिल्ले केंस. दार उकतें करिना फुडें गोड हांसली. जायांचो पोड फुलचो तशे धवे दांत चकचकले.

'कोण जाय?' हांवें विचाल्लें.

घागऱ्याचें एक पोंत उजव्या हातान उखलून चलयेन लजून तोंड लिपयलें आनी कन्नड भाशेंत ती कितें तरी उलयली. म्हाका कन्नड समजना देखून हांवें हिन्दीचो आदार घेतलो आनी तोच प्रस्न परत विचाल्लो. आतां ते चलयेन तकली वयर केली आनी परत कन्नड भाशेंत कितेंतरी सांगलें.

म्हाका ताकतीक आसली. भुरग्यांक शाळेंत धाडपाची तयारी करचेली आसली आनी घरांतलीं कामां म्हजेखातीर तिश्ठतालीं. पूण करतलें कितें? चल तूं, म्हणून हातांनी खुणावन दार बंद करूं येतालें. पूण ते गोड चलयेक सुण्यावरी धांवडावप जिवार आयलें.

कोण ही चली? कित्याक आयिल्ली? ती कितें सांगताली? तिगेली भास म्हाका समजना आनी हांव उलयतां तें तिका समजना. मोने मनीस तरी कुरवांनी उलयतात. हे चलयेक तेंय जमना आसलें. हांवें खुणेनच तिका कितें जाय अशें विचाल्लें. तिका अर्थ समजलो नासूंये, नाजाल्यार म्हजे हावभाव विचित्र दिसले आसूंये. तिणे दावो हात तोंडार धरून खो खो करून हांसूंक सुरवात केली. तिका हांसतना पळोवन म्हाकाय हांसो आयलो.

म्हगेली चली दारांत आयिल्ली. चलये परसय पिरायेन ल्हान. तिका कोंकणी सोडून दुसरी कसलीच भास येना. तिणे हातवारे करून दारांत आयिल्ले चलयेक विचाल्लें, 'कितें जाय गो तुका?'

ते चलयेन परत कन्नड भाशेंत जाप दिली. ते सरशीं म्हजें चली म्हणूंक लागलें, 'तें आपले आवयक सोदता.'

म्हाका अजाप जालें. हे ल्हानशे चलयेक दुसरे चलयेची भास कशी समजली?

हांवें विचाल्लें, 'तुका तें उलयता तें समजता गो?'

'खऱ्यानीच तें आपले आवयक सोदूंक आयलां' म्हजे चलयेन जाप दिली.

आनी अजापाची गजाल म्हळयार ते दारांत आयिल्ले चलयेनय, 'हय हय' करून तकली हालयली.

म्हाका उगडास जालो. आमच्या घरा लागसार सकाळच्या वेळार एक झाडूवाली येता. ती कन्नड उलयता. तिका आपोवन घेवची. बऱ्या नशिबान ती मार्गार आसली. हांवें तिका उलो माल्लो आनी ती चली कितें सांगता तें समजून घेवंक सांगलें.

त्या उपरांत त्या दोगांचोय कन्नड भाशेंत थोडो संवाद जालो. ती चली आपले आवयक सोदताली. ती लागसारच एके झोपडपट्टेंत रावताली. तिगेली आवय सकाळीं उठून भायर गेल्ली. ती खंय गेल्या तें चलयेक खबर नासलें. घराकडेन कोणतरी आयला म्हणून ती आपले आवयक सोदूंक आयिल्ली.

तिगेली आवय आमगेर येवंक नासली. हांवें ते चलयेक च्या दिली आनी ती आयिल्ली तशी गेली.

तिका मागीर तिगेली आवय मेळ्ळी काय ना हें हांव नकळं. पूण म्हाका एके गजालीचें अजाप दिसतालें. म्हजे चलयेक कन्नड भास येना. अशें आसतनाय दारांत आयिल्लें चली आपले आवयक सोदता हें तिका कशें कळिल्लें?

मनांत प्रस्न उल्लो, पूण जाप मेळ्ळी ना. त्या उपरांत कांय दिसांनी एका आयताराक दनपारच्या वेळार म्हगेली चली टि. व्ही. वयलो एक तमीळ सिनेमा पळयताली. सिनेमाचे 'सबटायटल्स' इंग्लिशींत आसले. पूण चली तन्मय जावन सिनेमा पळयताली. हांवें विचाल्लें, 'तुका कितें समजता गो त्या सिनेमांतलें?'

'मागीर सांगतां.' इतलीच जाप दिवन चली परत सिनेमा पळोवंक लागली.

सिनेमांत एक ल्हान भुरगें आपले आवयकडेन उलयतालें. सबटायटल वाचून म्हाका समजलें कि तें भुरगे आवयक सांगता, 'हांव दूद पिवचें ना. दूद पिलें जाल्यार म्हाका ओकूंक येतलें.'

म्हगेले चलयेक हांवें जेन्ना विचाल्लें 'त्या भुरग्याचें कितें जालां गो?' तेन्ना तिणे सारकी जाप दिली.

म्हाका खऱ्यांनीच अजाप जालें. हांवें ही खबर एके लेखिकेक सांगली तेन्ना तिणे म्हळें, 'जर मनशालें काळीज जागें आसत जाल्यार ताका दुसऱ्या काळजाचे उमाळे समजतात. भास वेगळी जावनय दोन काळजां एकामेकाकडेन उलोवंक लागतात. जाण्टेल्यांचीं काळजां पूर्वग्रह आनी दुबावान भरिल्लीं आसतात देखून तांकां उतरां बगर भाव कळनात. भुरग्यांचीं काळजां निर्मळ आसतात. देखून तांकां भाव रोकडोच कळटा.'

एक नवो साक्षात्कार जाल्लेवरी म्हाका दिसलें. मनशाक भास जोडटा आनी ती तोडटाय. पूण काळजाक जोडूंक येता, तोडूंक येना म्हणटात. तें फट न्हय.

१२

अनाथ

मुंबय आसतना आमी शाळेंतल्यो विद्यार्थिनी एक खेपे राणीबाग पळोवंक गेल्लीं. आतां सरकारान त्या उद्यानाक जिजामाता उद्यान अशें नांव दिलां. पूण मुंबयकारांकच न्हय, मुंबय पळोवंक येतल्या सगळयांक ती 'राणीचा बाग' च आसा.

ही राणी कोण हें खूबशा जाणांक खबरच ना. बागेविशीं हांवें खूब आयकल्लें आनी म्हाका दिशिल्लें ते बागेंत एक राणी रावता आनी आमी वतात ती ते राणयेक मेळूंक. पूण जेन्ना प्रत्यक्षांत हांव ते बागेंत पावलें तेन्ना म्हजी गोड निराशा जाली. निराशा अशे खातीर कि जे बागेक राणीचा बाग म्हण्टात थंय राणी रावना. काणयांच्या पुस्तकांनी हांवें राणयांचीं चित्रां पळयिल्लीं आनी वर्णनांय वाचिल्लीं. पौराणिक सिनेमांनी भरजरी वस्त्रां आनी अलंकार आंगार चडोवन माथ्यार मुकूट धारण केल्ल्यो राणयो हांवें पळयिल्ल्यो. तसली एक हाडामासाची राणी हे बागेंत पळोवंक मेळटली अशी म्हजी कल्पना आसली. ती कल्पना फसली देखून हांव निराश जालें. पूण ती निर्शेणी गोड आसली. कित्याक तर मुंबय शारांत झाडां, कारंजीं, फुलां आनी लॉन आशिल्ली येदी व्हडली बाग हांव पयलेच खेपे पळयतालें. त्याभायर ते बागेंत जनावरांचो एक संग्रहालय आसलो. ज्या जनावरांविशीं आनी पक्ष्यांविशीं हांवें पुस्तकांनी वाचिल्लें तीं सगळीं जनावरां त्या 'झू' त म्हाका पळोवंक मेळ्ळीं. सर्कशींतले परसय चड जनावरां.

आज त्या संग्रहालयाचो उगडास सगळया कारणाखातीर जालो. आमकां एक एक पक्षी आनी एक एक जनावर दाखयता आसतना आमच्या सांगातान गेल्ले टीचरीन सांगिल्लें, "हो शींव आफ्रिकेचो... हो माकड केरळांतलो... हो मोर राजस्थानचो... हो पोपट बंगालचो..."

दर एक जनावर, दर एक सवणें खंयच्या खंयच्यान हाडिल्लें तें तिणे आमकां समजायलें. एकूय प्राणी मुंबयचो नासलो.

आमच्यांतले एके चलयेन टीचरीक विचाल्लें, "ह्या पयसुल्ल्यान आयिल्ल्या जनावरांक तांच्या घरची याद येना? आपल्या आवय बापायसरीं वचचें अशें तांकां दिसना?"

तिगेलो तो प्रस्न आयकून टीचरच न्हय तर हेर भुरगीं लेगीत हांशिल्लीं. ती चली बाबडी खंयचो आपणे प्रस्न विचाल्लो अशें येवजून लजेली.

घरा येतकच हांवें म्हजे आईक ते चलयेच्या प्रस्नाची खबर सांगली आनी म्हळें, "तिणे विचारिल्लो तो प्रस्न बरोबर नासलो?"

"एकदम बरोबर." आईन म्हळें, "खरें म्हळयार तुमचे टीचरीन ह्या प्रस्नाक जाप दिवंक जाय आसली."

"म्हणटकच तांकां घरची याद येता तर." हांवें म्हळें.

"तें कशें कळटलें? तांची भास कांय आमकां समजना. ती समजल्ली जाल्यार कळटलें आसलें. तरी पूण तांकां याद येता आसूंक जाय. ल्हवू ल्हवू विसर पडटा आसतलो. घडये मनशांसारकें तांकां तें समजना आसूंये." आईन जाप दिली.

ते जापेन म्हजें समाधान जालें ना. तरीकय त्या दिसाच्यान जनावरांकडेन पळयतना म्हजी नदर बदलूंक लागली. पयलो विचार म्हज्या मनांत येता तो, तीं खंयची आसतलीं? तांकां घरची, भांवडांची, आवय-बापायची याद येता काय ना? केरळी माकडाक वा आफ्रिकी शिंवाक दुसऱ्या देशांतल्या माकडांची आनी शिंवाची भास कशी येतली?

कांय वर्सां उपरांत हांव एका अनाथालयांत पावलें. जल्माउपरांत कांय दिसांनी थंय हाडिल्लीं भुरगीं जशीं पळयलीं, तेच भाशेन थंयच वाडून जाण्टी जाल्लीं भुरगींय पळोवंक मेळ्ळीं. डॉक्टरांच्या दवाखान्यांनी एक संवसारीक भुरग्यांचो पोस्टर आसता. ल्हान ल्हान भुरगीं सादारण एकेच पिरायेचीं त्या पोस्टरांत रांगेन बसयल्यांत. काळीं भुरगीं, गोरीं भुरगीं, गंवाळीं आनी अर्द गोरीं. जगांतल्या पांचय खंडांतल्या तरेकवार वंशाचीं भुरगीं. वेगळया वेगळया रंगाच्यो आनी आकाराच्यो कपयो मेटून कपयाळें करचें तशीं तीं भुरगीं दिसतात. 'सिमेट्री' नासतनाय तांच्यांत एक सभावीक सोबाय आसता.

अनाथालयांतलीं भुरगींय अशींच. कोण खंयचें, ताजो धर्म, जात खंयचीं, आवय बापूय कोण, कांय एक कळना. त्या भुरग्यांकय तें खबर नासता. थंय रावतात तीं भुरगीं तांची भांवडां, मित्र आनी मैत्रिणी त्योच.

त्या भुरग्यांक पळयलें आनी म्हाका राणयेच्या बागेंतल्या जनावरांचो उगडास जालो आनी चड करून ते चलयेन टीचरीक विचारिल्लो प्रस्न मनांत घोळूंक लागलो.

"ह्या भुरग्यांक आपले घरची, आवय-बापायची, भावंडांची याद येना?" हांवें तो प्रस्न थंयचे एके शिक्षिकेक विचाल्लो.

"चडशा भुरग्यांक कांय एक खबर नासता." शिक्षिकेन जाप दिली, "कित्याक तर ताणी केन्नाच आपलें घर, आपले आवय-बापूय वा आपलीं भावंडां पळयिल्लीं नासतात. तांचो आमकां व्हडलोसो प्रस्न उरना. पूण जीं भुरगीं जाण्टेपणांत हांगा आयल्यांत, तांकां मात सुर्वेचे कांय दीस घरची याद अस्वस्थ करता."

ही जाप आयकून हांव अस्वस्थ जालें. मनशाचें मन मायेच्या पासांनी खंय खंय बांदिल्लें उरता पळयात. आनी हे पास रगताचे वा नात्याचे नासतात. ते संस्काराचे

आसतात. ल्हानपणातसावन ज्यांचो मोग मेळटा तीं मनशां आमकां आपलीं दिसतात.

अनाथालयांतलीं खूबशीं भुरगीं कांय कुटुंबांनी पोसकीं जावन वतात. कांय जाणां ते नवें घर सोपेपणान आपलें करतात. कांय जाणां माया, मोग मेळूनय उदकांतल्या तेला थेंब्याभशेन नवे जिणेकडेन एकरूप जायनात.

प्राणी संग्रहालयांतल्या जनावरांची अवस्था ह्या भुरग्यासारकीच नासतली?

१३

दांपत्य

संस्कृत भाशेंत दांपत्य वा दंपती हे उतर घोळटा. जाया (बायल) आनी पती म्हळ्यार दंपती. जाया आनी पती हें हरशीं द्वि वचन. तीं एक जातात तेन्ना तांचें एकवचन जाता. म्हणूनच आमी अशें मानतात कि जेन्ना घोव आनी बायल एकरूप जातात, तेन्ना तीं जल्माचे गांठीन बांदिल्लीं उरतात.

लग्न हो भारतीय मान्यतायेप्रमाणे एक संस्कार. भारतीय मनीस अशें मानता कि लग्नाची गांठ ही जल्माची गांठ आसता. जल्म आनी मरण हांचे सात फेरेमेरेन एका जोडप्याचो सांगात आसता. पूण भारतीय संस्कार तितल्याचेरच थांबना. तो आमच्या बायलांक जल्मजल्मांतरी तोच घोव मेळूं आशी मागणी करूंक शिकयता. सत्यवान सावित्रीचें आख्यान सांगून तो तिका वडाची पूजा करूंक लायता. आनी हांवें पळयलां रातीकडेन घोवान मरिल्ल्यान तोंड सुजिल्ले अवस्थेंत लेगीत बायल श्रध्देन वडाची पूजा करून जल्मजल्मांतरी तोच घोव मेळूं अशें देवालागीं मागता. हांवें मूळ रामायण समग्र वाचूंक ना. पूण भवभूती सारक्या नाटककारान रामायणांतल्या प्रसंगाचेर बरयिल्ल्या नाटकांत सीतेच्या तोंडांत एक उतर घालां, ‘त्वमेव भर्ता न च विप्रयोगः’ सीतेन सगळया तरांचीं दुख्खां भोगलीं, घोवाखातीर. रामासारको घोव मेळून लेगीत तिणे सुखाचो दीस पळयलो ना. लजेचें, उपेक्षेचें जिणें तिज्या वांट्याक आयलें तरी तिका लेगीत जल्मोजल्मी रामच घोव मेळचो अशें दिसता. इतले हे संस्कार चिवट.

अस्तंतेकडल्या देशांत लेगीत लग्न हो मर्णामेरेनचो सांगात अशी मान्यताय आसा. लग्नविधी वेळार न्हवरो आनी व्हंकल असो सोपूत घेतात. पूण तरीकय थंयच्या समाजांत लग्न हो एक करार अशी मान्यताय रूढ जाल्या. करार म्हळयार तुजें तुका आनी म्हजें म्हाका अशें मानपाची वृत्ती. आमचेकडेन लग्नाच्या संस्कारांत तूं आनी हांव मेळून एक जावंया, गुणदोशांसयत एकरूप जावंया अशी भावना आसता. देखून संस्काराच्या बंधनातल्यान सुटका नासता. कराराचें बंधन हें मोडूं येता. कायदो लेगीत संस्कार मानीना. तो लग्न हो करारच अशें मानता.

आमच्या भुरगेपणांत वेगळया तरांच्यो काणयो आमकां जाण्ट्यो बायलो सांगताल्यो. चडशा काणयांचो एक आशिल्लो राजा अशा वाक्यान आरंभ जावन निमाणेकडेन तांचें लग्न जालें आनी ताणी सुखान संसार केलो अशा उतरांनी काणी सोंपताली.

त्या उपरांत ज्यो कथा, कादंबऱ्यो हांवें वाचल्यो तातूंत तेगीत लग्न हो सगळया अडचणींचो शेवट अशेंच वाचूंक मेळटालें. पूण कल्पनेच्या संवसारांतली नदर भोंवतणचे समाज जिणेचेर भोंवडायली जाल्यार आमी पळयत्तात कि कटकटीचो आरंभ लग्नासावन जाता. पूण तातूंतय एक सूख आसता. जेन्ना हुंबऱ्यावयलें माप उमथून राजा-राणयेचो संसार सुरू जाता, तेन्ना जिणेचे काणयेचो आरंभ जाता. एकामेकांकडेन जुळोवन घेतना सामखार उबे रावतले समाजीक, अर्थीक प्रस्न सोडोवप हें सोपें काम न्हय. कुटुंब, समाज आनी वेवसायाची जापसालदारकी एकाच वेळार पेलची पडटा. पूण भारतीय बायलो हें सगळें सोसतना लग्न संस्थेक वेर वचची न्हय म्हणून आजमेरेन जी जतनाय घेत आयल्यात ताका लागूनच लग्नसंस्था आनी कुटुंबसंस्था हें भारतीय संस्कृतीचें भूशण जावन बसलां.

पूण आतां अस्तंतेकडले वारे आमच्या देशांतय पावल्यात. आनी संस्काराचेर कायद्यान जैत जोडलां. अशी वाड्यावयल्यान नदर भोंवडायात. तुमकां जीं चित्रां पळोवंक मेळटलीं तीं एका नव्या संकटाकडेन तुमचें लक्ष ओडपी आसतलीं. आमकां सगळयांकच त्यो गजाली खबर आसात. पूण अजूनय तटस्थ मनान त्यो आयकतात. हुंवाराचें उदक वाड्यार पावलें जाल्यार एक दीस पुराय वाडो बुडटलो म्हणपाचें भान आमकां उरना.

एक बायल दोन भुरग्यांक घेवन परत कुळारा आयल्या. घोवाचें घरांत लक्ष ना ही तिजी कागाळ. ती जोडटा. देखून तिका अहंकार आसा. आपलें रूप आनी आपली पिराय पळोवन आपूण कितलेशेच घोव मेळयन अशें ती म्हणटा. पूण ज्या कारणाखातीर एका घोवाकडेन तिजें जुळ्ळें ना वा अशें म्हणूंया, दोन भुरगीं जायसर जुळ्ळें, त्या घोवाकडेन तडजोड करपाचें तिका कित्याक येवजलें ना?

अमेरिकेक सावन परतल्ल्या न्हवऱ्याकडेन दुसरे एके चलयेन मोटे उमेदीन लग्न केलें. सगळयांक तिजो दुस्वास दिसलो. घोवाच्या सांगातान अमेरिकेक गेली आनी एक दीस अचकीत एकलीच परत आयली. कित्याक? अमेरिकेंतल्यो रिती तिका मानवल्यो नात. घोवान थंय लग्न करूंक नासलें; पूण तो दुसऱ्या बायलां म्हऱ्यांत बसून उलयता हें तिका सोसना आसलें. तिका अस्तंतेकडल्या शिक्षणाचो आनी वातावरणाचो एकेवटेनच्यान मोह, पूण भारतीय संस्कार ती विसरूंक पावली ना.

लग्न म्हळयार घोव आनी बायलेचें एकचाराचें जिणें. एकचार करतलो जाल्यार दोगांची गरज आसता. दुदांत साकर विरगळटकच दूद गोड जाता, पूण साकर वेगळावंक येना; तशें लग्नाचें जावंक जाय. जें जोडपें अशें एकामेकांत विरगळून वता, ताकाच दांपत्य म्हणूं येता.

१४

मायेची भूक

आवय बापायलें पयलें भुरगें- मागीर तो चलो आसूं ना जाल्यार चली. सदांच कौतुकाक पात्र थारता. ज्या घरांत चल्याची प्रतिक्षा आसत, त्या घरांत लेगीत पयल्या भुरग्यावेळार चली जाली म्हणून आवय-बापायलो वा घरच्यांचो व्हडलोसो विरस जायना. त्या भुरग्याच्या वांट्याक तुस्त-तोखणाय इतली येता की सगलींच ताका तळटावयल्या फोडासारकीं सांबाळटात. भुरगें मात्शें रडलें, पडलें जाल्यार सगळींच धांवन वतात आनी तें ओगी रावलें तरी सगळीं हुस्केतात. ताची इंच इंच वाड ही घरच्यांचे खोशयेची गजाल आसता. तें हांसलें जाल्यार घर हांसता. ते रडलें जाल्यार घर रडटा. आनी तें हांसचें म्हणून आवय-बापूयच न्हय, तर घरांतलीं हेर मनशां लेगीत प्रयत्नांची पराकाश्ठा करतात. अशे तरेन पयलें भुरगें हें अपुर्बायेच्या आनी लक्तुबायेच्या वातावरणांत वाडटा. तें करीत तो हट्ट आवय-बापूय भागयतात. ताका कोणे 'शिट्ट' म्हळें जाल्यार आवय-बापायक वायट दिसता पूण हें सगळें कितले मेरेन चलता?

घरांत दुसरें भुरगें जायसर. दुसरे खेपे पाळणें हाल्लें म्हणतकच पयल्या भुरग्यावयलें लक्ष दुसऱ्या भुरग्याचेर वता. सगळयांची नदर दुसऱ्याचेरच थिराविल्ली आसता. तातुंतय दुसरें भुरगें चलो आसत जाल्यार तर विचारूंच नाका. पूण दुसरीय चली जाली जाल्यार पयले चलयेची अपुर्बाय उणें जावन दुसरेची अपुर्बाय जावंक लागता. अपवाद तो इतलोच कि जर पयलो चलो आसत आनी दुसरी चली आसत जाल्यार ही जेन्ना आपल्या पांयांचेर उबी रावता तेन्ना आवय-बापायक दिसता कि तिजेविशींची आपली जापसालदारकी सोंपली. अपुर्बायच आटूंक लागता. दोगय चले आसले जाल्यार धाकल्या चल्याचें जितलें कौतुक जाता तितलें व्हडल्याचें जायना. पूण आवय-बापायले हे वागणुकेक लागून जो प्रस्न उप्रासता ताजो विचार कोणूच करीना.

हर्षद हो आपल्या आवय-बापायलो व्हडलो चलो. भुरगेपणांत ताजी अर्थ-अपुर्बाय खूब जाली. ताज्या फाटल्यान दोन वर्सांनी ताका एक भयण जाली. भयणीच्या वांट्याक अपुर्बाय केन्ना आयली ना. खेळणे आसूं, खाण, पुस्तक आसूं, कपडे आसूं. हर्षदाक पयलो मान मेळटा. भयणीच्या वांट्याक सदांच धेंगसो येता. परिणाम असो जालो कि हर्षद हट्टी, आडांगी तर जालोच, पूण मात्सो व्हडलो जातकच आवय-बापायक आयकना जालो. ताज्यो आवडी आनी हट्ट तशेच उल्ले. पूण शिक्षण आनी वागणूक

इबाडत उल्ली. दुसरे वाटेन तागेली भयण एकमुळी जायत रावली. पावला कणकणी मन मारचें पडिल्ल्यान आनी मेळत तेन्ना अपमान वांट्याक आयिल्ल्यान तिजी उमेद बावली. अभ्यासांत हुशार आसूनय ती मनान खंगत रावली.

आमी आतां पळयलें जाल्यार दोगांय एकाच आवय-बापायलीं भुरगीं. आवय-बापायचे भुरग्यांचे मायेविशीं अशें सांगतात कि तांच्या मनांत भेदभाव उरना. झाड जशें आपल्या दर एका फुलाक रूप, रंग आनी गंध दिता, तशीं आवय-बापूय भेदभाव करी नासतना, आपल्या भुरग्यांक माया आनी संस्कार दितात. पूण खऱ्यांनीच अशें घडटा? हर्षदाक आवय-बापायन फाजील माया दिली. संस्कार दिलेच नात. देखून हर्षद इबाडलो. हाजे उरफाटें तागेले भयणीक आवय-बापायन सदांत हिणसायली आनी तिजी उमेद मारून उडयली. आपले चलयेविशीं आवय - बापायकच मनांत माया नाशिल्ली अशें म्हणप धाडसाचें जातलें. पूण भुरगीं सदांच आपली तुलना आपल्या भांवडांकडेन करतात. आनी आपणाक मेळिल्ली वागणूक मायेची काय तुसडेपणाची हें थारायतात. हर्षदाचे तुलनेन तागेले भयणीक बरी वागणूक मेळ्ळी ना. देखून ती इबाडली. मायेचो अतिरेक जसो वायट तसो मायेची ओलसाण नासप हेंय तितलेंच वायट.

सैमाचेर नदर भोंवडायतकच एक वेगळेंच दृश्य पळोवंक मेळटा. एका माजरान चार पिलां काडलीं. तातुंतलें एक पील जल्मतनाच पांगळें आसलें. सगळया पिलांक माजर सारकीच माया दितालें. पूण पांय मोडक्या त्या पिलाची चड अपुर्बाय करतालें. दोळयांक तेल घालून ताजी राखण करतालें. ताका वेळार खांवंक मेळचें हे खातीर वस्तू पुंजावन हाडून ताका दितालें. ताका दिल्ली वस्त खावंक दुसरें पील आयलें जाल्यार त्या पिलाक धांवडायतालें. आवयचो हो सभावीक कळवळो म्हणूंक जाय.

मनशांतय असो कळवळो पळोवंक मेळटा. जेन्ना एकाद्रें भुरगें अपंग आसता वा बरें ना जाता तेन्ना आवय ताजो अदीक सांबाळ करता. ल्हान भुरग्यांक आवयची माया जाय आसता आनी ती आपलेपरस दुसऱ्याक चड मेळटा अशें जेन्ना तीं पळयतात तेन्ना तांच्यांत नसाय उपजता. पूण एकाद्रें भुरगें जेन्ना अपंग आसता वा हातुणार पडटा तेन्ना सगळीं भांवडां आपल्या अपंग भांवडांचो सांबाळ करूंक एका मेकांकडेन सर्त लायतात.

अपंगांविशीं भेदभाव केलो जाल्यार कोणाक कांय दिसना. पूण चली म्हणून केल्लो भेद चलयेचें लुकसाण करता आनी घरांतलें वातावरण इबाडून उडयता. तीच गजाल व्हडल्या भुरग्याची. धाकल्या भुरग्याची अपुर्बाय करता आसतना आपली उपेक्षा जाता अशें व्हडल्या भुरग्याक दिसलें जाल्यार त्या भुरग्याचो आत्मविस्वास सोंपता. हें सगळें पळयतकच अशें दिसूंक लागता कि आवय-बापूय भुरग्याचे व्हडविकेक जितलीं कारण आसतात तितलीच तीं भुरग्याची वाड खुंटपाकय कारण जावं येतात. पूण कितल्याश्या आवय - बापायक हे गजालीची जाणविकाय आसता?

१५

शाळेचे वाटेर

गोंयांत शाळा सुरू जातात तेन्नाच पावसाळोय सुरू जाता. ताका लागून भुरग्यांक शाळेंत वचपाची उमेद आसता. सकाळच्या वेळार पळयात, नाजाल्यार दनपारच्या, तुमकां शाळेंत येतलीं ना जाल्यार वतलीं भुरगीं दिश्टी पडटलीं. तीन वर्सांपसून स वर्सांमिरेनचे चले आनी चलयो आपले आपले शाळेच्या युनिफॉर्मात चोम्यांनी वतात तेन्ना सवण्यांचें भिरें रस्त्यावयल्यान चलता अशें दिसूंक लागता. कांय भाग्यवंत भुरगीं बसींनी शाळेंत वतात. पूण पैशांनी विकतो घेवंक मेळना तो पांयांनी चलून वचपाचो आनंद त्या भुरग्यांक मेळना. सकाळच्या वेळार हांव भायर सरतां तेन्ना म्हाका शाळेंत वतलीं हीं भुरगीं रस्त्याचेर मेळटात. आपले मदीं चिंवचिंवत केन्ना रस्त्याच्या कडांनी सांचिल्लें उदक चुळचुळायत जाल्यार केन्ना झाडावयलो पांखो धरपाचो यत्न करीत हीं भुरगीं चलतात. तांच्या सांगातान हांवय पावलां उखलतां. पूण भुरग्यांचें म्हजेकडेन लक्षच वचना. एकाद्र्या भुरग्याक प्रस्न विचाल्लो जाल्यार तो जाप दिता. पूण दुसरो प्रस्न येनाफुडें धांवत फुडें वता. तागेल्या चित्तांत सैम भरिल्लो आसता. पावसाची धुंदी ताका चडिल्ली आसता आनी संवगड्यांचो सांगात ताका तोडचेलो नासता. देखून म्हजे सारकिल्यान वाटेर प्रस्न विचाल्लो जाल्यार ताका अडचणीचें जाता.

ल्हान भुरगीं खंयच्याय रुपांत पळयलीं जाल्यार सदांच सुंदर दिसतात. तांचें मन आनी नदर इतली भोळी आनी निवळ आसता कि भुरगीं म्हळयार झाडाचेर हांसत फुलून परमळपी फुलांच कशीं दिसूंक लागतात. तातूंतय सगळया भुरग्यांच्या आंगार जेन्ना शाळेचो युनिफॉर्म आसता, ना जाल्यार रेनकोट आसता, तेन्ना तांकां सवण्याच्या भिऱ्याची सया मारता. फाटीचेर एक बोटवो. कवळे पिरायेचेर पुस्तकांचो भार उखलतना तांची फाट बागवता. म्हाका ओगीच दिसूंक लागता, ह्या भुरग्यांच्या वजनापरस ते उखलतात त्या पुस्तकांचें वजन चड आसतलें. ह्या भारातळा तांची कवळी बुद्द चिड्डून वचची ना?

पूण तांच्या तोंडाकडेन पळयात. एक निष्पाप हांसो सदांच थंय फुलिल्लो उरता. दोळयांत कुतूहल. दोळे पिटपिटावन ते सैमाची अप्रुपाय पळयतात.

दनपारच्या वेळार हेच भुरगे घरची वाट चलतना म्हाका मेळटात. सकाळचें फुलिल्लें फूल सांजचें बावचें तशीं त्या वेळार तांचीं तोंडां. दोळयांत कुतूहल सकाळचेंच, पूण

तोंडावयलो हांसो बाविल्लो आसता. पोटांत भुकेचे कावळे रडटात म्हणपाचें सांगना आसतना समजता. पूण हेर भुरग्यांचो सांगात तांकां धीर दिता, आनी ते कागाळ करीनासतना चलत आसतात. असल्या वेळार भुरग्याक जाप दिवन पळोवची. तुमचो प्रस्न कानार पडना फुडें ताजी नुरा त्रासीक जाता आनी तो तुमचे वटेन पळयना आसतनाच कुशीक सरूंक लागता.

अशा भुरग्यांमदलो एक पीटर. सदांच हांव ताका पळयतां. आसत पांच वर्सांचो. गोरो पीट्ट. वाटकुळो बॉल कसो. घारशा दोळयांचो आनी पिंगशा केंसांचो. आंगार रेनकोट घालतकच प्लॅस्टिकांत गुंठलायिल्ले पोटले सारको दिसता. म्हाका पळयतकच हांव आपणाक कितें विचारतलें अशें येवजून धांवत फुडें वता आनी मागीर फाटल्यान पळोवन असो गोड हांसता कि ताका उखलून धरचो अशें म्हाका दिसता.

त्या दिसा सकाळच्या वेळार म्हाका भायर सरूंक मात्सो कळाव जालो. सगलीं शाळेचीं भुरगीं त्या दिसा म्हाका चुकलीं. सदांचे संवयेचें तें दृश्य दिसलें ना तेन्ना चुकिल्ले भशेन जालें. मार्गाचेर सदचेवरीच येरादारी. पूण कितें तरी उणें आसा अशें दिसले बगर रावलें ना. इतल्यांत म्हजी नदर रस्त्यावयल्या प्लॅस्टिकांत गुंठलायिल्ले ते पोटले कडेन गेली.

मुखारच पीटर वतालो. एकलोच. आज ताका वेळ जाल्लो आसूंये. मदीं मदीं तो फाटल्यान पळयतालो. म्हाका पळोवन तो थांबलो आनी म्हाकाच अजाप जालें. सदां म्हाका टाळपी हो पीटर आयज थांबलो कसो?

घसघशीत पावलां उखलून हांवें ताका गांठलो.

"आज वेळ जालो काय कितें रे तुका?" हांवें विचाल्लें.

"आमची टीचर बरी ना देखून आयज पयलो पिरयड ऑफ." पीटरान जाप दिली.

हांवें ताजे फाटीचेर आशिल्लो बोटवो पळयलो आनी विचाल्लें, "जड लागना रे तुका?"

"जड लागना. पूण बोटव्याचे पटे लागून खांदे चुरचुरतात." पीटरान जाप दिली.

विचारिल्ल्याय प्रस्नाक आज तो जाप दितालो. भिन्यांतलें कुशीक पडिल्लें सवणें जशें काचाबूल जाल्लें आसता, तसो तो म्हाका दिसलो. आज उमेद नाशिल्ली. आमच्यो वाटो वेगळयो जाल्यो तेन्ना परत पीटर एकलोच चलूंक लागलो. कित्याक कोण जाणा, म्हाका ताजी काकुळट दिसली.

शाळा ही गरजेची अशें आमी मानतात. पूण भुरग्यांक तो बंदिवास दिसता आसूंक जाय.

१६

इम्युनिटी

पेत्रोलीच्या तांबड्या गुलाबी फुलांचो एक मुकूट माथ्यार चडोवन आनी आंगार तसल्याच रंगाचें एक भडक तांबडें कापड न्हेसून रस्त्यावयल्यान वतली ती गावडी सगळयांचें लक्ष ओडून घेताली. गळयांत तांबड्या पिडुकांच्यो कितल्योशोच माळो कापडाच्या रंगांत भरसून गेल्ल्यो. इतलेंच न्हय तर कानांत तसल्याच रंगाचे दोन गुळे. एकाद्रे व्हंकले सारकी ती दिसताली. मार्गावयल्यान सडसडीत चलूंक मेळचें म्हणून तिणें आपलें कापड धोंपराकडेन दोडून वयर खोयिल्लें. धोंपरासकल्ले पांय उकते आनी हरशीं जाल्यार पांयांत जोतें ना.

मे म्हयन्यांतली दनपार भायर तळतळटाली. कावळे लेगीत झाडाचे खांदयेचेर सावळेक बसून वत मोव जावपाची वाट पळयताले. अशा वेळार ही बायल उकत्या पांयांनी चलता कशी हाजें अजाप दिसतालें. वेळ दनपारचो आशिल्ल्यान तिगेली सांवळी तिगेल्या पांयांपोंदा पडटाली. पूण वोतान तापिल्लो रस्त्यावयलो डांबर ते सांवळेक लागून शितळ कसो जातलो?

ती फुडें वता आनी फाटल्यान हांव. म्हज्या पांयांत जोतें आनी हातांत उकती सत्री. तरी गिमाचो धग म्हज्यान सोसूंक जायना आसलो. खंयय वाटेर सांवळी मेळूी जाल्यार दोन खीण उबें रावचें अशें म्हाका दिसतालें आनी ती गावडी असल्या वताच्या कडाचेर व्हंकलेसारकी न्हेसून इतले ताकतिकेन खय वताली काय?

पावलां उखलपाची तिगेली गती इतली चड आसली कि आमचें दोगांमदलें अंतर वाडतच उल्लें आनी अचकीत ती नदरेआड जाली.

हांव सवकासाय चलत रावलें. तशी रस्त्याचेर येरादारी खूब आसली. आनी रस्त्याचे कुशीच्यान चलचें पडटालें. चलत चलत हांव फुडें पावलें आनी कोणेतरी "बाय" म्हणून मारिल्लो उलो म्हज्या कानार पडलो. कुशीन पळय जाल्यार झाडाच्या मुळांत ती गावडी उबी आसली.

नदरेक नदर मेळनाफुडें तिणे हातान म्हाका आपल्या म्हऱ्यांत आपयली. एक व्हडलें आंब्याचें झाड आनी ताजी दाट सांवळी. तिजेसरीं वतकच हांवें सत्री पालयली आनी ते शितळ सांवळेंत म्हाका बरें दिसलें.

"म्हज्या पांयांत एक कंवची रोंबल्या, मात्शी ओडून काडटा." तिणे म्हाका विचाल्लें.

हांवे 'हय' म्हणिनाफुडें ती झाडच्या पाळाचेर बसली. आनी तिणे आपलो पाय उखल्लो. धुल्लाचो दाट थर त्या पावलाचेर आशिल्लो. हांवें भोंवतणी पळयलें. कुशीक एक बांय आसली. तिका म्हळें, "बांयचेर वचून पाय धूंय."

"आदीं तू कंवची काड मागीर हांव पाय धुतां. वेग येतात ते सामके सोंसूंक नजत." तिणे म्हळें.

"पूण धुल्ल रगतांत वचप बरो न्हय म्हणून म्हणटां." हांवें म्हळें.

"तें विसर. आमकां कांय जायना अशें म्हणून तिणे परत पावल उखलून म्हज्या मुखार धल्लें. हांवें पळयलें, कंवची बरीच खोल रोंबल्या आनी बोटाचे चिमटेन ती काडूंक येवची ना. बारीक चिमटो ना जाल्यार सूय जाय.

म्हगेली अडचण ते गावडेक समजली आनी तिणे आपल्या माथ्यांत खोयिल्लो एक गांच काडून म्हज्या हातांत दिलो आनी म्हळें, "ह्या गांचान कंवची भायर काड."

हांवें गांच पुसून कंवची भायर काडपाचो यत्न केलो तशी तिणे व्हडली किळच माल्ली. उपरांत जेन्ना कंवची भायर आयली तेन्ना हांवें पळयलें की ती बायल सामकी कासावीस जाल्ली.

"आतां पांय धुवन घे आनी उकत्या पांयांनी चलूं नाका. डॉक्टराकडेन वचून धोणकुटीचें इंजेक्शन घेतल्यार बरें." हांवें तिका सुचयलें.

"देव बरें करूं तुका बाय." तिणे म्हळें आनी आपल्या कमराक खोयिल्ली एक पानाची विडी काडून पेटयली. ते विडयेचे चार झुरके घेतकच तिणे आपले पावल वयर काडले आनी पेट्ट्या विडयेचो शेक त्या कवचेच्या घायाक दिलो. आपले दोळे धांपून एक व्हडली क्ळिच तिणे माल्ली आनी मागीर सूं करून सुसकार सोडून ती उठली.

"ह्या वखदासारकें दुसरें वखद ना." हांव अजापान आपणाक पळयता म्हणपाचें लक्षांत येतकच तिणे सांगलें.

"तुवें आयज वेगळोच भेस केला" हांवें म्हळें.

"काजाराक वतां हांव. थंय म्हाका नाचपाचें आसा. देखून न्हेसून आयलां." तिणे म्हळें.

आनी ताकतिकेन ती चलूंक लागली. हांव दोन मिनटां ते शितळ सांवळेंत उबें रावन तिका पळयत रावलें. खंय तरी ते सादे सरळ जिणेचो दुस्वास म्हज्या मनांत जागो जालो. हांची जीण कितली सरळ! जे तरेचे हुस्के आमकां दिसतात ते हांकां दिसनात. भेस सादो, तरी तातूंत एक सुंदरसाण आसा. अडचण आयली जाल्यार ती निवारपाचे सोपे उपाय तांचेकडेन आसात. खीणभर म्हाका दिसलें, हांव उकत्या पांयांनी असल्या वताच्या कडार भायर सरत आसलें आनी कंवची लागिल्ली जाल्यार विडयेचो बूट दिवन जालें ते कांयच न्हय अशें मानून फुडले वाटेक लागतलें आसलें?

दुसऱ्याच खिणाक दिसलें कि आमी सभ्यतायेच्या आनी शिक्षणाच्या नांवान परावलंबी

जावंक लागल्यात. आमकां जोतें जाय, सत्री जाय, भांगरां जाय, वखदां जाय, एकेका मळाचेर आमी नकळटना परसुवादीन जाल्यांत. त्या मानान ती गावडी अजून स्वावलंबी आसा आनी सैमाकडलें आपलें नातें सांबाळून आसा. देखूनच तिज्या आंगांत जी 'इम्युनिटी' आयल्या, ती आमच्यांत ना.

९८

१७

धुवाळे

सुधा पयर आयलें आनी काकुळटेक येवन म्हणूंक लागलें, "मुंबय फोन करून म्हाका एक डझन अंजीर हाडून दी."

सुधा नाटकांत काम करता. म्हाका दिसलें, खंयच्याय तरी नाटकांतलो पाठ केल्लो संवाद तें म्हाका म्हणून दाखयता. हांव हांसलें आनी ताका विचाल्लें, "खंयच्या नाटकांतलें गो हें भाशण?"

सुधा गंभीर जालें आनी ताणे म्हळें, "हें तुका नाटकांतलें भाशण दिसलें? हांव खऱ्यांनी सांगतां तुका. तुका आनीक कितें लिपयतलें? म्हाका तिसरो म्हयनो चलता आनी कित्याक म्हणून कोण जाणा, अंजीर खायन दिसता. अंजिराचें नांव काडिनाफुडें तोंडाक उदक सुट्टा. खरें सांगतां तुका, हांवें आयुष्यांत एकच खेपे पुण्याक गेल्लेकडेन अंजीर खाल्लो. तो म्हाका व्हडलोसो आवडूंक नासलो. पूण आतां अंजीराचो धुवाळो लागला. कोणाक सांगूंक लेगीत लज."

हांवें म्हळें, "कांय पर्वा ना. हांव आजच फोन करून अंजीर मागयतां. ह्या दिसांनी अंजीर मेळटले."

मुंबय फोन करून हांवें बसीवयल्यान दोन डझन अंजीर मागयले. तिसऱ्या दिसा सकाळीं ते पावले आनी सुधान ते जे तरेन रुचीन खाले, तें पळयनाफुडें म्हाका दिसलें, त्या अंजीरांखातीर जो खर्च केलो तो व्यर्थ गेलो ना.

दर एके वस्तूचें मोल आसता. त्या वेळार ती मेळ्ळी जाल्यारूच ते वस्तूक मोल. मागीर तो किरकोळ खिळो आसूं, बँडएडची पट्टी आसूं, ना जाल्यार मूठभर मीठ आसूं. एक खोशी अशी आसता कि एके मैत्रिणीचो धुवाळो भागोवपाचें भाग्य म्हाका मेळ्ळें. ही खबर तिसऱ्याक सांगूंक - वेव्हाराचो जमाखर्च करतल्या दादल्यांक - चड करून समजूची ना.

केन्ना केन्नाय आमी लाचार जातात. ते लाचारीचें दुख्ख खूबच त्रासदिणें आसता. हांव मुंबय आसतना आमचे वळखीचे नव्यानच लग्न जाल्ले एके बायलेक आंबली खावपाचे धुवाळे जाले. भाद्रपद म्हयन्यांतलो पावस भायल्यान ओतता. त्या दिसांनी आंबली खंयची मेळटली? पूण ती तरी कितें करतली! तिका वेव्हार समजतालो. पुण धुवाळयांचो आनी वेव्हाराचो संबंद कितें?

हांव तांगेर पावलें तेन्ना ती बायल रडटाली आनी तिगेली मांय तिका उलयताली. म्हाका दिसलें, मांय सुनेचें झगडें जाल्लें आसतलें. म्हज्या सारक्या तिसऱ्या मनशान मदीं पडप बरें न्हय. पूण फ्लॅटांत भितर सल्ल्या उपरांत परत तरी कशें वतलें?

म्हाका पळोवन सुनेन तोंड लिपयलें आनी ती उठून बाथरूमांत गेली. मांयन कितें घडलां तें सांगलें. म्हाका सुनेची काकुळट दिसली. हांवें म्हळें, "ह्या दिसांनी आंबली मेळप कठीण हें खरें; पूण हांव प्रयत्न करून पळयतां."

टॅक्सी घेवन हांव क्रॉफर्ड मार्केटांत गेलें. मुंबयचें क्रॉफर्ड मार्केट म्हळयार अप्रूपच. थंय म्हाका एका फळवाल्यान आंबली हाडून दिवपाचें उतर दिलें. पूण एके आंबलेक पंदरा रुपया पडटले अशें सांगलें. हांव कबूल जालें. ताणे वचून डीप फ्रिजांत दवरिल्ली आंबली हाडून दिली. बर्फाचो गुळो कशी ती आंबली हांवें पंदरा रुपये दिवन घेतली. टॅक्सी घेवन परत आयलें. हून उदकांत दवरून ते आंबलेचो मूळचो रंग हाडचो पडलो. ती आंबली पळोवन ते धुवाळयाचे बायलेक जी खोशी जाली तिजो उगडास काडल्यार लेगीत एक पुण्यकार्य केल्ल्याचो आनंद आजय म्हाका मेळटा. ते बायलेन भुरग्याभाशेन आपल्या दांतांनी करकरीत चाबून म्हज्या मुखार ती आंबली खाली.

धुवाळे कोणाक कसले जायत हाजो नेम नासता. मडगांवचीच खबर. एके झोपडपट्टी भायर कालयिल्ले मातयेचे रुपयाच्या नाण्यायेदे वाटकुळे कुडके सुकत घाल्ले हांवें पळयलें. म्हाका दिसलें, पण्ट्यो करपाखातीर ती माती कालयल्ली आसतली. पूण हे कुडके तर सपाट. हांवें थंय बशिल्ले बायलेक विचाल्लें, "हें कितें सुकत घालां गे?"

ती हांसली. तिणे म्हळें, "म्हजे सुनेक धुवाळे जाल्यन- माती खावपाचे. हे कुडके सुकोवन बिस्कीटेवरी ती करता आनी च्यांत बुडोवन ती खाता."

धुवाळयांचें म्हाका अजाप दिसलें ना. पूण इतली माती एके गुरवार बायलेच्या पोटांत गेली जाल्यार भुरग्याचेर कितेंय वायट परिणाम जायत असो म्हाका दुबाव आयलो. हांवें तशें तिका सांगलें.

तेन्ना तिणें म्हळें, "कांय जायना. फाटले खेपे तिका असोच धुवाळो जाल्लो. पूण बरो गुटगुटीत चलो जल्मलो."

धुवाळयाचें शास्त्र कोणाक समजलां आसत अशें म्हाका दिसना. पूण तो एक अणभव. दर एके आवयन तो घेतला. कांय बायलो आपल्या धुवाळयांक बुद्धिचो लगाम घालून मन मारतात आसूंये. पूण ज्यानी ज्यानी धुवाळे भागयले, तांकां मात जी गोडसाण चाखूंक मेळ्ळी ती दुसऱ्याक सांगून कशी कळटली?

१८

खंत

सत्तर वर्साची म्हातारी बायल, पूण पळोवंक पन्नाशींतली दिसताली. आपल्या कापडाची कास खोवन ती जेन्ना खोरें उखलताली तेन्ना तिज्यांत मानायाचें बळ संचारतालें.

माडाच्या मुळांतली माती खणपाचें काम ती करता. एकलीच बायल सगळ्या भाटांतलो वावर करूंक आयल्या.

हांव ते वाटेन वतालें तेन्ना तिणे म्हळें, "घरांत फस्क आसतलें न्हय?"

हांवें अजापून तिजेकडेन पळयलें. हातांत खोरें घेवन ती फस्क कित्याक सोदता? हांवें म्हळें, "आसतलें. वयर वचून तुका धाडून दितां. पूण तुका फस्कशें कित्याक गे बाये?"

केंसांचो पेरायेदो आंबाडो. त्या आंबाड्याचेर हळडुव्याच फुलांची फाती. ते फातयेपोंदा लिपिल्लो विडयेचो कोन्नो. अर्द विडी ओडून तिणे ती खोयिल्ली. दाव्या हातान अचळय फाती कुशीक काडून तिणे ती अर्दी विडी भायर काडून म्हाका दाखयली आनी ती हांसली.

ती हांसली तसो तिजो तोंडाचो बोळ दिसलो. एक मदलो दांत. गोळाक लागिल्लेवरी हुमकळटालो. दुसरो एकूय दांत ना. पुराय केंस धवेफुल्ल. पूण आंगाक मिरी ना.

"धाडून दिता आं फस्क." अशें तिका सांगून हांव वचूंक लागलें. तेन्ना तिणेच म्हळें, "धाडूं नाका बाय. थोड्या वेळान हांवच येतां. इल्लें उदकय पिवंक मेळटलें."

हांव घरा परतलें आनी फस्क सोदूंक लागलें. आमच्या घरांत आमकां फस्क लागता तें देवाफुडलें निरांजन पेटोवंक. गॅस पेटयतना लेगीत आतां आमी लायटर वापरतात. ती आयली जाल्यार फस्क तयार आसचें अशें येवजून हांवें फस्क काडून पळयलें. दोनच काडयो उल्ल्यात. आमच्या घरालागीं गाडो वा पसरो ना. हांवें कामाक आशिल्ल्या भुरग्याक धाडून एक नवें फस्क हाडून घेतलें.

सुमार अर्द वरान ती आयली. दार उकतेंच आशिल्लें. दारांतच तिणे बसकण माल्ली आनी "ओ बाय" म्हणून म्हाका उलो माल्लो.

फस्क घेवनच हांव तिजेसरीं आयलें.

"आदीं इल्लें उदक दी. झेलाचें थंड आसल्यार तेंच दी." तिणे म्हळें.

फ्रिजांत एक बाटली आसली. ती बाटली आनी एक ग्लास तिज्यामुखार हांवें दवल्लो. हातान ग्लास कुशीक काडून तिणे बाटली उखल्ली आनी तोंड वयर करून शीतळ उदकाची धार आपल्या तोंडांत सोडली. गटगट करून ती बाटलीभर उदक पियेली. दाव्या मनगटान तोंड पुसलें आनी "देव बरें करूं" अशें म्हणून विडी तोंडांत धल्ली.

काडये फाटल्यान काडी तिणे पेटयली. पूण तिजे विडयेन पेट घेतलो ना. आठ - धा काडयो पेटयल्या उपरांत विडी पेटली. एक व्हड झुरको तिणे घेतलो. तोंडाचो बोळो करून दाट धुंवराचो लोट सोडलो आनी समाधानाचो लांब सुस्कार सोडून म्हळें, "वायट व्यसन तें. पूण कितें करूं? विडयेचे दोन घोट घेतले म्हणटकच जिवाक सुसेग जाता."

म्हाका तिगेले विडयेचो उग्र वास सोसना आसलो. पूण विडयेविशीं तिका उपदेश दिवपांत अर्थ नासलो.

"तुजी पिराय कितें आसतली गे?" हांवें तिका विचाल्लें.

तिणे जी जाप दिली तिचो म्हाका बोध जालो ना. तिणे म्हळें, "फिरंग्यांनी पयले खेपे सॅव्ज्य केलें त्या वर्सा हांव जाल्ली. वर्सांचो हिशोब तूंच करून पळय."

खूब वेळ तिजेकडेन उलोवन घेतकच म्हाका कळ्ळें, पयल्या संवसारीक झुजावेळार ती जल्मल्ली.

"घराकडेन कोण कोण आसा गे तुका? आनी कोणाखातीर तूं इतले पिरायेचेर वावर करता?" हांवें विचाल्लें.

"वावर केले बगर पोट कशें भरतलें? हांव जोडटां, हांव खातां. म्हाका कोण ना."

"म्हळयार गे कितें?" हांवें विचाल्लें, "भुरगीं बी आसलीं न्हय?"

"ना. बाय हांव काजारच जावंक ना मागीर भुरगीं खंयचीं?. एक भयण आसली तीय मरून गेली.

कित्याक कोण जाणा, म्हाका तिजी काकुळट दिसली. हांवें म्हळें, "तुजो संवसार तुवें केल्लो जाल्यार भुरगीं आनी नातरां जातलीं आशिल्लीं. तुका जाण्टेपणांत वावर करचो लागचो नासलो. कित्याक केलें ना तुवें लग्न?"

ती हांसली. पूण तोंडावयले उदास भाव लिपले नात.

एकदम ती उठून उबी रावली आनी तिणे म्हळें, "वतां हांव. दीस माथ्यार आयलो आनी खूबसो वावर अजून उल्ला."

वतां वतां तिणे म्हळें, "तुवें विचाल्लें देखून सांगतां. आज मेरेन कोणाक हांवें सांगलें ना. भुरगेपणात ज्याचेर हांवें मोग केलो ताणे म्हाका फटयली. देखून हांव आंकवारच रावली."

“कोण गे तो?”

“तोय मरून गेलो आनी हांव मरण येना म्हणून जियेतां.” एक खंती उद्‌गार. ताठ कण्याची ती बायल म्हजे वटच्यान फाट फिरावन सडसडीत दोन माळयो देंवली आनी कांयच घडूंक नाशिल्ले भाशेन परत माडाच्या मुळांत खणूंक लागली.

जण एकलो मनीस एक खंत घेवन जगता. हे जाण्टे म्हातारेच्या काळजांत प्रेमभंगाची खंत आसा हें कोणाक सांगल्यार लेगीत खरें दिसचें ना.

१९

सविता

कोणेतरी म्हळें, ''मिसेस सविताक तूं वळखता?''

''हय, कित्याक?'' हांवें विचाल्लें.

''तिजी मुंबय बदली जाल्या आनी कालच ती गोंय सोडून गेली. सगळी सोसायटी तिका पावोवंक स्टेशनाचेर गेल्ली.''

म्हाका अजाप दिसलें ना. सोसायटींत सविता सगळयांकच जाय आसली. एकाद्र्या धुमकेतूसारकी ती अचकीत गोंयांत आयिल्ली आनी तितल्याच अवचीतपणान ती गोंय सोडून गेल्ली.

मिसेस सविता ह्या नांवानच तिका सगळो गांव वळखता. गांवांत एक नवी सोसायटी जाल्या आनी ते सोसायटींत एक व्हडलो फ्लॅट घेवन ती रावता. सगळे सोसायटींतलो लोक तिका मानता. हांसत्या तोंडाची, सोबीत रुपाची मिसेस सविता सगळयांक वळखता आनी सगळे तिका वळखतात. कोणागेरय बारसो आसूं वा वाडदीस, ती उगडास दवरून फुलां धाडटा. अडचल्लो दारांत आयलो जाल्यार ताका सगळो आदार दिता. देखून सगळयांकच ती जाय.

तिजें आनीक एक वेगळेपण आसा. ती कोणाविशींच केन्ना वांकडें उतर उलयना. चाडयो, धवळे तिका लागनात. पूण तिका एकच खोड. कोणेय सविताबाय म्हणून उलो माल्लो जाल्यार ती म्हणटा, ''तुमी म्हाका मिसेस सविता अशेंच म्हणात.''

येदो व्हडलो फ्लॅट आनी त्या फ्लॅटांत रावपी दोन मनशां. एक मिसेस सविता आनी दुसरो तिजो चलो. चलो कॉलेजांत शिकता आनी ती खंयच्या तरी ऑफिसांत काम करता. चलो स्कूटर चलयता आनी ती मोटार. घरांत काम करपाखातीर एक जाण्टी बायल आसा. ही मिसेस सविता कोण, हिगेलें आडनांव कितें, हें कोणाकच खबर ना. सोसायटींतल्या ब्लॉकांनी रावतल्या जायत्या कुटुंबांक हांव वळखतां.

ते सोसायटींत रावतले सगळे लोक एका गांवचे न्हय वा एका प्रांतांतलेय न्हय. सगळया प्रांतांतले लोक थंय रावतात. कोण म्हण्टा, सविता ही दुसऱ्या प्रांतांतली आसूंये. पूण तिचे भाशेवयल्यान प्रांत कोण वळखुचो ना. ती पुताकडेन इंग्लीश उलयता आनी हेरांकडेन कोंकणी.

फाटल्या दिसांनी तिणे आपल्या चल्याचो वाडदीस मनयलो. कॉलेजांत शिकतल्या

चल्याचो वाडदीस मनयतना सगळे सोसायटीक तिणे आमंत्रण दिलें तेन्ना लोकांक अजाप दिसलें. कांय जाणांनी म्हळें, वाडदीस हें निमीत्त्य. सगळया सोसायटीक एक जेवण दिवपाचें थारावन तिणे वाडदीस मनयला आसतलो अशें लोक म्हण्टात. कशेंय आसना, त्या वाडदिसानिमित्त्यान सगळी सोसायटी मिसेस सवितागेर पावली. कांय जाण भेटवस्त घेवन गेले. त्यो वस्तू तिणे परत केल्यो.

मिसेस सविता कोणालेंच कांय घेना अशें सोसायटींतले लोक म्हण्टात. फाटल्या दिसांनी खूब जाणांनी तिका हळदीकुकमाक आमंत्रण दिलें. पूण ती कोणागेरच गेली ना. कोणेय हळदीकुकूम घरा धांडिल्लें जाल्यार तिणे कुकमाची पुडी दवरून घेतली आनी भेटवस्त परत धाडली. इतले बारीकसाणेची ती बायल.

वाडदिसाचो थाट वेगळोच. खंयच्च्या तरी हॉटेलाक तिणे ऑर्डर दिवन बरें जेवण दवरिल्लें. पूण तरीकय वाडदिसाचो शो नासलो. तिगेल्या चल्याचे कांय इश्ट आयले आनी उपरांत तांच्यावांगडा चलो भायर सरून गेलो. परबीं दिवंक सोदतल्यांक लेगीत तो मेळ्ळो ना.

सविताच्या चल्याच्या वाडदिसाक आमकां आमंत्रण आसलें. म्हजी तिजी वळख तोंडा देखली.

आमंत्रण आसूनय हांव पार्टेक गेलें ना. पूण सोसायटींतले लोक कितले दीस मेरेन तिगेले पार्टेविशीं उलयताले.

सगळया बायलांक मिसेस सविता म्हळयार एक कुवाडें आसलें. तिज्या घोवाक कोणेच पळोवंक ना. सोसायटींत ती रावंक आयल्यार वर्स जालें तरी एकूय दीस तो कोणाक दिश्टी पडलो ना. कोण म्हणटा, घोवान तिका सोडल्या. कांय जाण म्हण्टात तिजो घोव मिलिटरींत आसा. थोड्यांचें म्हणणे तो भायल्या देशांत काम करता आनी तिका पैशे धाडटा. पूण मिसेस सविता आपल्या घोवाविशीं कांय उलयना. कोणेय सरळ प्रस्न विचाल्लो जाल्यार हांसून वेळ मारून व्हरता. पूण प्रस्नाक जाप दिना.

एक दीस सांजच्या वेळार मिसेस सविता म्हाका मेळ्ळी. ती गाडी चलयताली. तिणे गाडी थांबयली आनी म्हाका भितर बसूंक सांगलें. हांव बसतकच विचाल्लें, "खंय वता?"

"घरा." हांवें जाप दिली.

"चल, हांव तुका पावयतां." तिणे म्हळें.

हांवें नाका म्हळें तरी ती आयकली ना. वाटेंत तिणे म्हाका विचाल्लें, "त्या दिसा तूं पार्टेक कित्याक आयलें ना?"

"हांवें एक निमत्त्य सांगलें आनी म्हळें, "त्या भायर तुजी म्हजी व्हडलीशी वळख ना. हे खातीरय म्हाका मात्सो संकोच दिसलो."

"आयले गेले बगर वळख कशी जातली?" तिणे म्हळें.

घराकडेन पावतकच हांवें मिसेस सविताक भितर आपयली. ती आयली. तिणे

म्हजी सगळी खबर विचारून घेतली.

वता आसतना तिणे म्हाका म्हळें, ‘‘एक दीस घोवाक आनी भुरग्यांक घेवनच यो.’’

‘‘येतां.’’ हांवें म्हळें, ‘‘पूण एक सांग, तुजो घोव घरा केन्ना आसता?’’

‘‘म्हाका घोवच ना.’’ तिणे जाप दिली.

हांव तिज्या तोंडाक पळयत रावलें. ही बायल विधवा काय? पूण गळयांत मंगळसूत्र आसा.

‘‘समाजांत प्रतिश्ठेन रावपाखातीर हे मंगळसूत्र बांदलां. हांव लग्न जावंक ना आनी अनाथाश्रमांतलो भुरगो पोसको घेतला. तोय बी घराक घरपण येवचें म्हणून. पूण उपकार करून हें गुपीत कोणाक सांगूं नाका.’’

सविता गेली. हांव मात इतलें गोंदळ्ळें कि म्हाका हांवें पळयिल्लें तें सपन न्हय मूं असो दुबाव आयलो.

२०

बायल

मारिया ही एक नर्स. खंयच्या तरी खाजगी हॉस्पिटलांत ती काम करता. मारियाचो घोव गोंयाभायर नोकरी करता. घरा मारियाची सासूमाय आनी तिगेलीं दोन भुरगीं. घर सांबाळपाचें काम मांय करता जाल्ल्यान मारियाक वेळार अवेळार हॉस्पिटलांत कामाक वचप अडचणीचें जायना.

मारिया एक बरी नर्स जाल्ल्यान ती हॉस्पिटलांत येतल्या वायटकारांकडेन मायेन वागता. तांकां धीर दिता आनी तांच्या घरच्या सुखां-दुख्खांची वासपूस करून तांचीं काळजां जिखता. तिगेल्या हॉस्पिटलांत जितलेय पेशंट येतात ते आपले प्रस्न, दुबाव आनी अडचणी मारियाक सांगतात आनी आपले परीन मारिया ते प्रस्न सोडयता. सगळे पेशंट तिका मान दितात. आनी हॉस्पिटला भायर खंयय ती मेळ्ळी जाल्यार मुजरत तिका जाप दितात.

फाटलीं आठ-धा वर्सां मारिया नर्स म्हणून काम करता. ह्या काळांत शेंकड्यांनी पेशंट हॉस्पिटलांत येवन गेले. ते सगळे मारियाक वळखतात. पेशंटा सांगातान हॉस्पिटलांत आयिल्ले वा राविल्ले लोकय थोडे नासतात. तेय मारियाक हटकितात. पूण पैशंटांचो आनी तांच्या सोयऱ्यांचो वा इश्टांचो आंकडो इतलो चड आसा कि त्या सगळयांक मारिया वळखना. देखून वाटेर कोणेय जाप दिली जाल्यार मारिया तांची खबर घेता. पूण तांकां वळखताच अशें न्हय.

फाटल्या आयताराक मारियाक घरा परतूंक रात जाली. एका पेशंटाचें ऑपरेशन जाल्लें आनी ताका धीर दिवचे खातीर मारिया उसरां मेरेन राविल्ली.

हॉस्पिटलाचे भायर सल्ली तेन्ना रातीचीं धा वरां जाल्लीं. मारियालें घर शाराभायर इल्लें पयस आसा. हॉस्पिटलांतल्यान ती भायर आयली तेन्ना पावस पडटालो आनी रस्त्यार उदक भरून व्हांवतालें. रस्त्यावयलो एकूय दिवो पेटना आसलो. रिक्षा घेवन घरा वचपाचें तिणे थारायलें. पूण वाटेंतल्या खंयच्याच स्टँडाचेर एकूय रिक्षा नासली.

ल्हानशी सत्री वाऱ्यान उबताली आनी वांकड्या तिकड्या पावसाच्या वावझडींनी मारियाचें आंग भिजिल्लें. रिक्षा ना, टॅक्सी ना हें पळोवन तिणे चलूनच घरा वचपाचें थारायलें. काळखी रात, तातूंत पावस. फोंडांनी भरिल्ल्या रस्त्यावयल्यान व्हांवतलें उदक. एकली बायल मनीस त्यावेळार रस्त्यावयल्यान वचूंक धजपाची न्हय. पूण

मारियाकडेन दुसरो उपाय नासलो.

एक ट्रक आयलो आनी चिखलाचें उदक मारियाच्या आंगार उडोवन गेलो.

तातुंतल्यान सांवरतासर मुखावयल्यान मोटारीची फूल लायट तिगेले दोळे दिपकावंक लागली. परत अभिषेक नाका अशें येवजून मारिया रस्त्याचे कुशीक सल्ली आनी उबी रावली. मुखावयल्यान येतली गाडी भर वेगान आयली आनी सुमार धा मीटर फुडें वचून थांबली. उरफाटे दिशेन वतली गाडी आपणाखातीर थांबिल्ली आसतली असो मारियाक दुबाव लेगीत आयलो ना. ती चलत रावली. गाडी परत सुरू जाली तेन्ना तिणे नदर घुंवडावन पळयलें. ती गाडी घुंवून तिज्या फाटल्यान येवंक लागली. कोणय तरी वळखीचो मनीस आसतलो, अशें येवजून मारिया थंयच उबी रावली. गाडी आयली, तिच्या म्हऱ्यांत थांबली. दार उक्तें जालें आनी मारिया भितर बसनाफुडें गाडी सुरू जाली.

"उपकार तुमचे" मारियान म्हळें, "काळखी रात आनी पावसाक लागून चलप कठीण जाल्लें. म्हाका घराकडेन पावयात." तिणे म्हळें.

"खंय तुजें घर?" एकल्यान विचाल्ले.

तिणे पत्तो सांगलो तेन्ना ताणे म्हळें, "आमी तेच दिशेन वतले. पूण आदीं एक ल्हानशें काम करतां. तुका वेळ जायना न्हय?"

वेळ जातलो. पूण उपकार करतल्याची अडचण वाडोवप समा जावचें ना अशें येवजून मारियान म्हळें, "आदीं तुमचें काम करात. ओगीच दोन फावटी कित्याक?"

गाडी सुरू जाली आनी मारियाक कळ्ळें कि गाडयेंतल्या लोकांची दानत शुध्द ना. सिटाचेर म्हऱ्यांत आशिल्लो मनीस तिज्या आंगाक हात घालूंक लागलो आनी पोजडी भास उलोवंक लागलो. चलते गाडयेंत काळखे रातीं, भर पावसांत आपूण नस्त्या लोकांच्या कचाट्यांत घुस्पल्यां इतलें मारियाक कळ्ळें.

मदींच एकल्यान ड्रायव्हराक गाडी थांबोवंक सांगली. गाडी थांबनाफुडें मारियान देंवपाचो यत्न केलो. पूण त्या आदींच मुखावयल्या सिटाचेर बशिल्लो दुसरो दादलो फाटल्या सिटार आयलो. आतां मारिया दोन अनवळखी दादल्यांमदीं बांदून उल्ली.

"चल, गाडी वेळेर व्हर." एकल्यान ड्रायव्हराक फर्मायलें.

गाडी नेटान धांवंक लागली. तशे दोगांचेय चाळे सुरू जाले. मारिया किळचेताली. पूण त्यो किळच्यो त्या वेळार कोणाक आयकूंक येतल्यो? सगळें बळगें वापरून ती प्रतिकार करीत रावली. जेन्ना गाडी थांबली तेन्ना एकदम ड्रायवर सकल देंवलो आनी ताणे फाटलें दार उकतें करून आदीं एका दादल्याक भायर काडलो आनी उपरांत मारियाक भायर ओडून म्हळें, "चल, धांव तुज्या घरा. हें मुखार आसा तें तुजेंच घर."

येवजूंक वेळ नासलो. कोणाचोय तरी आदार मेळटलो म्हणून मारिया धांवली आनी खऱ्यांनीच ती आपल्या घराकडेन पावली. घरांत पावनाफुडें तिणे बोवाळ करून

शेजाऱ्यांक जमयलें, पूण ती गाडी थंयच्यान गेल्ली.

दुसऱ्या दिसा तो ड्रायव्हर येवन मारियाक मेळ्ळो. ताणे रातीकडेन घडिल्ले घडणुकेखातीर मारियाची क्षमा मागली आनी म्हळें, "तुका पळयना फुडें हांव वळखलों. पूण सांबाळचे खातीर कितें करचें तें म्हाका समजलें ना."

मारियान ताजे उपकार मानले आनी म्हळें, "दादले हे सगळेच जनावरां नासतात. भयणीची लज राखूंक धांवन येवपी तुजेसारके भावय आसतात."

हो अणभव मारियान म्हाका सांगलो तेन्ना हांवें म्हळें, "तो ड्रायवर बरो म्हणून तूं बरे भशेन घरा पावली. पूण गुन्यांवकाराक ख्यास्त दिवचे खातीर त्या ड्रायव्हराच्या आदारान तुवें पोलिसांत कागाळ कित्याक केली ना?"

मारियान म्हळें, "बायलेची लज ही नाकायेदी आसता. कागाळ करून हांव म्हजें नाक कापून घेवं?"

एक सादो विचार, पूण कितलो अर्थान भरिल्लो!

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
५८

२१

कुळार

'कुळार' ह्या उतराची माया आनी ओड बायलांक जितली आसता तितली दादल्यांक 'मावोड्या' ची नासता. कुळार हें उतर कशें घडलें तें म्हाका खबर ना. पूण तें आयकनाफुडें दर एके बायलेक आपले आवयची, भांवडांची, ज्या घरांत आनी वातावरणांत सगळें भुरगेपण गेलें त्या वातावरणाची याद येता. चलयांक बापायचें अगंत्य नासता अशें न्हय; पूण कित्याक कोण जाणा, कुळार ह्या उतराकडेन आवयची प्रतिमा जोडिल्ली दिसता.

एक बायल आसा. जिका कुळारच ना. केन्नाय दुसरे बायलेन आपल्या कुळारची खबर सांगली म्हणटकच हे कुळार नाशिल्ले बायलेच्या दोळयांत दुकां येतालीं. कुळारचे यादीन येतात ती दुकां आमकां बायलांक अनवळखी न्हय. पूण ते बायलेचीं दुकां हीं खंतींतल्यान आयिल्लीं दुकां. हेर बायलांचीं दुकां हीं यादींतल्यान वा ओडींतल्यान आयिल्लीं दुकां आसतात.

नवे व्हंकलेक आशाढ फुलां माळपाचो एक गोड सुवाळो. तो एक व्हंकलेच्या कौतुकाचो दबाजो. परंपरा चलयतल्या बायलांनी हे सुवाळे जतनायेन सांबाळून दवल्ल्यात. भायर उटंगारांचो पावस पडटा. सगळी सृष्ट पाचवो शालू न्हेसून सजल्या. आनी घरांत पाचवी साडी न्हेसून लग्नाउपरांत पयलेच खेपे कुळारा आयिल्ले चलयेचीं आशाढ फुलां. वळखीच्या, शेजारच्या आनी नात्यांतल्या पांच बायलांक अगत्याचें आमंत्रण वता आनी त्यो बायलो मुजरत येतातच.

पोरूंचीच खबर. आशाढ फुलांचो आनंदाचो प्रसंग आनी एक जाण्टी सवायशीण बायल हॉलांत बशिल्लेकडेन दोळे पुसता. म्हाका दिसलें, ती व्हंकलेची आजी आसतली. आपले नातीचें कौतुक पळोवन तिचे दोळे भरून आयिल्ले आसतले. हांवें म्हज्या शेजाराक बशिल्ले बायलेक विचाल्लें, "ती बायल व्हंकलेची कोण?"

"रडटा म्हूण विचारता? कोण न्हय. तिका बाबडेक कुळार ना. दुसऱ्यो बायलो कुळारा येतात-वतात वा कुळारच्यो खबरी-यादी सांगतात, तेन्ना तिजे दोळे अशेच भरून येतात."

कुळार ना म्हळयार कितें तें म्हाका समजलें ना. झाडाबगर फूल वा फळ आसूंक नज. कुळाराबगर बायल आसूंक नज. आनी हे बायलेक कुळार ना म्हळयार कितें?

आतां ती जाण्टी आसा देखून कुळारा मायेचो मनीस कोण उरूंक नासत.

सुवाळयावयलें लक्ष उडलें आनी ते बायलेचेर थिरावलें. ती लागींच बशिल्ली देखून तिजेविशीं अदीक प्रस्न कशें विचारतलें?

फुलांचो सुवाळो जालो आनी सगळयो बायलो दुसऱ्या सालांत मेजाचेर मांडिल्ले बुफेकडेन गेल्यो. ती जाण्टेली बायल मात ल्हवूच उठून व्हारांदांत गेली आनी आपले साडयेच्या पदरान दोळे पुसूंक लागली.

तिज्या फाटल्यान हांवय व्हारांदांत गेलें.

"कितें जालें?" हांवें तिका विचाल्लें.

"कांय ना बाय." म्हजे फाटीर हात दवरून तिणे म्हळें, "व्हंकलेचें कुळारा जाल्लें कौतुक पळोवन दोळे भरून आयले. कुळार म्हळयार बायलांक केदो व्हडलो धीर न्हय?"

हांवें हय म्हणून तकली हालयली आनी तिका विचाल्लें, "तुजें कुळार खंय तर?"

"म्हाका कुळार ना." घुस्मटिल्लेभाशेन तिणे जाप दिली, "देवान सगळें दिलां. घरदार, भुरगींबाळां सगळें आसा. घोवाची माया आनी जावांचो, देरांचो धीर सगळें देवान दिलें. पूण कुळाराचें सुख म्हज्या नशिबांत ना."

हे बायलेक अदीक स्पश्टपणान कशें विचारचें तेंच म्हाका समजना जालें. तरी हांवें तिका विचाल्लें, "कुळारा कोण ना दिसता, न्हय?"

"कुळारच ना. थंय कोण आसतलो?"

"तूं कितें म्हणटा तें म्हाका समजना." हांवें म्हळें, "तुजीं आवय-बापूय, भांवडां कोणय तरी कुळारा आशिल्लीं न्हय?"

"तें भाग्य सगळयांकच खंय मेळटा? म्हजेपुरतें सांगपाचें जाल्यार हांव खंय जल्मलें, कोणागेर जल्मलें तें कांयच म्हाका खबर ना. नशीब म्हजें म्हणून म्हाका ल्हान पिरायेचेरच एका बऱ्या घरांत आसरो मेळ्ळो. मुंबयच्या एका अनाथाश्रमांत हांव आसतालें. थंयचो तो बंदिवास म्हाका सोसलो ना. आनी पिरायेच्या धा - बारा वर्साचेर आमी चार चलयो पळून गेल्यो. खंयचे तरी गाडयेंत बसलें आनी लोंढ्यार पावलें. एक बायल त्या डब्यांत आसली. ती गोंयांत येताली. तिका म्हजी काकुळट आयली आनी तिणे म्हाका आपलें थोडें जेवण दिलें. म्हजी वासपूस केली आनी हांवें तिका घडिल्ली खबर सांगली. तितले म्हणसर तिकेट चेकर आयलो आनी म्हजेकडेन तिकेट मागूंक लागलो. तो म्हाका हाताक धरून सकयल देंवयतालो, तेन्ना ते बायलेन म्हजे तिकेटीचे पैशे दिवन म्हाका आपणागेर व्हेलें आनी त्याच घरांत हांव ल्हानाचें व्हड जावन तिच्या आशिर्वादान तिगेलीच सून जालें."

थोडेभितर तिणे आपली सगळी खबर सांगून उडयली. इतले म्हणसर कोणाचें तरी लक्ष आमचेर गेलें आनी ताणी आमकां च्या घेवंक भितर आपयलीं.

तितले पुरती ती कुशीक उल्ली. सगळयो बायलो परतूंक लागल्यो. पावस पडटालो.

हांवें कोणाक तरी म्हळें, "हांगा रिक्षा मेळत?"

ते बायलेन म्हऱ्यांत येवन म्हाका सांगलें, "रिक्षा कित्याक? म्हजी गाडी आसा. हांव तुका पावयतां."

गाडयेंत बसतकच तिणे म्हळें, "मुळांत आमचे घरची परिस्थिती खूबच कठीण आसली. तुका सागंल्यार खरें दिसचें ना. हांव हांगा आयलें तेन्ना आमी झोपडपट्टेंत रावतालीं. मांय वावराक वताली आनी हांव घर सांबाळटालें. ल्हवू ल्हवू दीस बदल्ले आनी कुटुंबाचें भाग्य फळूंक लागलें. तितलेच खातीर म्हजे मांयन म्हाका लक्ष्मी मानली आनी आपली सून करून घेतली."

घराकडेन पावतकच हांव देंवलें आनी ती गेली. पूण केन्नाय म्हाका कुळारची याद येता आनी ते बायलेचें चित्र दोळयांमुखार उबें रावता. तातूंतय आशाढ फुलांची खबर आयकतकच तिची चड याद येता."

२२

सोयरे

गिमाचे दीस हे उबगणेचे दीस. मनाचो आनी देहाचो घुस्मटमार ह्या दिसांनी जाता. भायर वताचो रखरख आनी गिमाचो धग. रस्त्यार वचचें पडलें जाल्यार तकली उसळूंक लागता, आंग घामान चिप्प भिजता. पूण घरांत रावलें म्हणून थंडसाण मेळना. तातूंतय वीज बंद पडत जाल्यार जिवाक नाका पुरो जाता. ताळो सुकून येता आनी थंड उदकां वा हेर तरेचीं पेयां परत परत पियेवन पोट भल्लें तरी ताळो सुकोच उरता. भूक लागना, जेवणाची वान्साच उडून वता.

असल्या वेळार दिसता, खंयतरी पयसुल्ल्या गांवांत वचचें आनी निर्मळ उदकाच्या न्हंयच्या पात्रांत बुडून रावचें. नाजाल्यार खंयच्या तरी घोग्याचेर वचून मस्तकाचेर उदकाची धार घेवची. पूण संवसारी बायलेक असलें स्वातंत्र्य नासता. नित्य नेमाचें काम चुकना. घरच्या कामाची उबगण नासता. पूण जेन्ना भोंवतणचें वातावरणच कुंद आसता तेन्ना कित्याचेरच चित्त थीर जायना.

अशे परिस्थितींत जर घरांत सोयरे आयले जाल्यार घुस्मटमार कितलो वाडटा हें हांवें वेगळें सांगपाची गरज ना. सोयरे हें उतर हांवें नात्यांतले लोक ह्या अर्थान वापरूंक ना. मराठींत ज्यांकां 'पाहुणे' म्हण्टात ते जेन्ना अचकीत येतात, तेन्ना जी कुचमण जाता ती जाची ताणे अणभवपाची.

तशें म्हाका घरांत सोयरे आनी मैत्रिणी आयिल्ल्यो आवडटात. तांच्या सांगातान पोरन्यो याद़ी चघळीत वेळ बरेतरेन वता. नाय जाल्यार एकामेकागेर आयले गेले बगर इश्टागत वाडना. तश्यो म्हाका मैत्रिणी खूब. सगळ्यांचीं लग्नां जाल्यांत. त्यो मैत्रिणी गोंयांत पावल्यो जाल्यार मुजरत आमगेर येतात आनी चार दीस रावतात. मैत्रीण म्हळी म्हणटकच अगत्य वेगळें. पूण कांय मैत्रिणी अश्यो आसतात, ज्यो आपणाक घेवन गोंय दाखोवंक भोंवचें अशी अपेक्षा करतात, तेन्ना मात खऱ्यो अडचणी येतात. तातूंतय जेन्ना गिमाच्या दिसांनी असले सोयरे येतात, तेन्ना अडचण वाडटा.

फाटल्या सप्तकांत म्हाका एक फोन आयलो. सकाळचें बाजारांत वचूंक भायर सरतालें तितले म्हणसर फोन. "राव येतां." म्हणून सांगपाची संद फोन दिना. हातांतलें काम तशेंच सोडून फोन घेवंक वचचें पडटा. फोनाचेर एके बायलेचो आवाज. हिन्दी उलयताली. हांव तिका वळखना आनी तीय वळख दाखोवचे परस आमगेर रावंक

येतली अशें सांगता.

"खंयच्याच हॉटेलांत जागो मेळना म्हणून तुका त्रास दितां." काकुळटेक येवन तिणे म्हळें, "आमी फकत दोन दीस उरतलीं. उपकार कर. नाका म्हणूं नाका."

फट उलोवप म्हाका जमना आनी आमगेर येता म्हणटल्या मनशाक येवं नाका अशें कशें सांगतलें? तरीकय अनवळखी मनशाक कशें आपोवपाचें?

हांवें तिका म्हळें, "तुका हांव वळखना. म्हजो फोन नंबर तुका कोणे दिलो?"

मुंबय रावतले म्हजे एके मैत्रिणीचें तिणे नांव घेतलें. ते आयकनाफुडें हांवें तिका आमगेर येवंक सांगलें.

थोड्या वेळान दारांत रिक्षा थांबली. ती, तिगेलो घोव आनी दोन भुरगीं रिक्षांतल्यान देंवलीं. घरांत भितर सरनाफुडें हॉटेलांत आयिल्ले भाशेन ताणी ऑर्डरी दिवंक सुरुवात केली. पयलीं कोल्ड ड्रींक मागलें. उपरांत आपल्या जेवणाच्यो गरजो सांगल्यो. परत वचपाचें रिझर्वेशन मेळोवन दिवंक जाय अशेंय सुचयलें. घरभर बोवाळ. कोण कोणाचो हें खबर नासतनाय म्हाका तो मोन्यानी सोंसचो पडलो.

म्हाका ओगीच येवजलें. हिजी वळख तरी सारकी करून घेवया. जे मैत्रिणीचें तिणे नांव घेतिल्लें तिगेली ही कोण? हांवें तशें तिका विचाल्लें.

ती गडबडली. तिणे म्हळें, "म्हजी एक मैत्रीण आसा. ती तुगेले मैत्रिणीची मैत्रीण. सामकी जिवाभावाची."

बायल हिन्दी उलयताली. पूण घोवाकडेन कसली तरी दुसरी भास उलयताली. चड करून कच्छी वा मारवाडी आसूंये.

सांजवेळ जातासर तांची सोय करतां करतां हांव कासावीस जालें. भुरग्यांनीच न्हय, तर तांगेल्या आवय-बापायन लेगीत पुराय घराचो ताबो घेतलो आनी मेळत ते वस्तूक हात लावन घरांत सगलो गोंदळ करून उडयलो.

गोंयच्यो तोखणायो करतात. पूण हॉटेलांत जागो मेळना हें पालुपद चालूच आसलें. उलयतां, उलयतां तांकां हांवें गोंय भोंवडावन दाखोवचें ही सुचोवणी परत परत ती करताली.

निमाणेकडेन वैतागून हांवें विचाल्लें, "तुमची हॉटेलांत वेवस्था केली जाल्यार तुमकां बऱ्याक पडटलें न्हय?"

"हय तर. पूण हॉटेलांत जागोच ना. तुका मेळटा जाल्यार पळय." तिणे म्हळें.

हीच संद बरी अशें येवजून हांवें आमच्या कुटुंबाच्या एका वळखीच्या मनशाक फोन करून ताका एक बरेंशें हॉटेल पळोवंक सांगलें. आनी जेन्ना अर्द वरा भितर ताणे हॉटेलांत रूम बुक केल्ल्याची खबर दिली तेन्ना हांवें ते बायलेक म्हळें, "आतां तुमी हॉटेलांत वचात. फाल्यां तुमकां गोंय दाखोवपाची वेवस्था हांव करतां."

तिचें तोंड पळोवपासारकें जालें. पूण तिका येवजूंक उसरपत दिना आसतना हांवें रिक्षा मागोवन घेतली आनी तांची रवानगी हॉटेलांत केली.

तेच रातीकडेन हांवें पर्यटन खात्याचे बसीच्यो गोंय भोंवडेच्यो चार तिकेटी काडून तांकां पावत्यो केल्यो. तिकेटी घेवन तिणे म्हळें, ''तुमच्या घराकडेन कितलें विस्कळ न्हय? हांगा ल्हानशे कुडींत खूबच गर्दी जाता.''

ती कितें सुचयताली तें म्हाका समजतालें. त्या वेळार निगरगट्ट जावन हांव निखटें हांसलें.

तीं केन्ना परत गेलीं तें मात ताणी कळयलें लेगीत ना.

२३

नटी

नाटकांत काम करता तिका नटी म्हणटात. पूण एकाद्रे चलयेक जल्माचें नांव नटी अशें दवरिल्लें आसत जाल्यार तुमकां खरे दिसत?

नटी ही एक चली न्हय, बायलच. सुमार चाळीशेक वर्सांची ती बायल, आनी तिगेर दोन भुरगींय आसात. दोनय भुरग्यांक घेवन ही बायल मडगांवच्या फेस्ताक आयिल्ली. हांव एकेकडेन मातयेचे व्हाज पळयतालें. दोनय भुरग्यांक घेवन ती बायल थंय उबी आसली. तिगेलें व्हडलें चली तेरा-चौदा वर्सांचें आसतलें. धाकलो चलो सात आठ वर्सांचो आसतलो. खुबशो मातयेच्यो वस्तू मांडून दवरिल्ल्यो आसात. ल्हान व्हड मिलेर, कुळणी, तुळशी, उदकांची गुलगुलेतां. ल्हान ल्हान रांदनी, भुरग्यांच्या खेळांतली बावली, फाटले वाटेन व्हडलीं कदीं, भाणां, तरेकवार वस्तू. चली ओगी आसली. चलो एक एक वस्त आवयक दाखयतालो. आवय ते वस्तूचें मोल विचारून घेताली.

'हे कितें गे नटी?' खूब वेळान चली उलयली, 'तूं सगळया वस्तूंचें मोल विचारता, पूण एकूय वस्तू घेना.'

म्हाका नटी हें उतर खटकलें, दिसलें, म्हजी आयकुपांत कितेंय चूक जाल्या.

आवयन चलयेक समजायत म्हळें,'आज आमी फकत वस्तू पळोवन वचूंया. फाल्यां पप्पा येतलो तेन्ना सगळयो घेवया.'

'फाल्यांमेरेन ह्यो वस्तू उरतल्यो?' चलयेन दुबाव उक्तायत कागाळ केली.

'ना उरूंक कितें जालां?.' आवयन म्हळें. 'चार दीस फेस्त चलतलें.'

हांव व्हाज मोलायतासर पावसाची दडक आयली. धांवत लागशिल्ल्या दुकानाच्या पाखेतीपोंदा हांव गेलें. ती आवय आनी भुरगीं लेगीत थंय आयलीं.

म्हजेकडेन तशी सत्री आसली. तरी पावसाची दडक मोठी आयिल्ल्यान हांव राविल्लें.

'केन्ना थांबतलो गे पावस नटी?' आतां चल्यान तिका परत नटी म्हळें.

नटी हें उतर आयकून म्हाका अजाप जालें. पळोवंक ती भुरग्यांची आवय दिसताली. आवयक भुरगीं नटी कित्याक म्हणटात?

हांव तिका पळयतां हें तिज्या लक्षांत गेलें आनी ती हांसली. उलयतां, उलयतां वळख जाली. तिणे म्हळें, 'भुरगीं जीव खावंक लागलीं म्हणून फेस्ताक घेवन आयलें.

आतां पावस थांबसर हांगाच रावचें पडटलें.'

'एक विचारतां म्हणून रागार जावं नाका आं' हांवें म्हळें, 'हीं भुरगी तुका कितें म्हणून उलो मारतात?'

पाना चाबून तांबडे जाल्ले दांत दाखयत ती हांसली, 'म्हाकाच लज दिसता. तीं म्हाका नटी म्हणटात.'

म्हाका दिशिल्लें अजाप हांवें लिपयलें आनी हांसून म्हळें, 'तातूंत कितें आसा?'

'तशें नटी हें म्हजें कुळारचें नांव. तेंय विचित्र. हांव जल्माक आयलें तेन्ना म्हजो बापूय भायल्या देशांत आसलो. तो येयसर बारसो जालोच ना. तो मेरेन म्हाका बाय, चली असल्या नांवान घरचीं उलो मारतालीं. बापूय आयलो तेन्ना हांव दोन वर्सांचें आसलें. बारशाची तयारी घरांत चलताली. म्हाका दवरचे खातीर खुबशीं नावां सोदून काडिल्लीं. हांव खेळत खेळत हारशामुखार गेलें आनी तोंडाक गंध, काजळ, पावडर फासून बसलें. म्हगेलो तो अवतार पळोवन आवय हांसूंक लागली. आनी तिणे बाबाक आपोवन म्हळें, ही नटी पळय. बाबाय हांसूंक लागलो. आनी ताका कितें येवजलें कोण जाणा! ताणे म्हाका नटी हेंच नांव दवल्लें'.

जे तरेन तिका नटी हें नांव पडलें तें आयकून म्हाका मजाच दिसली. आनी हांवें विचाल्लें, 'तुवें केन्ना नाटकांत बी काम केलां तर?'

'ना बाये, नाटक खंयचें, आमच्या घरांत चलयेन पावडर लायल्यार तिका नटी म्हणटालीं. ते खातीर म्हाका तें नांव पडलें. पूण नाटकाचो आनी म्हजो संबंद तसो केन्नाच आयलो ना.'

'मागीर भुरगींय नटी कित्याक म्हणूंक लागलीं?'

'लग्न जातकच घोवानय नांव बदल्लें ना. आनी तो 'नटी, नटी' म्हणून म्हाका उलो मारतालो. तें आयकून भुरगींय म्हाका त्याच नांवान उलो मारूंक लागलीं. लोकांमुखार केन्ना केन्नाय लज दिसता. पूण करूं कितें?'

म्हाका सगळी खबर आयकून मजाच दिसली. आनी हांवें तिका म्हळें, 'जावं गे, तोंडाक रंग लावन स्टेजीर चडले बगर तूं नटी जाली. नटी म्हणून कितें वायट नासता. आनी त्या भायर नांवांत कितें आसता!'

''म्हाका नांवाची लज दिसना. पूण लोक मात अशें मानता कि नटी म्हणटात ती सगळीच नाटकी उरता आनी तिका चारित्र्य नासता. तितले पुरतीच लज. हरशीं नांवांत कितें आसा?''

म्हाका शेक्सपियराच्या वचनाचो उगडास जालो. ताणेच म्हळां कि नांवांत कांय नासता. गुलाबाक दुसरें खंयचेंय नांव दिलें तरी ताजो वास बदलपाचो ना. पूण शेक्सपियराक बाबड्याक खंय खबर कि एक एका नांवाकडेन चारित्र्यय जोडिल्लें उरता. देखनूच रावण, शकुनी, दुर्योधन ह्या नांवाचो अर्थ कितलोय बरो आसलो तरी कोणूच तीं आपल्या भुरग्यांक दवरीनात.

२४

लग्नाच्या हॉलांत

लग्नाचो सीजन गिमांतच कित्याक येता, असो म्हाका सदांच प्रस्न पडटा. हांव जाणां, हिन्दू समाजांतलीं जीं लग्नां वैदीक पध्दतीन जातात, तीं म्हूर्त पळोवन थारायिल्लीं आसतात. असो म्हूर्त आमंत्रितांखातीर वा न्हवरेकारांक, ना जाल्यार व्हकलकारांक कितलोय अडचणीचो आसलो तरी ताका उपाय नासता. म्हूर्त पंचागांत आसल्यारच पुरो न्हय. त्या दिसा लग्नाचो हॉल रिकामो आसप हीय एक गरजेची गजाल. पंचांगांत म्हूर्त आसलो आनी त्या दिसा हॉल रिकामो नासलो जाल्यार पंचांगांतलो म्हूर्त कितलोय बरो आसूं, नाशिल्लेसारकोच जाता.

पंचांगांतले म्हूर्त फकत गिमांतच आसतात अशें न्हय. हेर दिसांनी ते आसतात आनी लग्नांय जातात. पूण लग्न म्हळयार एक मोठें दिव्य आसता. न्हवरो आनी व्हंकल हांचेखातीर खंयचो दीस बरो इतलो विचार करून काम भागना. न्हवऱ्याली भयण ना जाल्यार व्हंकलेचो भाव खंयतरी भायल्या गांवांत वा भायल्या देशांत आसता. ताका येवंक मेळत असो म्हूर्त सोदचो पडटा. भुरग्यांल्यो परीक्षा हो आयच्या युगांतलो एक गंभीर विशय जावन बसला. प्राथमीक शाळेंत शिकपी भुरगें आसूं, ना जाल्यार कॉलेजांत, तांची जेन्ना परीक्षा जाता तेन्ना तांच्या सांगातान तांगेले आवयबापूय लेगीत परिक्षेक बशिल्ले भाशेन तयारी करतात. पंचांगांतलो म्हूर्त एका वेळार बदलप सोपो, पूण हॉल आनी सगळयांच्यो सोयी हांचो मेळ बसोवप मोठें कठीण काम. अशे तरेन सगळया प्रस्नांचो विचार करून लग्न घडोवन हाडटलो जाल्यार तें एप्रि - मे म्हयन्यातच दवरचें पडटा. देखूनच घडये चडशीं लग्नां गिमाच्या दिसांनी जातात.

गिमाच्या दिसांनी लग्नां जालीं म्हणून हांवें कागाळ करपाचें कारण ना. ज्याका ज्या लग्नाचें अगत्य आसता तो कितल्योय अडचणी सोसून त्या लग्नाक वतलो. आनी ज्याका अगत्य नासता तो अडचणींचो पाडो वाचीत बसतलो.

गिमाच्या दिसांनी दनपारच्या वेळार एकाद्र्या हॉलांत लग्नाक वचून पळयात. भायर वताचो रखरख. भितर दादले, बायलो आनी भुरगीं हांची गर्दी. भरीक तांचो कुलकुलाट. त्या भायर खासा लग्नाखातीर हाडिल्ले वाजंत्री ना जाल्यार बँड. हॉलांत भितर वतकच एका हातांत अक्षता घेवन मेळत त्या कदेलाचेर बसून घेनाफुडें दिसूंक लागता, आंगार रस्मी कपडे नाशिल्ले जाल्यार बरें जावपाचें. हॉलांतल्या गुजगुजाक लागून सगळें आंग

घामान भिजता आनी आंगावयलीं वस्त्रां चिप्प बसतात. तेय अवस्थेंत एकाद्रो दादलो वूलन सूट आनी टाय मारून घामाघूम अवस्थेंत बशिल्लो जेन्ना दिसता, नाजाल्यार एकाद्री बायल भरजरी शालू न्हेसून आंगाचेर केंसांपासून पावलामेरेन रिकामो जागो उरता थंय भांगराच्यो वस्ती घाल्ली दिश्टी पडटा, तेन्ना म्हाका घुस्मटिल्लेवरी जाता. साद्या वस्त्रांनी जर म्हाका इतलो उजो जाता, तर तांची बाबड्यांची स्थिती कितें जाता काय, हें येवजूनच हांव कासावीस जातां.

मंगलाश्टकां सुरू जातात आनी एक एक कडवें पूर्ण जातकच जेन्ना 'कुर्यात सदा मंगलम्' अशें भट म्हणटा, तेन्ना हॉलांतले निमाणे रांगेत बशिल्ल्या मनशांसयत सगळे लोक बशिल्ले थंयच्यानच स्टेजीचेर अक्षता शेंवटीतात. ह्यो अक्षता न्हवऱ्या व्हंकलेमेरेन पावचनात. त्यो आमंत्रितांचेर पडटात. पूण ताजी तांकां पर्वा नासता. आपलें कर्तव्य आपणे केलें अशे भावनेन ते वागतात.

मंगलाश्टकां सोंपून स्टेजीचेर न्हवरो आनी व्हंकल एकामेकांच्या गळयांत माळो घालतात आनी मागीर आशिर्वादाचो स्विकार करूंक कदेलांच्या रांगांमदल्यान वतात तेन्नाय परत अक्षतांचो शिंवर जाता. थोड्यो तांच्या माथ्यार पडटात. चडश्यो लोकांच्या आंगार. म्हाका ओगीच प्रस्न पडटा. अश्यो कितल्योशो अक्षता घेवन बसतात काय हे लोक!

मागीर थोडो वेळ प्रतिक्षा. बुफे आसत जाल्यार मेजाभोंवतणी गर्दी. न्हवऱ्या व्हंकलेक हात दिवपाचो शिश्टाचार. कोणीय वळखीचो मेळ्ळो जाल्यार फोटे काडपाचो आग्रो. हें सगळें करून भायर येतासर एका दिव्यांतल्यान पसार जाल्ल्याचो आनंद मेळटा. खीणभर भितल्ल्या गुजगुजापरस भायलो रखरख सुसह्य दिसता.

लग्न, जिणेंतलो एक सगळयांपरस म्हत्वाचो असो मंगल खीण. तोय एक थारायिल्ले चाकोरींतलो उपचार जावन बसला. आमच्यांतलें रसीकपण मरूंक लागलां आनी आमी उपचाराचीं रुपडीं तोंडार चडोवन समाजांत वावुरतात, हें लग्नाच्या माटवांत तरी दिश्टी पडले बगर रावना.

२५

देवाचो संदेश

एक इंग्लीश कविता केन्नातरी वाचिल्ली. त्यावेळार म्हाका ती आवडिल्ली. त्या उपरांत ती कविता हांव विसरून लेगीत गेल्लें.

फाटल्या दिसांनी एके मैत्रिणीगेर गेल्लेकडेन तिणे आपले कुडीचे वण्टीचेर जो स्टीकर लायिल्लो त्या स्टिकराचेर ते कवितेंतल्यो दोन ओळी आशिल्ल्यो. त्या ओळींचो अर्थ असोः

"हांसो संदेश देवाचो
सद्दां सकाळीं जो हांसता
दुख्खाची न्हंय तो हुपता."

हांव मैत्रिणीक कित्याक मेळूंक गेल्लें हें आदीं सांगूंक जाय. ती बाबडी अडचणेंत पडल्या. तिगेलो ल्हान चलो बरो ना आनी तिणे शीत वाळटा आसतना सळसळतें तन्न पांयांर रकोवन घेवन सध्या न्हिदून आसा. एके खाटेचेर चलो, दुसरे खाटेचेर आवय. घरांत मदल्या वेळार कोणच उरना. तिगेलो घोव आपणाच्यान जाता तितलें काम करता आनी ऑफिसाक वता. घोव नासतना कोणेय बेल वाजयली जाल्यार दार काडपाची अडचण. लॉकाची एक चावी तिणे शेजान्नीगेर दवल्ल्या आनी ती शेजान्न आसतना अडचण जायना. घरचें काम करूंक बायल थोड्या वेळाखातीर येता आनी वता. तीच कितेंतरी शिजयता तें घोव-बायल आनी चलो खातात.

असलें संकट कोणाचेरय आयलें जाल्यार तो मनीस कितलो कश्टी आसूं येता हाजी कल्पना केल्ली बरी. म्हाका जेन्ना मैत्रिणीची खबर कळ्ळी तेन्ना म्हजें काळीज चुरचुरलें. अशें म्हणटात कि संकटां एकोडीं येनात. तीं राशींनी एका सांगातान येतात. जो भोगता ताका कळटा. दुसऱ्यान सहानुभूती दाखोवप हो समाजीक धर्म अशें आमी मानलें तरी ते सुके सहानुभूतीचो अडचल्ल्याक कसलोच आदार-उपेग नासता. केन्नाकेन्नाय ही सहानुभूती दुख्खाच्या चवनावयली खवळी निखळायता आनी ती उक्तायतल्याक दिसूंक लागता, आपूण करूंक गेलें कितें आनी जालें कितें!

मैत्रिणीगेर वतना हांव कश्टी मनान गेल्लें. बाबडी म्हाका पळोवन आनिकय कश्टी जायत म्हणपाचो हुस्को आसलो. दारावयली बेल वाजयली आनी शेजान्नीन दार उक्तें केलें. म्हाका पळोवन म्हळें, "तूं थोडो वेळ बसतलें न्हय? हांव मात्शी वचून येतां."

हांवें तिका हय म्हळें पूण तिगेलें उलोवप म्हाका विचित्र दिसलें. आवय आनी पूत हालुणार न्हिदल्यांत आनी मैत्रिणीचो घोव ऑफिसाक गेला, देखून चडसो वेळ शेजाऱ्न थंय रावता आनी कोणीय वळखीचो येतकच आपल्या घरा वता, हें उपरांत म्हाका कळ्ळें.

हांव मैत्रिणीसरीं पावलें आनी तिणे हांसून म्हजें स्वागत केलें. "सध्या हांव सुख भोगतां. म्हजो हरि म्हाका खाटल्याचेरच दिता. पूण हें सुख चड दीस भोगूंक मेळचें ना. पांयांचे हुलप आतां थांबल्यात.'

ती फकाणांनी उलयता काय दुख्ख रडपाची ती एक तरा हें म्हाका समजना जालें. हांवें तिगेल्या चल्याची खबर घेतली. तेन्ना मैत्रिणीन म्हळें, "मनीस आसा थंय बारीक सारीक तक्रारी आसतल्योच. व्हडलें कांय न्हय. ताका जोर येतालो, आतां सुमार आसा. बोलतां-चलतां जातलो बरो."

हांव तिजे खाटीसरीं कदेलाचेर बसलें. तेन्ना तिणे उशाकडलें एक पुस्तक काडून म्हाका दिलें आनी म्हळें. "आयज हें पुस्तक वाचून सोपयलें. सुंदर पुस्तक. तूं मुजरत वाच. पाना कणकणी तुका हांसूंक आयले बगर रावचें ना."

आनी ती त्या पुस्तकांतले विनोदी प्रसंग सांगून आपूण हांसूंक लागली आनी म्हाकाय हांसोवंक लागली. जशें काय हांव तिजे खबरेक वचूंक नासली. आमी खंय पिकनिकेक गेल्यांत आनी हांसून खेळून वेळ सारतात असो म्हाका भास जालो.

इतले म्हणसर म्हजी नदर त्या स्टिकराचेर गेली. आनी म्हाका त्या स्टिकरावयल्या संदेशाचो अर्थ होलमलो. स्टिकर खूब लोक आपल्या घराकडेन लायतात. पूण तांचो संदेश आपले जिणेंत उतरावन घेवपाची कला सगळयांकच सादना.

त्या दिसा घरा येतना ते इंग्लीश कवितेच्यो ओळी म्हज्या मनांत घुंवताल्यो. जीण म्हळयार सुख-दुख्खाचो खेळ. दुख्खांतय सुखी रावप म्हळयारच तें दुख्ख सोंपेपणान कुशीक सारप, हो तो संदेश. दुख्ख आमी आपोवन हाडिनात. तें आपसूक येता. आमकां नाका जालें म्हणून तें वचना. अशे परिस्थितींत दुख्खाकय हांसून तोंड दिवप होच एक मार्ग शाणेपणाचो. दुख्खान शरीर घेरलें तरी आपल्या मनाक दुख्खाचो स्पर्श जावंक दिवप ना ही एक व्हडली सिध्दी. दुख्खाची न्हंय हुपचे खातीर तोच उपाय.

देवान मनशाक जशी भास दिल्या तशी हांसपाची कलाय दिल्या. दुसऱ्या खंयच्याच जिवाक हांसूंक येना. देवान दिल्ले हे देणगेचो जो उपेग करता, तोच सुखी जीण जगूंक पावता.

२६

फळ

गितेंतलो एक श्लोक सगळयांच्याच तोंडात घोळटा. शाळेच्या समारंभाक एक वक्तो आयलो आनी ताणेय तो घोळून घोळून गुळगुळीत जाल्लो श्लोक अशुध्द उच्चारणासयत म्हळो आनी अर्थ सांगलो, "तूं काम कर, फळ मागूं नाका. देवान हेंच सांगलां."

शाळेचो समारंभ सोंपोवन घरा येतना हांव चलयेवांगडा बाजारांत गेलें आनी थोडीं फळां घेतलीं.

"मम्मा, तूं फळां घेता. देवाक राग येवचो ना?" चलयेन म्हाका विचाल्लें.

मदींच हें कितें उलयता तें म्हाका समजलें ना. हांवें तिजेर धेंगसो घालो. चली ओगी रावली.

घरा येतकच म्हाका त्याच प्रसंगाचो उगडास जालो आनी हांवें चलयेक विचाल्लें, "फळां घेतल्यार देवाक वायट दिसतलें अशें कित्याक म्हणिल्लें गो तुवें?"

तेन्ना चलयेन त्या वक्त्याल्या भाशणांतलीं तीं वाक्यां म्हाका सांगलीं.

म्हाका खूब हांसूंक आयलें. पूण चलयेक गितेंतल्या त्या श्लोकाचो अर्थ कसो समजावचो तें म्हाका कळना जालें.

फळाची एक फोड चलयेच्या हातांत दवल्ली जाल्यार चली ती घेवंक कबूल जायना. हांवें म्हळें, "भाशणांत फळ मागूं नाका म्हणून सांगलां, तें खावचेलें फळ न्हय. फळ खाल्यार देवाक वायट दिसना. खा तूं."

ल्हान भुरग्यांचेर जो संस्कार जाता तो खूबच घट उरता. भुरग्याचो आवयचेर विस्वास नासता अशें न्हय. पूण शाळेंत जें कितें तीं शिकतात तेंच खरें अशें तीं मानतात.

चलयेन फळ खालें तरी दुबावान म्हजेकडेन पळयलें. म्हाका फळां खूब आवडटात. त्या त्या दिसांनी तें तें फळ हांव मुजरत घरांत हाडून खातां. आमलेचें तोर आनी काण्णापसून आंबो, केळें आनी पोपायेमेरेन सगल्या तरांचीं फळां म्हाका आवडटात. दर एका फळाची गोडी वेगळी आनी सोबाय वेगळी.

फळां हीं झाडाक जातात. तांकां फळ हें नांव कित्याक आनी कोणे दिलें आसत काय?

हांवें ओगीच शब्दकोश उकतो केलो. फळाक इंग्लीशींत फ्रूट म्हणटात. श्रमाचें

फळ, भाग्याचें फळ असलीं उतरां सगळया भासांनी घोळटात. फळ म्हळयार कितें? जें ल्हवू ल्हवू करून पिकून तयार जाता तें फळ.

आमी जमनीत बीं रोयतात. जमीन वतांत तापून तयार जाल्ली आसता. ते मातयेंत आशिल्ल्यो किडी, मुयो वताचे तापेन मरून वतात. तेन्नाच भूंयच्या कुसव्यांत बी रुजता. बियेक उदक, वारें वत जाय आसता. तेन्ना बी किल्लता. बियेक आंकरी फुट्टा, आंकरेचो रोपो जाता, रोप्याचें झाड, झाडांक फुलां येतात आनी मागीरच फळ लागता. हरवें फळ तोडलें जाल्यार तें सुकता वा कुसता. फळ जून जायसर झाडारच उरचें पडटा. ह्या सगळया अवस्थांनी वता आसतना फळाचो रंग बदलता, आकार आनी रूप बदलता. भाताची ल्हाय जावची तशी ती प्रक्रिया. दिखाचें म्होंव जाता. तोरटपण वचून आमसाण येता आनी आमसाण वचून गोडसाण येता. अशेभशेन पिकिल्लें फळ हें सदांच घमघमीत वासाचें, मन भुलोवपी रंगाचें म्होंवाचे गोडसाणेचें, रूप वाडोवपी आनी बलायकेक बऱ्याचें आसता. म्हणूनच ताका फळ म्हणटात. झाडाची बी रोवपा फाटलो हेतू बरें फळ मेळचें हो आसता. म्हाका गितेंतलो कर्मयोग समजना. पूण फळाची अपेक्षा मनशान करूंक नासती जाल्यार तो झाडांच रोवपाचो न्हय.

भुरगो शाळेंत वता. आपलें जिवीत फुलचें, फळचें म्हणून मजूर कश्टता तो गोमटें फळ मेळचें म्हणून. फळ म्हळयार कश्टांचो परिहार. फळाक पळयतकच सगळे कश्ट मनीस विसरता आनी जिणेंतली अप्रूप कृतार्थताय अणभवता.

म्हजी एक मैत्रीण आसा. हालींच ती बाळांत जाल्या. णव म्हयने तिणे खूब त्रास काडले. जण एके आवयक त्रास काडचेच पडटात. पूण तिगेले त्रास वेगळे. त्रासांनी ती इतली कश्टताली कि केन्ना केन्नाय म्हाका म्हणटाली, ''म्हाका भुरगें जाय. पूण हे त्रास सोंसूंक नज. असले त्रास सोंसचे परस वांझ बायलेचें दुख्ख हांव जगन.''

तिगेले वितराग समजुपासारके आसले. हांव तिका धीर दितालें.

बाळांत जातकच हांव तिका मेळूंक गेलें. तेन्ना ती हांसली. जायत्या म्हयन्या उपरांत तिज्या तोंडार गोड हांसो पळोवंक मेळटालो. तिणे म्हळें, ''सगळे कश्ट भुरग्याचें तोंड पळयलें त्या खिणाक न्हिवले. इतलें बरें फळ मेळटा देखूनच काडिल्ल्या कश्टांचें सार्थक जाता.''

फळ हें खऱ्यांनीच कश्टाचें सार्थक आसता. ताजी अपेक्षा धल्ली ना जाल्यार कोण कश्ट सोसतलो? देवाचेर म्हजो विस्वास. गितेविशीं म्हज्या मनांत खूब आदर. म्हाका गीता समजना हें खरें. तरीकय म्हाका दिसता कि गीतेंत श्रीकृष्णान एक चूक केल्या. घडये ती गितेचो अर्थ लायतल्या विद्वानांनी केल्ली आसत. फळाची अपेक्षा करी नासतना कर्म करूंक सांगप हें सारकें न्हय.

२७

दोश नदरेचो

जॉर्ज बर्नार्ड शॉ हांगेल्या 'पिग्मेलियन' ह्या नाटकाचो हिरो प्रो. हिगिन्स ह्या पात्राच्या तोंडांत शॉन एक वाक्य घालां - "व्हाय कांन्ट अ वूमन बी मोअर लाईक अ मॅन?"

जीणभर भास आनी उच्चारशास्त्राचो अभ्यास करीत आयिल्ल्या विद्वान प्रोफेसराक फुलकान्न एलिझा डुलिटल हिगेली वागणूक समजना. प्रोफेसर आपल्या इश्टाक सांगता, एक खेंप तुवें एके बायलेक तुजे जिणेंत येवंक दिली म्हणटकच सगळेंच बदलता.

शॉन एक सनातन सत्य ह्या संवादांत उक्तायलां. जिणेची गती जशी वाडटा तशी सर्त सुरू जाता आनी हे सर्तींत शिकिल्ले बायलेक जी तडजोड करची पडटा ती कटकटीची आसता.

खंयच्याय ऑफिसांत वचून आमी पळयलें जाल्यार थंय बायलो दादल्या सांगतान काम करतना दिश्टी पडटात. पूण नोकरी करपी बायलांमदल्या आंकवार बायलांचे प्रस्न वेगळे आनी लग्न जाल्ल्या बायलांचे प्रस्न वेगळे. लग्न जाल्ल्या बायलांच्या मनाचेर ऑफिसांत हाजीर नाशिल्ल्या घोवाचो ताण सदांच उरता. तिगेल्या गळयांत मंगळसूत्र आसूं वा नासूं घोवाल्या बंधनाचें दावें तिका पावला कणकणी जाणवता. एके भशेन लग्न जाल्ले बायलेन आपलें वेगळें व्यक्तिमत्व विसरून घोवाल्या व्यक्तिमत्वाची सांवळी जावन जगचें पडटा.

खंयचेतरी एके कथेंत घोवाले जबरदस्तीक उबगून एक बायल आपली बॅग भरता आनी इतले म्हणसर तिका येवजता, आपूण गेली जाल्यार घोवाचें कशें जातलें? ताका च्या कोण दितलो? कपडे काडून कोण दितलो? तो खंय जेवतलो?.... आनी ती भरिल्लें बॅग रिकामी करता.

अर्विल्ली बायल शिकली आनी जोडूंक लागली तरी अजून ताठ कण्यान उबी रावना. तिका घोवाचो, घराचो आदार जाय आसता. त्या खातीर ती सगळे तरेचे अन्याय मोन्यानी सोंसता.

'सॅवी' ह्या इंग्लीश मासिकांत जया भादुरीची एक मुलाखत छापून आयिल्ली. ते मुलाखतींत जया म्हण्टा, 'जेन्ना म्हजो घोव म्हजेसरीं येवन म्हाका सांगतलो, जया आतां तूं म्हाका आवडना, हांव दुसरे बायलेच्या मोगांत पडलां; जोमेरेन तो आपूण जावन तशें म्हाका सांगचो ना तो मेरेन हांव दुसऱ्यान सांगिल्ली गजाल खरी मानची

ना. लोक कितेंय सांगूं, ताणे आपल्या तोंडान म्हाका सांगचें पडटलें. तो म्हजे असवडीं कितें करता आसत जाल्यार तो ताजो प्रस्न; म्हजो न्हय. मनात तो प्रस्न घेवन तांकां जगचें पडटलें...'

जया भादुरी म्हणटा कि जिणेंत म्हत्वाची गजाल म्हळयार टायमींग, रिदम आनी प्रिसीजन.

अमिताभाले आवयन लग्नाउपरांत जयाचें नांव बदलचें अशें सुचयलें. जयान विरोध केलो. जयाचें व्यक्तिमत्व वेगळें. म्हणून ती विरोध करूंक पावली.

घोवाचे जिणेत दुसरी बायल-आयली जाल्यार कितें करचेलें असो प्रस्न तिका विचाल्लो तेन्ना जयान जाप दिली, तो जण एके बायलेचो वैयक्तिक प्रस्न. म्हजे जिणेंत आयिल्ली दुसरी बायल ही म्हजी व्यथा आसतली. हांवें घोवाक कित्याक वांटेकारी करचो? जेन्ना मनाची अस्वस्तताय वाडटा, तेन्ना हांव म्हजें मन भुरगीं आनी समाजकार्यांत गुंतयतां.

जया म्हण्टा, 'दादल्यांक धादोशी करूंक खूब दिवचें पडटा. बायल सदांच संतुश्ट आसता. तिज्यांत आत्मविस्वास आसता. घर सोडपाचो विचार ती केन्नाच करीना. एक खेपे घर सोडपाचें थारायतकच फाटीं सरपाक मेळना.'

घोवाच्या जिवितांत दुसरी बायल आयल्या ते विशीं तुवें केन्ना ताका विचाल्लां? असो प्रस्न जयाक विचाल्लो आनी तिणे जाप दिली, 'केन्नाच विचारूंक ना. तसो विचारिल्लो जाल्यार घोवाक गुन्यांवकार थारायिल्ले भाशेन जावपाचें. आनी एक खेपे ताका गुन्यांवकार थारायलें जाल्यार मागीर सगलें सोपलें. थंय संबंध तुटतात.'

लग्न जाल्ले बायलेन घोवाचेर हेरगिरी करची न्हय. तशें करप म्हळयार लग्नाची पवित्रताय भष्टावपासारकें जातलें अशें एका प्रस्नाक जाप दितना ती म्हण्टा.

म्हाका दिसलें, जया भादुरीची ही मुलाखत सगळया बायलांनी, तांतूतय लग्न जाल्ल्या बायलांनी वाचपासारकी आसा.

खंयतरी एक रूपक कथा वाचिल्ली. एक शींव आनी एक मनीस हांचेमदीं इश्टागत आसता. दोगय रानात सांगातान भोंवतात. मदींच एका फातराचेर कोंत्रायिल्लें चित्र मनीस पळयता. चित्रांत एक शींव मरून पडला आनी ताजे फाटीर हातांत सुरी घेवन एक मनीस बसला असो देखाव आसलो. तें चित्र शिंवाक दाखोवन ताजो इश्ट म्हणटा, 'पळयलें, आमची मनीसजात कितली पराक्रमी ती?'

तें चित्र एकवेळ पळोवन घेवन शींव मनशाक सांगता, 'खंयच्याय शिंवान हें चित्र कोंरातिल्लें जाल्यार ते कशें आसपाचें?'

समाजांत आमी बायलांकडेन दादल्याचे नदरेन पळयतात आनी दादल्याकडेन बायलांचे नदरेन. घडये थंयच आमी चुकतात आसूंये.

२८

बोडको दोंगर

बोडके दोंगर पळयतकच म्हाका सदांच जैन साधूंची याद जाता. जैनांमदीं खूबशे संप्रदाय आसात. आनी एका संप्रदायाचे लोक आंगाक धवें वस्त्र गुठलावन तोंडाक धवी पट्टी बांदून बोडक्या माथ्यान आनी उकत्या पांयांनी चौपाटीवयल्या फुटपाथावयल्यान वताले आनी ते नदरेआड जायसर हांव तांकां पळयत उबें रावतालें.

गणवेशांतले सैनिक जेन्ना रस्त्यावयल्यान चलतात तेन्ना तांचीं पावलां एका तालार पडटात. तशी शिस्त ह्या बोडक्या साधूंमदीं नासली. तरी पूण म्हजे नदरेक मुंबयचे ते गर्देंत ते साधू विसंगत दिसताले. जैन धर्माचो हांवें अभ्यास करूंक ना. आनी ते साधू तशे कित्याक भोंवतात तेंय हांवें पळोवंक ना. पूण एक दीस अप्रूप घडलें. त्या साधूच्या चोम्यामदीं चकचकीत भगवी कफनी आनी माथ्याक भगवो मुंडासो बांदिल्लो धव्याफुल्ल लांब खाडाचो एक साधू हांवें पळयलो.

वाळकेश्वराचे दिशेन ते देंवले आनी दर्या लागशिल्ल्या फुटपाथावयल्यान मोन्यानी चलत आसले. तें म्हाका सदचें दृश्य आसलें. पूण त्या दिसा तो भगवो साधू हातवारे करून उलयतालो आनी हेर जैन साधूंच्या सांगातान पावलां उखलतालो. धवो फुल्ल मेंढरांचो कळप एकाद्रो राखणो आमुडटा तशें ते दृश्य आसलें.

कितलीं वर्सां जालीं हे गजालीक. पूण ह्या बोडक्या साधूंची याद मनांत घट उल्ल्या. ऑपरेशन थिएटरांत भितर सरतना डॉक्टर तोंडाचेर पट्टी चडयतात ती त्या जैन साधूंसारकी आसता. पूण तें दृश्य पळोवन लेगीत म्हाका जैन साधूंचो उगडास जायना. पूण जेन्ना हांव बोडको दोंगर पळयतां तेन्ना मात म्हाका माथें तुळतुळीत केल्ल्या उकत्या पांयांच्या साधूंचो उगडास जाता. हे साधू निरुपद्रवी. तशेंच हे दोंगरय. दोंगरांचो आनी म्हजो सहवास लग्न जावन गोंयांत येत सावन खूबच वाडला. मुंबय आसतना दोंगर पळोवपाची वा दोंगरांविशीं येवजुपाची संद चडशी मेळ्ळी ना. तशें मलबार हीलचें दर्शन सदांच घडटालें. आमच्या कॉलेजीच्या व्हारांदांत रावन दर्यांत पांय सोडून बशिल्लो तो ल्हानसो दोंगर नियाळता आसतना दोंगराचें दोंगरपण नदरेंत भरना आसलें. नदरेंत भरताल्यो त्यो मळबाक माथें तेकोवपी बिल्डिंगो आनी रस्त्यावयल्यान मुयांच्या रांगांवरी धांवपी ल्हान व्हड मोटारी. पूण गोंयांत आयलें आनी निळी काळी कांबळ पांगरून कुशांकडेन खबरो करपी दोंगर म्हाका अप्रुपाचे दिसले.

गोंयचें वेगळेपण कितें अशें म्हाका कोणे विचाल्लें जाल्यार म्हजी जाप थारिल्ली आसतली. म्हजे नदरेन दोंगर आनी दर्या हेंच गोंयचें खाशेलेपण. गोंयच्या दर्यावेळांचें आकर्षण देश-विदेशांतल्या भोंवडेकारांक आसा हें हांव जाणां. पूण गोंयचे दोंगर पळोवंक भोंवडेकार गोंयांत आयिल्लो हांवें अजून पळोवंक ना. केन्ना केन्नाय म्हाका दिसूंक लागता, भोंवडेकारांक गोंयचे दोंगर भाळयनात हेंच बरें. कित्याक अजून गोंयचे दोंगर आपलें निजाचें रूप सांबाळून आसात.

गोंयच्या दोंगरांचें वेगळेपण हें कितें तर ते सदांच पाचवेचार आसतात. पयसुल्यान निळे काळे दिसपी हे दोंगर म्हळयार सैमाचे गिरेस्तकायेचें कुळार म्हळयार जाता. झणझणीत मेकळो शुध्द वारो. तरेकवार फुलांचीं आनी फळांचीं झाडां, काजू, चारां, चुन्नां, काण्णां, बोरां इतलेंच न्हय, तर ल्हान-व्हड पानां हांचें प्रदर्शन गोंयच्या दोंगरांचेर सदांच मांडिल्ले उरता. वाग हांवें ह्या दोंगरांनी पळोवंक नात. पूण हेर तरेचीं जनावरां आनी तरेकवार रंगाचे पांखे नि सवणी हांचे दोंगर म्हळयार अभयारण्यच म्हणूंक जाय.

गोंयच्या सैमाचें एक वेगळेपण आसा. हांगा दर एका रोप्याचो आनी झाडाचो उपेग आसता. कांय रोपे वखदी, कांय झाडां फुलांच दितात, जाल्यार कांय फळां दितात. आनी सोबे पुरतें सांगपाचें जाल्यार हांव म्हणन, हिमालयांतल्या देवदारांची सोबा शिस्तींत उबे राविल्ल्या पोलिसासारकी आसत, पूण गोंयच्या झाडांचें रूप हें एकाद्र्या मायेस्त कुटुंबांतल्या वांगड्यासारकें आसा. जंय जंय नदर वता थंय थंय सैमाची सोबा आनी गिरेस्तकाय पळोवंक मेळटा.

अशा गोंयांतय जेन्ना फाटल्या आयताराक हांवें एक ल्हानशी बोडकी दोंगुल्ली पळयली तेन्ना म्हाका उगडास जालो, कॉलेजांत शिकतना पळयिल्ल्या बोडक्या जैन साधूंचो. मुंबयच्या विविधतायेंत विसंगत दिसलें तरी त्या साधूंक स्थान आसा, तशें समृध्द सैमाच्या ह्या वाठारांत बोडक्या दोंगराकय स्थान आसूंक जाय.

ल्हानशी दोंगुल्ली. कुम्रादराचे निसरडीवयल्यान चडूंक कळाव लागलो ना. दोंगराचे तेंगशेर वचून पळय जाल्यार पलतडीं एक दरी निर्जन आनी एकय झाड नासलेली. घडये पावसाच्या उदकाचो लोट व्हांवन वचपाची ती वाट आसूंये.

आनी अचकीत म्हजी नदर त्या दरींतल्या एका व्हड तळपाक वणखून उब्या आशिल्ल्या एकसुऱ्या झाडाकडेन गेली. ताजेय पलतडीन एक तळें. ह्या तळयातलें उदक ओडून त्या सुक्या सड्याचेर हें झाड माथें वयर दवरून उबें आसलें. तें झाड पळयलें आनी जैन साधूंमदल्या भगवी कफनी घाल्ल्या खाडाच्या साधूचो उगडास जालो.

२९

श्रावण

श्रावण म्हयनो लागीं पावता तशें सैमाक कवीत येवजूंक लागता. साहित्यांत श्रावणाचेर जितल्यो कविता आनी गितां रचिल्लीं वाचूंक वा आयकूंक मेळटात तितलीं हेर खंयच्याय म्हयन्याचेर मेळनात. श्रावणांत नव-निर्मितीचो आभास आसता. श्रृंगाराचीं चित्रां श्रावणांतल्या सैमांत कवींक दिसतात. कृष्ण आनी राधा हें उदात्त प्रेमाचें सनातन प्रतीक. कवीक विरळ जायत वतल्या घननीळ कुपांमदीं सांवळो कृष्ण दिसता आनी पावसांत थरथरून वतांत थयथय करपी पानां फुलांच्या रूपांत राधा आनी गोपी दिसतात. सैम वर्षा ऋतूंत जल्म घेता. आषाढ तांचे शैशव्य आनी श्रावण हे मुग्ध किशोरवय. भुरगेपणांतले लुडबे बोल सोंपतात आनी वर्षा ऋतूच्या आरंभाक जल्मल्लीं हीं सैमाचीं भुरगीं वर्षा ऋतू सोंपतासर किशोरावस्था हुपून तरुण जावंक लागतात; देखून सोंपतो ज्येष्ठ हो सैमाचे नवे निर्मितीचो काळ. उजाड जमनीचेर जीव्वे-वृश्टी जाता आनी पाचवी वनस्पत किल्लून वयर सरता. आषाढांतल्या अखंड धारांनी संवसारांत नव्यान पावल दवरिल्ली पाचवी अपुर्बाय रात दीस न्हाता आनी पुश्ट जावन मळबाक हात लावपाच्या हावेसान वाडूंक लागता आनी श्रावण जाता तेन्ना तारुण्याच्या हुंबराचेर पाविल्ले किशोरीची अवस्था आमकां सैमांत पळोवंक मेळटा.

श्रावण हो बायलांचो म्हयनो अशें म्हळयार तें चूक जावचें ना. श्रावणांतले सण, उत्सव बायलेच्या मनाचे कळयेच्यो पाकळयो उकत्यो करपी आसतात. एक एक पाकळी म्हळयार नवो रंग, नवो परमळ, नवें रूप आनी ती प्रक्रियाच तरुण मनाचे उमाळे उक्तावपी आसता. पावसांत संतुश्ट आनी परिपुश्ट जाल्लीं झाडां आपल्या पानांचें धन सूर्यदेवाक ओंपता आनी जेन्ना संतुश्ट मनान सूर्यदेव भांगराच्या किर्णांचो हांसो हांसून ह्या झाडां आनी झुडपांक आशीर्वाद दिता, तेन्ना तांकां ज्यो धादोसकायेच्यो कातकुतल्यो जातात, तातुंतल्यानच खांदयेकणकणी कळयो आकारूंक लागतात आनी मागीर तरेकवार सवणी आनी पांखे तांच्या वासाक घिट्ट्यो घालूंक लागतात. श्रावण म्हळयार फुलांचो म्हयनो. फुलांची सोबा श्रावणांत पळोवची. रंगरूपाची विविधताय नदर घालीत थंय पळोवंक मेळटा. झाडाचे खांदये खांदयेचेर आनी बायलांच्या माथ्याकणकणी, देवांच्या आंगाखांधार फुलांचें धन. भांगराचो झगझग फाटीं घालता इतलें सुंदर हें फुलांचें धन. गरीब आनी गिरेस्त हांचेमदले भेद म्हळयार तांच्या

आंगावयलें वस्त्र आनी अलंकार अशें कांय लोक म्हणटात. तें खरें आसत जाल्यार आमच्यानी अशें म्हणूं येता कि श्रावणांत हो भेद गळून पडटा. कित्याक तर सगळयांच्याच माथ्यार फुलां आसतात. ताजीं टवटवीत फुलां. सांजवेळ मेरेन बावन गेलीं तरी हुस्को नासता. दुसऱ्या दिसा सैमान नवी रास फुलोवन दवरिल्ली आसता. देव जेन्ना हजार हातांनी दिता, तेन्ना मनशाचे दुबळे दोन हात आपल्या पोशांनी कितलेंशे घेत?

गोंयांत श्रावणाचें धन दोळेभर पळोवंक मेळटा. श्रावणाची तुस्त - तोखणाय गावपी कविता भुरगेपणांत सावन हांव आयकत आयलां. पूण मुंबय शारांत ऋतूच्या रंगाचे दर्शन घडना. थंय फक्त पंचांगांनी तीथ बदलता आनी म्हयने सुरू जावन सोंपतात. लोक-जिणेंत कांयच बदल घडनात. मुंबयचो पावस सोंपलो इतलेंच मुंबयकारांक श्रावणाचें म्हत्व. पावस ही मुंबयकारांचे नदरेन एक गरजेची उबगण. गरज ही उदकाची. पावसान जर विहार पवई, तुळसी, तानसा हीं तळीं भल्ली नात जाल्यार मुंबयकारांक फुडल्या वर्साचो हुस्को उरता. मुंबय शारांत एकूय थेंब झडलो ना, पूण हीं चार तळीं पावसाच्या उदकान भल्लीं जाल्यार मुंबयकार संतुश्ट जातले. पावसाची तितले पुरती तांकां गरज. हरशीं पावस म्हळयार तांकां एके तरेची उबगणच. ह्या पावसांत कविता आसता अशें मुंबयकार वाचतात. तशें हांवें पावसाचें काव्य आनी श्रावणाचें स्तोत्र भुरगेपणात खूब वाचिल्लें. पूण गोंयांत हांव जे पिरायेचेर पावलें ते संवेदनशील अवस्थेंत पावसाचें काव्य आनी श्रावणाचें संगीत म्हाका भाळोवन गेलें.

गोंयच्या बायलांक श्रावणाची कितली लक्तुबाय! सरकार वनमहोत्सव मनयता. पूण गोंयांत बायलो श्रावण म्हयन्यांत दर आयताराक घरान घर सैमाची पूजा करतात. आयतार पूजप म्हळयार वनस्पतीचीच पूजा करप. दुर्वांच्या रूपान तणाची, पानांची आनी फुलांची आनी ते पुजेच्या नांवान घरांत गोडशें. खंयच्या आयताराक कसलें गोडशें करप हाजेय विधी-निशेध थारायिल्ले आसात. चार आयतार आयल्यार चार तरांच्यो पोळयो. पांच आयले तर पांच तरांच्यो, पूण निमाण्या आयताराक लाक्षणीक पोळे.

गोंयांत ह्या पोळयां फाटल्यान एक प्रतीक आसता. नाका आशिल्लो सोयरो चड दीस रावलो जाल्यार ताका वचपाची सुचोवणी दिवचे खातीर (ताणे पळचें म्हणून) ताज्या पानार पोळे घालपाचे. तितल्यान सोयरो शिटकवता. आदल्या काळावयली ही गजाल आसली तरी पोळे आनी निरोप हांचो सांगड श्रावण आयताराकडेन बायलांनी घालून दवल्ला आनी तेखातीर निमाण्या आयताराक पोळयांची पोळी ही थरिल्ली आसता.

श्रावण म्हळयार वत आनी पावस हांच्या आपालिपाचो खेळ. खिणांत रुसतले, खिणांत हांसतले प्रियेचें तें एक रूप. श्रावण म्हळयार गोडयेंतली आंबट रूच चाखपाचो आनंद. त्या श्रावणाक हांव सदांच मनापसून येवकार दितां.

३०

कोडुलिंबू

कोडुलिंबाचें झाड आमच्या घराच्या फाटल्यानच आसा म्हणपाचें पयरच म्हाका समजलें. फाटल्या संवसार पाडव्याक सकाळीं उठना फुडें म्हाका कोडुलिंबाचो उगडास जालो. आमच्या जाण्टेल्यांनी नव्या वर्साचो आरंभ कोडुलिंबाचो रोस घेवन करचो अशें सांगलां हाजी म्हाका सदांच लक्तुबाय दिसत आयल्या. तशें हांव तितलेंशें धार्मिक न्हय. धर्म मानीना अशेंय न्हय. पूण धर्माच्या नांवान ज्यो अर्थ नाशिल्ल्यो रूढी आनी प्रथा चलतात तातुंतल्यो खुबश्यो म्हाका मानवनात. पूण कोडुलिंबाच्या रोसाची गजाल वेगळी.

आमचे संस्कृतींत साबार रूपकां पळोवंक मेळटात. कोडुलिंबू हें असलेंच एक सोबीत रूपक. वर्सातल्यान एक दीस- न्हय वर्साचो आरंभ कोडुलिंबाच्या पानांचो रोस घेवन करचो हे कल्पनेफाटल्यान आरोग्यशास्त्र जशें आसा, तसो वेव्हारय आसा अशें म्हाका तरी दिसता. आयुर्वेदांत कोडुलिंबाचे वखदी गुण खूबशे सांगल्यात. सामान्यतायेन अशें म्हणूं येता कि कोडुलिंबाच्या रोसाक लागून पचन वाडटा आनी पोट बरें उरता. कांय लोक कोडुलिंबाचो उपेग डायबेटीस आळाबंदाक हाडचेखातीर जाता अशें म्हणटात. कफ, पित्त, वाय, अजीर्ण सारक्या वायटांचेर हो रोस रामबाण म्हणटात. पाडव्याच्या दिसा गोडशें खातले जाल्यार आमी पोट सारकें दवरप गरजेचें, हें वळखून जाण्टेल्यांनी सकाळीं उठनाफुडें रिकाम्या पोटाचेर कोडू वखद घेवपाची भलावण केल्या. आनी कोणय घेना आसतना रावत हें येवजून त्या रोसाचो धर्माकडेन संबंध जोडला. दिवाळी म्हणटकीच जशे फोव वा चवथ म्हणटकीच जश्यो नेवऱ्यो, तसोच संवसार पाडवो म्हण्टकच कोडूलिंबाचो रोस आयलोच.

कोडूलिंबाच्या रोसाफाटल्यान वेव्हाराचेंय प्रतीक आसा अशें म्हाका दिसता. संवसारांत अडीअडचणी खूब येतात. खूबशे अपमान मोन्यानी गिळचे पडटात. पूण सगळयाच मनशांक ते रुचनात व पचनात. ताका लागून तांचो खंयचोच प्रस्न सुटना आनी ते जल्मभर पिरंगत उरतात. अशा लोकांक एक शिटकावणी कोडुलिंबाचो रोस दिता. नवें वर्स आयज सुरू जाता तें खोशयेचे आनी उमेदीचें वचूं; पूण त्याचबरोबर ह्या वर्सांत तुका खूबशें कोडू पचोवचें लागतलें देखून नव्या वर्साचो आरंभच कोडू वखदाच्या घोंटात कर अशी शिकवण संवसार पाडव्याच्या निमित्त्यान आमकां मेळटा.

इतलो गरजेचो हो कोडुलिंबू जाल्ल्यान तो दर एका घराच्या आंगणांत आसूंकच जाय असोय नेम जाण्टेल्यांनी केल्लो. आमी आंगणांत सोबेचीं झाडां लायतात. फुलांचीं आनी फळांचींय झाडां लायतात. पूण कोडुलिंबाचें झाड लावपाचें आमकां केन्नाच येवजना. लोकांचे नदरेन कोडुलिंबाच्या झाडाक सोबा ना, ताज्या फुलांक रूप, गंध ना. आनी ताचीं फळां कोणाकच उपकरनात अशें एक निरुपयोगी झाड. पूण दारांत कोडुलिंबू आसल्यार घरांत येता तो वारो शुध्द जावन येता. जळार, किमसां पयस वतात हें चडशा जाणांक खबरच ना.

त्या दिसा संवसार पाडवो आसूनय म्हाका कोडुलिंबू मेळ्ळो ना. पूण जेन्ना एक दीस घराचे फाटले वटेनच्यान गेल्ले कडेन हांवें कोडुलिंबाचें झाड पळयलें तेन्ना दोन ताळयो घरा हाडून ताजो रोस काडून सगळयांक दिलो. त्या दिसाच्यान कोडुलिंबाच्या झाडाकडेन म्हजी एकेतरेची इश्टागत जाल्या.

अंदू शिंयांच्या दिसांनी आंबो खूब चंवरलो. ताका लागून कोगळाचो साद आयकून जागे जावपाचो अणभव घेवंक मेळ्ळो. आंब्यावरीच सायलाचीं फुलां दिसलीं तरी कोगळींक फकत आंबो भाळयता. मदीं अचकीत दंव पडलो आनी आंब्याचो चंवर करपून गेलो. आंबे जावचे नात हाजें वायट दिसलेंच. पूण चड काकुळट दिसली ती कोगळींची. आंब्यावयलो चंवर करपलो आनी फांतोडेचेर कानार पडटाले ते कोगळींचे सूर पैसावले.

पयर अचकीत कोडुलिंबाच्या झाडाचेर बसून कोगूळ गायता हें पळोवन अजाप जालें. आमचें कोडुलिंबाचें झाड ह्या दिसांनी पुराय फुल्लां आनी भागंरांशिगरां चडयिल्ले व्हंकलेवरी दिसता. तरी बाबड्याच्या आंगाखांद्याचेर चडशीं सवणीं केन्नाच बसनात. कावळो लेगीत विसव घेवंक कोडुलिंबाची शीतळ सांवळी पसंत करीना. पूण ज्याणे कोडुलिंबाचे सांवळेचें शीतळ सुख अणभवलां, तो जाणा कि सगळींच झाडां सांवळी दितात आसलीं तरी कोडुलिंबाची सांवळी वेगळी. मंद कोडू वास मन प्रसन्न करता आनी गात्रांक शीतळसाण दिता तशी हेर झाडांची सांवळी दिना. घडये कोगळीन तो अणभव घेतला आसतलो.

कोडुलिंबाची सांवळी सदांच सुखदिणी आसली तरी तो रूख आपलो गंध दीस उदेवचे आदीं आनी अस्ताक वचच्या वेळाचेरच सोडटा देखून ह्या दोनूय संधिकाळांचेर आंब्यान फटयिल्ली कोगूळ आमच्या कोडुलिंबाच्या झाडाचेर बसून आपल्या संगिताचो रियाज करता.

३१

पांखो

पावसांत वाडिल्लें तण आजून पाचवें आसा. तणाची वाड एका फुटापरस व्हड नासली; पूण पयसुल्ल्यान पळयतना जमनीचेर पाचवें कापड चडिल्ल्याचो भास जाता. लागीं वचून पळयतकच त्या पाचव्या रंगाची विविधताय नदरेंत भरता.

अचकीत थोडोसो पावस येवन वता. आनी उपरांत वत येता. तणाचेर थारिल्ले उदकाचे थेंबे वज्रावरी चकचकतात. त्या वेळार पांख्यांक पळोवपाची एक संद मेळटा. तरेकवार रंगाचे आनी आकाराचे पांखे. हळदीच्या रंगाचे ल्हानशे पांखे, तांबडे निळे काळे धवे अशे रंगीत वज्रासारके पांखे. एकरंगी पाखे, भोवरंगी पांखे, आंगार फुलां आशिल्ले पांखे आनी पटे आशिल्ले पांखे. एका फुलाचेर थीर दोन मिनटांवयर ते बसनात. आपलीं ल्हानशीं पांखां हालयत चड वेळ उडटात. थोडो वेळ बसतात. तितले भितर ते आपली तान भूक न्हिवयतात. ल्हानशे जीव. म्होंवाचे दोन तीन थेंबे तांची तान न्हिवयता. भूक भागयता. परत व्यायाम सुरू. सैमाचे सोबेचो ते नियाळ घेतात काय? काय खाल्लें अन्न पचोवपाखातीर तो व्यायाम?

देवान उडटल्या सवण्याक आनी हेर जिवांक आवाज दिला. पूण पांख्याचेर मात अन्याय केला. ते उडटा आसतना पांखांची फडफड संगिताची धून काडटा आसली तरी पांख्यांचो आवाज हांवें केन्नाच आयकूंक ना.कावळयाक देवान काळो रंग दिलो आनी कर्कश आवाज दिलो तरी ताका 'काकदृष्टी' दिली. अशें म्हणटात कि, दुस्न्या कोणाकच जें दिसना तें कावळयाक दिसता. तशें पळोवंक गेल्यार कोगूळय र.ान काळी पूण तिका म्होंवाळ आवाज देवान दिला. तो आयकतना तिज्या रंगरूपाचो कोणूच विचार करीना. हरशीं पळोवंक गेलें जाल्यार कोगूळ हो कुरूप पक्षी. पूण आवाजाक लागून ताणे लोकांचीं मनां जिखल्यांत. तीं इतली कि, लोक कावळयाचो दुस्वास करतात आनी कोगळाक वाखाणतात.

सवण्याच्यो जितल्यो तरा, तितले तांचे रंग. रानांत भोंवता आसतना झाडांच्या आनी फुलांच्या आड बशिल्लीं सवणीं सट करून दिश्टी पडनात. पूण तांचें संगीत कानार पडटकच आमची नदर तांचो सोद घेवंक लागता. सवणें म्हळें म्हणटकच तें चिंवचिंवता, शिळोणी घालता, ना जाल्यार गायता. कावळो सोडलो जाल्यार खंयच्याच सवण्याचो आवाज कर्कश आसचो ना. आवाजान आमी सवणें वळखतात.

जनावरांक कांय लोक मोनजात म्हणटात. पूण तीं खऱ्यानीच मोनी आसतात? मूय, कीड आनी पांखो सोडलो जाल्यार हांवें मोनो जीव पळोवंक ना. गाय हांबेता आनी बेबो लेगीत रडटा. कांय किडी कान करिकिरावपी आवाज काडटात. चड करून रानकिडे वा रातकिडे. पूण मूय आनी हेर किडी तेच भाशेन पांखे एकमेकांकडेन संवाद कशे करतात काय?

खंयतरी वाचलें कि, किडीपसून पांखे जातात. कांय मुयांक लेगीत पांखां फुट्टात. पूण जमनीचेर चलतल्या आनी अधांतरीं उडटल्या तरेकवार जिवांमदीं म्हाका पांख्यांची सृश्ट अप्रुपाची आनी सुंदर दिसता. तातूंतय श्रावणा उपरांत थेट गीम सोपसर तरेकवार पांखे पळोवंक मेळटात. एक दीस एके शाळेंत वचपी भुरगो सुताक बांदिल्लो पांखो घेवन वतना म्हाका दिश्टी पडलो. सुताचो धागो खूब लांब. ताचें एक पोंत ताणे आपल्या हाताक बांदिल्लें आनी दुसऱ्या पोंताक तो पांखो बांदिल्लो. बंधनांतली सोडवणूक करून घेवचे खातीर तो पांखो फडफडटालो. पूण ताजी सुटका जाय नासली. तो परत येवन त्या भुरग्याच्या माथ्यार वा खांद्यार बसतालो. भुरग्याचो खेळ जाता, पूण पांख्याचो जीव वता. म्हजें मन कळवळ्ळें. हांवें त्या भुरग्याक सांगलें, "त्या पांख्याक तूं कित्याक पिडटा? ताका सोड."

तो भुरगो कबूल जालो ना आनी पांखो घेवन धांवलो.

म्हाका दिसलें, पांख्याक जर रडूंक येतालें जाल्यार तो आकांत करतलो आसलो. ताका रडूंक येता आसतलें. पूण ताजो आवाज भायर येना. देवान पांख्यांचेर अन्यायच केला. ज्या जिवांकडेन आपल्या प्राणांची राखण करपाची शक्त ना तांकां आवाज तरी दिवंक जाय आसलो. गायेक शिंगां आनी गाडवाक फाटले पांय वावडून खोंटावपाची कला ज्या देवान दिल्या, हेर जनावरांक किळचुपाची वा चाबपाची देणगी दिल्या, त्या देवान पांख्याक मात सामको भुरग्यांचे मर्जेचेर कित्याक सोडला?

३२

जिवाणें

जिवाणें पळयतकच म्हाका भंय दिसता. पयसुल्ल्यान तें पळयलें तरी म्हजें आंग शिरशिरता. गारूडी आपल्या पाट्यांत जिवाणें घेवन आयलो तरी म्हज्यान तें पळोवंक नज. टी. व्ही. चेर लेगीत जेन्ना जिवाणें दाखयतात तेन्ना हांव दोळे धापून घेतां.

हो भंय म्हज्या मनांत केन्ना कसो घर करून बसला तें हांव नकळ. पूण हांव इतलें जाणां कि जिवाणें हें कोणाकूच सोबीत दिसना. हरशीं जिवाण्याच्या आंगाचे रंग मन भुलोवणे आसतात. पूण जिवाणें पळयतना आमी रंग पळयनात वा ताजी सोबा आमकां दिश्टी पडना. आमी जिवाण्याचेर नदर पडनाफुडें कांचवेतात, अशें कित्याक घडटा काय?

हांव जाणां, सगळींच जिवाणीं विखारी नासतात. हांव हेंय बी जाणां कि जीं जिवाणी विखारी आसतात तीं मनशाक भियेतात. पूण आपूण जावन केन्नाच मनशाचे वाटेक वचनात. मनीस जेन्ना आपलो जीव घेवंक सोदता अशें तांकां दिसता तेन्नाच विराचें मरण पत्करपाचे भावनेन जिवाणें मनशाचेर उडी घेता वा ताका चाबता.

ल्हानपणांत जिवाण्याच्यो खबरो हांवे काणयांनी आयकल्ल्यो. तेन्ना जिवाण्याच्यो साबार जाती आसतात हें लेगीत म्हाका खबर नासलें. एक दीस आमच्या दारांत हांवें एक शिर्ली पळयली. हांव शाळेंत वचूंक भायर सरिल्लें. शिर्लीचेर नदर पडना फुडें हांवें भियेवन किळच माल्ली आनी धांवत, रडत आईसरी गेलें. हांव इतलें भियेल्लें कि कितें घडलां तें आईक सांगपाचें त्राण म्हज्यांत नासलें. कितें जालां म्हणून पळोवंक आई भायर आयली आनी तिणे रस्त्याचे कुशीक खळयेंत शिर्ली पळयली.

"हे शिर्लीक तूं भियेलें?" आईन म्हाका विचाल्लें.

मान हालोवन हांवें हय म्हळें आनी तिका घट्ट वेंग माल्ली. तेन्ना आईन सांगलें, "ही शिर्ली, हें जिवाणें न्हय. ती कांय करीना."

त्या उपरांत लेगीत शिर्लेविशींचो म्हज्या मनांतलो भंय गेलो ना. पूण शिर्ली म्हळ्यार जिवाणें न्हय इतलें म्हाका समजल्लें.

त्या उपरांत जिवाण्याकडेन संबंद आयलो तो शाळेंतल्या पुस्तकांनी जीवशास्त्र शिकता आसतना. जमनीक घश्टून फुडें सरतल्या जिवांची खबर धड्यांत आसली. पुस्तकांत जिवाण्याचें एक चित्रय आसलें. तें निर्जीव चित्र कांय करीना हें जाणा

जावनय म्हाका तें चित्र पळयतना भंय दिसतालो.

नागपंचम आयली आनी नागाक दूद मागूंक गारूडी दारांत आयले. हांवें पयसल्यान फणां केल्लो सोरोप पळयलो आनी भितल्ले कुडींत वचून बसलें.

एक दीस आमी भायर ग्रांवडार खेळटालीं. पावसाचे दीस आसले, अचकीत म्हजी नदर एका वळवळट्या जिवाचेर गेली. हांवें आंग काडून किळच माल्ली. हेर चलयो धांवन आयल्यो आनी कितें जालें अशें ताणी विचाल्लें. हांवें बोट दाखयलें तें पळोवन सगळयो चलयो हांसल्यो. ताणी म्हळें, "हो गायंडोळ, तो कांय करीना".

एके चलयेन बुटांनी तो चिड्डीलो. ताजे दोन कुडके जाले आनी दोनय वळवळूंक लागले. ते घडणुके उपरांत गायंडोळाचो भंय म्हाका दिसना जालो, पूण ताजी वीट मात मनांत आजून उल्ल्या. आजून जेन्ना जेन्ना हांव गायंडोळ पळयतां, तेन्ना तेन्ना म्हाका भुरगेपणांत ते चलयेन बुटापोंदा चिडिल्ल्या गायंडोळाचो उगडास जाता.

कांय दिसां उपरांत एक गजाल घडली. खेळाच्या ग्रांवडाचे कुशीक जिवाण्यान सोडिल्ली कात पडिल्ली. म्हाका तें कितें तें खबर नासलें, हांवें ती प्लॅस्टीकची नळी अशें समजून हातांत घेतली. कोणेतरी ती पळयली आनी म्हाका सांगलें, "उडय सकल ती सोरपाची कात."

हांवें हातांतसून कात सकल उडयली आनी शाळा अर्दार सोडून घरा गेलें. चार दीस मेरेन हांव हाताक तरातरांचे शाबू लावन हात धुतालें तरी म्हज्या हाताक विखार जाला असो दुबाव म्हाका येतालो.

सोरपाची कात बाजारांत विकूंक येता ती एक दीस हांवें पळयली. ती वेगळे तरेची. सोरोप मारून ताजी कात काडटात आनी चामड्याभशेन ती वापरतात. अशे कातीच्यो पर्सी लेगीत करतात. पूण हांवें हातांत उखलिल्ली ती कात वेगळी आसली. खूब वर्सां उपरांत एका पुस्तकांत हांवे वाचलें. सोरपाची कात जेन्ना जमनीक घश्टून घश्टून जीर्ण जाता तेन्ना तो ती कात सोडून दिता. एके भाशेन मनीस वस्त्र बदलता तशी सोरोप कात बदलता.

फाटल्या दिसांनी एका मॅग्झीनांत हांवे वाचलें कि अमेरिकेतले एके जाण्टे नटयेन आपल्या आंगावयल्यो मिरयो काडून उडोवंक प्लॅस्टीक सर्जरी केल्या. तेन्ना म्हाका दिसलें, देवान कात बदलपाची जी तजवीज सोरपाखातीर केल्या, तशी मनशाक केल्ली जाल्यार कितलें बरें जावपाचें!

लग्न जावन गोंयां येत सावन तरेकवार जिवाण्यांचें दर्शन म्हाका वयलेवयर घडटा. रस्त्यान वतना येतना तर जिवाणी दिश्टी पडटाच. पूण झाडा झोपांनी लेगीत तीं पळोवंक मेळटात. जिवाणे पळयतकच हांव आंगय काडटां. पूण आतां लोक कितें म्हणटलें हो विचार मनांत येवन किळच ताळयांतच अंदता.

एक दीस म्हाका दिसलें, देवान हे तरेकवार प्राणी कित्याक निर्मिल्यात ताकाच खबर! तांचो फायदो कांय ना. त्रास मात खूब.

पूण कालच हांवें एक पुस्तक वाचलें आनी म्हजें मन विस्मीत जालें. त्या पुस्तकांत अशें बरयलां कि सैमाची एक संतुला आसता ती इबाडची न्हय हे खातीर देवान तजवीज करून दवल्ल्या. किडे, मूंयबी जिवाणे आनी जनावरां हीं आपापले परीन सैमाची आनी मनीस जातीची सेवा करतात. जर अशे जीव नासते तर सैमांत विखार वाडटलो आसलो. जिवाणीं जें वीख खातात ताका लागून वातावरण निवळ उरता आनी कांय जिवाणी हुंदीरय खातात देखून हुंदरांची संतत वाडना. ती वाडिल्ली जाल्यार शेतांतलें सगळें पीक हुंदराचे भकीक पडटलें आसलें.

हें वाचीत सावन जिवाण्याकडेन पळोवपाची म्हजी नदर बदल्ल्या; पूण जिवाण्याचो भंय मात मनांत तसोच उल्ला.

३३

तायखिळो

ह्या दिसांनी उश्टवाऱ्याचेर पाचवी अप्रुपाय किल्लून वयर सल्ल्या. ज्या जाग्याचेर लोक कोयर उडयताले, उश्टीं उडयताले आनी हेर तरेची घाण व्हरून सोडटाले त्या जाग्याचो रंग बदल्ला. पयसुल्ल्यान लेगीत जाची घाण येताली ती आतां घाण येना; उरफाटी वनस्पतीची सोबा पळोवची अशें दिसता. त्या उश्टवाऱ्याचेर आळवाचीं झाडां किल्लल्यांत. तायखिळो आसा. आनी हेर तरेचीं झुडपांय आसात.

एक दीस हांवें पळयलें कि कांय बायलो तायखिळयाची भाजी खुडून काडटात. म्हाका तायखिळयाची भाजी खूब आवडटा. ती आरोग्याक बरी आनी आडूक रूचय म्हाका मानवता. सभ्य समाजान तायखिळयाक किरकोळ लेखला. बाजारांत वचून हेर तरांची भाजी आमी विकती घेवन हाडटात. पूण दारांत किल्लल्लो तायखिळो आमकां मातये मोलाचो दिसता. संवसाराची रीतच अशी. जें दारांत आसा ताजें आमकां मोल ना. जें गांवाभायर उरता ताज्या फाटल्यान आमी धांवतात.

तायखिळो ही पावसाळी भाजी. फकत पावसाच्या दिसांनीच आनी तीय बी कंवळी आसतनाच, खावपाची आसता. उपरांत कितलेय पैशे दिले म्हणून ती मेळना. खंयतरी वाचिल्लें कि सैमाचो एक नेम आसा. ज्या दिसांनी जें पिकता ते मनशान खालें जाल्यार ताका भलायकेक बरें पडटा. सैम हो एक डॉक्टरच. तो प्रिस्क्रीप्शन बरोवन दिना आसलो तरी आपलीं वखदां लोकांमुखार मांडून दवरता. जो तीं घेता, ताका ताजो फायदो मेळटा. तायखिळयाचे भाजयेची अशीच गजाल. जागो मेळटा थंय सैमान तायखिळो किल्लावन दवल्ला. आमी तो सद्दां पळयतात. ताजो फायदो घेवपाची बुद्द आमकां जायना.

हांवें एके बायलेक विचाल्लें, "म्हाका इल्ली तायखिळयाची भाजी दिता?"

"ही भाजी बाय तू खातलें?" तिणे उरफाटो म्हाका प्रस्न विचाल्लो.

"अशें कित्याक विचारता गे? तूं ही भाजी खावंक खुडीना?" हांवें विचाल्लें.

"आमची गजाल वेगळी. आमकां ती आवडटा म्हणून न्हय, पोटा भुकेक खावची पडटा." तिणे म्हळें.

"भूक भागता हें खरें आनी तायखिळो फुकट मेळटा हेंय खरें. पूण इतलेच खातीर तो खावचो न्हय अशें म्हणप चुकचें ना?" हांवें म्हळें, "जाणा तूं, तो रुचीक बरो

आनी आरोग्याकय बरो.''

''पूण हो तायखिळो उश्टवाऱ्यावयलो न्हय? घाणीत किल्ललो हो तायखिळो. तुका उपकरतलो?''

हांवें तिजेकडेन वाद घालो ना. तिणे दिल्लो तायखिळो घेतलो आनी तिका दोन रुपया दिले. ती घेना आशिल्ली; आग्रो करून दिवचे पडले.

हांव ती भाजी घेवन घरांत येतना येवजूंक लागलें. सगळी वनस्पत मातयेंत किल्लता. सगळी घाण पोटांत घेवन जमीन आपलो कस वाडयता. पोरसांनी रोयिल्ल्या झाडांक आमी सारें घालतात. सारें म्हळयार घाण न्हय? पूण झाडाचीं फळां खातना आमकां कांय दिसना. उश्टवारो म्हळयार सारें घालून तयार केल्ली जमीन. साऱ्याची घाण जशी झाडांत वा फळांत वचना, तेच भशेन उश्टवाऱ्यावयली घाण तायखिळयांत वचना.

आमगेर एक जाण्टेली बायल येता. ती केन्नाय म्हणटा, ''आतां सगळयो वस्तू लोक विकतात आनी विकत्यो घेतात. आमच्या भुरगेपणांत जळोव, म्हसंगा सांग, आंबाडो, आमली हे सारकिल्यो वस्तू कोण विकीना आसलो. आतां युगच बदल्लां.''

खरें तिजें म्हणणें. पूण तायखिळो विकूंक कित्याक येना? पिकता तें विकना म्हणटात. तोच न्याय तायखिळयाक लागू जाता. तायखिळो जर घांटार साकून हाडचो पडिल्लो आनी ताजी ल्हानशी चुडी रुपयाक एक अशा मोलान विकिल्ली, जाल्यार घडये सगळे लोक ते भाजयेक मान दितले आसले. जो आयतो मेळटा तो कोणाक नाका आसता म्हणटात तें फट न्हय.

आनी उश्टवाऱ्यापुरतें सांगतलें जाल्यार म्हाका साळकाची ओंपार येवजता. साळीक हें चिखलांतल्यान वयर सरता. पूण तें चिखलापरस वेगळें उरता. तें निर्मळ, सुंदर साळीक आमी देवाक ओंपतात. तें खंयच्यान आयलें तें आमी येवजिनात. मागीर तायखिळयाकच आक्षेप कित्याक घेवचेलो?

त्या दिसा हांवें मुजरत तायखिळयाची भाजी केली. सगल्यांनी ती आवडीन खाली.

म्हारगायेविशीं सगळे लोक कागाळ करतात, तरी पूण गरजेच्यो वस्तू आमकां विकत्यो घेवच्योच पडटात. फाटल्या दिसांनी बेळगांवांत दंगल जाली. थंयच्यान गोंयांत येताली ती भाजी आयली ना. त्या दिसांनी शाक भाजी कितली म्हारग जाली हाजो उगडास सगळयांकच आसतलो. लोकांनी कागाळ केली. पूण म्हारग मोलाची भाजी घरा व्हेली. त्या दिसांनी सैमान म्हसंगाक नवी आंकरी दिल्ली, तायखिळो वयर सरिल्लो. पूण तांचो उगडास कोणाक जालो ना. आतां जर मोठ्या मोठ्या हॉटेलांनी म्हसंगाची आनी तायखिळयाची भाजी जेवणांत दिवंक सुरुवात केली, जाल्यार घडये आमच्या लोकांक तायखिळयाचें मोल कळटलें. पूण तें केन्ना कळ्ळें ना म्हणून तायखिळयाचें लुकसाण जावचें ना.

३४

ओंवळ

एक ल्हानसो रोपो, त्या उजाड पोरसांत वेगळोच दिसतालो. रोप्याचीं पानां खंगिल्ले आनी करपल्ले भाशेन दिसतालीं. तो रोपो कसलो हें पयसुल्ल्यानच न्हय, तर लागींच्यान लेगीत वळखूंक येना आसलें.

सुंदर बंगलो. पूण भोंवतणी एकूय झाड ना. वेळ सांजचो आसलो तरी दनपारच्या वेळार तापिल्ल्या कॉंक्रिटाच्या वण्टींतल्यान धगाची वाफ येता अशें दिसतालें. देखून हांव उठून फुडल्या व्हारांदांत गेल्लें. मुखार मेकळो जागो. घडये थंय लॉन करपाची येवजण आसूंये. पूण त्या वेळार पुराय आंगण पडंग दिसतालें. ल्हान-मोठे गुंडे आनी सड्यावयले व्हडले व्हडले खडप. थंय लॉन जावपाची शक्यताय नासली. सूर्य अस्ताक गेला; पूण अजून काळोख जावंक ना असो तो वेळ. हांव उठून भायल्या आंगणांत गेलें. थंय वचून पळय जाल्यार त्या रोप्याच्या मुळांत माती ओली आसा. म्हण्टकच कोणेतरी रोप्याक उदक घालां. तो रोपो मुजरत रोयला हें कळटालें. नाय जाल्यार त्या पडंग मळाचेर, जंय तणाची एक पाचवी पाती लेगीत नासली, थंय सुमार अडेच फुटांचो सुकून करपूंक लागिल्लो रोपो उल्ला इतलीच गजाल तो मुद्दाम रोयला हें सांगूंक पुरो आसली.

भायल्या व्हारांदांत घराची घरकान्न आयली. तिणे म्हाका विचाल्लें, ''कितें पळयता?''

हांव परत व्हारांदांत आयलें आनी तिका म्हळें, ''कसलो रोपो काय म्हणून पळयतालें.''

''हांगा तण लेगीत किल्लना. कितें सांगतलें तुका! लॉन करूंक बीं हाडलें आनी पयल्याच पावसांत सगलें बीं व्हांवन गेलें. आंगण आदलेवरीच पडंग उल्लां. देखून एक व्हडलो फोण खणून वेगळे मातयेन तो भरून ओंवळीचो ल्हानसो रोपो रोयिल्लो. पूण ही जमीनच वांझ. तो पाळच धरीना. हाडिल्लो तेन्ना लुसलुशीत आशिल्लो.''

म्हाका त्या रोप्याची काकुळट दिसली. ताजो कसलोच अन्याय ना. तो जर बरे जमनीत पडिल्लो, जाल्यार घसघशीत वाडटलो आसलो. पूण दोश जमनीचो.

हांवें घरकान्नीक विचाल्लें, ''तुमचें लॉन लेगीत मुळां धरीना. हे जमनीक कितेंय उपाय तुमी कित्याक करिनात?''

"थोडे केले नात." तिणे जाप दिली, "हो वाठारच बैगळे तरेचो. सगळीं तळपां, पावसांत पळोवंक जाय. धुल्लाचे थर व्हांवन वतात आनी तळपां तितलीं उरतात. उजाड मळाचेर लेगीत पावसांत तण किल्लता. पूण हे जमनीत कांयच पिकना."

ओंवळीच्या झाडाची म्हाका मोठी लक्तुबाय. हांव मुंबय आसतना ओंवळां पळोवंक नाशिल्लीं अशें न्हय. झाड पळोवंक नासलें. आनी मुंबयचीं ओंवळां सुकिल्लीं आसतालीं. सगळया फुलांमदीं म्हाका ओंवळ दोन कारणांखातीर आवडटा. पयलें कारण म्हळयार फुलाचो वास. केदेंशें फूल. पूण ताजो परमळ लिपून उरना. वाठारभर पातळटा. कांय जाणांक तो वास उग्र दिसता. उग्रच तो. पूण म्हाका आवडटा. आनी दुसरें कारण म्हळयार ल्हानपणांत फुलांची फाती घालूंक आवयन सांगलें जाल्यार म्हजेकडेन ती घालप जायना आसली. एक तर देंठ तुट्टालो, ना जाल्यार पोड सुट्टालो. ओंवळां सूयेच्या नेड्यांत सूत घालून अचळय गुंथप सोपें जातालें. हांवें भुरगेपणांत एक एक मीटर लांबायेचे ओंवळाचे पोड गुंथले आनी त्या ल्हान वयांत कितेंतरी केलें म्हणपाचें समाधान मेळ्ळें.

लग्न जावन मडगांवा येतकच ताजीं-टवटवीत दंवान न्हाल्लीं मोतया रंगाचीं आनी प्रसन्न वासाचीं ओंवळां हांवें पयलेच खेपे पळयलीं. पोशांनी भरून हांव ओंवळां पुंजावंक लागलें आनी घरांत हाडून तीं उदकांत दवरून तांची सोबा आनी परमळ हांचेपसून आनंद घेवंक लागलें.

कोणेतरी एक दीस म्हाका सांगलें कि कश्ट करतल्या बायलांक ओंवळां आवडटात. कित्याक तर ओवळांच्या परमळान घामसाण सोंपता.

अशा म्हज्या आवडट्या झाडाचो एक रोपो घरच्या लोकांची पुराय माया मेळूनय खंगता हें पळोवन म्हाका वायट दिसलें आनी मनांत विचार आयलो, मनशाभशेन जमनीतय कितेंय तरी दोष उरता, जो तिका फुलूंक फळूंक दिना. हरशीं जमीन खूब उपकारी. उदकाचो थेंबो मेळ्ळो जाल्यार आपल्या आंगाचेर पडून उरिल्ल्या बियाक नवी जीण दिता.

घर सुंदर! वाठार, वारो आनी उजवाडाचे नदरेन एकदम बरो. पूण भोंवतणी एकूय झाड ना. हें पळोवन म्हाका भुरगें नाशिल्ले बायलेची ओंपार कित्याक सुचली कोण जाणा!

३५

पावस

आंगाक चिखोल लागचो वा पुराय आंग घामेवन गेल्लें आसचें अशा वेळार खंयच्याय मनशाची परिस्थिती कितें जाता?

शेतांतल्या उदकाच्या कोंडांत झोपडपट्टेंतलीं कांय भुरगीं बुचकळयो मारतात. तांच्या आंगाक चिखलाचो थर दाटला. असल्या भुरग्यांक पळयतकच कितें दिसूंक लागता?

रानांत चरूंक गेल्लेकडेन चिखलांत बुडून आयिल्लें पाडूक जेन्ना आपले खूर वयर काडून आपलें आंग खरपिता, तेन्ना ताका पळोवन कितें दिसता?

रस्त्याचे कुशीक आशिल्लें एक ल्हानशें झाड. काल पयर लेगीत सुंदर दिसतालें. आतां ताजीं पानां मोटारीच्या धुंवरान आनी रस्त्यावयल्या धुल्लान दाटल्यांत. तीं पळयतकच कितें दिसता?

हे सगळे अणभव केन्ना ना केन्ना तरी हांवें घेतल्यात आनी दर खेपे म्हज्या मनांत एकच विचार आयला. शितळ उदकाची धार आंगार घेवची वा शितळ उदकान तांकां न्हाणोवचें, धुवचें.

फाटल्या दिसांनी हांव एके मैत्रिणीगेर गेल्लें. तिगेलो चार वर्सांचो चलो आंगणांत खेळटालो. मातयेंत बसून तीच माती आपल्या माथ्यार घेवन न्हातालो. ताजे कपडेच न्हय, सगळें आंग म्हेळें जाल्लें.

तागेले आवयक आपलो चलो भायर मातयेंत कितें करता हें खबरच नासलें.

हांवें तिका उलो मारून तिगेल्या चल्याचो अवतार पळोवंक सांगलें. ती भायर आयली आनी तिणे ताचे फाटीर एक थापट घालून आदीं ताका रडयलो. हांवें त्या भुरग्याचें कौतुक करूंक म्हणून आवयक उलो मारिल्लो; पूण ताजेर चुळचुळीत थापट पडून जेन्ना तो रडूंक लागलो, तेन्ना म्हाका वायट दिसलें. हांवें चूक केली अशें म्हजेंच मन म्हाका सांगूंक लागलें. पूण करतलें कितें? गुन्यांवकाराचें तोंड करून हांव थंयच उबें रावलें.

त्या कंवळया भुरग्याच्या दोळयांतल्यान दुकां व्हांवंक लागलीं. आपल्या म्हेळया मनगटान तीं दुकां पुसतना आंगाक घामान दकिल्लो धुल्ल ताज्या तोंडाक फांसतालो आनी आवयन माल्लो तरी तो आवयकच घट धरून राविल्लो.

आवयच्या आंगार धवी फुल्ल साडी आसली. तो आवयक वेंग मारूंक लागलो

तशी म्हेळी जाली. आनी ताजेर आनीक एक थापट पडलें. आवयन ताका उखलून भितर व्हेलो आनी शावरा पोंदा उबो करून न्हाणयलो. ताज्या आंगावयलो धुल्ल घांसून घांसून धुवन उडयलो.

जेन्ना तुवाल्यान पुसून ताका घेवन आवय भायर आयली तेन्ना तो निवळ भुरगो एकदम सुंदर दिसलो. हांवें ताका धल्लो आनी म्हळें, ''म्हाका लागून तुका मार पडलो मरे? आतां न्हावन धुवन तूं कितलो निवळ दिसता पळय.''

जेन्ना हांव घामान म्हेळे जाल्ले भुरगे पळयतां, रेब्यान माखिल्लें पाडूक पळयतां, तेन्ना तेन्ना म्हाका त्या भुरग्याची याद जाता आनी दिसता, कोणेय तरी हांकां थंड उदकांत घालून घश्टून न्हाणोवचें.

न्हावपाचें सूख सदांच आसता. तातूंतय जेन्ना आंग म्हेळें जाल्लें आसता वा गिमाच्या धगान जीव कासावीस जाल्लो आसता, तेन्ना न्हावंक थंड उदक मेळप, तें सूख वेगळेंच!

फाटल्या सोमाराक दनपारच्या कडार तापिल्ल्या डांबरी रस्त्यावयल्यान वता आसतना हांवें मृगजळां पळयलीं. कित्याक कोण जाणा, तो डांबरी रस्तो म्हाका म्हशीचे म्हेळे फाटीसारको दिसलो. मनांत विचार आयलो, जेन्ना पावसाच्यो पयल्यो धारो पडटल्यो, तेन्ना वताचे तापेन कासावीस जाल्लो, धुल्ल आनी चिखलान म्हेळो जाल्लो हो डांबरी रस्तो आंगभर न्हातलो आनी सुखावतलो.

त्याच विचारांत घरा परतलें. भायले वटेन सगळी जमीन तापल्या. कांय कडेन जमनीक वेरो पडल्यात. ही जमीन कितले उमळशिकेन पावसाची वाट पळयता आसत काय असो विचार मनांत आयलो.

दनपार देंवचे आदींच मळब भरून आयलें आनी अचकीत पावसाची दडक आयली. घराच्या उक्त्या जनेलांतल्यान हांव पळयतालें. न्हाणाची तृप्ती रस्तो आनी भूंय अणभवताली आनी ल्हान व्हड झाडां पावसाच्या धारांनी केल्ल्या कातकुतल्यांक लागून लजेत मुड्डत मनसोक्त न्हातालीं.

पावस म्हळयार निसर्गाचें न्हावप. वर्सभरयाचो शीण आनी म्हेळ धुवन काडपाचें हें तांचें पर्व.

३६

सैम

मक्याचे दाणे वा डाळंबाचे दाणे जेन्ना हांव पळयतां, तेन्ना तांची रचना म्हाका विस्मीत करता. डाळंबाचे दाणे एका आकाराचे; मक्याचे ल्हान व्हड आसतात. पूण तांची रचना खंयच्याच कलाकाराक लेगीत जमत काय ना असो म्हाका दुबाव पडटा. सैमाची करणीच एका कुशल कलाकाराची. ल्हानसान गजालींत सैमाची अप्रूप कला आसा. झाडाचें पान आसूं वा मनशाचे दांत आसूं, एक खेपे झडयले जाल्यार बऱ्याबऱ्या डेंटिस्टांक लेगीत दांत आदलेवरी बसोवप जमचें ना. वा कलाकाराक पानां, मूळ खांदयेक जोडप जमचें ना.

कलेचें प्रदर्शन भरलें म्हण्टकच ताज्यो तोखणायो जातात. कलाकाराचें कौतूक आसताच. तागेले सर्जनशक्तीचें ते प्रदर्शन अशें आमी मानतात. हांव कलारसीक. कलेच्या शास्त्राचो हांवें थोडो अभ्यास केला. आनी फाविल्ल्या वेळार चित्रांचें रेखाटनय केलां. देखून हांव कलेची व्हडवीक नकळं वा कलेचें मर्म म्हाका समजना अशें कोणें मानचें न्हय. प्रदर्शनां चित्रांचीं आसूं वा शिल्पांचीं, हांव पळोवंक चुकना. तरी पूण म्हाका दिसता कलाकार हो सर्जक न्हय. तो सैमाचे कलेचें एक आंग चित्रायता. खरो कलाकार सैमच आसता. सैमान सर्जन करचें आनी कलाकारान अनुकरण करचें.

हातांतलो हारसो सकल पडून फुटलो जाल्यार तो जोडूंक येना. कश्टांनी जोडलो तरी वेरो लिपनात. मक्याच्या बोंडांतले दाणे काडून परत बसोवंक सांगल्यार खंयच्या कलाकाराक जमतलें?

सर्जनाचे प्रक्रियेविशीं हांव येवजितां तेन्ना म्हजी मत गुंग जाता. खूब वर्सां आदीं आमगेर काजू हाडिल्ले. काजूच्यो बियो भाजून खावपाची इत्सा आमचे वावराडेक जाली आनी तिणे चार बियो रांदनीत घाल्यो. बियांचो दीख तिच्या आंगार उसळ्ळो तेन्ना ती बोवाळ करूंक लागली. त्या वेळार हांवें परत आनी तसलो प्रसंग नाका अशें येवजून उरिल्ल्यो चार बियो भायले वाटेन उडयल्यो.

म्हाका घट याद आसा. मार्च म्हयन्यातली ती गजाल. गिमांत पावस पडलो. आनी झिलांनी पडिल्ल्यो त्यो बियो कोंबेल्यो. भुरगीं खेळटालीं. थंय किल्लले चिंचारे आनी ह्यो बियो तांकां दिसल्यो. बिब्यावरी त्या कंवळया बियांक घोडकां म्हण्टात अशें म्हाका आमचे वावराडेनच सांगलें. एक धापळी तोंडांत घाली. बिब्याच्याकय रुचीक.

चिचाऱ्याचीं धापळां. तितलींच मधुर.

हांवें वावराडेक म्हळें, "बियो आनी चिचारे खावचे परस किल्लोवन खावप लोक कित्याक पसंत करिनात?"

तिणे भावार्थीपणान जी जाप दिली ती म्हाका खूब मानवली. तिणे म्हळें, "बी आनी चिचारे हांकां जीव नासता; पूण जेन्ना ते मातयेंत रुजतात तेन्ना तांकां झाडाचो गर्भ धरिल्लो आसता. नुस्त्याची गाभोळी तशीं काजूची आनी चिंचेचीं हीं दालां. तातुंतल्यान रूख वयर सरता."

देवाचे सर्जन कलेचो जेन्ना जेन्ना हांव विचार करतां तेन्ना ते वावराडेचीं उतरां म्हाका याद जातात. सर्जन म्हणटात तें हें, जंय एक दाणो जमनीच्या संपर्कांत येता आनी उदकाच्या आदारान एका महारुखाक जल्म दिता आनी तो रुख पानां, फुलां आनी फळां दिता.

ल्हानपणांत एक अभंग आयकल्लो. "आधी बीज एकले... एका बिजापोटी सहस्त्र कोटी जन्म घेती सुमने फळे..."

सैमाच्या सर्जनाचें रहस्य ह्या एका कडव्यान उलगडून दाखयलां. एक बी केदो व्हडलो संसार निर्मिता आनी तोय कलापूर्ण!

सैम म्हळयार एक विद्यापीठ. गंगा जशी अखंड व्हांवता तशें नित्य नूतन सैम आपले उकते शाळेचीं दारां रातदीस उकतीं दवरता. तानेल्ल्यान गंगेर वचून जाय तितलें उदक पियेवचें. ताजी तान भागता; पूण गंगेचें उदक उणे जायना. सैमाकडच्यान ज्याका जें गिन्यान जाय तें ताणे शिकून घेवचें. तें गिन्यान शिकून सोपचें ना. नाय जाल्यार विज्ञान आनी संशोधन म्हळयार सैमाचें गुपीत सोदून काडपाचो मनशाचो यत्न न्हय?

मनीस नवें कितें करता? हायड्रोजन सैमांत आसा. ऑक्सिजनय सैमांत आसा. तांच्या संयोगांतल्यान उदक संवसाराच्या आरंभाक सावन तयार जायत आयलां. पूण जेन्ना एकाद्रो विज्ञानीक उदक म्हळयार हायड्रोजन आनी ऑक्सिजनाचें मिश्रण म्हणपाचो सोद लायता तेन्ना तो व्हड सिध्दी मेळयल्ल्याची खोशी मेळयता. मेजावयलें केळे काडून फिर्याद जोडपाचो हो प्रकार न्हय?

३७

शंकर

गुलमोहराच्या झाडाक लांब सांगो हुमकळटात. गिमाच्या दिसांनी सगळीं पानां झडोवन पुराय तांबड्या गुलालान आपलें आंग भरून होळीच्या उन्मादांत वताकडेन खेळटलो हो रूख पावसांत निस्तेज जावन बसला. अजून ताजीं थोडीं तांबडीं फुलां आसात. पूण तांची टवटवीतसाण मेल्या आनी भियेवन गलितगात्र जाल्ल्या भुरग्यांवरी तीं दिसतात. एका ऋतूचो भार सोपून दुसरो ऋतू सुरू जातना त्या झाडान आपलें जिवीत कृतार्थ करपाखातीर सांगांक जल्म दिला.

म्हजो ल्हान चलो म्हाका सद्दां सांगता, "म्हाका त्यो दोन सांगो जाय."

"तुका सांगो कित्याक रे? त्यो खायनात." हांव ताका सांगतां.

"तलवार करूंक."

भुरग्यांचे कल्पनेचें म्हाका कौतूक दिसता. झाडाचेर हुंबकळटल्यो सांगो पळोवन तलवारीची याद म्हाका जावंक नासली. पूण ल्हान भुरग्यांक ती जाली.

"तुवें त्या सांगांची तलवार केल्ली खंय पळयल्या?" हांवें ताका विचाल्लें.

ताणे म्हाका पोरूं जाल्ल्या शाळेंतल्या एका नाटकाची खबर सांगली. त्या नाटकांतल्या पात्रांनी तलवार म्हणून गुलमोहराच्यो सांगो वापरिल्ल्यो.

हांवें चल्याक सांगलें, "पावस थांबतकच कोणय मेळ्ळो जाल्यार ताका झाडार चडोवन हांव तुका सांगो काडून दितां". तो खुशालभरीत जालो आनी खेळूंक गेलो.

त्या उपरांत मदीं केन्नाय ताका त्या सांगांची याद जाताली आनी दर खेपे हांव ताका पावस थांबतक सांगो काडून घेतां अशें सांगतालें.

एक दीस कांय कामगार त्या झाडांमुळांत काम करताले. भायर वत पडिल्लें. चलो धांवत म्हजेसरीं आयलो आनी ताणे म्हाका सांगलें, "झाडा मुळांत काम करपी आयल्यात आनी पावसय थांबला. आतां सांगो काडून दी."

भुरग्यांच्या हट्टामुखार चड शाणेपण चलना. देखून हांव सकल देंवलें आनी थंय काम करतल्या एका मानायाक म्हळें, "त्या गुलमोहराच्यो दोन सांगो काडून दिता?"

"कसल्यो सांगो म्हणटा बाय?" ताणे म्हाका विचाल्लें.

हांवें ताका सांगांकडेन बोट दाखयलें तेन्ना ताणे म्हळें, "शंकराच्यो?"

म्हजी म्हाकाच लज दिसली. ज्याका हांव गुलमोहर म्हणटालें, ताका कोंकणीत

शंकर म्हणटात म्हणपाचें म्हाका खबरच नासलें. एक खेपे श्रावण म्हयन्यात म्हाका कोणेतरी शंकराचीं फुलां हाडून दिलीं. तें झाड हांवें पळयल्लें. ताकाय सांगो लागतात हें म्हाका खबर आसलें. पूण तें झाड वेगळें आनी हें वेगळें. पूण त्या मानायाक कशें विचारतलें? तरी हांवें म्हळें, ''ह्या झाडाक शंकर म्हणटात? आनी दुसऱ्या झाडाक कितें म्हणटात तर?''

''तोय शंकरच.'' ताणे जाप दिली.

सांगांचो विशय विसरून हांव झाडाची वळख करून घेतां हें पळोवन अस्वस्थ जाल्ल्या चल्यान म्हाका म्हळें, ''शंकरच म्हणटात गे ताका. म्हाका सांगो काडून दिवंक सांग न्हय.''

त्या मानायान सांगलें, ''आतां सांगो तन्यो आसात. त्यो सुकतकच तुका काडून दितां. आनी झाडाचेर शेळो दाटिल्ल्यान चडूंकय मेळचें ना. तरी चलो हट्ट सोडीना हें पळोवन त्या मानायान एक सांग कोंडो लावन झडयली. पाचवीचार सांग. ती हातांत घेतना चलो खुशालभरीत जालो. रोखडीच ताणे ती तलवारी सारकी हालयली आनी आवाज येना अशें पळोवन म्हळें, ''ही सांग पोकी.''

तो कितें म्हणटा तें म्हाका सारकें समजलें ना. पूण त्या मानायाक समजलें.

ताणे म्हळें, ''म्हणूनच हांवें तुका सांगिल्लें, आतां सांगो तन्यो आसतात.''

चलो थोडो वेळ ती तन्नी सांग हातांत घेवन खेळ्ळो आनी मागीर ताणे ती भायर उडयली.

भुरग्यांचें अशेंच आसता. तांकां कसलोय खेळ चड वेळ खेळूंक मानवना. पूण म्हाका मात वायट दिसलें. झाडाची एक तन्नी सांग तोडून घेतिल्ली आनी ती घेवन चलो खेळ्ळो लेगीत ना.

दुसऱ्या दिसा तो मानाय दोन सुक्यो सांगो घेवन आयलो. दोनूय सांगो ताणे म्हज्या हातांत दिल्यो. चलो त्या वेळार शाळेंत गेल्लो. काफयेच्या रंगाच्यो त्यो दोन सांगो खिळखिळयावरी खळखळटाल्यो. हांवें सांगो निरखून पळयल्यो. पयसुल्ल्यान तलवारी सारक्यो आसल्यो. त्यो वावुडटना आवाजय येतालो. सांगां भितर बियो आसात. त्यो सुकिल्ल्यान वाजतात इतलें हांवें समजून घेतलें.

''ह्या सांगांचो उपेग कितें गे?'' आमगेर काम करूंक येतले बायलेक हांवें विचाल्लें.

''काय उपेग ना.'' तिणे आप दिली, ''भुरगीं त्यो घेवन खेळटात. आदीं चलयो असल्या सांगांतल्यो घुलो पुंजावन गड्या-फाड्यांनी खेळटाल्यो.''

म्हाका हें सगळें नवें आसलें, सैमाची सोबा आनी गिरेस्तकाय नियाळूंक म्हाका खूब मानवता. इतल्या वर्सांच्या अणभवा उपरांत हांव अशें मानतालें कि, सैमांत निरुपयोगी अशें कांयच नासता. ह्या गुलमोहराच्या झाडाचो, त्या सांगांचो कितेंय तरी उपेग आसूंकच जाय. आमकां तो खबर ना म्हणून त्यो सांगो, तें झाड निरुपयोगी मानपांत अर्थ ना. गुलमोहरापुरतें सांगतलें जाल्यार रखरखत्या गिमांत दोळयांक थंडसाण

दिवपी हें झाड म्हळयार सैमाचे सोबितकायेचें एक वेगळें रूपच. पावसांत आंग भिजोवन घेवन शिंयांत कुडकुडो मोन्यानी सोसून जेन्ना गीम तापूंक लागता, तेन्ना ह्या झाडाक कळी फुलूंक लागता. संगिताचे मैफलींत व्यासपीठाचे एके कुशीर बसून झेमतल्या मनशान खणखणीत आवाजांत सुरबूस भैरवी गावन मैफलीक सोबा हाडची तशी ह्या झाडाची करणी आसता.

त्या दिसा शाळेंतल्यान घरा येतकच जेन्ना त्यो दोन सुक्यो, खळखळपी सांगो चल्याच्या हातांत पडल्यो, तेन्ना हेर सगळो खेळ विसरून तो तलवारीन खेळ्ळो. त्या दिसा ताका जी खोशी, मेळ्ळी ते खोशयेचो विचार केलो जाल्यार लेगीत शंकरान तापिल्ल्या वतांत केल्लें तप कोणाखातीर तरी सुखदिणे जालां म्हणपाचें म्हाका पळोवंक मेळ्ळें.

३८

देवाची करणी

आमच्या जनेलासकल खूबशीं झुडपां आसात. पावसांत किल्लून वयर आयिल्लीं तीं झुडपां अर्दीं सुकून गेल्लीं तरी थोडीं अजून थंय आसात. जनेलाभायर कांय व्हाज आमी दवल्ल्यात आनी दिसपट्टें त्या व्हाजांतल्या रोप्यांक घाल्लें उदक सकल गळटा आनी त्या उदकापसून थंयच्या झुडपांक ओलसाण मेळटा. तीं झुडपां पळयतकच पानवेलीच्या निमित्त्यान म्हसंगाक उदक म्हणटात ते म्हणीचो म्हाका उगडास जालो.

जनेलांत उबें रावन व्हाजांतलीं झाडां सदांच हांव तोखेतां. त्या रोप्याक फुटिल्ली एक एक आंकरी हांव कौतुकान पळयतां. आंकरी वाडत वाडत ताजें पान जाता. निसर्गाची ती निर्मणी आसूनय निर्मितीचो आनंद म्हाका भोगता. अचकीत एक दीस फुलाचो कळो धरता. मागीर तो वाडता आनी ज़ेन्ना फांतोडेच्या वताच्या किर्णांचे उबेन तो फुस्स करून हांसता, तेन्ना म्हाका मळबांतल्या इंद्रधनुष्याचो उगडास जाता. सर्जनाचो तो एक अप्रूप खीण. रंग आनी गंधाची ती एक उधळण. ल्हान भुरगें माथ्यावयल्यान पांगरूण घेवन न्हिदिल्लें आसता. ताका जाग येता आनी तें हातपांय हालयता. जेन्ना तोंडावयलें पांगरुण कुशीक सरता आनी पाळण्याम्हर्यांत उबी आशिल्ले आवयचें रूप तें पळयता तेन्ना तें जशें हांसता, तसोच फुलत्या फुलाचो हांसो आसता.

पूण म्हाका सकल जमनीचेर थोड्या ओलसाणीचें रीण माथ्यार घेवन वाडटल्या झाडांचें उणे कौतुक नासता. केन्ना केन्नाय म्हाका दिसता, व्हाजांतल्या झाडांक सगळें मेळटा. उदक, सारें आनी मोग. त्या जमनीवयल्या झोपांक व्हाजांचे कृपेन ळटा तितले कांय थेंबे उदक. आनीक कांय तांच्या वांट्याक येना. पूण उदकाच्या रिणाक जागून तीं आपले पाचवे जिणेची नवलाय निसर्गाक ओंपूंक फाटीं रावनात.

फाटल्या आयताराक गिमाच्या रखरखांत आपली पाचवीसाण सांबाळून दवरिल्ल्या त्या झोपांचें कौतुक करूंक हांव सकल देंवलें. सगळोच एक चौरस मीटर पाचवोचार वाठार. भोंवतणी सुकिल्लीं झोपां आनी सुकी सडसडीत जमीन. पोंदाक आसा एक लजेचें झाड.ताजे कुशीक तरातरांचीं ल्हान ल्हान झाडां. ज्यांचीं नांवां लेगीत म्हाका खबर नात. दुर्वो आनी तरेकतरेचीं तणां. मदल्यानच एक कसली तरी वाल. अळसांद्यांची आसूंये. तातूंत कांय कांट्यांच्यो बडयो. इतले म्हणसर म्हजी नदर एका लांबोड्या आकाराच्या फळाचेर गेली. हात फुडें घालून फळ खुडपाचो यत्न करतना

हाताक कातकुतलेचीं पानां लागलीं. तरी हांवें फळ ओडलें. पाचवें फळ. एके सुके वालीक आसलें. फळासरशीं सुकिल्ली वाल तुटली. मीटरभर लांबायेची वाल. फळ खुडून वाल कुशीक काडली आनी मागीर कातकुतल्यो लागून सुजिल्लो हात पळयलो. सात - आठ दादड खोरजताले. पूण त्या दुख्खांतय त्या फळाची लक्तुबाय आसली.

फळ घेवन हांव घरांत आयलें. चड करून कारीट आसतलें. ह्या दिसांनी कारीट कशें? अजापच म्हणूंक जाय. काट्टाच्यो वाली पावसांत वाडटात आनी भाद्रपदामेरेन त्या वालीक काट्टां लागतात. काट्टांचो आनी आमचो संबंध येता तो दिवाळे दिसा. हरशीं त्या कोडू फळाची आमकां याद लेगीत जायना. पूण खुडून हाडिल्ल्या काट्टाचें म्हाका कौतुक.

कारीट मेजार दवल्लें आनी सुजिल्ल्या हाताचेर सैंटाचो स्प्रे मारून ताका थंडसाण दिता म्हणसर ल्हान चलो आयलो आनी ताणे काट्टाक घांस माल्लो.

आतां हाजी मौज पळोवया अशें येवजून हांव ताका पळयत रावलें. अजापाची गजाल म्हळयार तोंडांत घेतिल्लो काट्टाचो कुडको तो रूचीन खातालो.

"तुका कोडू लागना रे?" हांवें ताका विचाल्लें.

"तंवशाची पिपरी ती" ताणे म्हळें, "सगली खावं?"

हांव जाणा, कारीट भुरग्याच्या पोटांत गेल्यार वायटाक पडचें ना. पूण हें कारीट हाका कोडू कित्याक लागना असो प्रस्न म्हाका पडलो. हांवें त्या फळाक जीब लावन पळयली. तें कोडू नासलें. इल्लो कुडको खालो. खऱ्यांनीच तंवशें. लिंबायेदें आनी लिंबाच्याच आकाराचें. चल्यान तें रूचीन खालें आनी म्हळें, "म्हाका आनीक एक पिपरी जाय."

निसर्गाचे अप्रूपतायेचें अजाप मनांत आसतनाच हांवें जनेलांतल्यान बागोवन सकल पळयलें. पूण आनीक पिपरी थंय नासली.

सादीशी गजाल. पूण तरातरांचे उमाळे म्हज्या मनांत येवन गेले. देवाची करणी! दुसरें कितें?

86

३९

हुंवार

हुंवाराचो अणभव हांवें केन्नाच घेवंक नासलो. फाटल्या दिसांनी हुंवार म्हळयार कितें आसता तें प्रत्यक्ष पळयलें. ह्या आदीं सिनेमांनी हांवें हुंवाराचीं दृश्यां पळयल्लीं. वर्तमानपत्रांनी हुंवाराचीं वर्णनां वाचिल्लीं. घरांत लोक न्हिदिल्ल्या वेळार अचकीत चारय वाटांनी उदक येता आनी घरांतल्या मनशांसयत सगळयो वस्तू हुंवाराच्या लोटावांगडा व्हांवन वतात अशीं तीं वर्णनां आसलीं.

सगळें भुरगेपण मुंबय शारांतच गेलें. मुंबयच्या पावसाची खोशी आनी दुख्खां वेगळीं. पयलोच पावस जेन्ना पडटा तेन्ना मुंबयचीं गटारां उदकान भरतात. चौकांक तळयाचें रूप येता. रस्त्यावयली येरादारी बंद पडटा आनी लोकल गाडयो बंद पडिल्ल्यान पुराय लोकजीण विस्कळीत जाता. गिमाच्या धगापसून जिवाक थंडसाण मेळटा आसली तरी मुंबयच्या लोकांक पावस हें एक दिव्य आसता. सकाळच्या वेळार शाळेंत वा ऑफिसांत वतना पावसान भिजल्यार दीसभर ओल्या आंगाचेर रावचें पडटा. रस्त्यार चिखोल आनी निसरड जाता. नाका हो पावस अशें सगळयांक दिसूंक लागता. पूण ल्हान भुरग्यांक पावस म्हळयार सदांच मजा. चौकांत कितलें उदक भल्लां हें पळोवपाखातीर तीं मुद्दाम उदकांतल्यान वतात. मुंबयकारांक तो हुंवार. देखून म्हाका भुरगेपणांत दिसतालें, हुंवार येवन लोक मेले, गोरवां व्हांवन गेलीं अश्यो ज्यो खबरो येतात त्यो अतिशयोक्तीच्यो आसतात.

मुंबय सावन गोंयांत आयलें आनी पावसाचीं साबार रूपां पळयलीं. पावस हो धर्तरेक नवी जीण दिवपी ऋतू. पावसाचीं साबार रुपां म्हाका सदांच भाळयत आयल्यांत. तापिल्ले भूंयेचेर पयलो शिंवर जायनाफुडें जी वाफ सुट्टा आनी परमळ पातळटा तो घमघमाट म्हाका खूब आवडटा. निसर्गान निर्मिल्लो पुराय आंगाक धादोसकाय दिवपी दुसरो वास नासतलो. व्हांवत्या उदकाचो खळखळाट ल्हान भुरग्याच्या हांशावरीच निष्पाप आसता. न्हंयो, व्हाळ, तळीं कांठामेरेन भरिल्लीं पळयतकच तीं तृप्त जाल्यांत अशें दिसूंक लागता. नवे व्हंकलेवरी धर्तरी पावसाचे सुर्वेकच पाचवो शालू न्हेसूंक लागता आनी श्रावण येयसर तिजो शृंगार चालूच उरता. हीं पावसाचीं रुपां मुंबय पळोवंक मेळना आसलीं. देखून मुंबयचीं सोयरीं गोंयांत येवपाचीं आसल्यार हांव तांकां सांगतां, "गोंयची सोबा पळोवपाची आसत जाल्यार पावसांत गोंयांत येयात."

गोंयचे भूंयेचें एक वेगळेपण दर एका पावसांत हांव पळयत आयलां. पावस झडटा तोंवेर कितलेंय उदक भल्लें तरी पावस थांबनाफुडें तें जिरून नाच जाता.

असल्या गोंयांत फाटल्या दिसांनी हुंवार आयलो आनी तो लेगीत आमच्या वाड्यारच. हुंवाराची खबर पयली दिली ती आमच्या हॉस्पिटलांत आयिल्ल्या एका पेशंटान. म्हाका दिसलें, तशेंच वचचें आनी हुंवार पळोवचो.

घराभायर सल्लें आनी पळयलें कि रस्त्याच्या दोशी शेतां भाटां उदकान बुडल्यांत आनी रस्त्यावयल्यान उदक व्हांवता. मुखार वचून पळय जाल्यार कितल्योश्योच मोटारी उदकांत अर्द बुडून बंद पडल्यात. व्हाळाचे देगेर उबें रावन व्हांवतें उदक पळोवपाचें थारायलें. म्हज्या दोळयांसामखारच एक व्हड झाड मुळासकट हुमटून पडलें. पोंदची माती हुंवाराच्या उदकान व्हांवन गेल्ल्यान झाडाचो आदार सुटिल्लो.

बेगिबेगीन फाटीं सल्लें. व्हाळाच्या उदकांत एक स्कूल बॅग व्हांवन वता तें दिश्टी पडलें. कोणालो तरी एक तोप तसोच उफेतालो.

फाटीं सल्लें आनी फुडलो रस्तो धरपाचें येवजितालें तोमेरेन उदकाचो व्हडलो लोट आयलो आनी धोंपरभर उदक रस्त्यावयल्यान व्हांवंक लागलें.

एक बायल ते वटेन येताली, तिणे म्हळें, "अशी उदकांत रावं नाका; पडली जाल्यार व्हांवन वतली."

ते सरशीं मन भियेलें आनी परत येवपाचे वाटेन हांव चलूंक लागलें.

पूण परतीची वाट त्या आदींच बुडून गेल्ली. चारय वाटांनी उदक आनी मदीं हांव अशी म्हजी फजेत जाली. म्हजी अडचण पळोवन ती बायलच आदाराक आयली. तिणे हात दिलो आनी आमी दोगांय वयल्या भागांत आशिल्ल्या एका घराचे पडवेचेर वचून रावलीं.

देवाचे उपकार म्हणून अर्द वरान पावस उणो जालो आनी रस्त्यावयलें उदक देंवलें. परत येता आसतना हांवें पळयलें कि रस्त्याचेर तरेकवार वस्तू शिंपडल्यात. सगळयो हुंवाराच्या उदकान व्हांवन आयिल्ल्यो वस्तू.

घरा पावलें तेन्ना जिवाक सू जालें. म्हाका दिसलें, देवाचे उपकार म्हणून हांव बरे भाशेन घरा पावलें.

हांवें पळयिल्लो तो मिनी हुंवार. - व्हडलो हुंवार कसो आसत ताजी म्हाका कल्पना आयली. मनांत एक विचार आयलो, जेन्ना उदकाक मर्यादेंत दवरपी देगांपरसय वयर उदकाची पातळी पावता तेन्ना हुंवार येता. हुंवार हें एके तरेन मनशाल्या मनाचेंच प्रतीक न्हय? संवसारांत तरातरांचे मनीस आसतात. कांय जाणांक पैशे मेळटात तेन्ना ताच्या मनांतल्या भावनांक हुंवार येता आनी ते कोणाचीय पर्वा करीना आसतना बेबंद वागतात. कांय जाणांक यशाचो कैफ चडटा आनी ते हुंवाराच्या उदकाभशेन आपले धुंदींत दुसऱ्याची पर्वा करिनात. जेन्ना पैशे सोपतात वा यशाची धुंदी देंवता तेन्ना तांच्या वांट्याक निर्शेणी आनी लजच येता. दुख्खाचोय हुंवार केन्ना केन्नाय मनशाल्या मनाक येता. हुंवार ही सभाविक अवस्था न्हय. ती अडेची; हें मात बुडटी हाडटल्या उदकाभाशेन मनशाच्या मनाक कळना.

४०

विकृती

कार्निवालाच्या दिसा तोंडार रुपडें चडोवन एक मनीस आमच्या दारांत आयलो. "मोनो! मोनो आयलो!" अशें म्हणून भुरग्यांनी गर्दी केली. हांवूय भायर येवन पळोवंक लागलें.

बायलेचो भेस केल्लो एक दादलो. तोंडार रुपडें आनी आंगार साडी चडयली तरी ती बायल न्हय हें कोणूय वळखत आसलो.

"मोनो दादल्याची बायल जाल्या." एका भुरग्यान ल्हवूच म्हळें.

मोन्यान तें आयकलें आनी म्हळें, "हय बाये, हय. हांव दादलो बायलेचें सवंग घेवन आयलां."

आनी तो विकृत नाच करूंक लागलो. आपलें आंग मोडप, बिभत्स खुणो करप हे ताजे चाळे चालूच आसले. म्हज्यान ते कशेच पळोवंक नज जाले आनी हांव भितर आयलें.

कोणेतरी एके बायलेन त्या मोन्याक प्रस्न विचाल्लो, "बायलेचें सवंग घेतलो जाल्यार तियात्रांतले भाशेन सारकें तरी घेवपाचें. तूं धड दादलोय दिसना आनी धड बायल."

"हांव बायल कित्याक दिसूंक जाय? हांव तियात्र करूंक येवंक ना. सध्या कार्निव्हाल म्हणून तूं नकळ? कार्निव्हाल म्हळयार फकाणां करप आनी मौज-मजा करप. व्हीवा कार्निवाल." अशें म्हणून तो परत गेलो.

भुरगीं ताज्या फाटल्यान धांवलीं.

हांव गोंयांत आयलें तेन्नासावन हो कार्निवाल वर्सान वर्स पळयतां. कार्निवालाविशीं पेपरांनी उजवाडाक येता तें बरप वाचीत आयलां. म्हाका दिशिल्लें, हिंदूंचो शिगमो तसो किरिस्तांवांचो कार्निव्हाल आसता. पूण फाटीं किरिस्तांव धर्मीक फुडाऱ्यांनी कार्निवाल ही एक विकृती अशें सांगून त्या उत्सवाचो धर्माकडेन कसलोच संबंद ना असो खुलासो केलो तेन्ना म्हाका प्रस्न पडलो. शिगमो हो तरी धर्मीक उत्सव काय?

ते विशीं हांवें एका जाणकाराक विचाल्लें. ताणें म्हळें, "हय तर. शिगमो हो धर्मीक सण. आमच्या धर्मान ताका मान्यताय दिल्या."

"पूण कार्निवाल हो धर्मीक सण न्हय अशें चर्च म्हणटा. तें कशें तर?" हांवें विचाल्लें.

"तेंय खरें." ताणे म्हाका जाप दिली, "कार्नवालाचो आनी धर्माचो संबंद ना. कोणतरी म्हणटा की लॅटीन देशांनी मनयतात त्या कार्नवालाचें अनुकरण करून कोणेतरी गोंयांतय कार्नवाल सुरू केलो."

येवजीतकच म्हाका ताजें म्हणणे खरें दिसलें. शिगमो देवळा भोंवतणी जाता, पूण कार्निवाल इगर्जेंत जायना. कशेंय आसना, शिगमो आनी कार्निवाल हांची आमचे समाजीक जिणेक गरज आसली हातूंत इल्लोय दुबाव ना. आतां आमच्या दारांत आयिल्लो मोनो पळयात. ताज्या मनांतली विकृती उक्तावचेखातीर ताणें बायलेचें सवंग घेतलें आनी एके तरेन विकृतीचें समाधान केलें. मनशाच्या मनांत विकार येतात, ते कोयरासारके आसतात. घरांत कोयर जालो आनी दर दिसा तो कसल्याय तरी वस्तू फाटल्यान लिपोवन दवल्लो जाल्यार ल्हवू ल्हवू सगळें घर कोयरान भरतलें. घराची निवळसाण सोपतली. विकाराचेंय तशेंच आसता. मनांत आयिल्ले विकार सभ्यतायेच्या चादरीपोंदा चिड्डून उडयले म्हणून ते सोपचेनात. उरफाटे ते मनांत कुसत रावतले. ताका लागून चित्त आनी देह दोनय कुसपाची भिरांत उप्रासतली. देखून घरांतलो कोयर आनी मनांतले विकार भायर काडून उडोवपाक जाय. शिगमो आनी कार्निवाल हे सण मनशाक ती संद दितात. खीणभर अशेंय म्हणू येता कि मनशांक ती संद दिवचेखातीर कोणेतरी विचारवंतान ही तजवीज केल्ली आसूंये.

देखूनच शिगमो येतकच आमी तितलेपुरती सभ्यताय कुशीक सारूंक कबूल जातात. कार्निवालाचेंय तशेंच आसूंये. ज्यांकां शिगमो मनोवंक मेळना, ताणीं कार्निवाल मनयलो जाल्यार वायट मानपाचें कारण ना. विचारांक आकार येतकच मागीर एकाद्रे कल्पनेचो अर्थ समजूंक लागता.

सांजवेळच्या वेळार बाजारांत वतना कोणेतरी रंगीत उदकाचो एक बोमाडो रस्त्यार उडयलो. म्हजे मैत्रिणीचे साडयेर पडून तो फुटलो. आमच्या सांगातान एक किरिस्तांव बायल वताली. तिणे तो बोमाडो म्हजे मैत्रिणीच्या आंगार पडिल्लो पळयनाफुडें ज्या भुरग्यांनी तो उडयिल्लो तांकां गाळी घाल्यो.

हांवें म्हळें, "ते कार्निवाल मनयतात."

"ते खातीर आमचेर रंग कित्याक उडोवपाचो? तिणे विचाल्लें आनी म्हळें, "ज्यांका तांच्या सांगातान कार्नवाल खेळपाचो आसत, तांचेर ताणीं उडोवचो. रस्त्यान वतल्यांचेर कित्याक?"

म्हाका उगडास जालो. होळीचो एक नेम आसा. होळी खेळूंक येतल्याचेरच रंग उडोवपाची मेकळीक उरता; पूण हो नेम तरी सगळे खंय पाळटात?

जे मैत्रिणीच्या आंगार रंग पडिल्लो, तिगेलो बाजार थंयच उल्लो. ती घरा परतली आनी तिज्या सांगातान म्हाकाय वचचें पडलें. वाटेंत रागान तिणे म्हळें, "कार्निवाल ही आमची संस्कृतीच न्हय. ताजेर बंदी घालूंक जाय."

हांव कांय उलयलें ना. पूण म्हाका दिसलें, बंदी घालून प्रस्न कसो सुट्टलो?

कार्निवाल ही संस्कृती न्हय हें खरें. ती विकृती. पूण संस्कृती निवळ दवरचे खातीर विकृतीची वाट मेकळी करपाची ही एक तजवीज. पूण जिचे साडयेर रंग पडला तिका त्यावेळार बोध दिवप म्हळयार तापिल्ल्या तव्याचेर उदक रकोवपासारकें जातलें हें हांव जाणा आसलें. देखून कांय उलयलें ना.

४१

कांटे

कांट्याचें आनी म्हजें सदांच वांकडें. झाडाचो कांटो पयलो पळयलो तो गुलाबाचो. कवितेंत वाचिल्लें कि बोटाक कांटे रोंबून घेतले बगर गुलाबाचो वास घेवंक मेळना. मुंबय आमच्या घरांत गुलाब येताले. तांकां कांटे नासताले. माळी कांटे काडूनच लांब देंठाचे गुलाब हाडून दितालो. गुलाबाचे कांटे कशे आसतात तें समजून घेवपाची उमळशीक ते अजाण पिरायेंत लागून उरिल्ली. पयलो गुलाबाचो कांटो पळयलो तो पुण्याक गेल्लेकडेन आनी आमी ज्यांगेर उतरिल्लीं तांच्या घराभोंवतणी आशिल्ले सुदंर फुलबागेंत. पुण्याचे मातयेचें अप्रूप वेगळें. काळी माती थोडीशी चिकटी. पूण ती खूबच पिकाळ. थंय दंवान न्हाल्लो ताजो टवटवीत गुलाब पयलोच पळयलो. हांव जनेलांत उबें आसलें. उदेत्या सूर्याचें किर्ण दंवाचेर पडून तो थेंबो वज्रावरी चकचकलो. हांव धांवत भायर गेलें आनी एकदम त्या फुलाक हात घालो. तेन्ना म्हाका गुलाबाचो कांटो रोंबलो. म्हाका कांट्याची यादच नासली. दिसलें, विंचू बी चाबला आसतलो. हात फाटीं घेतलो तेन्ना बोटाक कळ येताली. बोट दामलें जाल्यार गाढ तांबड्या रगताचो थेंबो भायर आयलो. म्हजी ती फजेत पळोवन फूल हांसतालें. पूण म्हाका फुलाचो राग आयलो ना. हांवें परत फूल खुडूंक हात फुडें काडलो तेन्ना म्हजी नदर फुलाची राखण करतल्या काळया कांट्याचेर गेली. हांवें फूल खुडलें ना. पूण ताजी सोबा दोळेभर तोखेवन घेतली.

त्या उपरांत दर एके बरे वस्तीची राखण करपाखातीर सैमान तिचे भोंवतणी कांटे दवल्ल्यात म्हणपाचें म्हजें मन मानूंक लागलें. ल्हान झाडांचे कंवळे कोंब हुंदीर खातात. तांची राखण करपाखातीर तांचेर कांट्यांच्यो बडयो धांकतात. माडाचेर हुंदीर चडचे न्हय हे खातीर माडाक कांटे बांधिल्लेय हांवें पळयल्यात. तेन्नासावन कांटे म्हाका रूचनात आसले तरी तेंय सैमाचें आनी जिणेचें वेगळावंक नज अशें आंग अशें हांव मानतां.

श्रावण आयलो म्हण्टकच पोरसांतलो फिरंगी काण्णाचो एक घोंस काडून माळचो अशें म्हाका सदांच दिसता. दुदा रंगाची आनी ल्हान भुरग्याच्या गुलाबी पोल्यांभाशेन तांबसार देगेचीं तीं फळां खुडूंक वतना घट्ट कांट्यांचेर आदीं नदर वता आनी हांव कोणाक तरी उलो मारून तो घोंस काडून घेतां.

आमगेर एक वावराडी आसली. ती काण्णीचे कांटे कापून घेताली. कित्याक म्हणून विचाल्लें तेन्ना तिणे कितें जाप दिवची? म्हळें, ''हांव पांयाक जोतें घालीना देखून वाटेवयले कांटे पांयांक रोंबतात. काण्णीचे कांटे घट जाल्ल्यान त्या कांट्यान रोंबिल्लो कांटो काडप सोपें जाता...''

कांट्यान कांटो काडप म्हणटात, ते ओपारीचो म्हाका तेन्ना उगडास जालो आनी हांव हांसलें.

''हांसता कित्याक बाय?'' तिणे विचाल्लें, ''तुका फकाणां दिसलीं? आंगार फोड जालो जाल्यार सूयेन तो फोडचो न्हय. सुयेक कळम आसता आनी कळमेचो विखार जाता.''

त्या उपरांत कांट्याचो आनी म्हजो संबंद आयलो तो नुस्त्यावरवीं. नुस्त्याचो कांटो लागता, तो ताळयाक रोंबता. तो अणभव सगळयांनीच घेतला आसतलो. ल्हानसो कांटो अशे तरेन रोंबता कि जेवणखाण कांयच नाका जाता. बोटाचे चिमटींत येना. हारशामुखार रावन पळयल्यार दिश्टी पडना. पूण सगळें चित्त बेचैन करून सोडटा. मागीर उंड्याचो सोप गिळप, शिताची सुकी उंडी गिळप आनी मोठ्या सायासांनी तो कांटो पोटांत धुकळ्ळो म्हणटकच सू जाता.

पयलेच खेपे तो अणभव येतकच हांव नुस्तें खावंक फाटीं फुडें सरतालें. सुंगटां, तिसऱ्यो आनी कालवांची गजाल वेगळी. तांकां कांटे नासतात. पूण उपरांत म्हाका कळ्ळें कि नुस्त्याचे कांटे हे निरुपद्रवी आसतात. फक्त खातल्यांक नुस्तें खावपाची कला शिकून घेवची पडटा. व्हड पापलेटी सारक्या नुस्त्याचो कांटो त्रास दिना. पूण पेड, कल्ली हांचे कांटे सांगटाच्या कांट्याभाशेन उजरायतले बायलेक धोंसलेबगर रावनात. देखून नुस्तें उजरावप हीय एक कलाच म्हणची पडटली. कशेंय आसना, नुस्त्याचो सुवाद चाखूंक सोदतल्यांक कांट्याकडेन इश्टागत जोडूंक जाय इतलें खरें!

हातो कोणाक आवडना! ताजो घमघम वाठारभर फांकता. पूण कणकेच्या कांट्याकडेन झूज दिवनच तो हातासचो पडटा. बोरां काडटले लोक तेंच सांगतात पूण कांट्याक प्रतिश्ठा दिवपाचें काम हालींच्या कलांनी दिलां. कांटो हो अचळय खुडून भायर उडोवचेलो आसता अशें आमी मानतालीं. आतां घराच्या सालांनी कॅक्टसची जी अपुर्बाय जाता ती पळयल्यार कांट्यांकय बरे दीस आयल्यात अशें दिसता.

कॅक्टस पळयतकच म्हाका नाखटां वाडयिल्ले चलयेचो उगडास जाता. नाखूट हें घाणीचें आगर आसता. देखून तें वाडूंक दिवचें न्हय अशें जाण्टेले म्हणटाले. आमच्या भुरगेपणांत नेलकटर घेवन आमचीं वाडिल्लीं नाकटां कापपाचें काम आई करताली. तो दुखरो अणभव आजय हांव विसरूंक ना. पूण आतां नाखटां निवळ करपाची, ती रंगोवपाची आनी पॉलीश करपाची कला चलयांनी शिकून घेतल्या आनी वाडयिल्लीं नाखटां आंगावयल्या अलंकारावरी त्यो सांबाळटात. नाखटांच्या नशिबांत जे भाग्याचे

दीस आयल्यात तशेच कॅक्टसाच्याय नशिबांत येवंक नात?

जिणेंत फुलां आसात आनी कांटेय आसात. दुख्खाविणे सुख नीरस जातलें. रातीविणे दिसाक अर्थ उरचो ना. कांट्याविणे फुलाची सोबाय सोंपतली. आनी कांटो नाशिल्लें नुस्तें...

कांट्याची महिमा अगाध आसली तरी कांट्याचें नांव घेनाफुडें म्हज्या आंगार कांटो उबो रावता.

४२

मानापमान

घरचें काम करूंक एक चली मेळत काय म्हणून वासपूस करूंक एक अनवळखी बायल पयर आमगेर आयली. हांवें तिका तिजें नांव आनी कसल्या कामाखातीर चली जाय ताजी वासपूस करीना आसतना म्हळें, "हांवय एक भुरगें सोदतां. तुका खंयय मेळ्ळें जाल्यार म्हाकाय सांग."

"तुजो प्रस्न हांव सोडयतां. तूं म्हजो सोडय." अशें ते बायलेन सांगलें तेन्ना मात हांव तिज्या तोंडाकडेन पळयत रावलें. म्हाका दिवपाखातीर काम करपी चली हिका मेळटा, पूण आपल्या घरांत दवरूंक चली मेळना अशें कशें जावं येता? मेळिल्लें भुरगेंच ती आपल्यागेर कित्याक दवरना.

अनवळखी आसली, तरी दारांत आयिल्ले बायलेक उब्यांनीच परत धाडप म्हाका समा दिसलें ना. हांवें तिका बसूंक सांगलें आनी ती बसली. "एके वटेच्यान शिकिल्ल्या चलयांक नोकरी मेळना आनी घरचें काम करूंक चलयो मेळनात." तिणे म्हळें.

"शिक्षणाचो प्रसार जाल्ल्यान आतां सगळयो चलयो नोकऱ्यो सोदतात. तांकां घरांनी काम करप उणेपण दिसता." हांवें म्हळें.

"उणेपण कसलें? उरफाटें घरचें काम बरें. आतां कांय घरांत दवरिल्ल्या भुरग्याक कोणच परक्यासारकें वागयना. कोणय भेदभाव करता आसूंये पूण चडशे करिनात. तें घरांत उरता. घरांत जेवता. घरच्या सांगातान भोंवता आनी पगाराचे पैशे ताज्यान जाय जाल्यार बँकेंत दवरूं येतात. नोकरी म्हणून सोपेपणान खंय मेळटा. मेळळी जाल्यारय ह्यो काडाओडी. बसीनी ऑफिसांत वचप आनी परत येवप. आनी सगळयांकच कितें कारकुनाच्यो नोकऱ्यो मेळटात? फॅक्टऱ्यांनी ह्यो चलयो कसलीं कामां करतात, तें आमकां खबर ना काय कितें? पूण घरचें काम करूंक तांकां लज दिसता." तिणे आपलें मत मांडलें.

"तूं म्हणटा तें सगळें खरें" हांवें म्हळें, "पूण ताजें कारण शिक्षण हेंच आसा. शिकना आशिल्ल्यो चलयो घरांनी काम करतात आनी तांचेपरस आपूण वेगळयो अशें मानतल्यांक ऑफिस वा चाकरी जाय आसता. हॉटेलांनी वेटर म्हणून काम करतात तेय एकेभाशेन उश्टीं काडटात. पूण खंयचोच वेटर घरचें काम करूंक कबूल जावचो ना. अशे परिस्थितींत जिका घरचें काम करूंक भुरगें मेळटा, तिजें नशीब बरें म्हणचें

पडटलें. बाकी आयच्या युगांत जण एकल्याक आपल्या घरचें काम आपणेच करपाचें.''

''तशें आमच्या घरांत काम चड नासता.'' तिणे म्हळें, ''पूण आमी दोगांय दीसभर ऑफिसांत वतात देखून घरांत कोणय जाय पडटा.''

''पूण तूं म्हजो प्रस्न सोडयता म्हणटाली न्ही गे?'' मदींच हांवें तिका विचाल्लें, ''जाल्यार म्हाका दितली तें चली तूं तुमगेर कित्याक दवरून घेना?''

''तशें आमगेर एक चली आसा. तेंच जाय जाल्यार हांव तुमगेर धाडटां. आमकां तें चली परवडपासारकें न्हय.'' तिणे म्हळें.

''तुमकां जें परवडना तें आमकां कशें परवडटलें?'' हांवें विचाल्लें.

''तुजी गजाल वेगळी. तूं घरांतच उरता. आमच्या घरांत जाण्टो मनीस कोण उरना. देखून म्हळें.'' तिणे सांगलें.

''अशें कितें करता तर तें?'' म्हजो प्रस्न.

''कितें म्हणून सांगू?'' तिणे जाप दिली, ''काल हें टी. व्ही लावन क्रिकेट मॅच पळोवंक बसलें. हांव म्हण्टा, तूं पळय. पूण सगळो वाडो ताणे आमच्या घरांत जमयलो आनी इतलें करून ओगी रावलां? दनपरां घर भुरग्यांकडेन सोडून हें आपूण उठून मॅच पळोवंक गेलें.''

''असलें चली कामाक परवडटलें?''हांवें म्हळें.

''तेच सांगता न्हय. ताका सगळयो उमेदी. टी. व्ही. वयलो एक प्रोग्राम तें चुकयना. अडिल्ल्या वेळार कांदे हाडूंक दुकानाचेर धाडपाची माणसुकी ना. भायर सरूंक ताका अर्दवर लागता. घरा कुशीक दुकान. पूण हें कपडे बदलता, केंस वळयता आनी नटून थटून वता. विचाल्लें जाल्यार सांगता, 'चली मनीस हांव. फाल्यां म्हजें लग्न जावपाचें आसा.' आतां तूच सांग, हें चली आमकां कशें परवडटलें?''

''हरशीं कामा धंद्याक कशें तर?'' हांवें विचाल्लें.

''काम घसघशीत करता आनी तशी निवळसाणय सांबाळटा. पूण तकलेंत सपनां भल्यांत. ताका आपूण सिनेमांतली नटी जावचें अशें दिसता. दिशिल्लोय मनीस आपणाक पळयता, तोखेता अशा भ्रमांत हें रावता. घरांत कोणी परकी आयलो जाल्यार उलयता आसतना मदींच आपूणय तोंड घालता. धेंगसो घालपाची माणसुकी ना. फुगार जावन बसता.''

ती बायल वचूंक उठली तेन्ना तिणे विचाल्लें, ''धाडूं ते चलयेक तुमगेर?''

''नाका गे बाये.'' हांवें म्हळें.

हांसत, हांसत ती गेली. पूण हांव मात येवजूंक पडलें. एके वटेच्यान म्हाका दिसतालें, ह्या चलयांचें कांयच चुकना. तांकांय उमेदी आसतात, तीय सपनां पळयतात. दुसरे वटेन म्हाका दिसलें, आयच्या युगांत जोड कुटुंबा उरूंक नात. घोव आनी बायल दोगांय चाकरी करतात, ताणी कितें करपाचें? घर कशें सांबाळपाचें?

ह्या प्रस्नाची जाप ह्या दोन अतिरेकांमदीं खंय तरी आसूंक जाय. समाजान ती

सोदून काडूंक ना. जोमेरेन घरकाम करतले चलयेक मान आनी प्रतिष्ठा मेळची ना, तो मेरेन घडये हो प्रस्न सुटचोय ना. तशें पळोवंक गेल्यार चाकरी कोणाक नाका? देशांत बेकारी कितें थोडी आसा? तरी पूण कांय कामांच अशीं आसात ज्यांकां समाजांत प्रतिष्ठा ना. जें काम घरची बायल करता आनी तें केलें म्हणून तिची प्रतिष्ठा उणी जायना तेंच काम पगारी चलयेन केलें जाल्यार थंय उणेपण खंय आयलें? पूण हें म्हाका दिसून कितें उपेग? समाजांतल्या धा जाणांक जेन्ना दिसतलें, तेन्नाच घडये बदल घडून येतलो.

४३

भेस आनी सभ्यताय

बाणावलेचे वेळेर आतां गिमाची गर्दी जमूंक लागल्या. हरशीं ती वेळ वर्सयभर निर्जन उरता. सकाळच्या आनी सांजेच्या वेळार खारव्यांचें इल्लें येवप वचप सोडलें जाल्यार बाणावलेची वेळ शांत उरता. देखूनच आमी केन्नाय फिरूंक वचपाचें जालें जाल्यार बाणावलेच वतात.

फाटल्या आयताराक आमी वेळेर पावलीं तेन्ना एक युरोपियनं जोडपें आनी तांच्या सांगातान एक गोंयची तरुण बायल वेळेर आयलीं. ती युरोपियन बायल कॅमेरान फोटे काडटाली. तिणे दर्याचे फोटे घेतले. उपरांत मनशांचे घेवंक लागली. जाळ विणपी खारवी आनी माथ्यार रिकामें पांटें घेवन वतले एके बायलेचो फोटो घेतल्या उपरांत ती बायल आमचेसरीं आयली आनी आमचो एक फोटो घेवंक परवानगी मागली. तिजेकडेन आमची तितलीच वळख. एक-दोन प्रस्न विचाल्ले आनी त्या प्रस्नांक सरळ जापो मेळ्ळयो.

दोगांय कॅनडाकसावन आयिल्लीं. हांगा एका कुटुंबाच्या घरांत रावतात. जी तिसरी बायल तांच्या सांगातान आयल्या, तिगेली एक भयण कॅनडाक आसता.

इतले म्हणसर तिजो घोव तिजेसरीं आयलो आनी ताणे म्हळें, "दर्याचें उदक नितळ, निवळ आसा. ल्हारां फाटल्यान ल्हारां म्हाका आमंत्रण दितात. आमी न्हावंया."

"तूं न्हातलो जाल्यार न्हा." बायलेन घोवाक सांगलें, "हांव तुजे फोटे काडटां."

"तुमी दोगांय न्हायात, हांव तुमचे दोगांयचेय फोटे काडटां." ते दुसरे बायलेन त्या जोडप्याक सांगलें.

पूण त्या दादल्यान ताकतिकेन आपले कपडे काडले आनी तो धांवत दर्यांत देंवलो. देगेर वचून बायल ताजे फोटे काडूंक लागली. ती फोटे काडटाली आनी तो तिका न्हावंक आपयतालो.

थोड्या वेळान तिणे कॅमेरा ते दुसरे बायलेच्या हातांत दिलो. आपूण आपले कपडे देंवोवन तीय न्हावंक गेली.

ते बायलेकडेन स्विमिंग सूट नासलो. तरी ती अर्द आंग उकतें दवरून दर्यांत देंविल्ली. म्हाका दिसलें, आतां आमी थंय बसप समा जावचें ना. आमी उठलीं तेन्ना ती कॅनेडीयन बायल गोंयकान्नीक न्हावंक येवपाचो आग्रो करताली.

निमाणे ती कॅनेडीयन बायल उदकांतल्यान भायर आयली आनी ते गोंयकार बायलेक दर्यांत ओडूंक लागली.

तिणे म्हजेसरीं येवन कॅमेरा आनी आपली पर्स म्हज्या हातांत दिली आनी म्हळें, "ती इतलो आग्रो करता जाल्यार हांवय तांचेबरोबर न्हातां."

"आंगावयले कपडे काड." ते कॅनेडीयन बायलेन गोंयकान्नीक सांगलें.

पूण गोंयकान्न कबूल जाली ना. ती आंगावयल्या कपड्यांसयत दर्यांत देंवली. कॅमेरा हातांत आशिल्ल्यान तांचें न्हाण सोपसर म्हाका रावचें पडलें.

पांच मिनटांनी ती गोंयकान्न बायल परत वयर आयली. आनी व्हड्याचे कुशीक वचून तिणे आपले भिजिल्ले कपडे पिळून परत आंगार चडयले आनी वेळेर उबी रावन ओले कपडे सुकोवंक लागली.

"तुवें तुवालोय हाडिल्लो दिसना." हांवें म्हळें.

"आमी न्हावपाचें खंय थारायिल्लें? ऐन वेळार हांकां न्हायन दिसलें; आनी तांकां लज, भीड कांय ना. तिकाच पळय. ती आपलें आंग उकतें दवरून न्हावंक गेली. म्हाका आपले भाशेन न्हावंक सांगताली. पूण आमकां बाये तें जमना आनी सोबचेंय ना."

कॅमेरा तिज्या हातांत परत दिवन आमी फुडें गेलीं. परतुपाच्या वेळार हांवें पळयलें कि तें जोडपें न्हावन वयर आयिल्लें आनी आपलें ओलें आंग सुकोवंक बशिल्लें. चार भुरगे हें देहप्रदर्शन पळोवंक थंय घुस्पताले. पूण तांकां पर्वा नासली.

परत येता आसतना म्हजे तकलेंत एक प्रस्न घोळटालो. आमी भेस कित्याक घालतात? सभ्यतायेचें लक्षण म्हणूनच मनीस आंगार कपडे घालून वावुरता. दुसऱ्या सामखार आपल्या उकत्या देहाचें प्रदर्शन करप हें आमी असभ्य मानतात. पूण आपणाक फुडारिल्ले मानपी युरोप आनी अमेरिका खंडांतले लोक केन्ना केन्नाय लजेची लेगीत धींड काडूंक अनमननात. ती कॅनेडीयन बायल आनी ती गोंयकान्न हांचे मदलें हें अंतर शिक्षणाचें न्हय, रंगाचें न्हय, जाल्यार संस्कारांचें. ज्या संस्कारांत मनीस वाडटा, तशी तो आपली संस्कृती घडयता. आनी एकाद्री वागणूक संस्कृतींत रूढ जाली म्हणटकच लज सोंपता.

येतना हांवें म्हज्या सांगातान आशिल्ल्या घोवाक म्हळें, "ते कॅनेडीयन बायलेक उकत्या आंगान न्हावंक लज कशी दिसली ना?"

"लज ही सापेक्ष आसता." घोवान जाप दिली, "आतां तूंच पळय. दादलो उकत्या आंगान न्हाता ताजें आमकां कांय दिसना. पूण बायल न्हाता तेन्ना ती निर्लज्ज दिसता."

ह्या विशयाचेर अदीक चर्चा जाली ना. पूण मनांत खंयतरी दिसले बगर रावलें ना कि मनीस कसो वागता ताजेपरस तो तसो वागतना ताज्या मनांत कितें आसता हे गजालीक चड म्हत्व आसता. तो तर्क फुडें व्हरून आमच्यांनी म्हणूं येता, आमी जें पळयतात तें असभ्य आसताच अशें न्हय, आमचे नदरेचोच तो दोश आसूं येता.

४४

नागीण

बायलेचेर दादलो सदांच अन्याय करीत आयला अशी एक मान्यताय आसा. पूण संवसारांत अश्योय घडणुको घडटात, जेन्ना बायलच बायलेचेर व्हडलो अन्याय करता. फाटल्या दिसांनी वर्तमानपत्रां वाचून म्हाका तरी अशें दिसलें.

सिनेमा नटी रेखाक कोण वळखना? सौन्दर्य आनी अभिनयाचो एक नवो अविष्कार अशें जाणकार तिका पाचारतात. तिगेल्या घोवान फाटल्या दिसांनी आत्महत्या केली. तिगेले नणंदेन रोखडेंच म्हळें, 'उसने (रेखाने) मेरे भाईको डस लिया!''

जशी काय रेखा एक नागीण आशिल्ले भाशेन तिजेर हो आरोप जालो. पूण हो आरोप दुसरे नणंदेन खूब आदीं केल्लो. रेखाकडेन लग्न जायना फुडें तिणे मुकेशाक म्हणिल्लें, ''तूने इस नागनसे शादी क्यों की?'

सिनेमांतल्या नट्यांविशीं समाजांत खूबशे खरे-फट समज आसात. खूबशे विखारी पूर्वग्रह आसात. अमेरिकेचे आदले राष्ट्राध्यक्ष रेगन हांची बायल एक नटी आसली. मन्सूर अली पतौडीची बायल शर्मिला टागोर हीय एक नटी. नर्गीस आनी सुनील दत्ताची जोडी गाजली. वहिदा रहमान, देविका रानी, कामिनी कौशल... अश्यो कितल्योशोच नटी आसात ज्यांचो संवसार बरो चल्लो अशें समाजच कबूल करता. म्हणटकच एक नटी ही बरी बायल जावंक शकना हे पूर्वग्रह विखारीच म्हणूंक जाय.

रेखाची आदली जीण म्हळयार मोग आनी विरहाचो एक खेळच जावन बसलो.

तिचे जिणेंत खूबशे दादले आयले. खूबशा जाणांनी तिजेर मोग केलो. पूण एकल्यानय तिच्या सांगातान संवसार केलो ना. तिका मायेस्त घोव जाय आसलो. एक बरी आवय जावपाचीं सपनां ती पळयताली. दादलो आसूं वा बायल. तांचो भूतकाळ कितलोय वायट आसूं, तांची अपेक्षा अशी आसता कि आपणाक शुध्द मोग मेळचो. पूर्वग्रह कुशीक दवरून जेन्ना तांकां मोग मेळटा, तेन्ना एक वेगळे तरेची खोशी ते अणभवतात. रेखा आनी मुकेश हांचे जिणेंत कितें घडलें? तांच्या मोगामदीं कसली आडखळ आयली? मुकेशाल्या घरच्यानी सून म्हणून रेखाचो स्विकार केला काय ना? ह्यो गजाली हांव तरी किरकोळ मानतां. तिचे विशीं पेपरांनी जें वाचूंक मेळटा, चड करून मुकेशाचे आत्महत्ये उपरांत जें कितें छापून आयलें, ताज्यावयल्यान अशें दिसलें कि, सगळयानी रेखाकच दूशण दिलें. तिका लागूनच मुकेशान जीव दिलो असो निश्कर्श ताणी काडलो.

खूबशा घरांनी अशेंच घडटा. जेन्ना घरची सून चड शिकिल्ली वा चड सुंदर आसता वा ती गिरेस्ताली धूव आसता, ना जाल्यार ती समाजांत मुखार येवंक लागली जाल्यार समाज तिजेर सदांच अन्याय करता. तिगेल्या संवसाराचे विद्रूपतेचें तीच कारण अशें समाज मानता. लग्न जातकच बायलेन आपलें मन मारचें, उमेदी चिड्डूच्यो, करियर सोडचो आनी चार वण्टींमदली घरकान्न जावन रावची अशें समाजाक दिसता. रेखा विशीं अशेंच घडलें. रेखाकडेन लग्न करता आसतना मुकेशाक खबर नासलें की ती एक नामनेची नटी म्हणून? तिचे आदले जिणेची मुकेशाक खबर नासली? ज्या गजालीची चर्चा वर्तमानपत्रांनी जाताली ती चर्चा मुकेशान वाचूंक नासली? तरी तो रेखाकडेन लग्न जावंक कबूल जालो मूं? मागीर रेखाक दूशण दिवंक आदार कितें.

रेखा आनी मुकेश हें हांव प्रतीक कशें मानतां. भारतीय समाजांत खंयचोय मुकेश जर जीव दिवन बसलो जाल्यार समाज तांगेले लग्न-जिणेचो एक्स रे घेवन सगली जापसालदारकी तागेले रेखाचेरच घालतलो. असल्या रेखाक खंयच्याय दादल्यान लागीं करून सोडून दिली जाल्यार लेगीत समाज त्या दादल्याक दोष दिना. तेन्ना कोणूच म्हणना, एके आंकवार सुंदरीक नाग चाबलो. समाजाचें विचित्रपण हें कि दादलो सदांच अटी घालून मोग करता आनी बायल मात पुराय काळीज ओपून मोग करता देखून बाबडी फसता. खलील जिब्रानाची एक कथा आसा. तातूंत तो म्हणटा, बायलेचो मोग हो काळजांत उपजता आनी दादल्याचो मोग बुद्दींत मूळ धरता. जे काळजांत किल्लता तें वेगळें आसता आनी बुध्दींत उपजता तें वेगळें आसता. काळीज हो मनीस देहाचो असो नाजूक कुडको जो पुराय संवसार आपले भितर आसपावन घेता. ते नदरेन बायलेचें काळीज हें सर्वस्पर्शी आसता. तें रोकडें कळवळटा आनी खुशालभरीतय जाता. अशा काळजांतल्यान जो मोग जल्म घेता तो अटी मेकळो आसता. काळीज चड दिता, थोडें घेता हे विसरूंक फावना. बुध्दीचो वेव्हार उरफाटो आसता. ती दर एके गजालीची बेरीज वजाबाकी करता आनी चड घेता, थोडें दिता. रेखाक हांव वळखना. पूण ती एक बायल देखूनच म्हाका दिसता, ती मायेस्त आसूंक जाय. तिगेले जिणेचो भूतकाळ सगळे जाणात. नटी ह्या नात्यान तिजे जिणेंत जायते दादले आयले आनी गेले आसतले. आवय-बापायपसून पंदरा वर्सांमेरेन वेगळी रावन तिणे आपलें आगळें व्यक्तिमत्व फुलयलें आसतलें. कांय गजाली तिणे लाचार जावन केल्ल्यो आसतल्यो. असले नटीकडेन लग्न करतलो दादलो बेरीज वजाबाकीचो सादो हिशोब केल्याबगर कसो रावत? रेखाचें सौन्दर्य, तिची नामना, तिचें प्रसन्न व्यक्तिमत्व म्हाका जाय आनी तिगेले दोश मात म्हाका नाकात अशें म्हणप समा जातलें?

लक्षणशास्त्राचे जाणकार सांगतात कि, रेखा दिसता सुंदर पूण तिचे पांय अशे कि संवसार केन्नाच सुखाचो जावचो ना. हातूंत रेखाची कसली चूक? आपले परीन ती सुखाचो संवसार करपाची सपना पळयतलीच. मुकेशान मात हे सगळे गजालीचो आदींच विचार करूंक जाय आसलो. लग्न जावन जर संवसार चलोवपा वेळार मुकेश दुबळो थारलो जाल्यार सगळें दूशण रेखाक कशें दिवं येता? अर्दें तरी मुकेशाचें चुकलें अशें म्हळयार लटकें जातलें?

४५

सुसंवाद

महिला मंडळाची कार्यावळ आसली म्हणटकच ते कार्यावळींत दादल्यांनी वचपाचें नासता असो समज दादलेच न्हय, कांय बायलो लेगीत करून बसल्यात. देखूनच जेन्ना जेन्ना महिला मंडळाच्यो कार्यावळी जातात तेन्ना तेन्ना संवसाराचो भार खीणभर कुशीक काडून दवरिल्ल्यो चार बायलो थंय जमतात आनी एकाद्रे चर्चेखातीर उलोवंक आपयिल्लें आसल्यार तितलेच दादले. ताका लागून महिला मंडळाच्या कार्यावळींक नाट्यछटांचे रूप येता.

नाट्यछटा म्हळयार मोनोलॉग. आपूण आपणाकडेन उलयता तेन्ना संवाद जावंक पावना. उलोवपी आपूण आनी आयकुपीय आपूण. हाज्या उरफाटें संवादाक उणेंच दोन पात्रां लागतात. महिला मंडळाच्या कार्यावळींनी खूबश्यो बायलो आपलीं सुखां आनी दुख्खां, कागाळी आनी सुचोवण्यो, हावेस आनी निर्शेण्यो उलोवन दाखयतात. त्यो आयकतात त्यो बायलोच आसतात. समदुख्खी (वा समसुखी म्हणात जाय जाल्यार) मनीस आपलें दुख्ख एकामेकांक वांटतात. जी बायल प्रस्न जाणा वा जे बायलेचे तेच प्रस्न आसतात तिका ते उतरांनी सांगपाची तरा विचित्र म्हणूंक जाय. महिला मंडळाच्या कार्यावळीनी उलोवपी बायलो आसूंक जाय आनी आयकुपी दादले आसूंक जाय. निदान बायलो आनी दादले समान प्रमाणांत कार्यावळीक हाजीर आसूंक जाय. तशें घडना देखून महिला मंडळाच्या कार्यावळींनी बायलांच्या प्रस्नांक वाचा फोडपाचे जितलेय प्रयत्न जातात ते अरण्यरुदनासारके आसतात. आमी कागाळ करचेली आसता ती न्याय मेळोवचे खातीर. पूण न्यायालयाच्या रिकाम्या सालांत न्यायासनाचेर न्यायाधीश बशिल्लो नासतना कायद्याच्या आदारान आपली कागाळ कितल्याय समर्थपणान मांडली तरी ताचो उपेग कितें जातलो, हे गजालीचेर महिला मंडळांनी केन्नातरी विचार करपाची गरज आसा.

बायलांचे प्रस्न जेन्ना आमी म्हणटात, तेन्ना ते प्रस्न खंयच्या बायलांचे हें आमी आदीं समजून घेवपाची गरज आसा. ह्या संवसारांत दर एका देशांतले प्रस्न वेगळे. इतलेंच न्हय, देशाच्या वेगळ्या भागांत वेगळे प्रस्न. परत एकाच गांवांत रावतल्या सगळ्या बायलांचे प्रस्न सारके नासतात. भारतापुरतो विचार केलो जाल्यार उत्तर भारतांतल्या बायलांचे जे प्रस्न आसात ते पूर्व, पश्चिम वा दक्षिण भारतांतल्या बायलांचे

प्रस्न म्हणूंक नज. परत, मुसलमान बायलांचे प्रस्न वेगळे आनी हिन्दू बायलांचे प्रस्न वेगळे. त्याभायर हिन्दूंमदीं दर एके जातींच्या बायलांचे प्रस्न वेगळे. देखून जेन्ना आमी बायलांच्या प्रस्नाचेर चर्चा करतात तेन्ना ते प्रस्न जर थंयच्या बायलांचे नासत जाल्यार ते चर्चेंत बायलो समरस जावंक पावनात. सिनेमाची काणी आयकुची वा पुराणांतलो प्रसंग कानार पडचो तितल्या निर्विकार मनान व्यासपीठावयलीं भाशणां बायलो आयकतात.

खरी गजाल आसा ती संवादाची. आदीं बायलां-बायलांमदीं संवाद जावंक जाय आनी त्या उपरांत बायलो आनी दादल्यांमदीं संवाद जावंक जाय. भारताचे पश्चिम देगेचेर जो समाज रावता, त्या समाजांतल्या बायलांचे प्रस्न कितले वेगळे! (अर्थांत हांगा लेगीत आडवाद आसतले) पूण सर्वसामान्य बायल ही शिकिल्ली आनी मानाची जीण जगपी अशी आसा. गोंयच्या हिन्दू बायलांपुरतो विचार केलो जाल्यार आमचे प्रस्न हेरांसारके न्हय. गोंयांत वरदक्षणेखातीर लग्नां अडटात आसूंये, पूण वरदक्षणा हाडली ना देखून सुनांक हुलपावपाच्यो घडणुको गोंयांत घडनात. कांय सुवातांनी जनावरां पाश्ट जीण बायलांच्या वांट्यांनी येता तशी गोंयांत येना. असले परिस्थितींत गोंयच्या बायलांमुखार जे खरेले प्रस्न आसतात तांची चर्चा जाली ना जाल्यार ते चर्चेंत बायलो मनापसून भाग घेवंक पावच्यो नात. आनी ताणी भाग घेतलेबगर बायलां-बायलांमदीं संवाद जावंक पावचो ना.

आयच्या युगांत संवाद होच सगले प्रस्न सोडोवपाचो उपाय अशें राजकारणी लोक लेगीत मानतात. झुजाचे तयारी करतले दुस्मान लेगीत संवाद करूंक कबूल जातात. पूण संवाद म्हळयार कितें हें आमी आदीं समजून घेवंक जाय. ते बगर संवाद करूंक भायर सल्यार त्या संवादांतल्यान कांयच मेळचें ना.

खंय तरी संवादाची एक बरी व्याख्या हांवें वाचिल्ली तिचो उगडास जाता. 'हांव बरें आनी हांव सांगतां तेंच खरें' अशें म्हणप हो वाद जालो. 'हांव बरें, तूं वायट आनी तूं बरें जावंकच नज' हो वितंडवाद जालो. 'हांव कितलें बरें आनी तू कितलें बरें हें समजून घेवन एकमेकांच्या आदारान दोगांय बरीं जावंया' अशें म्हणप हो संवाद. संवादांत आपली चूक मोठ्या मनान कबूल करप, दुसऱ्याचे गुण कबूल करूंक संकोच करप ना आनी एकामेकांक समजून घेवपाची तयारी दवरप गरजेचें आसता. गोंयच्या बायलांनी असो संवाद आपले भितर आदीं करूंक जाय आनी उपरांत दादल्यांकडेनय संवाद करूंक जाय.

बायलांच्या भाशणांनी दादल्यांचे दोश आयकूंक मेळटात. पूण समाजांतल्या सगळया दुखण्यांखातीर दादलेच जापसालदार आसतात अशें म्हणप अन्यायाचें जातलें. आमी जाणा जावंक जाय, दादले आनी बायलो हांचें नातें पुरुष आनी प्रकृती हांचें आनी ह्या दोगांमदीं संवाद उल्लो जाल्यार संवसाराचो गाडो बरे तरेन चलतलो. ह्या संवादाखातीर एकामेकांक दूशण दिवन भागचें ना, जाल्यार एकामेकांतले दोश समजून

ते कुशीक सारून गुणांचो सुमेळ घडोवन हाडलो जाल्यारच ते जावं येतात आनी असो सुमेळ घडोवन हाडपाचो एक उपाय म्हळयार बायलांचें म्हणणे दादल्यांनी आयकून घेवप आनी दादल्यांचें बायलांनी. जो मेरेन महिला मंडळां हीं फकत बायलांचीं केंद्रां उरतलीं, तो मेरेन हो संवाद जावंक कसो पावतलो?

४६

तीन दृश्यां

चार वर्सांचो एक ल्हानसो भुरगो. आवयन तागेलो उजवो हात आपल्या दाव्या हातांत धल्ला. तिगेल्या खांद्याक पर्स आनी उजव्या हातांत एक पोती. बाजारांतल्यान गर्देच्या रस्त्यावयल्यान ती चलता. तिज्या सांगातान पावलां उखलप त्या ल्हान भुरग्याक जमना. तो रडटा. आवयक धर म्हणटा. ती ताजेर धेंगशे घालता आनी दोरी ओडची तसो ताजो हात ओडून पावलां उखलीत रावता. रस्त्याचे कुशीक एक उदकाचें कोंड. थंय रेबो जाला. भुरग्याले दोनय पांय त्या कोंडांत पडटात. रेबो ताज्या आंगार आनी तिगेले साडयेचेर उसळटा. पूण ते बायलेक ढंग नासता. भुरगो व्हडान रडटा तरी ती ताजेकडेन पळयना. तिजी नदर पयस खंयतरी थिरावल्या. घडये बसीचेर आसूंये. भुरग्यालो हात तिच्या हातांत घट आसा. तो सोडूंक येना. तांच्या फाटल्यान हांव चलतां. वाटेन वतना जायत्यो गजाली दिश्टी पडटात. पूण त्यो मोन्यानी पळोवन हांव कुशीक सरतां. पूण त्या भुरग्याची म्हाका काकुळट आयली आनी हांवे दोन पावलां घसघशीत उखलून ते बायलेक हात लायलो.

ती थांबली तेन्ना हांवें तिका तिगेल्या चल्याची कितें दुर्दशा जाल्या तें पळय म्हणून सांगलें. तिणे पळयलें. चल्याचें आंग रेब्यान भरिल्लें. तागेले पांय तर रेब्यान सामके बुरशेल्ले. ते बायलेन तागेलो हात सोडलो आनी दाव्या हातान ताजे फाटीचेर चार धुमके घाले. तो कळवळ्ळो आनी म्हाकाय कितेंशेंच जालें. पूण आवय पुताक मारता जाल्यार कोण कितें करतलो?

आवय आनी भुरग्याचें नातें वेगळें. भुरग्याक आवय परस दुसरो खंयचोच मनीस आपलो दिसना. ह्या भुरग्याचेंय तशेंच जालें. एकेवटेच्यान आवय ताका मारता आनी दुसरे वटेच्यान तो आवयक घट धरता.

थोड्या वेळान आवयची नदर आपले साडयेचेर गेली. आपले साडयेचेर रेबो उसळ्ळो हे पळोवन तिका तिडक आयली आनी तिणें परत एक खेपे आपल्या चल्याक मारूंक सुरवात केली.

हांवे तिका म्हळें, "ताजो कसलोच गुन्यांव ना. तुवें पळयलें ना. उदकाच्या व्हडल्या कोंडात ताजे पांय पडले."

म्हगेल्या उतराक लागून आसत वा बाजारांत आनीक विपश्टां नाका अशें येवजून आसत, आवयन ताका मारपाचें बंद केलें आनी अपुरबायेन ताका सांसपिलो.

आवयचे मायेचो उमाळो जादू करून गेलो. रडटलो भुरगो आपलें दुख्ख विसल्लो आनी हांसूंक लागलो.

हांवें म्हळें, "हांगा लागींच हॉटेल आसा. ताका हॉटेलांत व्हर आनी ताजें आंग धुवन घे."

"तशेंच करतां" अशें तिणे म्हळें आनी हांव म्हजे वाटेन गेलें.

बाजारांतलीं म्हजीं कामां सोपोवन परत येता आसतना वाटेंत एक झोपडपट्टी आसा. थंय हांवें एक वेगळेंच चित्र पळयलें.

उदकाच्या नळाची पायप लायन ते वटच्यान वता. एक पायप फुटला आनी व्हडलें कारंजें भायर सल्लां. मजुरी करपी एक बायल त्या उदकांत आपले कपडे धुता. तिगेलें एक ल्हानशें चली थंय लागसारच खेळटा. भोंवतणी नळाचें उदक सांचून कोंड जालां. खेळटां, खेळटां तें भुरगें त्या कोंडांत बसलें आनी आपलें आंग तातूंत बुडोवंक लागलें. आवय मोन्यानी हें सगळें पळयता. पूण कांय उलयना. येदोळच्या प्रसंगाचें ह्या प्रसंगाकडेन साम्य कितें हाजो विचार करीत हांव फुडें वतां.

फुडें एक फोंडारो आसा. पावसांत त्या फोंडाऱ्यांत उदक आसता. आतां उदक आटून चिकोल तितलो उल्ला. गिमाची दनपार जाल्ल्यान शितळसाणेखातीर एक दुकर त्या रेब्यांत बुडून बसलां.

घराकडेन येतकच कित्याक कोण जाणा, म्हाका ओगीच दिसलें, हांवे पळयिल्लो रेबो म्हज्या आंगाचेर उसळ्ळा. हांवें सगळें आंग पळयलें. खंय एक थेंब ना. तरी म्हाका हीत जालें ना. हांवें कपडे बदलून आंग धुवन घेतलें. मागीर म्हाका दिसलें, दोळयांनी जीं दृश्यां पळयिल्लीं तांचे दाग म्हज्या मनाचेर पडल्यात.

हांव येवजूंक लागलें. हांवें तीन दृश्यां पळयलीं. ह्या तीनय दृश्यांत साम्य आसलें तें एकच आनी तें म्हळयार रेबो. पयल्या दृश्यांत एके सभ्य बायलेच्या आंगाचेर आनी तिगेल्या भुरग्याचेर रेबो उसळ्ळो. गुन्यांव पळोवंक गेल्यार तो बायलेचोच. तरी तिका रेबो आंगार उसळिल्लो दिसनाफुडें तिडक आयली आनी तिणे आपल्या भुरग्याक माल्लो.

दुसऱ्या दृश्यांतय आवय आनी भुरगें आसलीं. भुरगें रेब्यांत खेळटालें. पूण आवयक त्या रेब्याचें व्हडलेंशें दिसना आसलें.

तिसऱ्या दृश्यांत एक जनावर गिमाचो ताप ल्हव करपाखातीर रेब्यांत बुडून बशिल्लें. ताका तो रेबो सुखदिणो दिसतालो.

आनी हीं तीनय दृश्यां पयसल्यान पळोवनय म्हाका मात म्हजें आंग म्हेळें जालां अशें दिसलें. सूख ही मनाची एक अवस्था आसता. कसलीय गजाल आमी मनाक कितली आनी कशे तरेन लावन घेतात हाजेवयल्यानच ती गजाल सुखदिणी काय दुखदिणी हें थारावपाचें आसता. म्हणूनच घडये म्हण्टात आसूंये कि सुख आनी दुख्ख हो आपालिपाचो खेळ आसता. एका मनशाक ज्यांतूत सुख मेळटा तीच वस्त दुसऱ्याक दुख्खी करूंक कारण जाता.

४७

उबगण

घरांतल्या वातावरणान तो पुराय खचून गेल्लो. हरशीं ताका उमेदी खूब. आपलें एक वेगळें घर आसचें, त्या घराची राणी सोबची अशी एक बायल आसची आनी दोगांयनी हांसून, खेळून संवसार चलोवचो अशें सपन तो कितलींशींच वर्सां पळयत आशिल्लो.

तसो तो एकलो एकसुरो. ल्हानपणांत आवय मेल्ली आनी तो नोकरी करूंक लागतसर बापूय हो संवसार सोडून गेल्लो. ह्या विशाळ संवसारांत आपूण अनाथ म्हणपाची जाणविकाय ताका सदांच खंती करताली आनी ते खंतीच्या चेपणातळा तागेल्यो उमेदी आनी सपनां चिड्डून वतालीं.

तशे ताका सोयरेदायरे नाशिल्ले अशें न्हय. आवय वटचे आनी बापाय वटचे खूबशे सोयरे जळामळाक शिंपडिल्ले. पूण नोकरेक लागून तो शारांत रावतालो आनी बापायन घेवन दवरिल्ल्या त्या ल्हानशा फ्लॅटांत जीण सारतालो. फ्लॅटाच्या वण्टींक रंग लागल्यार खूब वर्सां जाल्लीं. धुल्लान त्यो विटिल्ल्यो आनी आदीं काडिल्ल्या रंगाचीं खवळां निखळटालीं. घरांत आयदनां आसलीं. तांकां उदकाचो थेंबो लागल्यार वर्सां उलगल्लीं देखून तीं रांपेल्लीं. तो खाणावळींत जेवतालो. घरांत येवन न्हिदतालो. आपली जीण ह्या फ्लॅटासारकी अशें ताका दिसतालें. सगळें आसा, पूण एकेय वस्तीक कळा ना.

तागेलें लग्न थारलें तेन्ना खंतीचें चेपण पयस जालें. बायल सुंदर, शिकिल्ली. तो तिजेकडेन आदींच सगळें उलोवन गेल्लो. संवसाराचीं सुंदर सपनां ताणी दोगांयनीय रंगयिल्लीं. लग्नाचो दीस लागीं पावतां पावतां ताणी फ्लॅट रंगयलो. पोरन्यो अडगळीच्यो वस्तू काडून नव्यो वस्तू हाडल्यो. एके तरेन ज्या घरांत बायल येतली, त्या घरचें वातावरण प्रसन्न दवरपाचो ताणे यत्न केल्लो.

लग्ना उपरांत सुर्वेच्या दिसांनी सगळें नवें आसलें. उमेदीचीं सवणीं आपले तरेकवार रंगाचे पांखाटे धोलयत मळबांत उडटालीं. कातकुतल्यांचे ते दीस सुखदिणे आसले.

एक दीस ताणे नाटकाच्यो दोन तिकेटी काडल्यो. घरा येवन बायलेक सांगलें, "आज नाटकाक वचूंया. तू खंयची साडी न्हेसतलें?"

"म्हाका उबगण येता. नाटक भोंगूं" बायलेन जाप दिली.

दुदांत मिठाचो खडो पडलो. त्यो तिकेटी शेजाऱ्याक दिल्यो. शेजाऱ्यान उमेदीन घेतल्यो आनी वयल्यान विचाल्लें, "तुमी कित्याक वचनात तर?"

आमीच वचपाचीं, पूण बायलेच्या जिवाक मात्शें बरें दिसना." ताणे जाप दिली.

दुसऱ्या दिसा शेजान्नीन तागेले बायलेक नाटकाच्यो तोखणायो सांगल्यो आनी सांगलें, केन्नाय संद मेळ्ळयार मुजरत पळय. काल तुज्या जिवाक बरें नाशिल्लें?"

बायलेक पात्सो दिसलो. "बरें ना जावं दुस्मानाचें" अशें म्हणून तिणे म्हळें, "कित्याक विचारता?"

शेजान्न मात्शी गडबडली. तिणे म्हळें, "काल तुजो घोव तिकेटी दिवंक आयिल्लो. तेन्ना ताणेच तुज्या जिवाक बरें दिसना अशें सांगिल्लें."

सांजचो घोव घरा येतना मोगऱ्याची हळी घेवन आयलो. दारांत पावनाफुडें ताणे ती बायलेक दिली आनी म्हळें, "चल, आज आमी पासयेक या."

मोगरेची फांती शेंवटून उडोवन तिणे म्हळें, "आदीं एक सांग, काल हांव बरी ना म्हणून तुवें शेजाऱ्याक सांगिल्लें? वान्साच पाडी तुजी. नाटकाक आयलें ना जाल्यार हांव बरें ना म्हणून शेजाऱ्याक सांगता. चल तूं एकलोच पासयेक."

बायलेची ही वागणूक पळोवन घोव सामको निर्शेलो. तागेल्यो उमेदी आनी सपनां चिड्डून गेल्यांत. कितेंय सांगलें तरी बायलेक उबगण. घर आसा, पैशे आसात, दानत आसा, दोगांच्याय काळजांत 'एकामेकांविशीं उपाट मोगय आसा. पूण घोवाच्या तोंडांतल्यान उतर भायर सल्लें म्हणटकच बायलेकडच्यान प्रतिसाद मेळना. आयिल्ल्या दिसा ती उबगल्ली आसता. तशी ती रांदता फकत पोट भरूंक जाय म्हणून. सगळीं कामां करता तीं कोणे तरी हाताक धरून करूंक लायिल्ले भशेन उबगून करता.

एक दीस एक पयसुल्लो सोयरो तांगेर आयलो. ताणे विचाल्लें, " कसो चल्ला तुमचो संवसार?"

घोवान सट् करून जाप दिली, "सवतीची सांवळी ज्या संवसाराचेर पडटा तो आनी कसो चलतलो?"

आयकतल्यापरस बायलेक चड अजाप जालें. तिणे भीडमुर्वत धरी नासतना घोवाक म्हळें, "तरीच हांव म्हणटा! म्हाका सवतय हाडल्या तुवें? खंय आसा ती?"

"म्हाका कितें विचारता? तूंच तिका वेंग मारून बसलां."

"हांव?" अजापान बायलेन विचाल्लें.

"ना जाल्यार कोण? तुजी उबगण हीच तुजी सवत. तूं तिका सोडीना आनी म्हाका तुगेले उबगणी सयत तुज्या सांगातान संवसार करचो पडटा. हे तुजे उबगणेक लागून म्हज्यो संवसाराच्यो सगळयो उमेदी बावन गेल्यात."

जाप आयकून बायल हांसली. पूण तितल्यान शाणी जाली काय?

४८

नदर

'मनशाक देवान दोळे दिले. पूण आपलें रूप ताका पळोवंक मेळना आनी आपल्या फाटल्यान कितें आसा तें दिसना, असले दोळे कित्याक उपकरतात?' एक जाण्टेली बायल दुसरे बायलेकडेन उलयताली.

म्हाका तिगेलें हें उलोवप खूबच आवडलें. खणखणीत म्हणीसारखीं तिजीं उतरां अणभवाचे बोल ते. जिणेंत मनीस जें भोगता, तातुंतल्यान तो खूबशें शिकता. खंयच्याच पुस्तकांत वा शाळेंत असलें शिक्षण मेळना.

पांयाचें जोतें आडखळिल्ले भशेन करून हांव रस्त्याचे कुशीक उबें रावलें. हेतू आसलो, ती आनीक कितें उलयता तें आयकुपाचो. पूण ती कांय उलयली ना. दुसरी बायल रस्त्याकुशीक आशिल्ल्या घरांत गेली आनी उलयिल्ली ती बायल बाजाराचे दिशेन चलूंक लागली.

चार पावलां सडसडीत उखलून हांवें तिका गांठली आनी म्हळें, 'तुवें येदोळ ते बायलेक दोळयांची खबर सांगली ती एकदम खरी. पूण एक सांग, तुवें तशें कित्याक म्हळें?'

ती बायल मदींच उबी रावली. म्हाका पळोवन म्हजी वळख करून घेवपाचो यत्न केलो आनी म्हळें, 'कितें सांगतलीं बाये! काय बरी बायल, भांगरासारको घोव आसा. भुरगीं बाळां आसात. पूण ते बायलेची नदर अंचकीत गेल्या. मात्शें कितें दिसता. वखदां जालीं. ऑपरेशना जालीं. घाडी, देवसपणा जालीं. पूण कांय उपाय ना. आतां खंय ती अमेरिकेक वता. तिका धिराचें उतर दिवचें म्हणून हांवें म्हळें.'

म्हाका ते बायलेचें कौतूक दिसलें. कुड्डे बायलेचें सांत्वन करचे खातीर ती कितल्या सोपेपणान दोळयांची निंदा करून बशिल्ली. मनांतलें वेगळें आनी तोंडांतलें वेगळें म्हणटात तसली ही तरा पळोवन म्हाका हांसूंक आयलें.

पूण थोड्या वेळान म्हाका दिसलें, मनशाच्या सभावाचें एक दुबळेपण आसता. ताका आपल्यांत जें उणे आसता तें व्हडलेंशें न्हय, वा तसलेंच उणें दुसऱ्यांतय आसा अशें मानूंक एके तरेचें समाधान मेळटा. आमी शाळेंत शिकता आसतना आमच्या वर्गांत एक पारशी चली आशिल्ली. पिरायेच्या मानान ती व्हडली दिसताली. आमच्या हेर चलयांमदीं ती खूबच 'फॉरवर्ड'. घरांत इंग्लीश भास उलोवपाची संवय आशिल्ल्यान

ती सुंदर इंग्लीश उलयताली. सगळया कामांत फुडें फुडें करताली. पूण अभ्यासाचेर तिजें लक्ष नासतालें. एक दोन विशयांत नापास जाल्लीच आसताली. रिझल्ट येतकच तिणे दुसऱ्यो कोण कोण चलयो नापास जाल्यात ताजी पयलीं वासपूस करची आनी मागीर म्हणचें, 'हांव नापास जालें म्हणून कितें जालें? स्कॉलर चलयो लेगीत नापास जाल्यात!'

देवाच्या ह्या संवसारांत परिपूर्ण असो कोण आसा? हांव एक बायल जाणां, जिका भुरगें ना. ते विशीं ती कोणे विचारूं, विचारूं नाका, म्हणटा, 'भुरगीं' जालीं म्हणून जाता? तीं कशीं जायत हाजो-नेम नासता. अमक्याल्या भुरग्याक पळय, चलो वाळेस आनी चली पिशी!'

आपणाक भुरगें ना हें विसरपाखातीर दुसऱ्यालीं भुरगीं कशीं वायट हें पळोवनच ती समाधान मानता. ह्या मनीस सभावाची पारख करून ती वाटेर मेळिल्ली बायल एके कुड्डे बायलेक धिराचीं उतरां सांगून गेली. फाल्यां घडये अमेरिकेक सावन परत येतकच जर ते बायलेची नदर आयली जाल्यार हीच बायल तिका मुजरत मेळून दोळयांची व्हडवीक गावंक लागली जाल्यार म्हाका अजाप दिसचें ना. पूण तरीकय रावन रावन दिसता, दोळयांविशीं ती बायल जें कितें उलयली तें वयल्याचाराचें आसलें तरी तातूंत एक सत्य आसा. मनीस निर्मितना देवान ताका मन, बुद्द, कान, तोंड, हात, पांय सगळे तरेचीं वरदानां दिल्यांत. वासान मनशाचे जिणेक गंध हाडला आनी दोळयांनी तिका पूर्णताय हाडल्या. पूण पूर्णतायेंतय उणें दवल्लां. मनशाक जर आपलें रूप दिसूंक लागिल्लें जाल्यार संवसारांत हारशाची गरजच उरपाची न्हय. ज्या कोणे हारसो सोदून काडलो ताका आपलें रूप आदीं पळयन दिसलें जावंये. तळयांत वा न्हंयत मळबाचें रूप मनशान पळयलें तेन्ना सावन आपलें रूप पळोवपाची उमळशीक ताका लागिल्ली आसूंये.

रामायणांत अशी खबर आसा कि ल्हानपणांत राम आपल्या हातांत चंद्र जाय म्हणून हट्ट धरून बसलो आनी कोणेतरी ताज्या हातांत हारसो दिवन त्या हारशांत चंद्राचें पडबिंब ताका दाखयलें, म्हणटकच हारसो कितल्या आदीं मनशान सोदून काडिल्लो तें दिसता. दोळे आसतना मनशाक हारशाची गरज पडली अशें न्हय, तर दोळे आसा देखूनच ताका हारसो जायसो दिसलो. कुड्ड्याक हारशाचो कितें उपेग?

गरज ही संशोधनाची आवय अशें म्हणटात. मनशाक देवान बुद्द दिली देखून ताज्यो गरजो वाडल्यो आनी तेच बुद्दीच्या आदारान ताणे संशोधन करून संस्कृती घडयली. जर मनीस परिपूर्ण जाल्लो जाल्यार तो झाडासारको घडये जगतलो आसलो. तें येवजूनच देवान मनशांत उणींदुणीं दवल्लीं. दोळयांक फाटलें दिसचें न्हय आनी दोळयांवरवीं मनशांक आपलें रूप पळोवंक मेळचें न्हय ही तजवीज देवानच केल्ली आसूंक जाय. जर मनशाक दोळयांनी फाटलें, फुडलें सगळें पळोवंक मेळिल्लें जाल्यार आमचे जिणेंतली गोडीच सोपपाची!

४९

लज

एका लग्नाक गेल्लेकडेन एक वेगळेंच चित्र पळोवंक मेळ्ळें. हॉलांत व्हंकल बोवाळटाली. आयिल्ल्या गेल्ल्याकडेन हांसून मेकळेपणान उलयताली. कोणे जेवण घेतलें, कोणे घेतलें ना हाजी वासपूस करताली.

म्हाका तिजी तोखणाय दिसली. हांवें मनांत म्हळें, आतांच्या युगाक सोब सारकी ही व्हंकल आसा.

इतले म्हणसर शेजरा बशिल्ले एके बायलेन म्हळें, "ही व्हंकल पळयात, दादलो कसो वागता. शी बाये! व्हंकलेक म्हणून अशें वागप सोबता? आदल्या काळार व्हंकल मान सकयल घालून लजताली. आतां व्हंकलांनी लज भीड सोडल्या."

म्हज्या विचारांपरस ते बायलेचे विचार वेगळे इतलें म्हाका समजलें. पूण तिजेकडेन वाद घालपाचो तो वेळ नासलो आनी जागोय नासलो.

लग्नाक सावन परत येतना तकलेंत तोच विचार घोळटालो.

रस्त्याचे कुशीक एक लजेचें झाड आसलें. म्हजी नदर त्या ल्हानशा झाडाचेर गेली. दोन मिनटां हांव थंयच उबें रावलें. हेर झाडांसारकेंच लजेचें झाड. ताचीं पानां वतांत खेळटात आनी वाऱ्यावांगडा धोलतात. पूण मनशाचो पांय लागनाफुडें तीं दोळे धांकतात. देखूनच त्या झाडाक लजेचें झाड म्हणटात. घडये हें झाड पळोवनच व्हंकलेन तशें लजेवचें असो नेम समाजान घालून दिल्लो आसूंये.

पूण लज म्हणटात ती अडेची आसूं येता? नाटकांतल्या सवंगाभाशेन लजप म्हळयार एक अभिनयाचो भाग आसता, काय ती एक सभावीक घडणूक आसता? हांव जाणां, व्हंकलांक लजूंक सांगतात आनी त्यो लजतात. सव्याचेर लजपी व्हंकल हुंबरावयलें माप उमथून घरांत भितर सरतकच घरच्यांक लजोवंक लागली तरी लग्नाच्या माटवांत तिणे लजचें, उलोवचें न्हय, मान हालोवन 'हय', 'ना' इतलेंच सांगचें असो आग्रो कित्याक हें म्हाका समजना.

लजेविशीं हांवें खूबशें वाचलां, आयकलां. लज ह्या उतराचो अर्थ वेगळे वेगळे परिस्थितींत वेगळो वेगळो जाता. लज म्हळयार एकाद्रे परिस्थितींत फजेत थारता. लजेन मनीस उदक जालो अशें ते परिस्थितींत म्हणटात. कोणय मनीस सभ्यतायेचे नेम मोडून वागूंक लागलो जाल्यार ताका आमी लज नाशिल्लो वा निर्लज्ज म्हणटात. ती लज वेगळी. लज म्हळयार एक सभावीक अवस्था. ती दर एका मनशाकडेन

आसची असो समाज आग्रो धरता. लज म्हळयार संकोच न्हय. संकोचाक भीड हे उतर आसा. भीड ही लजेचीच सांवळी म्हळयार जाता. लज म्हळयार मर्यादा वा दाक्षिण्य.

येवजितां, येवजितां म्हाका एका संस्कृत सुभाषिताचो उगडास जालो. त्या सुभाषितांत एके सुंदर बायलेचें वर्णन करतना कवी म्हणटा, तुज्या आंगार अलंकार ना वा मोलादीक वस्त्र ना. तिणे कसलोच साज शृंगार करूंक ना. पूण तिज्या तोंडावयले लजेक लागून तिजे पोले तामशे जावन ती सुंदर दिसूंक लागता. खऱ्यांनीच लज हो बायलांचो सगळयांत मोठो अळंकार.

बायलांनीच लजेवचें, दादल्यांनी लजेवचें न्हय अशें कित्याक म्हणटात देव जाणा. घडये लज हें उतर स्त्रीलिंगी आशिल्ल्यान अशें म्हणटात जावंये.

हांव घरा परत आयलें तरी तकलेंत लजेचो विशय घोळत उल्लो. आमगेर काम करूंक एक बायल मदीं केन्ना केन्नाय येता. काम सोंपतकच ती परत परत "कळाव जाता, येतां हांव" अशें म्हणटा. पूण सट् करून वचना. "कितें जालें गे?" म्हणून म्हाका विचारचें पडटा आनी ती म्हणटा, "लजेक आनी पेजेक पडना म्हणटात तें फट न्हय. म्हाका इल्लो हुमणाचो थेंबो दी. आमगेल्या दादल्याक हुमणाबगर उंडी चलना."

त्या दिसाय तिणे तशेंच केलें. लेजेचो विशय तकलेंत घोळटालो. देखून तिगेलीं उतरां वेगळीं दिसलीं. हुमणाचें आयदन तिज्या हातांत दितना हांवें विचाल्लें, "एक सांग गे, सद्दां तू लजेक आनी पेजेक पडना अशें कित्याक म्हणटा?"

ती हांसली आनी म्हळें, "खरें म्हळयार आत्र्या पयऱ्यान तुजेकडेन हुमण मागूंक म्हाका लज दिसता. लजेक लागून हांव सद्दां हुमण मागिना. घराकडेन दादलो पानार बसतकच दिसूंक लागता, लज चेपून हुमण मागिल्लें जाल्यार घोव तरी दोन उंडयो पोटभर जेवतलो आसलो. लजेक गेलें जाल्यार हुमण मेळना..."

कोंकणीतली ही म्हण हांवें जायते खेपे आयकल्या. कोण तरी भुकेल्लो मनीस एकाद्र्या घरांत पावलो आसतलो, त्यावेळार भुरगीं पेज जेवंक बशिल्लीं आसूंये. घरकान्नीन त्या मनशाक म्हळें, तूं जेवंक बसतलो जाल्यार बस. आनी भूक आसतनाय त्या मनशान आपूण जेवन आयलों अशें सांगिल्लें आसूंये. आनी तेन्नाच्यान ही म्हणणी रूढ जाल्ली आसूंये.

लज ही सभावीक अवस्था आसता. बायल वा दादलो केन्नाय ना केन्ना तरी लजेता. तांगेल्या काळजांतल्या लजेच्या झाडाक जेन्ना अडेचो स्पर्श जाता, तेन्ना तांच्या तोंडार लज उदेता आसूंक जाय. पूण कोणे केन्ना लजेवचें हाजे नेम करप म्हळयार पिशेपणाच! सव्यार बशिल्ली व्हंकल लजली ना म्हणून ती निर्लज्ज जायना आनी लजेचें सवंग करपी दादलो वा बायल वयल्याचाराक लजूनय निर्लज्ज आसूं येता.

खंय तरी एक सुविचार वाचिल्लो. तोच लजेचो खरेलो अर्थ सांगून वता. ह्या सुविचारांत म्हळां, "लज ही मनशाच्या नाकाच्या टोंकाचेर आसता. ती थंय नासत जाल्यार दोन पांय, दोन हातांचो मनीसय जनावर जावन बसता."

५०

भाऊबीज

भाव आनी भयणीचें नातें कितें हें जाणे ताणे अणभवचेलें आसता. भावाक भयणीची याद येतकच घळ्ळ जाले बगर रावना. अशें म्हणटात कि दादल्याच्या काळजांत तळपां आसत जाल्यार तीं विरगळावपाचें काम फकत भयण करूंक शकता. आनी भयण ही भावाखातीर जितलो त्याग करूंक शकता, तितलो ती घोवाखातीर लेगीत करिना अशेंय म्हणटात.

म्हजी एक मैत्रीण आसा. तिगेलो एक भाव ल्हानपणातसावन वाळेस. बरें संस्कारी कुटुंब आसूनय त्या भुरग्याक वायट संगत लागली. शिक्षण घेतलें ना. नोकरी ना. चौकांत चार मवाल्यांवांगडा तो उबो रावता आनी कायद्यांत, नितींत बसनात असलीं कर्तुपां करता. कोणाक आयकना. आवय बापायची लेगीत पर्वा करिना. पूण भयणीमुखार पावतना तो लजेता.

तागेले भयणीची सोयरीक चलताली त्या वेळार एक दीस ह्या भावान शेजाऱ्यांकडेन झगडीं करून सामकें विटयलें. भयण ताजेसरीं गेली आनी म्हळें, "तूं असो वागलो जाल्यार म्हजेकडेन् कोण लग्न जातलो?"

आनी त्या दिसाच्यान तो भुरगो पुराय बदल्लो. त्या उपरांत ताजीं व्यसनां सुटलीं. वायट संगत सोंपली आनी तो इतलो बरो भुरगो म्हणून नामना जोडूंक पावलो कि भोंवतणच्या बिल्डिगांतले लोक ताका मानूंक लागले. त्या शिकना आशिल्ल्या भुरग्याक कोणे तरी ट्रेनिंग दिलें आनी ताका कोणे तरी नोकरीय मेळोवन दिली. आतां तो भुरगो पुराय बदल्ला. जे ताका आदीं वळखताले तांचो विस्वास बसना इतलो तो बदल्ला. ताजीं व्यसनां सुटल्यांत, संगत बदल्ल्या.

हो चमत्कार भयणीच्या एका उतरान करून हाडलो. जो भुरगो आपल्या आवय बापायक केन्ना जुमानलो ना आनी ज्याणे लज, भीड दवरिना आसतना मनीसपणा भायलीं कर्तुपां केलीं, त्या भुरग्याक बरी देख दिवपाचें काम भयणीचें एक उतर करता. हे गजालीची जाणविकाय आमच्या समाजाक खंय आसा?

भाऊबीज आयली आनी त्या भुरग्याचो उगडास जालो.

उत्तर भारतांत रक्षाबंधन मनयतात. भाऊबीज आनी रक्षाबंधन हांचो आदर्श एकच. भाव आनी भयण हांचें एक वेगळें नातें आसता. रगताचे तें नातें खूबच पवित्र

आसता. पूण भावाचें आनी भयणीचें हें नातें मानिल्लें आसल्यार लेगीत ताजें पवित्र्य उणें जायना.

भारताच्या इतिहासांत जितलीय झुजां जालीं, त्या झुजांत जो राजा हारलो तागेल्या राज्यांतल्या बायलांची विपश्टा जाली. देस जिखलो म्हणटकच देसांतल्यो बायलोय आपणे जिखल्यात अशा मदान जैतिवंत राजा आनी ताजें लस्कर वागतालें. असल्या प्रसंगाचेर लेगीत जेन्ना एकाद्री बायल दुसऱ्या राजाकडेन राखी धाडून भयणीचें नातें जोडटाली, तेन्ना तिजी इभ्रतच न्हय तर प्रतिश्ठा लेगीत राखपाची जापसालदारकी भाव उखलतालो म्हणपाच्यो साबार घडणुको आमकां वाचूंक मेळटात. अशें आसूनय दीसपट्टे जिणेंत भावा-भयणीच्या नात्याक आमी व्हडलोसो मान दिनात ही अजापाची गजाल न्हय?

महाभारतांत कृष्ण आनी द्रौपदीमदल्या नात्याची व्हडवीक सांगपी खूब प्रसंग आयल्यात. नाटककारांनी असल्या प्रसंगांक नाटकी रूप दिवन तें नातें आनिकय उदात्त केलां.

सुभद्रा ही कृष्णाची सख्खी भयण आनी पांचाली द्रौपदी ही तागेली मानिल्ली भयण. कृष्णासारको भाव मेळ्ळयार खंयचेय भयणीक अभिमान दिसतलो. सुभद्रेक तो दिसतालो आनी द्रौपदीकय तो आसलो. तरी सुभद्रेची एक कागाळ आसली कि कृष्णाचो ओडो मानिल्ले भायणीकडेन म्हळयार द्रौपदीकडेन चड आसा. अशें कित्याक?

कृष्णय या प्रस्नाक वेगळे तरेन जाप दिता. एक दीस तो आपलें बोट सुरयेन कापून घेता आनी सुभद्रेकडेन वचून त्या घायाक बांदचे खातीर लुगटाचो तीर मागता. कृष्णाच्या बोटांतल्यान व्हांवता तें रगत पळोवन सुभद्रा कळवळटा आनी अंगशाचो तीर सोदूंक वता. खूब वेळ जालो तरी सुभद्रेक तीर मेळना. इतले मजगतीं द्रौपदी थंय येता आनी कृष्णालो घाय पळोवन आंगावयल्या जरीच्या पितांबराचो तीर फाळटा आनी कृष्णालो घाय बांदता. तेन्ना कृष्ण सुभद्रेक म्हणटा, "तूं म्हजी सख्खी भयण खरी; पूण म्हज्या घायाक तीर बांदूंक तूं तो सोदूंक वता आनी द्रौपदी फाटलो फुडलो विचार करिनासतना आपल्या आंगावयलें वस्त्र पिनता. हो तुमच्या दोगांमदलो फरक."

पुराणां, इतिहास, कथा, कादंबऱ्यो आनी आदिवासी जमातींसयत सगळया समाजांतल्यो चालीरिती तपासून पळयल्यो जाल्यार आमकां भाव आनी भयणीचें नातें आगळें वेगळें आनी पवित्र आशिल्लें दिश्टी पडटा. कुटुंब संस्था अस्तित्वांत येवच्या आदीं सावन भावा भयणीच्या नात्यांतली पवित्रसाण संवसारांतल्या सगळया जातींनी व्हडा निश्ठेन सांबाळ्ळया. हे गजालीचो मनीसजातीक उगडास दिवपाची परब म्हळयार भाऊबीज.

पूण ज्यो जमाती ही परब मनयनात त्या जमातींक ह्या उदात्त नात्याचें भान ना अशें मात कोणे मानचें न्हय. लग्न जावन जी चली घोवागेर वता, तिका आपल्या कुळारची सदांच ओड दिसता. तें सभावीक आसा. ज्या घरांत जल्म आनी संस्कार

घेतले तें घर ल्हान आसूं वा गरीब, ताजेकडलें नातें सप्तपदी उपरांतय तुटना. पूण जेन्ना जेन्ना एकाद्रे बायलेक कुळारचो उगडास जाता, तेन्ना आपल्या आवय बापाय परस तिका भावाचोच आदीं उगडास जाता. कांय नातीं जल्मावांगडा निर्मतात. कांय नातीं मनीस आपले बुद्दीन जुळयता. पूण भावाभयणीच्या नात्याक - मागीर तें जल्माचें आसूं वा बुद्दीचें - सर ना हें खरें.

५१

दुबाव

बसीखातीर एक बायल केदो वेळ तिश्टत उबी आसा. एक बस आयली. ती थांबना आसतना गेली. दुसरे बसीची वाट ती पळयत रावली.

तिका आदींच वेळ जाल्लो. सकाळची ती भुरग्यांक शाळेंत धाडून घरचीं कामां सोंपोवन घोव ऑफिसाक वतकच घरांतल्यान भायर सरता. बाजारांत वता आनी बँकेचीं बी कामां आसल्यार तीं करून संवसाराच्यो वस्तू विकत्यो घेवन बेगसार घरा परतता. मदीं फकत तिका वर ते दोन वरां मेळटात. भुरगीं परत येवचेआदीं घरा वचून दनपारचें जेवण रांदपाचें आसता.

पूण सदांच तिका हो अणभव येता. बसीच्या स्टॉपाचेर तिणे येवन उबें रावप आनी बस येवंक खूब वेळ लागप. आयली जाल्यार भरिल्ली आसप. हें आतां सदचें जालां. मार्गावयल्यान जायत्यो मोटारी येतात - वतात. बसस्टॉपाचेर तांचे वळखीचे जे आसात तांकां लिफ्ट दितात. कांय दादले आनी धीट बायलो अनवळखी मोटारीक लेगीत हात दाखोवन लिफ्ट घेतात. हें सगळें ती पळयता. पूण दुसऱ्याले मोटारीक हात दाखोवपाची गजाल सोडाच, कोणेय अनवळखी मनशान आपले मोटारींत आपयल्यार लेगीत ती केन्ना वचना.

ह्या भिडेस्त सभावाक लागून केन्ना केन्ना तिका सुमाराभायर वेळ जाता. रिक्षा मेळटात. पूण दीसपट्टें रिक्षान भोंवप आपणाक परवडचें ना हो हिशोब तिजे तकलेंत आसता. त्या दिसा अशेंच जालें. एकूय बस थांबना अशें पळोवन तिणे रिक्षान वचपाचें थारायलें. पूण रिक्षाय मेळ्ळी ना. एक आयली तातूंत एक बायल बशिल्ली. बस स्टॉपाकडेन रिक्षा थांबली. रिक्षावाल्यान म्हळें, 'शारांत वचपाखातीर एका पॅसेंजराक दोन रुपया घेतलो.'

फाटलो फुडलो विचार करीना आसतना ती रिक्षांत बसली. तिच्या फाटोफाट आनीक एकलो दादलो रिक्षांत चडलो.

रिक्षांत तीन पॅसेंजर घेवपाची मेकळीक आसली तरी एका अनवळखी दादल्याक खेटून बसतना तिका संकोच जातालो.

त्या परकी दादल्यान तिची वळख विचाल्ली. उलोवची ना म्हळयारय तिका वळख दिवची पडली.

"तूं xxxxxची बायल तर!" ताणे म्हळें, "तो म्हजो बरो मित्र. तुका मात हांवें केन्नाच पळोवंक नासली."

ताणें भुरग्यांची खबर घेतली. इतलेंच न्हय तर तिगेलें भाडें लेगीत आपणेच फारीक केलें.

तसो हो सादो प्रसंग. उगडास धरपासारको न्हय. पुण त्या दिसा रातीकडेन तिणे तो प्रसंग आपल्या घोवाक सांगलो. घोवान सगळें आयकून घेतलें आनी म्हळें, "तूं रिक्षान वतलेंच जाल्यार एकलें वच. दुसऱ्या बरोबर रिक्षांत बशिल्लें म्हाका मानवचें ना. आनी तातुंतय त्या मनशाबरोबर तर निखालच ना."

हे गजालीवयल्यान खूब दीस गेले. त्या उपरांत ती एकय दीस रिक्षांत बसली ना.

मदीं अचकीत एक दीस घोवान तिका विचाल्लें, "तूं परत रिक्षान बी गेल्लें?"

"ना." तिणे जाप दिली.

"म्हाका म्हजो इश्ट मेळिल्लो. तो तुगेलें रिक्षाचें भाडें आपणे फारीक केलें अशें सांगतालो."

तिका अजाप जालें. एक तर घोवालो इश्ट फट उलयतालो, ना जाल्यार घोव आपलो दुबाव घेतालो अशें तिका दिसलें. तरी तिणे म्हळें, "तुका तो आज मेळिल्लो आसलो तरी तो फाटल्या दिसांतली खबर सांगतालो आसूंये."

"आसूं येता." घोवान म्हळें, "पूण तूं आतां रिक्षांत दुसऱ्या मनशावांगडा बसना न्हय?"

"ना. पूण म्हाका तुजें एक समजना." तिणे म्हळें, "तू म्हजेर दुबाव बी घेता?"

"दुबाव घेना. पूण तूं दुसऱ्या दादल्याच्या म्हऱ्यांत बशिल्लें म्हाका सोंसचें ना."

"तशें जाल्यार बसीन वचूंक तूं म्हाका क़सो सांगता? बसींतय खूब गर्दी आसता आनी आपूण कितलेंय अळंग रावतलें म्हणून थारायलें तरी परकी मनशाचो स्पर्श चुकना." मात्सो राग उक्तावन तिणे म्हळें.

"बसीची गजाल वेगळी आनी अनवळखी दादल्यांची गजालय वेगळी. वळखीच्या दादल्यां बरोबर वचप वेगळें." आपणाक कितें सांगूंक जाय तें नकळ आशिल्ल्या घोवान मखलाशी करपाचो यत्न केलो.

तिका मोठें दुख्ख जालें. ज्या घोवाचेर विस्वासून आपणे ताका सर्वस्व अर्पण केलां तो आपलो घोव आपणाक दुबावता हो विचारच तिजें मन खावंक लागलो.

कांय दिसांनी घोवाचो इश्ट आपले बायलेक घेवन तांगेर आयलो. पयलेच खेपे ताजे बायलेकडेन तिजी वळख जाली. दोनय बायलो गजाली करूंक बसल्यो. दोगांलेय घोव थोड्या वेळाखातीर खंयतरी गेल्ले देखून तांकां उलोवंक मेळ्ळें.

उलयतां, उलयतां घोवाल्या इश्टाचे बायलेन म्हळें, "शिकले सवल्ले, तरी दादले हे दुबावी. आतां तुमगेर येतना बसींत एक दादलो म्हाका खेटून उबो रावलो. ताजोय बाबड्याचो गुन्यांव नासलो. बसींत इतली गर्दी आसली कि घोळूंक लेगीत मेळना

आसलें. पूण बसींतल्यान देंवतकच घोव म्हाका तापयता. आतां तूंच सांग, म्हजो गुन्यांव कितें?"

तिका दिसलें, घरा कणकणी मातयेच्योय रात्री. ती निखटी हांसली. पूण तिणे येवजिलें, बायलेचें मन म्हळयार दुबावाचो आगर म्हणटात, पूण दादल्यां सारके दुबावी कोण नात!

५२

देवाचो घोडो

पावसांत जमनीचेर ल्हान तांबडेगुंज विलोदी किडे भोंवतना खूब जाणांनी पळयिल्ले आसतले. पिटकोळीच्या फळाच्या आकाराचे आनी त्याच रंगाचे हे किडे पयले खेपे गोंयांतच पळयले. भुरगेपण मुंबय शारांत गेलें. थंय पावसाची सोबा आगळी वेगळी आसली तरी फ्लॅटाचे बंदखणींत एक असलो संवसार आसता जो चार वण्टीभायल्या संवसाराकडेन नातें दवरिना.

भुरगेपणांत थोडी मेकळीक उरताली ती शाळेंत-कॉलेजांत वतना-येतना. पूण उकते मातयेकडेन आमचो संबंदच येना आसलो. मोटारीच्या धुंवरान काळवंडून खंगिल्लीं झाडां दिश्टी पडलीं तरी तांचो प्रभाव मुंबयकारांचे जिणेचेर व्हडलोसो पडना. घराभायर पावल दवरता थंय डांबरी रस्तो सुरू जाता तो थेट कॉलेजाच्या सोपणामेरेन.

शाळेंतली गजाल वेगळी आसली.

आमचे शाळेभोंवतणी उकतें कंपावंड आनी ताका तेकून गोवालिया टॅंकाचें मळ. थंय आमचो संबंद जमनीवयल्या तणाकडेन, झाडां आनी सवण्यांकडेन, गांयडोळ आनी पारव्यांकडेन थोडोभोव येतालो. पूणं ती पिराय इतली कच्ची आसली कि सैमाची अप्रूपाय दोळयांत भल्ली तरी काळजांत देंवना आसली.

त्या दिसांनी केन्नाच जमनीर भोंवतलो तांबड्या रंगाचो विलोदी किडो पळयिल्लो म्हाका उगडास जायना. लग्न जावन गोंयांत आयलें आनी एका नव्या संवसारांत पावलें. नदर घालता थंय अप्रुपाय. मातयेचो स्पर्श आनी झाडाचो सांगात सदांच मेळत रावलो. दिसाच्या घटका कणकणी ह्या सैमाचीं बदलतीं रूपां लागशिल्ल्यान पळोवंक मेळ्ळीं. ऋतूचक्राचे फेरे सैमावांगडाच मनशाच्या मनाचेर केदो व्हडलो परिणाम करतात हें गोंयांतच हांवें पळयलें. उकतें मळब आनी त्या मळबांतल्या चंद्राच्यो वाडट्यो आनी देंवच्यो कळा जश्यो म्हाका भाळोवंक पावल्यो तेच भाशेन कृश्ण पक्षांतल्या मळबांतले काटी दिवे विस्मीत करूंक पावले.

कॉलेजांत एक कविता आसली. ती मातयेच्या वासाचो - मृद्‌गंधाचो - सुखदिणो अणभव वेंचीक उतरांनी सांगताली. ते कवितेचो अर्थ शाळेच्या वर्गांत म्हाका केन्नाच समजलो ना. पूण जेन्ना गोंयांत पयलो पावस पळयलो तेन्ना तो आपसूक होलमलो आनी आंगाच्या कणाकणांत सुखाची ल्हारां उदेलीं.

गोंयची सोबा, गोंयचें सैम आतां इतलें आंगवळणी पडलां कि जेन्ना हांव मुंबय वतां तेन्ना म्हजें म्हाका शेणिल्ले वरी दिसूंक लागता. ज्या शारांत सगळे भुरगेपण सारलें आनी संवसाराच्या लिलांची तशेंच मनीस सभावाच्या कळांची वळख ज्या शारांत जाली तें शार आतां म्हाका अडेचें दिसता. सगळीच जीण कृत्रिम. नदर घालूं थंय मनीस संस्कृतीची विद्रुपता. त्या मानान गोंयचें वातावरण कितलें निर्मळ, प्रसन्न आनी सुंदर! तरीकय जेन्ना हांव पळयतां कि एकाद्रें सोबीत घर मोडून मुंबयसारक्यो मळबाक माथीं तेकोवपी बिल्डिंगो उब्यो रावतात तेन्ना म्हाका दिसूंक लागता कि गोंय आतां आदलें उरचें ना. मुंबयचें अनुकरण करून गोंयकार गोंयची वाट लायलेबगर रावचे नात.

गोंयचे अप्रुपायेच्यो जायत्यो गजाली म्हज्या काळजाच्या करणांत हांवें भरून दवल्ल्यात. एक एक अणभव याद जाता तेन्ना म्हाका भोंवतणच्या वातावरणाचो विसर पडटा.

कालच तो विलोंदी किडो पळयलो. पिटकोळीच्या फळा एदो. पायापोंदा पडटलो आसलो. तितले म्हणसर ताजेर नदर गेली आनी पांय जमनीक तेंकतां तेंकतां फुडें व्हरून हांव निसल्लें. तोल गेलो ना म्हणून फजेत चुकली. तो विलोंदी जीव चिड्डुलो ना म्हणपाचें समाधान मेळूंक पावलें.

ल्हानशा किड्याची चाल मंद. हांव ताका पळयत रावलें. पायांतलें जोतें काडून आंगठ्याचें बोट ल्हवू ताका लायलें. ते सरशीं कासवावरी ताणे आपले पाय आंवळून पोटांत घाले आनी एकाच जाग्यार घट रावलो.

हांवें अचळय ताका उखलून तळव्याचे धल्लो. विलोदी स्पर्शान मन सुखावलें. केदोसो जीव! ताजे दोळे खंय, पांय कितले, तो खाता कितें... साबार प्रस्न तकलेंत आयले. दुसऱ्याच खिणाक दिसलें, म्हजी जरी ही तोखणाय चलिल्ली आसली तरी त्या जिवाचेर मर्णाचो आकांत आयिल्लो आसतलो. हांव सकयल बसलें आनी ताका परत जमनीर दवल्लो.

इतले म्हणसार एक सात - आठ वर्साचो शाळेंत वचपी भुरगो गळयांत बोटवो घाल्ले अदस्थेंत म्हजेसरीं आयलो आनी ताणे म्हळें, "ताका मारूं नाका. तो कांय वायट करिना."

म्हाका त्या भुरग्याची लक्तुबाय दिसली. हांवें ताका विचाल्लें, "ह्या जिवाक कितें म्हणटात रे?"

"ताका देवाचो घोडो म्हणटात." ताणे भोळेपणान जाप दिली. मळबांतल्यान पावस झडटा आसतना पावसाचे धारेवयल्यान ह्या घोड्यार बसून देव सकल येता आनी मनशाखातीर शेतां पिकयता."

कल्पना तागेली नासतली. कोणेतरी सांगलां तेंच तो म्हाका सांगतालो. पूण कल्पनेतलें काव्य आनी ल्हान भुरग्याचेर जाल्लो ताजो परिणाम वाखाणपासारको

आसलो. घडये एकाद्रे लोकांकाणयेंत ह्या देवाच्या रथाची कल्पना आयिल्ली आसतली.

मराठी शाळेंत एक कविता आसली. तिज्यो ओळी याद जाल्योः

‘देवाजीने करुणा केली,
भाते पिकून पिवळी झाली.
देवाजीच्या नांवा घेता
तयार व्हा रे करू कापणी.’

कविता जशी याद जाली तशी हांवें बरयल्या. उतरां चुकिल्लीं आसूं येतात. पूण ह्या संवसारांत देवाचे करुणेक लागून कितलीं अप्रुपां घडटात! आनी देवाक हुस्के तरी कितले? ल्हान जिवापसून मनशामेरेन सगळयांनी हे भूंयेचेर मायेमोगान रावचें ही देवाची इत्सा. पूण मनशान मात दुर्बळाक जगपाचो हक्कच ना अशें कित्याक मानलां तें कळना.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
86

५३

संगीत

संगिताची मंद धून वातावरण प्रसन्न करताली. रेल्वेचो सेकंड क्लासाचो डबो आनी मिरज स्टेशनावयल्यान गाडी निकतीच सुटल्या. खंयच्यान हें संगीत येता तें समजून घेवपाची उमळशीक लागली. हांवें भोंवतणी नदर भोंवडावन पळयलें. खंयच ट्रान्झिस्टर दिसलो ना. उकत्या जनेलांतल्यान भायलेवटेन नदर भोंवडायली; पूण थंयय संगिताचो उगम सांपडलो ना.

प्लॅटफॉर्मावयल्यान सुटिल्ली गाडी रूळ बदलतां, बदलतां आपली गती वाडोवंक लागली आनी मागीर खडखडाट आनी गडगडाट सुरू जालो आनी त्या कान फोडपी गडगडाटांत संगिताचो गळो अंदलो. तरीकय एकाद्र्या तळया पोंदच्यान तणाची आंकरी भायर सरची तसो मदीं मदीं संगिताचो एकाद्रो सूर आयकूंक येतालो. त्या सुराची म्हाका काकुळट दिसली. संगिताकय जाय जाल्यार एक वातावरण जाय पडटा. भायले वटेन बोवाळ जातना संगीत घुस्मटलें जाल्यार अजाप कसलें? येवजितां, येवजितां दिसलें, मनातय थंडसाण उल्ले बगर संगिताचे सूर चित्त प्रसन्न करूंक पावनात. संगीत हें निखटें आयकुपाचें नासता. तें आयकतकच मनाचे संवेदक तंतू, विणेचे तारेवरी झंकारूंक लागतात आनी तांच्या स्पंदनांतल्यान नवें संगीत येता, तेन्नाच मन प्रसन्न जाता.

एक खेप एका कार्यक्रमाक गेल्लेकडेन एका गवयाचें गायन आयकूंक मेळ्ळें. तसो व्हडलोसो नांवाजतो गवय न्हय तो. तरी मनापासून गातालो. पूण आयोजकांक वा श्रोत्यांक ताजी पर्वाच नासली. कोण कान दितालो काय ना तें हांव नकळ, पूण सगळो हॉलभर बोवाळ. बायलो एकामेकांकडेन खबरो करतात. भुरगीं कलुकुलाट करतात आनी स्टेजीचेर बसून तो गवय सूर आळयता. ताका दाद दिताले ते तागेले दोन साथी- पेटीवालो आनी तबलेवालो. म्हाका दिसलें, त्या गवयाक वचून सांगचें, "असल्या वातावरणांत गायल्यार तुका घडये पैशे मेळत, पूण संगिताचो इतलो व्हडलो अपमान तूं सोसून कसो घेता?"

पूण त्या दिसा उलोवपाचें धाडस म्हाका जालें ना आनी हांवच उठून भायर गेलें.

आतां गाडयेन वेग घेतला. खडखडाट आनी गडगडाट हांचे द्रुत सूर वातावरण भारावन बसल्यात. डब्यांतले लोक आपलेमदीं उलयतात. कोण खांकता. दुसऱ्या

कंपार्टमेंटांत एक भुरगें रडटा. पूण ह्या सगळया सूक्ष आनी कर्कश गजालींक एक ताल, एक लय, गाडयेचो गडगडाट दिता. एके तरेन गाडयेचो गडगडाट बारीकसारीक बोवाळ आपले मदीं आसपावन घेवन आपली लय ताका दिता. म्हाका कित्याक कोण जाणा, रांदचे कुडींतल्या मिक्सराची याद जाली. सगळे तरेचे मसाले आपूण घुंवतां घुंवतां एकरूप करपाची ती एक कलाच न्हय?

भुरगेपणांत वाचिल्लें कि मुंबयसावन पुण्याक वचपी डेक्कन क्वीन जेन्ना आपली स्पीड वाडयता, तेन्ना एक पद म्हणटा... "कशासाठी... पोटासाठी... खंडाळयाच्या घाटासाठी." आतां त्या पदाची याद जाली आनी कानांत तो ठेको घुमूंक लागलो.

ह्या बोवाळांत तें संगीत विसरून गेल्लें. काय कोणें आपलो ट्रान्झिस्टर बंद केल्लो? म्हाका म्हज्या कानांत डब्यांत चडटना आयकल्ले संगिताचे सूर घुमतात असो भास जायत उल्लो. चड करून शेनायेचे सूर आसतले. फांतोडेचो वेळ आसलो. भायलेवटच्यान धुकें पडलां आनी वातावरणांत खूबच शीं आसा. उकत्या जनेलांतलो थंड वारो तोंडार बसून तोंड भेरेल्ले भाशेन जालां. ह्या शियांत शेनायेचे सूर म्हज्या कानांत पाविल्लेकडेन गोठेवन बी गेले नात मूं? कल्पना सुचली आनी म्हजें म्हाका हांसूंक आयलें.

गाडी वेगान धांवता. भायले वाटेन गांव, झाडां, मनशां पळोवपाखातीर नदर केली तरी व्हिडियोवयलो देखाव फास्ट फॉर्वड करून पळोवचो तसलो अणभव येता. नकळटना हांवें म्हज्या पांयाचो ठेको धल्लो आनी खंयच्या तरी एका भावगिताच्यो ओळी हांव तोंडान गुणगुणूंक लागलें. हांव सुरांत गातालें.

'अचकीत गाडयेची गती मंद जाली आनी ड्रायव्हरान एकदम ब्रेक मारून गाडी उबी केली. खंयच्या तरी मदल्या स्टेशनाचेर सिग्नल पडूंक नासलो.... गाडी थांबली आनी गडगडाट थांबलो. एकदम पॅसेंजराचे उलोवपाचे आवाज. तांचें खांकप, भुरग्यांचें रडप परत आयकूंक मेळ्ळें. ह्या बोवाळांत म्हजें गायन बंद जाल्लें आनी परत आयलो तो सूर शेनायेचो! डब्यांतलो बोवाळ चिरून म्हज्या कानामेरेन पावलो. त्या उबगणीच्या खदोळ वातावरणांत प्रसन्नतायेचो परमळ फांकारतालो तो शेनायेचो सूर..

हांव उठून दुसऱ्या कंपार्टमेंटांत गेलें. थंय वचून पळय जाल्यार वयल्या बर्थाचेर एक मनीस न्हिदून घोरेता आनी ताज्या उशाकडेन आशिल्ल्या ट्रान्झिस्टरांतल्यान... काय टेप रेकॉर्डरांतल्यान शेनायेचे सूर येतात!

५४

पावस

मिर्गाचो पावस अंदू वाजत गाजत आयलो. घरांत बंद जनेलांतल्यान जोगलांचे चकचक दोळे दिपकायताले आनी उपरांत मळब फुटिल्ल्याचो गडगडाट. भायर पावसाची अखंड धार. ताज्या सांगातान वारें. मनांत आयलें, जनेलांत उबें रावन जोगलांचो नाच पळोवचो. कुपांच्या गडगडाटाचो धोल आयकुचो. पावस-वाऱ्याचो खेळ पळोवचो आनी पावसान केल्ल्या कातकुतल्यांनी शिरशिरतल्या झाडांचो रोमान्स पळोवचो.

हांव उठून जनेलाकडेन आयलें. खिळी काडली मात, वाऱ्याच्या झोतासरशीं जनेल एकदम उकतें जालें आनी भितर आयिल्ली वावझड म्हजें सगळें आंग भिजोवन गेली.

पावसाच्या दिसांनी सत्री घेवन वता आसतना अचकीत वारें सत्रेंत भरचें आनी सत्री उरफाटी जावन दोनय हातांक आटापना जावची तेन्ना जी अवस्था जाता तसली म्हजी अवस्था जाली. वाऱ्याचो नेट इतलो व्हडलो कि म्हज्या दुबळया हातांनी उकतें जनेल धांपूंक जायना जालें. जनेल बंद करपाचो यत्न चलता आसतना चकचकाट आनी गडगडाट. दोळे दिपून गेले. आंग भिजलें.

अशें कितेंय जालें म्हणटकच भुरगेपण दिमकुऱ्यांनी चलत येता. म्हाका त्या प्रसंगाचो घट उगडास आसा. आमी भायर उकत्या रस्त्याचेर खेळटालीं. अचकीत मोठो पावस आयलो. सगलीं भुरगीं 'ये रे ये रे पावसा' म्हणत पावसांत न्हालीं. पावसांत न्हावपांत वायट कितें आसा हें आमकां कळना आसलें. कोणें तरी आमकां भुरग्यांक पावसांत भिजतना पळयलें आनी बिल्डिंगेंतल्या सगळया ब्लॉकांनी खबर पावयली. त्या उपरांत कितें जालें जांवये हाजो अदमास घेयात.

ल्हान भुरग्यांक सदांच दिसता कि जाण्टेल्यांच्यान तांची खोशी पळोवंक नज. जें केल्ल्यान तांकां खोशी मेळटा तें जाणटेल्यांक रुचना. देखीक पावसांत न्हावप. बाथरूमांनी न्हावंक जर भुरगें कबूल जालें ना जाल्यार जाण्टेलीं ताका फुसलायतात, धमकायतात आनी प्रसंग आयलोच जाल्यार ताका मारतात. पूण न्हाणयले बगर सोडीनात. पूण तेंच भुरगें आपखोशयेन पावसांत न्हालें जाल्यार आवय ताका उलयता वा मारता. थंडी जातली, जोर येतलो अशीं कारणां दिता. ज्या न्हाणाची भुरग्यांक उमेद ना तें ताजेर कित्याक लादचें? आनी पावसांत आंगभर न्हावपाची उमेद भुरगे भागोवंक लागले जाल्यार ताका कित्याक दटावचें हें भुरग्याक पडिल्लें एक कुवाडेंच

जावन आसा.

म्हाकाय भुरगेपणांत तशेंच दिसतालें. त्या दिसा पावसांत न्हालें म्हणून आईन म्हाका उलयलें. जाण्टेपणांत पावसांत न्हावपाची सोयच नासली. आयज म्हजीं भुरगीं पावसांत भिजलीं जाल्यार हांवय तांकां उलयतां. तेन्ना म्हाका म्हज्या ल्हानपणांतल्या त्या प्रसंगाचो उगडास जाता आनी म्हजी म्हाकाच भुरग्यांची काकुळट दिसूंक लागता. पूण तितल्यान सोंपना. जेन्ना उटांगराचो पावस झडटा, जेन्ना मळबाचेर चारय दिकांनी काळीं कुपां दाटून येतात आनी जोगलाचीं चाबकां तांची फाट फोडटकच तीं कान फोडपी गडगडाट करतात, जेन्ना गिमांत तापून म्हेळी जाल्ली धर्तरी न्हावन धुवन निर्मळ जावपाचो यत्न करता, जेन्ना तळयांतले बेबे खड्गांत पावसाक होरायतात आनी खूब दिसांनी भेटिल्ल्या प्रियकराच्या स्पर्शान लजेन थरथरचें, तशीं झाडां पेडां थरथरतात, तेन्ना म्हाकाय घराच्या छत्रांतल्यान भायर सरून पावसांत न्हावचें अशें दिसता.

सभ्यतायेचीं बंधना पळयात. म्हाका दिसता, जे जे बायलेन भुरगेपण यादींत दवल्लां ते ते बायलेक पावसाचो उलो अस्वस्थ करता आसूंक जाय. पूण मनाक कितलेंय दिसलें तरी खंयचीच बायल पावसात भिजूंक वचची ना.

अचकीत म्हजी नदर शेताच्या बांदाचेर उबी रावन भिजतले एके बायलेचेर गेली. एकाद्रो पुतळो उबो आसचो तशी ती निश्चल आसली आनी भिजताली. पलतडच्यान घरां आसात. आलतडच्यान झाडां आसात. धा पावलां हे वटेन वा ते वटेन उखल्लीं जाल्यार तिका पावसापासून राखण मेळटली आसली. पूण ती उकत्या शेताच्या बांदाचेर मदींच उबी रावल्या आनी भिजता. खीणभर म्हाका दुबाव आयलो, पिकाच्या दिसांनी कावळयांक आमडूंक बांदिल्लें तें बावलें बी न्हय मू? ना जाल्यार खंयची बायल अशी पावसांत भिजतली आसली?

हांव पावस विसल्लें आनी शेतांतल्या त्या बावल्याकडेन पळयत रावलें. तें हालना - धोलना जाल्यार बावलेंच आसतलें. तिगेलें भिजिल्लें न्हेसण आंगाक चिप्प बसलां. मनांत आयलें, तिजो एक फोटो काडूंया. पूण अचकीत ते बावलें हाललें. आरेच्या, तें बावलें न्हय, ती बायलच. बांदान चलत चलत वयर आयली आनी एका घरांत भितर सल्ली.

म्हाका ते बायलेची नसाय कित्याक जाली तें हांव नकळ. दुसऱ्याच खिणाक दिसलें, हांव म्हजे संस्कार आनी मान्यतायांचें बंदी आसां. म्हाका कोण आडायता? समाजाचीं बंधनां कितलींय जाचक आसलीं तरी कितलीं वेगळीं ! कायद्याचीं बंधना पळवाटाचो आदार घेवन मनीस मोडटा. सांपडलो जाल्यार कायदो ताका ख्यास्त दिता. पुण समाजाचीं बंधना मोडूंक कोणच धजना. कांय बंधनां बरीं आसात, कांय जाचक आसात. पूण आचार विचार आनी उच्चाराचें स्वातंत्र्य दिवपी ह्या भारत देशांत कायद्याची पुराय राखण मेळोवंक आमकां चांटयेपावलाक आमच्या मनाक लगाम घालचो पडटा. आनी ते खातीर कोणूच कागाळ करीना.

पावसाचो नेट वाडलो तशी वातावरणांत शीतळसाण आयली. मनाचे उमाळे आडावं नजत अशी अवस्था जेन्ना जाली तेन्ना हांवें एक पुस्तक हातांत घेतलें आनी हांतुणाचेर आडवें जावन एका नव्या विश्वांत प्रवेश केलो.

हांव म्हजे म्हाकाच फटयतालें?

५५

काटकसर

एका हातांत पोती आनी दुसऱ्या हातांत पर्स घेवन मीता बाजारांत भोंवतालें. खंयच्या तरी लग्नाकसावन तें आयिल्लेवरी दिसतालें. शालू म्हणू नज, पूण उंची जरी साडी ताज्या आंगार आनी हातांत -, गळयांत भांगराच्यो वस्ती. बाजारांत सदची गर्दी आसली आनी ते गर्देंतल्यान वाट काडप मीताक जड वतालें. कोणाचोय हात लागलो जाल्यार तें थंयच उबें रावन ताजो उध्दार करतालें.

तश्यो बाजारांत आनीकय बायलो आशिल्ल्यो. मेळिल्ले बायलेकडेन तें खबरो करतालें. जिका वळखना तिची वळख करून घेतालें आनी सगळयांक एकच पालुपद सांगतालें, 'बायलांनी बाजारांत येवपाची माणसुकी ना गे बाये!''

आनी खरेंच ते गर्देत बायलांनी वचचेंच न्हय. पूण सगळयाच बायलांक बाजार चुकोवंक मेळना. ज्यांच्या घरांत बाजारांत वचपी मनीस नासता वा घरच्या दादल्यांक फुरसद नासता, तांकां बाजार चुकना. त्याभायर कसली वस्त कितली हाडची हाज्जो कांय दादल्यांक अदमास उरना. देखून तांगेल्या बायलांक बाजार करचो पडटा. बायलांचे नदरेन बाजार करप म्हळयार एक चुकना असलें दिव्य. ज्यांच्या दारांत शाकभाजी वा नुस्तें येता असल्यो बायलो दारांतच तें घेतात.

पूण मीताची गजाल वेगळी. मीता ज्या वाड्यार रावता त्या वाड्याचेर नुस्तें दारांत येता आनी शाकभाजीय मेळटा. इतलेंच न्हय तर मीताल्या घरांत बाजारांत वचपी दादलेय आसात. तरी मीताक बाजार करपाची मोठी उमेद. बाजारांत लेगीत तें हळदीकुकमाक आयिल्ले वरी मेळिल्लेय बायलेकडेन तोंडभर गजाली करता. खंयचेय बायलेन वचपाची ताकीत केली जाल्यार मीता म्हणटा, ''एक खेपे घरा वतकच आमी रांदचे कुडींत बांदून उरतलीं. नशिबान सार मेळ्ळीं जाल्यार तोंडभर उलोवया. ताकीत कित्याक करता?''

फाटल्या आयताराक मीता म्हाका बाजारांतच मेळ्ळें. एका हातांत भरिल्ली पोती आसली. ती ताका जड लागताली. ताज्या दुसऱ्या हातांत नुस्त्याची पोती आसली आनी खांद्याक पर्स. हांव दिश्टी पडलें तशें मीताक निमित्त्य मेळ्ळें. ताणे जड पोती मार्गार मदींच दवल्ली आनी म्हाका म्हळें, ''मात्शी एक पोती धरता? रिक्षा घेवनच घरा वतां.''

हांवें मीताली भरिल्ली पोती हातांत उखल्ली आनी रिक्षा स्टँडाचे दिशेन ताज्या वांगडा चलूंक लागलें. वाटेर मीता उलयत रावलें. मदीं मदीं उलयतां उलयतां तें उबें रावतालें आनी आपल्यो खबरो म्हाका आयकयतालें. हांवें म्हळें, "आमकां एक बाजार चुकना. तूंय कित्याक बाजार करता?"

"खरें सांगू?" मीतान जाप दिली, "बाजार करूंक म्हाका आवडटा. दीसभर घरांत उरता. बाजाराच्या निमित्त्यान भायर सरूंक मेळटा. चार जाणां वळखीचीं मेळटात. आनी त्यायपरस चड म्हळ्यार नुस्तें आनी भाजी वेंचून घेवंक मेळटा. आमच्या दादल्यांक तें कळना..."

"पूण तुमच्या दारांत नुस्तें, भाजी येता न्हय गो?" हांवें मीताक विचाल्लें.

"येता गो. पूण म्हारग उजो. हांवें हिशोब करून पळयला. बाजारांत येवन नुस्तें, शाक विकती घेतली जाल्यार हांव दीसपट्टें उणेंच धा रुपया वांचयतां." मोठ्या अभिमानान मीतान जाप दिली आनी म्हळें, "हालींच्या दिसांनी संवसार काटकसरेन चलोवचो पडटा. आमगेर कितें पैशाचो झरो आसा गो? एकल्यान जोडपाचें, सगळयांनी खावपाचें."

मीतालो घोव एक व्यापारी हें हांव जाणां. तशी तांची अर्थीक स्थिती बरी आसा. मीता जी काटकसरीची भास उलयता ती अडेची अशें म्हाका दिसलें आनी हांवें म्हळें, "हे धा रुपया वांचोवपाखातीर तूं कितलो वेळ वगडायता? बसींतल्यान प्रवास करपाचें दिव्य करता."

मीतान म्हाका आडयत म्हळें, "ना गो बाये, बरे बायलेन बसीन प्रवास करचो न्हय. हांव जाल्यार बाये रिक्षा करून बाजारांत येतां आनी रिक्षा करून घरा परततां. त्यो घामसाणी, ती गर्दी म्हज्यान तरी सोसूंक नज."

"रिक्षा म्हारग पडना तर?" हांवें विचाल्लें.

"पडल्यार पडूं. पूण बसीन भोंवप म्हाका कशेंच जमचें ना. थोडे सामके निर्लज्ज दादले आसतात... ते सभ्य तरेन बसींत बसूंकच नकळत."

म्हाघा हासूंक आयलें, पूण हांसो दामीत हांवे म्हळें, "एक सांग, तुमगेल्या घरा वचूंक रिक्षा कितले पैशे घेता?"

"तें कांय विचारूं नाका." मीतान जाप दिली, "तांच्या तोंडाक येत तितले पैशे. वांटपण करपाची माणसुकी ना. सकाळीं हांवें सात रुपये दिले आतां वतना सात रुपये घेत म्हणपाचो भरवंसो ना."

हांवें मनांतल्या मनांत हिशोब केलो. धा रुपयांची काटकसर करचे खातीर ही बायल रिक्षाक चौदा रुपये खर्चिता. त्याभायर वेळ आनी श्रम.

तरी हांव कांय उलयलें ना. ज्याचो विचार ताणे करूंक जाय अशें येवजून ओगी राविल्लें. पूण म्हज्या मनांतल्या विचाराची सुनशा मीताक लागली आसूंये.

ताणे म्हळें, "तू पैशांचे गणित करता आसतलें. पूण सगळयाच गजालींचे गणित

मांडूंक बसल्यार कोण संवसाराक पावचो ना."

रिक्षा स्टॅंडाचेर रिक्षा घेवन मीता गेलें. पूण हांव मात येवजूंक पडलें. मीता खऱ्यांनीच अडचण म्हणून बाजारांत येता, काय बरें न्हेसण न्हेसून भांगर घालून येवपाची उमेद भागोवंक तें दीसपट्टें बाजार करता? म्हाका ह्या प्रस्नाची जाप खबर ना.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

५६

बर्फाचो पावस

फाटल्या दिसांनी बर्फ झडटा ताजो एक देखाव पळयलो. पुराय देशांत शिंयाचें ल्हार आयिल्लें. गोंयच्या सारक्या वाठारांत लेगीत लोक कुडकुडूंक लागलो जाल्यार उत्तर भारतांतल्या लोकांची कितें दुर्दशा जाली आसतली हाजो आमच्यानी अदमास करूं येता. काश्मीर आनी हिमाचल प्रदेशांत तर बर्फ झडलें आनी तो देखाव टि. व्ही. चेर दाखयलो.

म्हाका भुरगेपणांतल्या एका प्रसंगाचो उगडास जालो. तेन्ना एक सिनेमा पळयल्लो. सिनेमांत बर्फ पडटा तो देखाव दाखयिल्लो. एक बायल आंगांत ओव्हरकोट घालून रस्त्यान वता. वयल्यान बारीक पावस पडचो तशें बर्फ झडटा. चलतां चलतां तिचें माथें आनी आंग आनी मुखावयलो रस्तो सगळो बर्फाचो जाता ती आंगावयलो बर्फ बचकभर काडटा ताजो लाडू वळटा आनी भायर उडयता, असो तो देखाव आसलो.

मुंबय शारांत रावतल्या आमकां भुरग्यांक त्या काळार बर्फ म्हळयार अप्रूप. आमी आयसफ्रूटां खातालीं आनी उसाचो रस पितना बर्फाचो व्हडलो खडो मागून घेतालीं. अजाप म्हळयार तेन्ना बर्फान आमचे दांत लेगीत सणसणनासले. म्हजी एक मैत्रीण चणे चाबचे तशे बर्फाचे खडे चाबताली. पूण सिनेमांत पळयलें तें बर्फ वेगळे तरेचें. म्हाका तरी तें 'म्हातारेच्या केसां' सारकें दिसलें. आनी हांवें मैत्रिणीक म्हळें, ''सिनेमाच्या दिग्दर्शकाक बर्फ कशें आसता तें लेगीत खबर ना.''

हांव एक जाल्यार मैत्रीण देड. संवसारांतल्या सगळ्या गजालींची खबर आपणाक आसा अशी बडाय ती मारताली. तिणे म्हळें, ''खरें तुजें. वयल्यान कापूस झडयला आनी भुरग्यांक फटोवचें तशें तें बर्फ अशें दाखयलां. इतलें म्हणून बर्फ पडूं येता? आनी तें खरें बर्फ आशिल्लें जाल्यार ताजो लाडू वळूं येतालो? आनी वळिल्लो बर्फाचो लाडू ती बायल भायर उडयतली आशिल्ली?''

मुंबयच्या भुरग्यांक बर्फ ही खावपाची,चोखपाची वस्त कशी दिसता. ताणी पळयल्यात त्यो बर्फाच्यो लादयो आनी तांचे कुडके. फ्रिजांतल्यां बर्फाचे खडेय ताणी पळयल्यात. देखून हें कापसासारके बर्फ दाखोवप म्हळयार डायरेक्टराचे अकलेचें दिवाळें अशें म्हज्या भुरगेपणांतले ते सर्वज्ञानी मैत्रिणीक दिसल्यार अजाप कितें?

भुरगेपणांतल्या अज्ञानाचो एक फायदो आसता. जें कितें आयकता तें आमकां खरें दिसता. तें फट अशें सांगपाचो अधिकार भुरगीं फकत आपल्या शिक्षकाक वा शिक्षिकेक दितात. तोमेरेन कोणेय कितेंय सांगलें जाल्यार तें फट आसूं येता अशें

भुरग्यांक येवजना.

वर्गांत हांवें दुसरे मैत्रिणीक सिनेमांतल्या त्या देखाव्याविशीं सांगलें. आनी म्हळें, "मळबांतल्यान म्हूण बर्फ पडटा? डायरेक्टरान घोडचूक केल्या. अजाप दिसता तें इतलेंच कि जाण्टीं मनशां लेगीत तो सिनेमा मोन्यांनी पळयतात."

"ना. खऱ्यांनीच बर्फ मळबांतल्यान पडटा. तुवें कऱ्यांचो पावस पळोवंक ना?" तिणे म्हाका परतो प्रस्न केलो.

तेन्ना म्हजे तकलेंतली एक ट्यूबलायट पेटली.

शिंयाचे दीस आसले. सांजच्या वेळार अचकीत मळब भरून आयलें. वारो आनी पावस. पावसावांगडा बर्फाचे खडे झडिल्ले. आमी भुरगीं आंगार पावस आनी करे झेलीत जमनीवयले बर्फाचे कुडके पुंजावन खातालीं. पूण ते खडे फ्रिजांतल्या बर्फाच्या खड्यासारकेच आनी बोरांयेदे आसले.

हांवें मैत्रिणीक म्हळें, "हय, बर्फाचो पावस पडटा हें खरें, पूण त्या सिनेमांत कापूस झडयला. ते बायलेच्या आंगार ताजेर थर जमतात. रस्त्यार लेगीत थर दाटतात."

"ना. ताजें बऱोबर आसूंक जाय. थंड देशांत पावसा वाट्याचें बर्फ झडटा." आनी ते चलयेन स्विट्झर्लंडाक वचून आयिल्ले आपले मामीन काय मावशेन थंयचे जे फोटो हाडिल्ले ताजें वर्णन क्रेलें.

हांवें परती जाप दिली ना. पूण म्हाका दिसलें, म्हजी मैत्रीण म्हाका काण्योे सांगता.

त्या उपरांत तो विशय हांव विसरूनय गेल्लें. खूब दिसां उपरांत एक दीस आमच्या शाळेच्या दारांत तानलाडू विकपी एक गाडो आयलो. हांव कुशीक रावन पळयतालें. तो एका लुगटांत बर्फ किसून घेतालो आनी सोय कशी किशिल्ल्या बर्फांत एक काडी घालून ते आंवळून गुळो करतालो. मागीर तो गुळो साकरेच्या रंगीत मेलांत बुडोवन भुरग्यांक विकतालो. एके तरेचो आयसफ्रूटच तो. पूण किशिल्ल्या रुपांत जेन्ना बर्फ पळयलें तेन्ना म्हाका सिनेमांतल्या बर्फाचो उगडास जालो. तरीकय ते बायेलन तें बर्फ कित्याक भायर उडयलें हाजें अजाप मनांत उल्लेंच.

खूब वर्सांउपरांत एक इंग्लीश सिनेमा पळयलो. शिंयांत कुडकुडत एक भिकारी रस्त्याचे कुशीक बसून भीक मागता. ताजेकडेन खूबशे पैशे जमल्यात, पूण ताका घर ना. तो थंयच झाडामुळांत न्हिदता. रातीकडेन कापसावरी बर्फ जमता. त्या बर्फापोंदा तो आसता. बर्फ काडून उडोवपी गाडयो रस्तो निवळ करतात. कुशीक झाडामुळांत बर्फाची रास तशीच उरता. ताज्यापोंदा तो भिकारी आसता. पूण जेन्ना बर्फ विरगळटलो, तेन्ना लोकांक ताजो देह मेळटलो. तो मेल्लो आसतलो. ताणे जमयिल्ले पूण जिवाक भोगूंक नाशिल्ले पैशे मात कोणाकय आयते मेळटले आसले... अशें एक गीत कोणतरी गायता आनी तो सिनेमा सोंपता.

टी. वी. चेर सिमल्यांतलो बर्फाचो पावस पळयलो आनी कितल्योशोच यादी दिमखुऱ्यांनी चलत म्हज्या मुखार आयल्यो.

५७

पूर्वग्रह

एके चलयेचे सोयरिकेचो विशय तिगेली आवय मेळिल्लेय बायलेकडेन काडटाली. तशी तिगेली चली वयान जाण्टी न्हय. अजून कॉलेजांत शिकता. पूण आवयक लग्नाचो हुस्को. ती म्हणटा, "दीस कशे वतात कळचना... आनी एक वेळ वय वाडलें म्हण्टकच मागीर चली ही पोंवशेल्ल्या नुस्त्यासारकी जाता."

हांव कुशीक बसून आयकतालें. म्हाका तिगेली ओंपार विचित्र दिसली आनी जे तरेन ती सांगताली ती तरा उबगणच न्हय जाल्यार वीट लेगीत हाडटाली.

म्हज्यान सामकें रावं नज जालें आनी हांवें म्हळें, "अशें कित्याक म्हणटा गे तूं? चली कितलीय जाण्टी जाली म्हणून तिका पोंवशेल्ल्या नुस्त्याची ओंपार दिवप बरें दिसता?"

"हांवें तशें वायट अर्थान म्हणूंक ना." तिणे सांगलें, "म्हाका इतलेंच सुचोवपाचें आसलें कि चलयांचीं लग्नां वेळच्या वेळार जावंक जाय."

"हें तुजें म्हणणें सामकें खरें. पूण आतांच्या चलयांमुखार माणसुकी आसा? त्यो खोडी काडीत बसतात. कोण चड लांब, जाल्यार कोण चड मोटवो! कोण असोच दिसता... कोण तसोच दिसता. पूण हांव म्हण्टां, अश्यो जर तुमकां खोडी आसत तर तुमीच तुमचो घोव कित्याक सोदून काडिनात?" दुसरे एकलेन तोंड घालें.

"तें आनी म्हणूं नाका गे बाये." तिसरी उलयली, "आतां तेंच चल्लां... जात म्हणून ना, धर्म म्हणून ना. रूप ना, कूळ ना. प्रेम करतात आनी लग्न जावन मेकळीं जातात. वयल्यान म्हणटात, म्हजो घोव कसो बरो हें समजून घेवपाचें आसत जाल्यार म्हज्या दोळयांनी ताका पळय. सिनेमाचो परिणाम हो! कॉलेजांत वतात थंय असलेच धंदे करूंक शिकतात काय कोण जाणा! त्यापरस आवय - बापायन वेळार तांचीं लग्ना लावन दिल्लीं बरीं."

"तोंडान म्हणूंक सोपें हें." ते चलयेचे आवयन म्हळें. "पूण न्हवरे कितें बाजारांत मेळटात गे? हालींच्या दिसांनी तर कोणय बरो भुरगो पळोवन सोयरीक व्हेल्यार रकाद मेळटा कि तागेलें जुळ्ळां. आतां म्हजेंच पळय, तशीं म्हजे चलयेक अजून वर्सां जावंक नात. पूण हांव आतांसावन ताका घोव सोदतां. शिकूंक हुशार, दिसूंक बरें आनी ताका दिता आसतना आमी कांयं आमचो हात आंखडेवन घेवचीं नात. तरी

बरो भुरगो मेळना."

"तें तुजे चलयेचेरच कित्याक सोंपयना?" कोणेतरी विचाल्लें.

"म्हजें चली तसलें न्हय गे बाये." ते बायलेन रोखडीच जाप दिली, "तें नदर वयर करून कोणाकडेन पळोवचें ना वा चलयेची मर्यादा केन्ना हुपचें ना."

संवाद खूब चल्लो. पूण सूर एक. बऱ्या चलयांक फाव सारके न्हवरे मेळप कठीण जालां. जे बरे भुरगे आसात, तांकां वायट चलयो कॉलेजांतच बांदून घेतात. ताका लागून बऱ्यो चलयो तश्योच उरतात. परिणाम बऱ्या चलयांक बरे घोव मेळनात. देखून तांच्या संवसारांत एक उणे उरता. आनी बऱ्या घोवांक वायट बायलो मेळिल्ल्यान तांगेलेय संवसार सारके चलनात.

एक जाण्टी बायल ही चर्चा केदो वेळ आयकताली. णव वारी कापड न्हेशिल्ली आनी संवसाराचे कडू गोड अणभव घेतिल्ली ती बायल एकूच वाक्य उलोवन गेली, "तुमी ओगीच कश्टुपाचें! जशें कोणागेर भुरगें जावचें आनी कोणागेर जावचें न्हय हें देव थारायता, तेच भाशेन कोणाची गांठ कोणाकडेन बांदची हें लेगीत देवान थारायिल्लें आसता."

खूबशा बायलांनी हांसून हय म्हळें. पूण एकली बायल एकदम ताणशेली. तिणे म्हळें, "सगल्योच गजाली देवाचेर सोडल्यो जाल्यार मागीर आमी प्रयत्न तरी कित्याक करचेले?"

"आयक सांगतां." थंडसाणेन ते बायलेन जाप दिली, "म्हजी खबर हांव तुका सांगतां. हांव चवदा वर्सांची आसतना म्हज्या आवय-बापायन म्हजी सोयरीक केली. पूण लग्नाआदीं न्हवऱ्याचो बापूय भायर पडलो आनी ती सोयरीक मोडली. म्हजो बाबडेचो तातूंत कसलो गुन्याव? न्हवऱ्याक हांवें पळोवंक लेगीत नासलो. पूण म्हजें खंयच लग्न जुळना जालें. निमाणें म्हाका दुसरेपणांत दिली. सगळयांनी म्हळें, 'कुकमा तिळयाक आदार मेळ्ळो? संवसार कसो जातलो तें कळिल्लेंच आसा...' हे गजालीक आतां पन्नास वर्सां जालीं. घरांत हांव आतां नातरांक खेळयतां. म्हजें कांयच वाकडें जालें ना. एक चलो अमेरिकेक आसा. दुसरो इंजिनियर. आतां तुमीच सांगात, आवय बापायन जाचेकडेन गांठ बांदपाची थारायिल्ली ती देवान तोडली. सगळयांक दिसलें, म्हज्या वांट्याक आतां सुख ना. पूण निमाणें कितें जालें? हांव पुराय सुखी आसां. म्हणून म्हणटां, आमी ओगीच कश्टुपाचें. कोणाचें कितें करचें हें देवान थारावन दवरिल्लें आसा."

असल्यो गजाली म्हाका चडश्यो आयकूंक मेळनात. पुण लग्नाच्या हॉलांत तेलाक म्हणून गेल्लें आनी लग्न लागसर थंयच उल्लें. देखून असल्यो खबरो आयकूंक मेळ्ळयो. आनी म्हाका एके गजालीचें अजाप दिसलें. समाजांत बायलो आनी दादले हांचें प्रमाण कशें आसा हें हांव नकळ. पूण तें आगळे उणे समान आसतलें. घडये हालींच्या वर्सांनी गर्भजल परिक्षेचें पिशें शिकिल्ल्या सवरिल्ल्यांचे तकलेंत रिगिल्ल्यान फुडाराक

ह्या देशांत बायलांचें प्रमाण उणें जावन दादल्यांचें वाडटलें. पूण चड करून केन्नाच एकाद्री आवय वा बापूय आपल्या चल्याच्या लग्नाचे विवंचनेत आशिल्लो पळोवंक मेळना. समाजांत चर्चा जाता ती चलयांच्या लग्नाची. चिंता करतात ती चलयांच्याच लग्नांची. पूण खंयचेंय लग्न म्हळें जाल्यार एक चली आनी एक चलो आसचोच पडटा. त्या न्यायान जेन्ना एके चलयेचें लग्न जावचेलें आसता, तेन्ना उणेंच एका चल्याचें लग्न जावचेलें आसता. जे गजालीचो आमी हुस्को करतात ते गजालीक दुसरी बाजू आसता, इतलें आमी मतींत घेतिल्लें जाल्यार घडये हुस्क्याचें कारण उरचें नासलें. पूण आमी तर्कापरस पूर्वग्रहाक चड म्हत्व दितात आनी चलयेचो जल्म हो दुख्खाचो हो पूर्वग्रह मनांत जितो दवरीत दुसरे पिळगेकडेन पावयतात.

५८

दिंडी

मडगांवचो दिंडी उत्सव फाटलीं कांय वर्सां हांव पळयतां. हरि मंदिराकडेन दिंडी भायर सरता ती बाजारांत भितर सरचे आदींच पोस्ट ऑफिसाकडेन जात्रा भरता. आदल्या काळार फेस्तां आनी जात्रांचें म्हत्व वेगळें आसलें. ज्याका आमी बाजार म्हणटात तसलो बाजार नासलो. कांय वस्तू फेस्तांनी आनी जात्रांनीच मेळटाल्यो आनी ताका लागून मुख्य उत्सव कुशीक उरून फेस्तांक आनी जात्रांक म्हत्व येतालें. फेस्त आनी जात्रा म्हळयार एक वेगळेंच चित्र आमच्या मनांत उदेता. तरेकवार आवाज, सरबतां आनी आयस्क्रिमां, बोमाडे आनी पेपारीं एक आनी दोन न्हय, साबार तरांचीं दुकानां. दर एका दुकाना भोंवतणी गर्दी. जात्रेक गेल्यार खाजें घेवंकच जाय हो लोकांचो आग्रो. फकत भोंवप, पांय मोडून येयसर भोंवप, जागो मेळ्ळो जाल्यार बसून खबरो करप. मुख्य उत्सव इगर्जेंत वा देवळांत जाता. ताजो कोणाक हुस्को नासता.

दिंडी भायर सल्ली आनी भजनाचो कार्यक्रम सुरू जालो. गावपी सुरांत आनी तालांत जीव ओतून गातालो. भक्तिरसाचो झरो त्या गायनांत व्हावंतालो. आयकतले तन्मय जावन आयकताले. पूण कानात फकत संगिताचे सूर पडना आसले. तरेकवार हेर संभाषणां कानार पडटालीं.

"देवाची भेट घेवन म्हाका बेगीन घरा वचूंक जाय. कोणतरी जेवपाक येवपाचो आसा." एके बायलेचो आवाज.

"रातचो फोग जावचो आसा, जाणा मगे तूं?" दुसरेन तिका केल्ली याद.

"जाणां तर; देखून बेगीन वचून परत येवंक जाय." पयलेची जाप.

"मॉं, म्हाका एक बोमाडो घेवन दी."

"निकतोच एक फोडलो आतां आनीक मेळचो ना."

भुरग्यालें रडप.

दुसरे वटेन हेर खबरो. "कोण म्हणटा? बरो गाता न्ही रे?"

"हय पूण लोक खंय आयकता!"

तिसरो तांकां दटायता. "शू. शू. मात्शे आयकूंक दियात."

रसिक आनी अरसिकांची ती एक मैफल. एक वेगळी धुंदी. एकल्याचेंय तोंड बंद ना. सगळे उलयतात. कोण हांसतात, कोण किटकिटतात. कोण देवाचें दर्शन घेवंक

रांगेंत उबे राविल्लेकडेन एकामेकाचीं फकाणां करतात.

गायनाकडचीं उठून मात्शीं कुशीक सल्लीं. मनांत विचार आयलो, घामेवन गर्देंत उबें रावन इतलें बरें भजन आयकुवप म्हळयार एक दिव्यच. पयस वतकच एक वेगळो अणभव आयलो. गायकाचो आवाज सारको आयकूंक येतालो. थोडोसो बोवाळ मायकावयल्यान गायनांत भरसतालो, पूण तो सोंसपासारको.

पयसुल्ल्यान गर्दी पळोवंक एक मजा आसता. एके बायलेक हांव केदो वेळ पळयतां. लग्नाक वचूंक भायर सरचें तशी ती न्हेसल्या. आशिल्ल्यो-नाशिल्ल्यो भांगराच्यो वस्ती आंगाचेर चडयल्यात आनी ती गर्देंत रिगूंक सोदता. एके कुशीक बायलो आसात. हेरकडेन दादले. बायलांनी तिका धुकल्ली तशी ती दादल्यांवटेन आयली. आनी एकाद्रो बूलडोझर कशी ती एकदम भितर घुसली.

ते गर्देंत तिज्या आंगावयली कसली तरी वस्त सकल पडली. तिका भानच ना. तिका गायन आयकुपाचें आसा काय आपल्या भांगराचें प्रदर्शन घडोवपाचें आसा देवाक खबर! म्हज्यान रावं नज जालें. हांवें तिका उलो मारून सांगलें, "तुजी वस्त सकल पडल्या."

मागीर सोदप सुरू. कोण कोणाक धुकलता जाल्यार कोण बागोवन शेणिल्ली वस्त सोदता. निमाणे एकल्याक मेळ्ळी. बुटाच्या पांयापोंदा चिडून मोडिल्ली. ते बायलेन ती हातांत घेतली आनी पर्सींत घाली. ह्या अणभवाउपरांत लेगीत ती फाटीं सल्ली ना. परत गर्देंत घुसली.

म्हाका प्रस्न पडलो. कसली ही भांगराची उमेद आनी कितली ही बेपर्वाय तरी बरें गोंयांत त्या मानान बायलांच्या आंगावयल्यो वस्तू तोडून व्हरपी चडशे नात.

विचार तकलेंत येता थंय आसा, बोवाळ जालो. कोणालें तरी पाकीट मारिल्लें. सगळेच बोवाळ करतात. कोणे मारिल्लें कोण जाणा. ज्याचें पाकिट चोरयेक गेल्लें ताणे म्हळें, "पैशे चड नासले पूण गरजेचीं कागदां आसलीं."

"अशीं कागदां घेवन तू दिंडेक कसो आयलो तर?" दुसऱ्याचो प्रस्न.

हांव थंयचें उठून भायर आयलें. गायन आयकुपाची उमेद जिरली. मनाक दिसलें, आयोजकांनी मोठे उमेदीन पैशे खर्चून हो कार्यक्रम घडोवन हाडलो, पूण ताजो लोकांक पुराय आनंद मेळूंक पावना. दिंडेच्या निमित्त्यान एकाद्र्या हॉलांत भक्ती संगिताचो जलसो घडोवन हाडिल्लो जाल्यार घडये गायकाकय न्याय मेळटलो आसलो आनी ज्यांकां इत्सा ना ते कुशीक उरतले आसले.

रस्त्यार एक वळखीची बायल मेळ्ळी. "कितें, भजन आवडलें ना?" तिणे विचाल्लें.

हांवें म्हळें, "भजन गावप खूबच बरें जाता, पूण ह्या बोवाळांत ताजो आनंद मेळना. त्यापरस गायनाचो कार्यक्रम वेगळेकडेन केल्लो बरो आसलो."

"तर मागीर दिंडेक कितें अर्थ उरतलो? दिंडी म्हळी म्हणटकच अशीच गर्दी जाय, असोच बोवाळ जाय आनी इतलें करूनय बरें गायन जाय."

हांव कितें उलयतलें?

५९

रुपडीं

टी. व्ही. चेर कार्यक्रम चलतालो. कसलो तरी मराठी प्रायोजित कार्यक्रम. असल्या कार्यक्रमाची एक अडचण आसता. आदले भाग पळयिल्ले नासले जाल्यार फुडले भाग सारके समजनात. हांवें आदले भाग पळोवंक नाशिल्ल्यान हेरांचे खोशयेत वितुश्ट हाडचें न्हय अशें येवजून हांव मोन्यानी टी. व्ही. मुखार बसून राविल्लें.

म्हज्या शेजाराक म्हजी एक मैत्रीण बशिल्ली ती त्या कार्यक्रमांत पुराय रंगून गेल्ली. पात्रांच्या संवादांचेर आनी नाटकांतल्या प्रसंगांचेर आपलें भाश्य करताली.

कथेंतले खलनायिकेचेर म्हजे मैत्रिणीचो खूबच राग. ती कितेंय उलयली म्हणटकच ही बशिल्लेकडेन म्हणटाली, "आयली पाड पडिल्ली!"

म्हाका हांसूंक येतालें. नायिकेच्या दुख्खाकडेन ती इतली समरस जाताली कि स्क्रिनावयले प्रसंग पळोवन हिज्या दोळयांत दुकां येतालीं आनी म्हणटाली, "भोंगूं बाबडेचें!"

कार्यक्रम चलता आसतना मदीं हांव उलयलें जाल्यार तिजो रसभंग जाताले हें येवजून हांव ओगी रावलें. कार्यक्रमाचो तो भाग सोंपलो आनी टी. व्ही. चेर कसली तरी जायरात आयली. ते सरशीं मैत्रिणीन म्हळें, "हो कार्यक्रम बरो जाता न्हय?"

"हांवें ह्या आदीं तो कार्यक्रम पळोवंक ना देखून म्हाका तो सारको समजूंक ना. पूण तूं इतलें समरस जाता तें पळोवन म्हाका अजाप दिसलें." हांवें म्हळें.

"तशें जाल्यार तूं मुजरत तो कार्यक्रम पळय. तुका आवडटलो. सप्तकांतलो एक दीस अर्द वर कुशीक काडपाचें." तिणे सांगलें.

"ते बरें आसा गो, पूण म्हाका कार्यक्रमापरसय तुजी प्रतिक्रिया चड आवडली. तूं अशे तरेन उलयतालें जशें काय स्किनावयलीं पात्रां तें आयकतालीं."

"हय, म्हाका ती एक खोड." मैत्रिणीन म्हळें. "पूण सामकें रावं नज. तातुंतय नट नटयो आपले वळखीच्यो आसल्यो जाल्यार इल्लें मनाक चड लागता."

मैत्रिणीन एके नटयेचें नांव घेतलें आनी म्हळें, तिका सद्दां असलें खलनायिकेचें काम कित्याक करूंक जाय देव जाणा !"

"तातूंत कितें गो? जिका जें काम झेंपता तें करपाची संद मेळटा. नाय जाल्यार नाटकांत दुश्टाचें काम करपी नट वा नटी हरशीं दुश्ट आसतात अशें मानप म्हळयार तांचेर अन्याय करपासारकें जातलें." हांवें म्हळें

मैत्रिणीक म्हजें म्हणणे पटलें ना. तिजें म्हणणे अशें आसलें कि जो मनीस खलनायकाचें काम बरें करता ताजें मनच कुशिल्लें आसता. चरित्राचें तेज मनशाच्या तोंडाचेर आनी अभिनयांतल्यान उकतें जाता देखून तिणे पळयिल्ल्या नाटकांत वा सिनेमांत ज्याणी ज्याणी खलनायकाचीं कामां केल्यांत तीं सगलीं मनशां वायट असो तिणे आपल्या मनाचो समज करून घेतिल्लो आनी देखून पड्ड्याचेर खंयच्याय पात्राचें काम पळयता आसतना ती आपली प्रतिक्रिया रोखडीच उक्तायताली.

बारीकसाणेन येवजितकच म्हज्या लक्षांत आयलें कि ती सगळया नटांक आनी नटयांक तांच्या नांवान वळखताली. म्हळयार माचयेवयल्या नाटकांतल्या पात्रांक नांव कितेंय आसूं आनी त्या पात्रान कसलीय भूमिका केल्ली आसूं तिजे नदरेन खलनायक तो खलनायक आनी नायक तो नायक आसतालो. देखीक, ‘‘हो प्राण जाणा तूं? दुश्ट मनीस’’ अशें ती सांगताली आनी दिलीपकुमाराविशीं उलयतना ती ताज्या गुणांची तोखणाय करताली. मागीर पड्ड्यावयल्या प्रसंगात ह्या नटांची भूमिका कितेंय आसूं.

हांवें तिका म्हळें, ‘‘तुजे आनी म्हजे विचारसरणेंत फरक आसा तो इतलोच कि तूं त्या सगळया नटांक आनी नटयांक तांच्या मूळ नांवान वळखता आनी कथेंतल्या ज्या पात्रांची तीं भूमिका करतात त्या पात्रांकडेन तूं समरस जायना. म्हजी गजाल वेगळी. हांव थोड्या नटांक आनी नटयांक वळखतां. खूबशे जाण हांवें हरशींय पळयल्यात. पूण नाटक वा सिनेमा पळयता आसतना हांव तांचीं मूळ नांवां वा ताणी हेर नाटकांनी वा सिनेमांनी केल्लीं कामां विसरून कथानकाकडेन समरस जाता. देखून म्हाका ते कार्यक्रम पळयता आसतना जी भूमिका नटाच्या वांट्याक आयल्या ती ताणे कशी केल्या इतलोच विचार करचो लागता.

म्हगेलें म्हणणे मैत्रीणीक पटलें ना. तिणें म्हळें, ‘‘दुश्ट मनीस बऱ्या पात्राचें काम करता तेन्ना तुका तें अडेचें दिसना?’’

हांवें म्हळें, ‘‘एकाद्रो मनीस दुश्ट काय बरो हें तूं कशें थारायता? तुजो कांय त्या नटांकडेन वा नटयांकडेन संबंद येना. तरी तू तांगेलें एकाद्र्या नाटकांतलें वा सिनेमांतलें काम पळोवन तो दुश्ट काय बरो हें थारायता. एकेभाशेन तांचेविशीं तुज्या मनांत पूर्वग्रह आसता.’’

‘‘ना, तशें न्हय. जो ग्रह जाता तो मनशाची पारख मेळटकच जाता.’’ तिणे म्हळें, ‘‘साकरेच्या पाकांत घालें तरी कारातें हें कोडूच, तें गोड जायना. दूदान न्हाणयलो म्हणून कावळो धवो जायना; तसो मनीस बरो आसलो जाल्यार नाटकांतय तो बरोच दिसतलो आनी बऱ्याच पात्राचें काम करतलो. दुश्ट मनीस मात दुश्ट पात्राचें काम करूंक कबूल जातलो.’’

तिजेकडेन वाद घालपांत अर्थ नासलो. खरें म्हळयार पुराय संवसार एक पड्डे नाशिल्लें माचयेवयलें नाटक. ह्या नाटकांत जण एकलो मनीस एक एक सवंग करता. एके तरेन आमी आमच्या तोंडाचेर रुपडीं चडोवन ह्या संवसारांत वावुरतात. आमचीं मनां कोणाक दिसूंक आयल्यांत? आमचे विशीं कोण कसलो समज करून घेता कोण जाणा! पूण संवसाराच्या नाटकांत आपूण खलनायक हें कोणूच कबूल करचो ना.

६०

कुटुंबसंस्था

एका वळखीच्या घरांत हांव पावलें तेन्ना तांगेले चलयेच्या वाडदिसाची तयारी चलताली. म्हाका खाकुडिल्ले भशेन जालें. आमकां आमंत्रण नासलें आनी त्या दिसा तागेले चलयेचो वाडदीस म्हणपाचेंय आमकां खबर नासलें. अचकीत हांव दारांत उबें रावलें तरी म्हाका येवकार मेळ्ळो. भायल्या सालांत बोवाळ आनी घरची घरकान्न म्हाका घेवन एके भितल्ले कुडींत गेली आनी दार बंद करून तिणे म्हळें, "भायर तांगेलो बोवाळ चल्ला आमी थंड हांगा बसूया."

म्हाका खूबच संकोच जालो. न्हय त्या वेळार हांव हांगेर पावलें अशें म्हाका जालें. पूण एकें खेपें पावल्या उपरांत हांव पेंचांत सांपडिल्लें. बसूंक मन जायना आनी उठून गेल्यार बरें दिसचें ना अशी म्हजी अवस्था जाली.

"आज तुमगेर कितें आसा काय कितें?" हांवें तिका विचाल्लें.

"हय. आमचें व्हडलें चलयेचो आज वाडदीस. तिगेले इश्ट, इश्टीणी आयल्यांत. सकाळपसून कोण येता, कोण वता हाजो हिशोबच ना. आतांच्या भुरग्यांची खबर हांवें तुका सांगूंक जाय? वाडदीस मनोवपाची तांची तरा लेगीत वेगळीच." तिणे जाप दिली.

भायर पॉप म्युझिक चलतालें. हांशाचे आनी किळच्यांचे आवाज बंद दारांतल्यान भितर कुडींत आयकूंक येताले.

हांवें म्हळें, "येतां हांव."

"बस, बस तू." तिणे म्हळें, "त्या वाडदिसाचो आनी आमचो संबंदच ना. हांव सामकें मेकळें आसां." तिणे हाताक धरून म्हाका बसयलें.

पूण म्हजें मन लागना आसलें. हांवें म्हळें, "नाय म्हळयार तुका बोवाळ आसतलोच. घरांत लोक येतात, वतात..."

इतले म्हणसर कुडीचें दार उकतें करून जीन्स घाल्ली तिगेली व्हडली चली भितर आयली आनी तिणे आपले आवयक विचाल्लें, "मॉम, स्कॉचाची बाटली खंय आसा? सर्वेश आयला. आनी व्हिस्केबगर दुसरें कांयच पियेवचो ना अशें म्हणटा." चलयेन विचारिल्ल्या प्रस्नान ती गोंदळळी. म्हाकाय कितें करचें तें समजलें ना. खिणातच तिणे आपलो गोंदळ चेपलो आनी चलयेक सांगलें, "शेल्फाच्या दाव्या खणांत आसतली,

पळय."

उपरांत तिणे म्हाका सांगलें, "आतां दीस कितले बदल्ल्यात पळय. कॉलेजांत शिकपी हीं भुरगीं खूबच धीट जाल्यांत. आमगेर कोण व्हिस्की घेना. केन्नाय कोणी परकी घरांत पावता ताजेखातीर आमी थोडी हाडून दवरतात."

म्हाका विषयच बदलपाचो आसलो; आनी जमल्यार जाता तितलें बेगीन थंयसून भायर सरून वचपाचें आसलें. चलयेन म्हज्या सामकार विचारिल्ल्या प्रस्नाक लागून तिका मात्शी लज जाल्ली. आनी ती लिपोवपाखातीर ती फोडणिशी करीत रावली. फोडणिशी करतां, करतां ती जें कितें उलयताली ताका ताळतंत्र नासलो. मदींच ती एकविसाव्या शेंकड्याच्यो गजाली सांगूंक लागली. फुडल्या शेंकड्यांत बायलो कश्यो आसतल्यो, समाजांत आनी कुटुंबांत तांची सुवात कितें आसतली हे सारकिले प्रस्न ती विचारूंक लागली. तिगेली ती अवस्था पळोचन म्हाका मनांतल्या मनांत हांसूं येतालें. देखून तोंड धांपून हांव तकली हालयत रावलें. दुसरें कांय एक करप शक्य नासलें आनी हांवें तिच्या प्रस्नांक जापो दिल्यो नात, देकूनच तिजे तावडींतल्यान बेगीन सुटूंक पावलें.

युग बदल्लां हातूंत दुबावच ना. युग काय रातयांत बदलना. पोरनी पिळगी आनी नवी पिळगी हांचे मदलें झगडें सदांच चलत आयलां. आतांच तें वाडलां अशें म्हणूंक येवचें ना. एका काळार लग्न जाल्ले बायलेन णववारी कापड न्हेसचें असो समाजाचो आग्रो आसतालो. जे पयले सूनेन णववारी कापड न्हेसूंक नकार दिलो तिजें आनी मांयचे कशें झगडें जालें आसूंये हाजो आमच्यांनी अदमास करूं येता. तेन्ना प्रस्न आसलो तो इतलोच कि सुनेन णववारी कापड न्हेसचें काय स वारी साडी न्हेसची? हो वाद त्या काळार कितलो गाजलो हें हांव आयकून जाणा.

आतां तें युग सोपलें. गोल साडी आतां आमच्या भेसांत परकी उरूंक ना. त्या उपरांत दुसरें युग आयलें. लग्न जाल्ल्या बायलांनी साडीच न्हेसूंक जाय काय कितें असो प्रस्न सुनो विचारूंक लागल्यो. आनी खूबशा सुनांनी भायर पंजाबी सूट आनी घरांत गावन घालूंक सुरुवात केली. आज हे दोनय भेस घरा कणकणी पळोवंक मेळटात. पंजाबी ड्रेस वा घरांत घाल्ले गावन हे आमचे नदरेक रोंबनात वा संस्कृतीक अडेचे दिसनात. पूण हालीं तरी लग्न जाल्ल्यो बायलो लेगीत पॅंटां आनी जीन्स घालतात आनी दादल्यांसारके केंसय बारीक करतात.

युग बदल्लें तशी जीण बदल्ली, जेवणखाण बदल्लें, भेस बदल्ले तशी सौंदर्याची परिभास बदल्ली. सभ्यतायेचे आनी सुसंस्कृतपणाचे कस बदल्ले. आनी समारंभाचें रूप लेगीत बदल्लें. एकाद्रो भट पॅंट घालून गणपतीची पूजा सांगता म्हणून ताका विरोध करूंक वतल्या मनशाक भट मेळपाची शाश्वती उरूंक ना, इतलें जग बदल्लां.

बदल हो सभावीक आसता. संवसारांत सगळें बदलता. जंय न्हंयचे उदक बदलता थंय मनशाचे भेस आनी चालिरिती बदल्ल्यार अजाप कसलें? पूण केन्ना केन्नाय आमी

फुडारिल्ले अशें दाखोवपाखातीर दुसऱ्याचें अनुकरण करतात. सभ्यतायेचे कस असल्या अनुकरणावरवीं थारायतात. पूण ताका लागून आमी एक संकट मोलायतात हाजें मात आमकां भान उरना.

भायल्या देशांनी कितें आसा आनी भारतांत कितें ना हाजी वळेरी सगळेच दितात. पूण भारतांत जी एक उदात्त संस्कृती आसा, ती दुसरेकडेन ना हें आमी विसरूंक फावना. आनी कुटुंब संस्था हो भारतीय संस्कृतीचो प्राण. घर, घरांतलें वातावरण, आवय आनी भुरग्यांमदले संबंद, आमचें न्हेसण, आमचें जेवणखाण हीं आमचे संस्कृतीचीं आंगां आसलीं तरी कुटुंबसंस्था हो ते संस्कृतेचो मूळ गाभो. युरोप, अमेरिकेंत कुटुंब संस्था कोसळून पडिल्ल्यान थंयचो समाज अधांतरी हुमकळटा. थंय नीत घसल्ल्या आनी मनाचे धग थांबोवचेखातीर थंयचे तरनाटे सोऱ्याचे वा ड्रग्जांचे घुंवळींत बुडून रावंक सोदतात. आमी तेच दिशेन वचप समा जातलें?

६१

नातें कितें?

मुंबयचे एके सोसायटींत घडिल्ली एक गजाल. अपूर्णा नांवाची एक चली हे सोसायटीचें भूशण जावन बशिल्ली. कसले तरी जायरात कंपनींत मॉडेल म्हणून ती काम करताली आनी तिगेल्यो जायराती टीव्हीचेर येतकच तिका नामना मेळूंक पाविल्ली. ही चली खंयच्यान आयली आनी खंय पावली असो प्रस्न जायत्या जाणांक पडिल्लो. पूण ते सोसायटींत रावतल्या लोकांक मात इल्लेंय अजाप दिसलें ना. अपूर्णा नक्षत्रासारकी सुंदर, हांसत्या तोंडाची आनी बुद्दीन शिटूक अशी चली. सोसायटींतल्या लोकांनी तिका संवसार सुंदरीचो किताब खूब आदींच दिवन उडयिल्लो.

कोरांतिल्ल्या शिल्पासारक्या देहाची अपूर्णा आपले लांब, रस्मी केंस फाटीचेर मेकळे सोडून फ्लॅटांतल्यान भायर सल्ली म्हणटकच तिका पळोवंक सगळे जनेलांनी दादलेच न्हय, तर बायलो लेगीत उब्यो रावताल्यो आनी तिका तोखेताल्यो. सोसायटींतल्या चलयांमदीं जाल्यार अपूर्णाचें अनुकरण करपाची सर्तच लागताली. तिणे जे तरेची साडी हाडिल्ली आसत तेच तरेच्यो साड्यो सोसायटींतल्यो सगळयो चलयो हाडून घेताल्यो आनी केन्ना केन्ना सोसायटींतल्यो चलयो युनिफॉर्म घालतात असो परक्यांचो समज जातालो.

अपूर्णा ते सोसायटींत दुसऱ्या फ्लॅटांत रावतल्या मोहकाच्या मोगांत पडली. नाटकांत वा सिनेमांत घडची तशी ही घडणूक. तसो मोहक नांवाभशेनच सुंदर. बिझनेस मॅनेजमेंटचो कोर्स पुरो करून ताणे आपली एक वेगळी कन्सलटन्सी सुरू केल्या. एक दीस बसींचो संप आसलो आनी बस स्टॉपाचेर उबी आशिल्ल्या अपूर्णाक मोहकानी आपले गाडयेंतल्यान लिफ्ट दिली. त्या दिसाच्यान अपूर्णा मोहकाबरोबर भायर सरूंक लागली आनी ताज्याच सांगातान घरा परतूंक लागली.

अजाप कोणाक दिसलें ना. उरफाटें जोडी बरी सोबता अशेंच सोसायटींतल्या लोकांनी म्हळें. उपरांत तांची इश्टागत खूबच वाडली. दोगांय सांगातान भोवंक लागलीं. नाटक, सिनेमा वा हेर कडेन लेगीत तीं जोडयेन वचूंक लागलीं. दोगांचेय संवाद बरे जाताले. एकामेकांक विचारून तीं निर्णय घेवंक लागलीं.

सोसायटींतले जाण्टेले सांजच्या वेळार भायर बांकार बशिल्ल्या वेळार हे जोडयेक पळयतकच केन्नाय मोहकाक सरळ विचारताले, "कितले दीस असो भोंवतलो? लग्न

कित्याक करीना?''

प्रस्न आयकनाफुडें मोहक हांसून अपूर्णाकडेन पळयतालो आनी अपूर्णा लजून तकली सकल घालताली.

एक दीस दोगांनीय लग्न करपाचें थारायलें. मुंबयच्या समाजांत हें लग्न खूब गाजलें. आपापल्या क्षेत्रांत मोहक आनी अपूर्णा हाणी नांव जोडिल्लें.

लग्नाउपरांत लेगीत दोगांमदलें नातें तशेंच उल्लें. तशेंच भोंवप, तशेंच उलोवप, तें आदर्श जोडें अशें समाज मानूंक लागलो. एकाद्री बायल आपल्या घोवाकडेन कागाळ करपाची जाली जाल्यार घोव मेळचो तर मोहकासारको अशें म्हणटाली आनी घोव जाप दितालो, ''तशें वागपाचें जालें जाल्यार अपूर्णासारकी बायल मेळची लागता.''

पूण जेन्ना एक दीस दोगांय घटस्फोट घेवपाखातीर वकिलाक मेळ्ळीं, तेन्ना सोसायटींत बोवाळ जालो. सगळयांक अजाप आनी सगळयांचे चर्चेचो तोच विशय. पूण मजा म्हळयार तरीकय दोगांय एकठांय रावतालीं, एकठांय भोंवतालीं. कोर्टांत लेगीत एकठांय वतालीं. दोगांलोय वकील एकूच. हें पळयतल्याक घटस्फोटाचे गजालीचेर विस्वास कसो बसतलो? पूण एक दीस पेपरांत जायरात आयली आनी अपूर्णा परत आपले आवयच्या फ्लॅटांत रावंक गेली तेन्ना मात दुबावाक जागो उल्लो ना.

तरी अपूर्णान मोहकाचो सांगात सोडलो ना. आदलेवरी सकाळच्या वेळार मोटारींत बसून तो हॉर्न वाजोवन अपूर्णाक आपयतालो आनी दोगांय हांसत, गजाली करीत वतालीं. सांगातान परत येतालीं. हें कुवाडें कितें म्हणपाचें लोकांक समजना आसलें.

जायरातींत मॉडेलाचें काम करपी चली ही नटीच आसता. फिल्मी नेमाळयांक तांची आस्था आसता. अशाच एका नेमाळयान अपूर्णाची मुलाखत घेतली. ते मुलाखतींतलो एकूच प्रस्न आनी त्या प्रस्नाक अपूर्णान दिल्ली जाप येवजुपासारकी.

''तुमी इतलीं वर्सां सांगातान रावलीं. अजून सांगातान भोंवतात. पूण घटस्फोट कित्याक घेतलो?''

अपूर्णान जाप दिली, ''आमचे मदीं बरी इश्टागत आसली आनी आयज आसा. पूण आमची घडण अशी कि आमी बरें जोडपें जावंक शकनात. आमी आमच्या मळाचेर एक जैत मेळयलां. ताजी धुंदी आमचे तकलेंत चडल्या, देखून घरांत आनी जिणेंत मोहक आनी हांव आपलो आपूणच धनी हे वृत्तीन जियेवंक सोदतात. दांपत्य जिणेचें मर्म म्हळयार तडजोड... गीव्ह ॲण्ड टेक. आमी लग्न जातकच असो अणभव घेतलो कि नमतें घेवपाची आमची दोगांचीय वृत्ती न्हय. देखून आमी थारायलें कि घोव - बायलेचें बंधन पत्कर नासतना आमी इश्ट म्हणून रावंया.''

समाजाक घडये हें विचित्र दिसूंये. पूण मोहक आनी अपूर्णा हांणी एक नवो सिध्दांत समाजामुखार दवल्ला. आज समाजाक तो विचित्र दिसलो तरी फाल्यां तो मान्य जावचो ना अशें म्हणूं नज.

World Konkani Centre Library 8118

६२

संस्कार

नांव पुर्विल्ल्या काळांतलें दिसचें तशें. भेसय नांवाक सोबचो असोच. णव वारी कापड, कपलभर कुकूम, गळयांत काळया पिड्डुकांचो मणी, नाकांत मोठशी काडी आनी केंसांच्या तरांटून बांदिल्ल्या आंबाड्यावयल्यान घेतिल्लो जरी पदर. हातांत दोनच कांकणां हळडुवीं चकचकीत. भांगराची आसत वा नकली आसत. पूण हेर कंवचेचीं कांकणां नदरेंत भरतालीं. दाव्या हाताच्या बोटाक एक नाजूक मुदी.

हांव केदो वेळ तरी तिका पळयत रावलें. बायल नदरेंत भरताली. तिजें वेगळेपण हांव नियाळटालें. जरीच्याच खणाची चोळी आणि पांयांच्या दुसऱ्या बोटांत रुप्याचे वेडे.

रेल्वेच्या पयल्या वर्गांत डब्यांत ती आमच्या सामखार बशिल्ली. तिजे कुशीक एक दादलो. तांच्या उलोवण्यावयल्यान तीं घोव -बायल कशीं दिसतालीं. घोवाचो भेस अर्विल्लो. निळया रंगाची पॅन्ट, फिकट निळो टाय धव्या शर्टाचेर आसलो. कानसुलांकडेन पिकिल्ल्या केंसांचे दोन पुंजके. हेर माथ्याचेर नांवाक लेगीत केंस नासले. ताज्या हातांत सिगरेटचें एक टीन आनी एक लायटर. एक झुरको घेवन तो दोळे धापून घेतालो. जसो काय धुंवराची रूच तो चाखतालो. धांवते गाडयेंतल्यान मदींच भायलेवटेन एकाद्रो देखाव दिसलो जाल्यार आपले बायलेक तो ते दाखयतालो. उतरांच न्हय, तर क्रियापदां लेगीत इंग्लीश आसतालीं. ताज्या मानान तिगेली भास सुध्द आसली. पूण तिगेले उच्चार विचित्र आसले. खेड्यांतले एकाद्रे बायलेन साहित्यीक भास उलोवपाचो अडेचो प्रयत्न करचो तशें दिसतालें.

तिगेल्या हातांत एक पुस्तक आसलें. तें ती वाचताली आनी घोवान कितेंय सांगलें म्हणटच पुस्तक धापून नदर थिरावन ताका पळयत रावताली. दोगांय पिरायेन जाण्टीं पुण नवे व्हंकलेन आपल्या घोवाकडेन पळोवचें तशी तिची नदर आसली.

गाडी एका स्टेशनार थांबली. व्हडलें स्टेशन आसतलें. तो उठून उबो रावलो. आंग मोडून ताणे आळस झाडलो आनी तिका कितेंशें सांगून तो सकल देंवलो.

तिच्या मुखावयल्या बांकाचेर आमी तीन मनशां बशिल्लीं. घोव सकल देंवतकच तिणे म्हजेकडेन पळयलें. हांव तो मेरेन तिकाच पळयत बशिल्लें. नदरेक नदर मेळ्ळी आनी तिणे तोंडार मात्सो हांसो फुलयलो.

दोन वरां आमी एकाच डब्यांत एकामेकां सामखार बशिल्लीं पूण तोमेरेन आमी एकामेकांकडेन एकूय उतर उलोवंक नाशिल्लीं.

'खंय वता? हो तिणे म्हाका विचारिल्लो पयलो प्रश्न. एक एक अक्षर ओडून ताळयांतलें भायर काडचें तशी ती उलयली. तिगेली ती उलोवपाची तरा म्हाका वेगळीच दिसली.

हांवें तिका आमी खंय वतात तें सांगलें.

तेन्ना हांसून तिणे म्हळें, 'फुडल्या प्रवासांत आमकां तुमचो सांगात मेळटलो तर!'

उलोवपाची तीच तरा. कितेंय तरी फुडलें उलोवंक जाय आसलें देखून हांवें विचाल्लें, 'कसलें पुस्तक वाचता?'

तिणे जाप दिली ना. बंद पुस्तक म्हज्या हातांत दिलें. लक्ष्मीबाई टिळकांचें 'स्मृतिचित्रें' हांवें पुस्तक चाळ्ळें आनी परत तिजेकडेन दिलें.

'वाच तूं.' तिणे म्हळें.

'वाचलां हांवें.' हांवें जाप दिली.

'खूब सुंदर पुस्तक न्हय?' तिणे विचाल्लें.

'हय.' हांवें जाप दिली. 'म्हाका तें वाचलें तेन्ना खूबच आवडिल्लें. आदल्या काळाच्यो गजाली त्यो. तेन्ना वातावरणय तशें आसलें. आज सांगलें जाल्यार कोणाकच त्यो गजाली खऱ्यो दिसच्यो नात.'

'कित्याक म्हणटा?' तिणे म्हळें, 'म्हाका जाल्यार मराठी चालीरिती समजून घेवंक ह्या पुस्तकाचो खूबच आदार मेळ्ळो.'

तिगेलो घोव डब्यांत परत आयलो आनी गाडी सुटली. आमचें उलोवप थांबलें. ल्हवू आवाजांत ती आपल्या घोवाकडेन कितेंतरी उलयली आनी गाडयेचो वेग वाडचे आदींच तिणे म्हळें, 'तूं हांगा म्हज्या सिटाचेर येवन बस.'

तिगेलो घोव उठून उबो रावलो. आमी जागे बदल्ले आनी गाडयेचे गती वांगडा आमचीं उलोवणी सुरू जालीं. एकाद्रो तटतटीत फोड सुयेच्या स्पर्शावांगडा भळभळीत व्हांवचो आनी तें पळोवन दुःख सोसतल्याक आनी पळयतल्याकय सू दिसचें तसलें वातावरण डब्यांत निर्मलें.

ती बायल आपल्या मनांत घर करून बशिल्ल्यो गजाली म्हजेसारके अनवळखी बायलेकडेन सहज उलोवन गेली आनी मागीर आमचेमदीं मेकळेपण वाडलें.

आमचें स्टेशन आयलें आनी आमी देंवलीं. तीं दोगांय आमच्या सांगाताच देंवलीं. निरोप घेता आसतना दोन भयणींनी एकेमेकींक वेंग मारची तशी तिणे म्हाका वेंग माल्ली.

ती बायल म्हाका केन्नाच मेळ्ळी ना. हाजेफुडेंय मेळत अशें दिसना. पूण जेन्ना हांव खंयच्याय लग्नाक वा पोरन्या नाटकांत णव वारी कापड न्हेशिल्ली बायल पळयतां, तेन्ना म्हाका तिजो उगडास जाता.

तिगेली खबर खंयचेय कादंबरीचो विशय जावं येतालो. ती मूळची इंडोनेशियाची. रंगान सांवळी पूण तरणेपणांत कितली सुंदर दिसताली जावंये ताजो अदमास येतालो. उंचेलें शिक्षण घेवंक ती पॅरिसाक गेली आनी एका भारतीय तरनाट्याच्या मोगांत पडली.

"त्या परकी वातावरणांत आमी वेगळीं. दोगांय आशिया खंडांतलीं काळीं मनशां. फ्रान्सांत कोणाची वळख ना देख. दोगांकय घरची याद येताली. दोन समदुःखी जीव त्या वातावरणांत एकठांय आयले आनी एकामेकांक काळीज ओंपून बसले. हांवें एक नवो अणभव घेतलो. परकीं वातावरणांतली मस्ती वेगळी आसता." तिणे म्हाका सांगिल्लें.

वर्सां अशींच गेलीं. कशीं गेलीं तें कळूलेंच ना. एक दीस घरा परतुपाचो वेळ आयलो. ताजे बगर ती जगूंक शकची नासली आनी तिजे बगर तो.

"तुका हांव खोशयेन घरा व्हरतलों आसलों. पुण आमी कट्टर मराठी ब्राह्मण. तूं म्हजी बायल हातूंत दुबाव ना. पुण आमचे घरची सून जावन रावशीत? नात्यान आनी मनान?" ताणे विचाल्लें.

तिणे हय म्हळें आनी मागीर एक नवें शिक्षण सुरू जालें. परंपरेचे संस्कार मानतल्या कुटुंबांतले सुनेचे संस्कार तिणे शिकून घेतले.

घोवाक दिल्लें उतर अजून ती पाळटा. आतां भारत बदल्ला आनी भारतीय बायलो परंपरेचीं बंधना मानिनात. पूण ती बदलूंक ना. तिका बदलपाचें ना.

तिजी याद येतकच म्हाका प्रस्न पडटा. संस्कार हे खऱ्यानीच रगतांत आसतात?

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000116

६३

चंपा

नावेलीचे इगर्जेमुखार ती उबी आसली. माथ्याचेर नाल्लांनी भरिल्लें वजें. कपलाक दोनूय कानसुलामेरेन पातळिल्लो आडवो कपलभर तांबडो कुकूम. नाकाक व्हड नथ. तिच्या भारान नाकाचे दावे पातयेवयलो बुराक व्हड जाल्लो. कानाच्यो दोनय पाळयोय पिनून गेल्ल्यो आनी तातुंतल्यान रुप्याचे दोन गुळे हुमकळटाले. आंगार देंठली. विटिल्ल्या जांभळया रंगाची.

हांव तिका पळयत रावलें. हालीं कुणबी बायलेच्या आंगावयली देंठली गेल्या आनी सभ्यतायेच्या नांवान त्योय साडी, ब्लावज चडोवंक लागल्यात. म्हजेकडेन कॅमेरा नाशिल्लो. पुण हिजो एक फोटो घेवचो अशें म्हाका दिसले बगर रावलें ना.

हांव तिका पळयतां हें तिज्या लक्षांत गेलें आनी तिणे म्हाका आपयलें.

"बाय, मात्शें वज्याक हात घालता?" तिणे विचाल्लें.

म्हज्या एका हातांत आशिल्ली पर्स आनी दुसऱ्या हातांत सत्री. हांवें पर्स आनी सत्री सकल जमनीचेर दवल्ली आनी दोनय हात वज्याक घालूंक उखल्ले. तेन्ना म्हज्या लक्षांत आयलें कि ती बायल पुरते स फूट लांब आसली. म्हजे हात वज्यामेरेन पावनात अशें पळोवन तिणे आपलीं धोंपरां मोडून घेतलीं आनी वजें सकल हाडलें. हांवें हात घालून तें सकल दवरूंक तिका आदार दिलो.

"देव बरें करूं." तिणे उपकार मानले आनी किरवंटेक बांदिल्ली धाकली चंची काडून घेतली. आतां ती पान खावपाची तयारी करताली आनी हांव म्हज्या दाव्या आंगठ्याक भरिल्लें वज्याचें किसर ओडून भायर काडटालें.

"लागलें दिसता बायेक." अशें म्हणून तिणे म्हजो दावो हात आपल्या हातांत घेतलो आनी "आवय रगत येयलां" अशें म्हणून फाटीफुडें पळयनासतना म्हजो आंगठो आपल्या तोंडांत घालून चोखलो. उपरांत न्हेसणाच्या मिरयांक तो पुसलो आनी म्हळें, "कितले नाजूक गो तुजे हात, फुलावरी!"

तिगेल्या निबर हातांचो स्पर्श म्हाका जाणवल्लो. तिणें आपली चंची उकती केली. हुमेच्या दागांनी मचकट जाल्ले ते चंचेंत मोडीचे पैशे, दोडिल्ल्यो नोटी, तंबाखू, खावचीं पानां, चुन्याची डबी आनी सुपारी आसली. सुपारेचो एक कुडको तिणे म्हज्या हातार दवल्लो आनी विचाल्लें, "बाय, पान खातलें?"

हांवें तकली हालोवन "ना" म्हळें, पुण हरव्या बेड्याचो कुडको तोंडांत घालो.

तिणे एक पान कवळून दाडवणांत धल्लें. उपरांत सुपारेचो कुडको चणो तोंडांत उडोवचो तसो उडयलो. मागीर सवकासायेन एक पान भायर काडून ताजो देंठ मोडलो, शिरो काडल्यो आनी ताजो गुड्डो करून तेंय तोंडांत घालें. उपरांत हातार तंबाखू रकोवन एका बोटाच्या नाखटान तातूंत चुनो घालो आनी पोशांनी तो चोळून तोंडात रकयलो.

"तंबाखून तुजें तोंड हुलपना?" हांवें विचाल्लें.

"आनीक हुलपुपाचें उल्लां-तर? मान वळून आयली म्हणून मात्शी रावल्यां. म्हाका हे नाल्ल घेवन आक्यां वचपाचें आसा."

तिणे थंयच बसकण माल्ली. पयलेच खेपे तिच्या पांयांकडेन म्हजी नदर गेली. धुल्लान भरिल्ले ते पांय मेय चडयिल्ल्याभशेन दिसताले. माथ्यार वजें धरून धरून ताळवेक खरड पडिल्लें - सुरती रुपया येदें. फाटले वटच्यान आरांटून तरांटून बांदिल्लो गच्च आंबाडो आनी ताजेर गुठलायिल्लो आबोल्यांचो झेलो.

हांव थंयच रावन आपणाक पळयता म्हणपाचें लक्षांत येतकच तिणे म्हाका म्हळें, "बाय, वच तूं. परत वजें माथ्यार चडोवंक कोणय मेळटलो म्हाका."

हांव वचूंक गेलें. पुण ते बायलेची मूर्त म्हज्या मनांत कोरिल्ली उल्ली.

दीसपट्टें हांव त्या मार्गान येतां, वतां. पुण त्या उपरांत नावेलीचे इगर्जेलागीं ती कुणबी बायल म्हाका केन्नाच दिसली ना. ल्हवू ल्हवू हांव तिका विसरून गेलें.

पयर अचकीत दनपारच्या वेळार ती बायल आमच्या दारांत उबी. उदक मागूंक आयिल्ली. हांवें फ्रिजांतलें ग्लासभर थंड उदक तिका दिलें. तो ग्लास हातांत घेना आसतना तिणे म्हळें, "इतल्या उदकान म्हजी तान भागची ना. कळसुली आसल्यार हाड."

आमच्या घरांत नळ येत सावन कळसुल्यो उरूंक नात. हांवें दोन व्हडले तांबये भरून हाडले. दोनय तांमयांतलें उदक ती गटगटीत पियेली. दोन हातांनी तामयो वयर धरून उदकाची धार आपल्या ताळयार घेवपाची तिगेली तरा म्हाका मानवली. एकूय थेंब भायर पडलो ना.

"आनीक जाय?" हांवें विचाल्लें.

"आसूं" तिणे म्हळें, "उदकाचें कितें आसता जाणां तूं बाय? एके फावटीं धार तुटतकंच तान मरता."

म्हाका तिगेले जापेची लक्तुबाय दिसली. तान लागतकच ताळयार उदकाची अखंड धार पोट भरसर सोडली जाल्यार कितलेंय उदक पोटांत वता. नाजाल्यार ग्लासभर उदकान लेगीत तान भागता.

उदक पियेवन जातकच ती म्हाका पळयत रावली आनी विचाल्लें, "बाय, तुजें कुळार खंयचें गो?"

मदींच ही कुळार कित्याक विचारता हाजें म्हाका अजाप जालें.

हांवें सांगलें, "मुंबय."

"देवा, देवा!" तिणे म्हळें, "अडचल्ल्या वेळार खंय धांवन वता गो तूं?"

म्हाका तिगेल्या प्रस्नाची खोंच समजली ना.

पुण तिणेच आपली कथा सांगली.

"हांव पुता सोळा वर्सांचेर लग्न जाल्लीं... वीस वर्सांमेरेन दोन भुरग्यांची आवय जालीं. तेन्ना घोव भायर पडलो. आवयचो आदार मेळ्ळो. पुण नशिबाची रड सोंपली ना. दोनय पूत व्हड जावन लग्न जाले आनी म्हाका घराभायर काडली. आतां मरण येना म्हणून जगतां आनी पोटाखातीर हीं जड वजीं माथ्यार उखलतां.

म्हाका तिजी काकुळट दिसली. पुण "सोड ती गजाल" अशें म्हणून ती उठली आनी वतां, वतां तिणे म्हळें, "बायलेचो जल्म घेतकच वजीं उखलपाचें चुकना गे बाये!"

ती गेली. हांव तिजे फाटीकडेन पळयत रावलें. संवसाराचो मार खावन शाणी जाल्ली आनी नशिबाआड झुजतली एक सादी अडाणी बायल!

६४

गार्फ

एला फार्माविशीं खूबशें वाचिल्लें, आयकल्लें. फाटल्या सप्तकांत तें पळयलें. थंय पावपाचो योग वेगळयाच कारणाखातीर आयलो. म्हजे वळखीची एक चली हालींच थंय कामाक लागल्या. मेळिल्ले खेपे ती आपलें फार्म पळोवंक यो म्हणून आपयता, पूण सुटयेच्या दिसांनी ती थंय नासता आनी हेर दिसांनी वचप म्हाका जमना.

फाटल्या सप्तकांत येवजिलें, एला फार्माच्या निमित्त्यान गोंयच्या कांय वाठाराची एक प्रदक्षणा पूर्ण करून येतलें. आनी हांव भायर सल्लें. आदीं पणजे वचपाचें थारायलें. धा वरां मेरेन बसींत जागो मेळप कठीण जाता आनी म्हाका तर कसलीच ताकीत नासली. बसींत बसलें आनी मुंबय सावन गोंय पळोवंक आयिल्ली एक बायल म्हजे कुशीक येवन बसली. बस सुटचे आदींच आमची वळख जाली. पयलेच खेपे ती गोंयांत आयिल्ली देखून तिका सगळेंच अप्रूप दिसतालें. झाडांचो पाचवो रंग, शेतांत पिकून तयार जाल्लें भाताचें भांगर, माडांचेर लागिल्ल्यो नाल्लांच्यो पेंडी.... एका नव्या संवसारांत पाविल्ले भशेन ती विस्मीत जाली. परत परत म्हाका एकाद्रो देखाव दाखयताली आनी, 'कितलो सुंदर न्हय?' असो प्रस्न विचारताली.

संवकळीच्या म्हज्या दोळयांक सैमाची ही सोबा आतां सदची जाल्ली. ताका लागून ती बायल इतली कित्याक भुरकटून गेल्या तें म्हाका समजना आसलें. म्हजेकडच्यान बरी दाद मेळना अशें पळोवन तिणे संस्कृत भाशेंतलें एक सुभाषित म्हळें, आनी म्हाका विचाल्लें, 'अर्थ समजलो?'

शाळेंत संस्कृत हो एक विशय घेतिल्लो, जीं थोडीभोव सुभाषितां म्हाका याद आसलीं तातुंतलेंच तें. मलय पर्वताचेर भिल्ल लोक चंदनाचीं लाकडां जळोव म्हणून वापरतात. चड संवकळ जातकच मनशाक मान उरना - अतिपरिचया दवज्ञा! तेंच सुभाषित तिणे म्हणिल्लें. जें दुर्लक्ष, दुर्मीळ ताजी आमकां तोखणाय दिसता. जें सदचें, संवकळीचें तें आमकां किरकोळ दिसता, हो त्या सुभाषिताचो भावार्थ. तिणे तें सुभाषित म्हळें आनी हांव हांसलें. तिगेल्या प्रस्नाक जाप दितना म्हळें, 'तू म्हण्टा ते खरें. गोंयचो सैम आमी सदांच पळयतात. देखून आमकां तो अप्रूप दिसना. पूण आमी जेन्ना भायर वतात तेन्ना आमकां लेगीत गोंयच्या सैमाची सोबा समजता.'

पणजे पावतकच ती आपले वाटेन गेली. म्हाका पणजे कसलेंच काम नासलें. हांवें बस बदल्ली आनी रायबंदरच्या पाट्यावयल्यान पोरन्या गोंयां देंवलें. ते बायलेकडेन

जाल्ल्या संवादाक लागून म्हजी नदर बदलिल्ली. पोरन्या गोंयां देंवलें आनी भोंवतणी नदर भोंवडायली. हांव रोमाक पावंक ना. पूण सिनेमांनी रोम शार पळयलां. आदल्या काळार गोंय हें पूर्वेकडलें रोम म्हणटाले. चिऱ्याच्या आनी चुन्याच्या त्या भव्य गंभीर वास्तूंच्या वातावरणांत म्हाका गोंयाक पूर्वेकडलें रोम कित्याक म्हणटाले तें समजल्ले भाशेन जालें. मनांत आयलें, इतिहासाची एक ल्हानशी परिक्रमा आदीं करची. आनी हांव एला फार्माची वाट सोडून इगर्जांभोंवतणी भोंवलें आनी थेट मांडवीचे देगेर गेलें. खूबशे भोंवडेकार पुंजक्या पुंजक्यांनी भोंवताले.

परत येतना एक गायड कांय भोंवडेकारांक सांगतालो ती उतरां म्हज्या कानार गेलीं. 'ती थंय व्हडली इगर्ज आसा थंय आदीं म्हादेवाचें देवूळ आसलें; आता थंयच इगर्ज आसा. त्योच वण्टी, तीच रचणूक.

राजकी इतिहासान घडयिल्ल्या समाजीक इतिहासाचो उगडास करीत एला फार्मांत पावलें. एका नव्या संवसारांत पाविल्ले भशेन म्हाका जालें. वळखीची चली मेळ्ळी आनी तिच्या सांगातान फार्म भोंवन पळयलें.

एकेकडेन एक मनीस आंब्याचीं गार्फां तयार करतालो. मूळ रोपाचो एक खांदो कापून ताका दुसरो खांदो बांदतालो.

केदोवेळ मेरेन हांव पळयत रावलें. गार्फांविशीं हांवे खूब आयकलां. हांवें अशेंय आयकलां कि हें शास्त्र पुर्तुगेजांनी गोंयांत हाडलें आनी गोंयच्यान तें हेरकडेन पावलें.

त्या मनशाकडेन उलयता आसतना जायत्यो गजाली कळ्ळयो. सैमाचे प्रयोगशाळेंतलीं अप्रूपां कळटकच मन अजापान भरून गेलें. बऱ्या जातीच्या आंब्याचो काथो रोयलो म्हणून त्या झाडाक बरे आंबे जायतच म्हणपाचो भरवंसो नासता. बरें फळ जाय आसत जाल्यार गार्फ करचें पडटा. हें गार्फ केल्ल्यान आंबट वा पचक फळां दिवपी बियापासून वयर सरिल्लें झाड गोड फळां दिवंक पावता. आंब्याच्या फळांत जीं सुतां आसतात तीं गार्फांवरवीं काडून उडोवंक येतात.

परत येतना पोरन्या गोंयच्या स्टॉपाचेर आयलें तेन्ना गार्फांचो विचार मनांत घोळटालो. अशें दिसलें, म्हादेवाच्या देवळाचेर खुरीस गार्फ केलो आनी देवळाची इगर्ज जाली. गोंयांत तरी किरिस्तांव धर्म हो मूळ हिन्दु झाडाचें एक गार्फच न्हय?

मनशाच्या सभावाक वखद ना अशें म्हणटात. जाल्ल्याचो सभाव मेले बगर बदलना अशेंय सांगतात. तो अणभव आमी सगळयांनीच घेतिल्लो आसा. पूण खुरीस गार्फ करून मनशाचो धर्म जर बदलता आनी आंब्याचें गार्फ करून आंबो गोड आनी सुतां मेकळो पिकोवंक येता जाल्यार मनशाच्या सभावाक गार्फ करपाची तजवीज कित्याक जावची न्हय?

येवजितां, येवजितां म्हाका एक प्रस्न पडलो. कोणाचो सभाव कसो आसचो हें खंय जाचें ताचें काळीज थारायता आनी हालीं तर पोरने काळीज काडून नवें काळीज गार्फ करपाची तजवीज वैजकी शास्त्रान केल्ली आसा. ज्याका नवें काळीज मेळटा ताका नवी जीण मेळटा पूण ते जिणेंत ताजो सभाव बदलता काय?

वर्ल्ड कोंकणी ग्रंथालय • WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
५६

६५

नांव

'गंगा भारतीय' अशें जेन्ना तिणे आपलें नांव सांगलें तेन्ना म्हाका ती मस्करी करता अशें दिसलें. सलवार कमीज न्हेशिल्ली ती एक जाण्टी बायल. तोंडाक पडिल्ल्यो मिरयो पिरायेच्यो काय अती फेशियलाच्यो हें कळूंक मार्ग नासलो. पूण पिकिल्ले केंस इतली गवाय दिताले कि हे बायलेन उणेंच पन्नाशी हुपिल्ली आसूंक जाय. पूण तिजी आनीक कांय वेगळेपणा नदरेंत भरतालीं. तिचो गळो आनी हात उकते. केंस मानेच्या वयरच कापिल्ले, दोळयांक एक दाट वक्ल, त्या दाट कंवच्यांक लागून तिगेले मूळचे बटबटीत दोळे आनिकय मोठे दिसताले. आवाज लेगीत कांपरो. फुटिल्ले पेटयेसारको. आनी ही बायल आपलें नांव गंगा भारतीय अशें सांगता म्हळयार विचित्रच दिसतालें.

हांवें दुबाव काडून उडोवचेखातीर तिका विचाल्लें, "आडनांव कितें म्हळें तुवें?"

"भारतीय" तिणे परत जाप दिली.

मनांत म्हळें, आसत एकाद्रें भारतीय हें आडनांव. पूण ओगीच दुबाव येतालो कि तें खरें नांव न्हय. हें तिचें टोपण नांव आसूंक जाय. पूण पयलेच खेपे जी मेळिल्ली तिज्याच नांवाविशीं चर्चा कशी करपाची अशें येवजून हांव ओगी रावलें.

पुस्तकांच्या एका प्रदर्शनांत ती म्हाका मेळिल्ली आनी तिच्या हातांत एक चित्रांचे पुस्तक आसलें, तें ती चाळताली. आपल्या हातांतलें पुस्तक तशेंच धरून तिजे कुशीक उबें रावन हांवें जें पुस्तक उखलिल्लें तें पुस्तक कसलें असो तिणे म्हाका प्रस्न विचाल्लो तेन्ना म्हजें लक्ष तिजेकडेन गेलें. तिणेच म्हाका आदीं पुस्तकाविशीं विचाल्लें आनी हांवें तें पुस्तक तिज्या हातांत दिलें.

"हें पुस्तक म्हज्या भावान बरयलां." तिणे म्हाका सांगलें. आनी परत पुस्तक म्हज्या हातांत दिलें. हांव तें घेतां घेतां तिणे म्हाका नांव विचाल्लें, तें हांवें सांगलें आनी एक उपचार म्हणून तिजें नांव विचारिल्लें.

ओगीच म्हाका येवजलें जें, पुस्तक तिगेल्या भावान बरयिल्लें अशें ती सांगताली त्या पुस्तकावयलें लेखकाचें नांव वाचलें जाल्यार हे बायलेचें कुळारचें आडनांव तरी समजूंक पावतलें आनी हांवें परत येवन तें पळोवन घेतलें. लेखक एक बंगाली आसलो. पूण ही बायल पळोवंक बंगाली दिसली ना. ती म्हजेकडेन मराठी उलयिल्ली.

अजून ती पुस्तकांच्या प्रदर्शनांत भोंवताली. एक एक पुस्तक उखलताली, चाळटाली आनी परत दवरताली. हांवें एक भुरग्यांचें पुस्तक विकतें घेवपाचें थारायलें. ल्हानशें

पुस्तक आनी ताजें मोल पचवीस रुपया. पैशे कोणाकडेन दिवचे अशें पळयतासर तीच बायल आयली आनी तिणे पैशे घेतले.

"ह्या प्रदर्शनाकडेन तुजो संबंद कितें?" हांवें तिका विचार्ल्लें.

"हांवच तें जाग्या जाग्यांनी भरयतां. धंदो म्हणून न्हय, कार्य म्हणून. ह्या देशांत धर्माच्या नांवान, जातींच्या नांवान, भाशेच्या नांवान दीसपट्टीं झगडीं जातात. लोक बुध्दाक विसल्ले आनी गांधीकय ताणी सोडलो. ह्या देशांत परत स्वतंत्रतायेचे चळवळी वेळावयलें वातावरण आमी निर्मूक सोदतात."

म्हाका दिसलें, आतां राष्ट्रीय एकचाराचेर हिगेलें व्याख्यान आयकुचें पडटलें. पूण प्रस्न हांवेंच विचारिल्ल्यान तोडून घेवपय शक्य नासलें.

हांव हय, हय म्हणून तकली हाल्यतालें आनी ती राष्ट्रवादाचेर, देशभक्तीचेर आपले विचार मांडटाली. मदींच तिणे म्हळें, "जाणा तूं, गंगा भारतीय हें म्हजें मूळचें नांव न्हय. हांवें तें आपणायलां आनी तेंच चलयलां. भारतांत आमी आमचीं नांवां प्रांताक, धर्माक आनी जातीक निश्ठा दवरून घेतात. त्या नांवांक लागून आमकां धर्म, भास, प्रांत येवजता. म्हजे नांव गंगा, गंगा ही राष्ट्रीय न्हंय. ती फकत हिंदूंची न्हय... आनी आमी सगळे भारतीय देखून तें म्हजें आडनांव."

"एक विचारूं?" हांवें तिका प्रस्न केलो, "तुजो भाव जें नांव लायता तें बंगाली दिसता..."

"तेंच सांगतां." तिणे म्हळें, "म्हजें नांव घेतकच तुका प्रांत येवजलो ना. पूण ताजें नांव घेतकच तो बंगाली म्हणपाचें येवजलें. संकुचितपणाचें मूळ नांवांत कशें आसता हें तुवें पळयलें. हें संकुचीतपण सोडूंकच हांवें पुण्यांत रावपाचें थारायलें आनी मराठी भास आपणायली. अशें दर एका प्रांतांतल्या लोकांनी केलें जाल्यार देशाचें चित्र बदलतलें."

एक प्रस्न जिबेर आयलो, पूण विचारपाचें धाडस जालें ना. ती लग्न जाल्या काय ना होच तो प्रस्न आसलो. कांय वेळ अनमनल्या उपरांत हांवें तिका विचार्ल्लें, "तुजो घोव खंय आसता?"

"तूं म्हणटा त्या अर्थान म्हजें लग्न जावंक ना. पूण हांवें ह्या देशाकडेनच लग्न केलां म्हळ्यार जाता. ज्या खिणाक मूळ नांव सोडलें, त्या खिणाक हो देश म्हजो घोव जालो."

म्हाका समजुपाचें तें समजल्लें. हांव उठून येवंक लागलें. तरी एक प्रस्न मनांत उल्लो, ही बायल तकलेन सारकी आसा मूं?

पूण येवजिता आसतना दिसलें, ती उलयता तातूंत एक विचार आसलो. तो विचार बरो काय वायट हें हांव नकळं. त्या उपायावरवीं भेद सोपतलो काय ना हेंय सांगूंक नज. पूण इतलें खरें कि आमचीं नांवां, भास आनी भेस आमकां प्रांतांचे, जातीचे आनी धर्माचे लेबल लायतात. पूण तें लेबल आमच्या भारतीयत्वाच्या खऱ्यांनीच आड येता?

६६

अमीना

अमीनाची खबर खूबश्या वाचप्यांनी वाचली आसतली. पूण ती खबर फकत अमीनाचीच न्हय, ह्या देंशांतल्या हजारांनी गरीब चलयांचीय जावन आसा. देखून तिजो विचार आमी सगळयांनीच करूंक जाय.

अरब लोक आमच्या देशाक अनवळखी उरूंक नात. अरबस्थानांत दुर्मीळ अशें तेल आसा आनी तें तेल विकून थंयचे देश खूब्ब पैशे मेळयतात. फुकट मेळिल्लो पैसो कसो खर्च करचो ही तांकां विवंचना. देखून ते भारतासारक्या देशांत येतात आनी हांगाच्या गरीबांचे लाचारेचो गैरफायदो घेतात. गरिबांकडेन मनशां आसतात, चलयो आसतात. ज्यो तांकां जड लागतात. चली म्हळी म्हणटकच तिका पोसूंक जाय, ल्हानाची व्हड करूंक जाय आनी व्हड जातकच तिजें लग्न करूंक जाय. लग्नांत वरदक्षणा दिवंक जाय. देखून गरीब कुटुंबांत चली जल्माक आयली म्हणटकूच आवय बापूय खंती जातात. धर्म, संस्कार खंयचेय आसूं. चली म्हळयार गळयाक बांदिल्लो फातोर अशें गरीब कुटुंबांत दिसता. हे लाचारेचो फायदो अरब घेतात. ते भारतांत येतात आनी गरीब कुटुंबांतल्यो चलयो विकत्यो घेतात. कायद्याची पळवाट सोदून ते असल्या गरीब चलयांकडेन लग्न करतात आनी तांकां आपल्या देशांत व्हरून जनानखान्यांत दवरतात.

आवय-बापायक दिसता, आपली चली बऱ्याक पावली. तिज्या पोटाची विवंचना सोंपली. ती बरे कपडे घालतली, बरें खाण खातली आनी तिजेकडेन पैशेय घोळटले. त्याभायर ज्या कुटुंबांतली ती चली आसत त्या कुटुंबांत हे अरब पाच-धा हजार रुपया तरी दितातच. चलयेक इतलें मोल मेळटा हें त्या कुटुंबाचे नदरेन खूब व्हडलें. त्या कुटुंबांतले लोक खुशालभरीत जातात.

अमीना ही हैद्राबादच्या एका रिक्षावाल्याची धा वर्सांची चली. तिगेल्या आवय बापायन एका अरबाक तिका विकली. त्या अरबान तिजेकडेन लग्न केलें. तिगेलो पासपोर्ट तयार केलो. पासपोर्टाचेर पिराय बत्तीस वर्सां दाखयलीं आनी तिका घेवन तो अरब आपल्या देशांत वचूंक भायर सल्लो. विमानात बशिल्लेकडेन अमीना रडूंक लागली. त्या विमानांत एके एअर हॉस्टेसीचें लक्ष तिजेकडेन गेलें. तिणे तिजी वासपूस केली. अमीनान घडिल्ली सगळी खबर सांगली. दिल्लीक देंवनाफुडें ती एअर हॉस्टेस

(अमृता अहलुवालिया) अमीनाक घेवन पोलीस स्टेशनार गेली. पोलिसांनी तिका राखण दिली आनी साठ वर्सांचो तिगेलो घोव याह्या एच. एम. अल सगीश हाका कोर्टांत उबो केलो.

देशभर ही गजाल गाजली. जे एअर हॉस्टेसीन अमिनाक आदार दिल्लो तिणे कोर्टाकडेन मागलें कि अमीना आपल्या ताब्यांत दिवची. आपूण तिका भयण कशी वाडयतां. हेर कांय बायलांच्या संघटनांनीय अमीनाक सांबाळपाची तयारी दाखयल्या. सध्या कोर्टान अमिनाक नारी निकेतनांत दवरपाचो आदेश दिला.

अमिनान कोर्टांत जी आपली खबर सागंली ती तिगेल्याच उतरांनी अशी.

" हांव हैद्राबादाक चारमिनार वाठारांत रावतां. म्हजो बापूय रिक्षा चलयता. म्हाका पांच भयणी. हांव दुसरी. दोन ल्हान भाव. व्हडले भयणीचें लग्न जावंक ना. आमच्या घरा शेजरा दुसरी एक बायल रावताली. तिणे शेखाकडेन एके चलयेचें लग्न करचें असो प्रस्ताव आवयक दिलो. बिरेस्ताराक रातीचें म्हजें त्या म्हाताऱ्याकडेन लग्न जालें. म्हाका ताजें नांव, गांव कांय खबर ना. लग्ना उपरांत तो म्हाका घेवन हॉटेलांत गेलो. दोन दीस आमी हॉटेलांत उल्लीं. मागीर आमकां हॉटेल सोडचें पडलें. फुडले दोन दीस आमी आमच्या घराशेजरा एका दुसऱ्या घरांत रावलीं. त्या उपरांत एक दीस म्हज्या बापायन आपल्या रिक्षान आमकां दोगांकय विमानतळाचेर पावयलीं."

अमिनाची खबर ही अशी. थोड्या उतरांभितर अमिनान जी खबर सांगल्या ती ह्या देशांतल्या हजारांनी, लाखांनी गरीब कुटुंबांतल्या चलयांची जावन आसा.

अमिनाक न्याय मेळटलो. पूण ह्या आदीं असल्यो हजारांनी अमीना अन्यायाच्या बळाफुडें हारल्यो. तांची खबर लेगीत कोणाक ना.

हातूंत गुन्याव कोणाचो? अजाण चलयांचो गुन्यांव आसूंकच नज. आवय-बापायचो तरी कसो गुन्यांव करूंक येता? आयिल्ल्या दिसा उपास काडटा आसतना एके चलयेक पोटभर जेवण मेळटलें आनी तिजो उध्दार जातलो हे भावनेनच त्यो तांचें लग्न करतात. चारित्र्य, शील, नीत, रीत हीं उतरां कितलींय बरीं आनी उदात्त दिसलीं तरी गरीबाची जीण म्हळयार माजर हुंदराकडेन खेळटा तसलो खेळ. माजर हुंदराक नाचोवन नाचोवन मारता. गरीब भारतीय बायलांची जीण अशे तरेन मरतल्या हुंदरासारखीच आसा. दुख्ख इतलेंच कि भारत स्वतंत्र जावन ४४ वर्सां जालीं आनी घटनेन बायलांक समान अधिकार दिले तरी गरीबीची सांवळी जावन राविल्ली लाचारी आमचे जिणेंतली अजून सोपूंक ना.

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

116
N-7 D120
CHI

(जा)
WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: मनाची डायरी

YEAR: 1993
AUTHOR: सौ. चित्रा जयेश कुडाळकार

PLACE OF PUBLICATION: कुळागर प्रकाशन पडगांव

PRICE: 60/-

ACC. NO. 86

सौ. चित्रा जयेश कुडचडकार

मुंबय हें तांचें कुळार. जल्म त्याच शारांत जालो आनी थंयच्या मराठी वातावरणांत शिक्षण आनी संस्कार घेतले. मुंबय विद्यापिठाचो बी. ए. शिक्षणक्रम पूर्ण केलो आनी आवड म्हणून जे. जे. स्कूल ऑफ आर्ट ची जी.डी.आर्ट ही पदविका घेतली.

घरांतलें वातावरण साहित्यीक. ल्हानपणांत सावन तरेकवार साहित्य वाचपाची आवड. घरांत आनी घराभायर साहित्यीक चर्चेंत वांटो घेवपाची संद.

लग्न जावन गोंयांत येत सावन गोंयची जीण आनी कोंकणी भास हांचेकडेन नातें जोडलें आनी आपल्या संवेदनक्षम मनान हे भुंयेचेर मोग केलो. सुर्वेक 'राष्ट्रमत' दिसाळयांतल्यान ताणी मराठी ललीत लेखन सुरू केलें आनी 'राष्ट्रमता'ची आयतार आवृत्ती सुरू जायत सावन 'मनाचो हारसो' हें कोंकणी सदर त्यो बरयत आसात.

कान, दोळे आनी मन उकतें दवरून दिसपट्टे जिणेंत वावुरतना सौदर्याचीं जीं जीं थळां नदरेंत भल्लीं, जीं आगळीं वेगळीं मनशां भेटलीं वा जे अप्रुपाचे प्रसंग अणभवले तांची लेखिकेच्या मनाच्या हारशांत पडिल्लीं हीं पडबिम्बां. त्या पडबिम्बांचींच हीं शब्दचित्रां.

ललीत साहित्याचो हो काव्यमय गद्य आविश्कार. ह्या संग्रहांत तांचे कांय वेंचीक ललीत निबंद आस्पावल्यात.

impressions, BGM. Tel. 21309